मीरा

– सुजाता सिंगबाळ

प्रिय डॉ.
[illegible]
— सुजाता

मीरा

(चरित्र -कांदबरी)

सुजाता सिंगबाळ

क्लीक प्रकाशन

मीरा (चरित्र -कांदबरी)
Meera (Novel)

❑

© सुजाता सिंगबाळ

❑

पयली आवृत्ती :
डिसेंबर २०१०

❑

मुद्रक :
कस्तुरी प्रिंटर्स
ढवळी, फोंडा - गोवा

❑

अक्षर जुळणी :
आदित्य अक्षरमुद्रा
मडगाव - गोवा

❑

प्रकाशक :
सुजाता सिंगबाळ
होली फॅमिली चर्चजवळ
आल्त - पर्वरी ४०३ ५२१

❑

मोल : २०० रूपया

आमच्या वयाच्या चडशा भुरग्यांनी आजेकडल्यान काणयो आयकल्यात. हांवेय म्हज्या आजेकडल्यान काणयो आयकल्यात. वीर राजांच्यो, संताच्यो काणयोय ती सांगताली. संत तुकाराम, कान्होपात्रा, संत ज्ञानेश्वर, संत मीराबाई.

"रणछोडदासाच्या देवळात मीरा भान विसरून अभंग गावक लागली. अभंग गायता गायता नाचूक लागली. अशीच नाचत गायत ती चलत रावली. गोमती न्हय दर्याक मेळता त्या जाग्यार पावली... इतल्यान जोगलावक लागलें... गडगडोय आयलो... पावस शिवरूक लागलो.... येदो व्हडलो गडगडाट जाला.... दर्यो दुभंगलो आनी मीरा ना. जाली. कांय मळभात ना जाली.... कोणाक कळलें ना... कृष्णऽ कृष्ण करीत मीरा ना जाली."

... मीरेच्या महानिर्वाणाचे वर्णन भुरगेपणात मनात कोरील्लें. मीरेविशी मनात कुतूहल वाडिल्लें. मीरेविशी कितेंय मेळलें की वाचप आनी बरोवन दवरप. मीरेच्या जीणेन आनी तिणें बरयिल्ल्या अभंगानी म्हज्या मनाची घट्ट पकड घेतिल्ली. मीरा भुरगी आसतना मीरेची आवय संसाराक अंतरली. मीरेचो बापूय सदाच युद्धात आनी राजकारणात व्यस्त आसतालो. मीरेचो आजो रावदुदाजी वैष्णवभक्त. तांच्या मायेच्या आनी संस्काराच्या सावलेत मीरा वाढली. मीरेचे लग्न राजा भोजाकडेन जालें. आनी वयाच्या विसाव्या वर्सा मीरा विधवा जाली. त्या उपरांत कांय वर्सांनी मीरेचो बापूय संसाराक अंतरलो... उपरांत कांय वर्सांनी, देर विक्रमाजीत सिंह चित्तोडाचो राजा जाल्या उपरांत विक्रमजीत सिंहान मीरेचो खूब छळ केलो. तिच्या पदांमदी तसो उल्लेख मेंळता,

"राणो भेज्या विषरो, प्याला
चरणामृत पी जाणा"

कृष्णाच्या भक्तीत मीरा तल्लीन जाल्ली. पायात घुंगूर बांदून ती कृष्णाच्या म्हुर्तीफुडें नाचताली... राजघराण्यातली विधवा सून तिणें लोकाची लज, कुळाची मर्यादा सोडूक जांयना अशें राजाचें स्पश्ट मत आशिल्लें. राजघराण्याचो खर विरोध आनी छळाक उबगून मीरेन चित्तौड सोडलें आनी ते कुळरा मेवाडात

रावक लागली.

मीरेचो काका आनी चुलतभाव दोघांय मीरेविशी खूब आदर आशिल्लो. कृष्णाची भक्ती आनी साधुचो सांगात हातून मीरेचो वेळ वतालो. ती रात दीस कृष्णभक्तीत मग्न आसताली. जोधपुरच्या राजान मेडताचेर आक्रमण केलें. मीरेचो काका युद्ध हारलो. फाटोफाट आयिल्ल्या संकटांनी मीरेचे मन विरक्त जाले. मीरेन तिर्थयात्रेक वचपाचें थारायलें. तेन्ना दोळ्यांफुडे फक्त वृंदावन.

वाटेवेल्या गावात थारत, वाटेर कीर्तन सांगत, भजन गायत मीरा वृंदावनात पावली. वृंदावनात परंपरागत विचाराचें लोक आशिल्लें. अंधश्रद्धेच्या, रूढीच्या, चालीच्या बंधनात लोक बांदिल्लें आशिल्ले. आपल्या किर्तनातल्यान लोकांक नवी दिखा दिली. व्रता, उपास करीनासना, कर्मकांडा करीनासतना देवाचें नाव घेवन देवाची भक्ती करू येंता हें लोकांच्या मनात बिंबयले. वृंदावनात मीरेक खर विरोध जालो. पुण वृंदावनात लोकांचे खूब प्रेमय मेळले. वृंदावनात मीरेक अस्तित्व मेळलें. संत मीराबाई म्हण नामना मेळली. समाजजीणेकडेंन ती एकरूप जाली. मीरा जन्मान क्षत्राणी. झुजप मीरेच्या रक्तात आशिल्लें.

वृंदाना उपरांत मीरा द्वारकेत गेली... द्वारकेत वृंदावनापरस चड खर विरोध जालो. मीरेचे मन निर्शेले, खर्शेले... अडचणीचे दोंगर फुडें आयलें पुण कान्हा ऽ रे म्हणीत मीरा फुडें वचत रावली. जें कितें आपुण करता तें कान्हाच आपलेंकडेन करून घेंता ही जाणीव सतत तिज्या मनात आसताली. ह्या प्रवासान कान्हाक मेळपाची ओढ. काळीज 'कान्हाऽरे' असो उलो मारीत आसताले. मीरेची पुराय जीण म्हळ्यार झुज आनी समर्पण. मीरेची जीण म्हळ्यार प्रार्थना.

हांवे आयकल्ल्यो आख्यायिका, काणयो, वाचिल्ली पुस्तका आनी अभंग. आनी मीरेच्या चरित्राची माहिती एकठांय करून मीरा उतरांनी चितारपाचो हांवे यत्न केला. मीरेची जीण, तिचें अभंग, हांव कांय खिण जगला अशें म्हळ्यार जाता. भुरगेंपणान मीरेची काणी हांवे आयकूक नाशिल्ली जाल्यार घडये 'मीरा' हांव बरोवचें नाशिल्लें. म्हज्या बुद्धीनुसार, प्रतिभाशक्तीच्या कुवतीनुसार, कल्पना शक्तीनुसार हावे मीरेक समजून घेवन चितारपाचो यत्न केला. कितली वर्सा मीरा म्हज्या अंतस्कर्णात आशिल्ली. आज तिणे शब्दाचें रूप घेतला.

– सुजाता सिंगबाळ

जिचें मायेचे सावळेत वाडलें
म्हजी आजी
तीर्थरूप आई

आनी

जिचें सहवासात हासत फुललें
म्हजी काकी
अचल काकी
ह्या दोघांकय हें पुस्तक
कृतज्ञतायेन ओपता

सुचोवणी :

१. मीरा : व्यक्तिमत्व और कृतित्व

२. मीराबाईकी पदावली
संपादक : परशुराम चतुर्वेदी

३. मीराबाई : मराठी विश्वकोश खंड १३

४. मीरॉबाईकि भजन

५. भक्तीकोश : भारतीय संत
संपादक : विद्यावाचस्पती
शंकर वासुदेव अभ्यंकर

६. गोपी ना राधा
डॉ. राजेंद्रमोहन भटनागर

७. मीराबाई पदावली
लेखक इवं संपादक
डॉ. कृष्णदेव शर्मा

८. मीरा का काव्य
विश्वनाथ त्रिपाठी

९. मीरा : मंगेश पाडगावकर
निवडक पदांचे मराठीत रूपांतर

त्याशिवाय हेर पुस्तका, काणयो, आख्योयिका आनी आयकल्ल्या माहितीचो आधार घेतला.

आपल्या कुटीरातल्यान मीरा भायर सरली आनी गोमती न्हयच्या दिशेन चलूंक लागली. द्वारकेत पयल्याच फावट पाविल्ली तो दीस मीरेक याद जालो. व्दारकेची हवाच वेगळी. दयादेगेवेलो वारो कानात फुतफुततालो, ''मीरे तू व्दारकेत पावली. ही व्दारका तुजीच. तुज्या कान्ह्याची कर्मभूंय. कान्ह्याची राजधानी.''

मीरेक त्या खिणाक दिशिल्लें, ''हो वारो दर्याचो संदेश घेवन आयला. हो कितें तरी सांगूक सोदता. त्या पयल्याच दिसा दर्याचे देगेर भोवता भोवता मीरेचे दर्याकडेंन नातें जुळलें. गोमती न्हंय दर्याक मेळता तो जागो. त्या उपरांत मीरेची पावलां नकळटा त्या संगमस्थळार पावताली. गोमती न्हयच्या देगेवेल्यान चलत चलत मीरा दर्याकडेन पावली.''

दर्याचें रूप मात आज खवदळील्लें. ल्हारां खळखळत देगेर येताली. पयल्या दिसा पळयिल्लें दर्याचें शांत रूप मीरेच्या दोळ्यांफुडे आयलें.

एक वेगळीच शांती. ल्हारां तडीर येतालीं पूण सामकी शांत. मंदसो तांचो आवाज. ल्हारांचो नाच पळयता पळयता मीरा मंत्रमुग्ध जाली. खाऱ्या वाऱ्याक खारसाणय ना आनी हिवसाणय ना. वाऱ्याच्या झुळूकेतल्यान कस्तुरीगंध येता... एक एक ल्हार बासरेचो सूर आळयता. ल्हारा अशी नाचतात, की खिणात दिसता एका एका ल्हारा कृष्णच आसा. मुरली वाजयता वृंदावनात आसतना फातोडेर कितलेशेंचंदा कृष्णच तीरार आसा असो भास जाला. त्या दिसाय तसोच कृष्णच दर्यातल्या ल्हारार नाचता-आपालिपा खेळता अशें खिणाखिणाक दिसताले. खरें तर व्दारकेतलो तो पयलोच दीस व्दारकेत निकतेच पावल दवरिल्ले. पुण मनान म्हणलें, ''मीरे ह्या व्दारकेकडेंन तुजें नातें आसा. त्या नात्याक नाव ना, रूप ना. नांव ना आनी रूपय ना अशे नातें कशें आसतलें? हो मनाचो खेळ, मन भ्रमीश्ट जाले बी ना म्हू? '' असो प्रश्न त्या वेळार मनात आयिल्लो. मन संभ्रमीत जाल्लें. पुण दिस वता तशें तशें गोमती न्हयचो वांठार आनी दर्यदिगेकडेन अतुट नातें जुळलें.

आज गोमती न्हयच्या देगेर पावली तेन्ना तो दिस याद जालो. गोमती दर्याक मेंळता तो जागो. '' कितें नातें आसा म्हजें ह्या जाग्यांकडेंन. जेन्ना जेन्ना मन खोशी

आसता तेन्ना ह्या जाग्यार येवचेंशे दिसता. मन उदास आसता. तेन्नाय ह्याच जाग्यार येवचेंशे दिसता. कितलीशीच वर्सा ह्या जाग्यार येता. कृष्णाकडेंन उलयता तशीच ह्या जाग्याकडेंन उलयता. ह्या मातयेची उब, फातरांची शितळकाय, रेवेचो वेगळोच आदार दिवपी सुखदिणो स्पर्श सगळें सगळें जांय जांयशें दिसता. आवेगान व्हांवत येवन गोमती दर्यात विलीन जाता. गोमती न्हंयच्या कणाकणात दर्याक मेळपाची ओढ. तशीच म्हज्याय कणाकणातल्यान... मनामनातल्यान कृष्णाक मेळपाची ओढ.''

कालच्या प्रसंगा उपरांत कृष्णाक मेळपाची ओढ हजारपटीन वाढल्या. दोळ्यांफुडे आता कायच ना. कायच करपाचें ना. अभंग रचपाचें ना. लोकांच्या सुखदुखात गुंतपाचें ना. मातय गुंतपाचें ना... कान्हया आयकता न्हय तू.... हांव हे तुका सांगता. तुवेंच म्हज्या मनाक भूल घाली. बासरेचे सूर आयकूक येतालें. तुजें धुसर रूप... मीरेक तुवेंच व्दारकेत हाडली. मन आर्त जाला. आकांतान तुका उलो मारता... कान्हया ऽ कान्हया रे ऽ

कान्हया तुज्या मुरलीचें सूर
त्या सुरानच जीव भुल्ला
तुज्यामदीं हांव गुंतलें पुण तूं!
तूं मातय गुंतूक ना म्हजेमदी!!
तुवें उलो मारलो रे मारलो, हीं मीरा धावली.
लोकांनी म्हाका पिशात काडली.
जाल्लीच हांव पिशी तुजेखातीर
तुका कितलें उलें मारलें, विनवणी केली.
कोंतय ना आनी हिशोबय दवरू ना.
अखंड ध्यास, अखंड स्मरण
पुण तुवें लक्षच दिलें ना
तुज्या भक्ताचेर कृपा करता
तांच्या उल्याक धावून येता
द्रौपदीच्या उल्याकतू धांवून आयिल्लो
राधेचें आनी तुजें नातें जगजाहीर
पुण ह्या मीरेक मात तुवें तिश्ट्यत दवरलें
लोक म्हणताले,
कलीयुगात कृष्ण येवचो ना

मीरेक पिशें लागलां
मीरा सवंगा करता
कृष्णाच्या नांवान...
नाका नाका तें लोक उलयताले
म्हज्या चारित्र्याचेंरय संशय घेताले
पुण ही मीरा मातय डगमगली ना.
तुजो ध्यास. ध्यानीमनी सपनी तूच.
तुज्या रंगात हांव रंगला कान्ह्या
तुज्यामदी तादात्म्य जाला
कोणाचीच पर्वा करीना
कोणय स्तुती करू वा निंदा
दोळ्यांफुडें तूच घनश्यामा. तूचं.
तुजेंच कीर्तन
तुजेंच स्मरण
तुजीच पुजा
वेदना अबोल असता अशें म्हणटात.

पुण वेदना तीव्र जाता, मन आकंठ वेदनेन भरून येता तेन्ना काळजाक भेदून, कंठाक भेदून ती वयर येता. भरतेच्या दर्यासारकी. भरतेच्या दर्यासारकें मन जाला.

ह्या मीरेचेंय अशेंच जाला राधेश्यामा.

ह्या मीरेक आता तूच सावर. सावरियाँ. कायच सुचना. अभंग बरोवक बसली की हात लाकूडशें कडक जातात. आंग थरथरता. काळीज वेगान धडधडता. कंपवाय जालें सारकें आंग. थरथरता. दोळ्यांत वोगीच दुखा भरून येतात. नदर पारव्यासारकी भिरभिरता. कृष्ण दिसता कांय? येतलो तो पयसुल्ल्यान? काळाचें भान ना - वेळाचें भानय ना.

शितिथान ना ही मीरा. तुजी मीरा
सावरियाँ तूच सावर. कितें करू हांव?

तुका सोदूक हांव सगळ्यांक भोवली. बैराग्यामदी साधुमदी तू मेळतलो अशें समजून थंय भोवली.

मठ, देवळां तू मेळतलो अशें दिसतालें. त्यो जागा धुंढाळल्यो. आकाश पाताळाक एक केलें. फकत तुका सोदूक घनश्यामा.

पुनवेच्या मळबांत तूंच दिसता आनी उमासेच्या काळखात तूंच दिसता. म्हणसर

नाच जाता. कसलें खेळ करता? ह्या मीरेक तुवें उलो मारलो ती त्या दिशेन वाट माडयत रावली. तुज्या दर्शनाची मनात आस. तुकाच मेळपाखातीर चित्तोडचो महाल सोडलो. मेडता सोडून चित्तोडाक येतनाय तुज्या भेटीची ओढ. तुज्यामदीं मन गुंतिल्ले. तुजो विरह सोसूक नजो. जावन अभंग रचलें, किर्तन केलें. सगळें तुका उलो मारूक. कान्हया खरें तर हांवें कायच केलें ना. तुवें नाचयली तशी ही मीरा नाचली. कठपुतली बांवली कशी! सगळें तुवेंच करून घेतले.

तुका मेळूक वणवण भोवली. वाटेर मेळलें गांव... मनशा. तांचेकडेंन नातें जुळलें. तांच्या प्रश्नांनी मन कळवळलें. तांचें प्रश्न सोडवेक भोवली. वावुरली पुण....

हे सगळें घडलें कित्याक?

खरें तर खंयची तरी अज्ञात शक्ती लोकांकडे ओढून व्हरताली. तांचें प्रश्न, तांच्यो अडचणी सोडवप हें म्हजें कर्तव्य अशे दिसताले. त्या लोकाक म्हजो आधार जाय. खरें तर कान्हया तुवेंच धडलें म्हाका त्या लोकांमदी. वृंदावनातल्यान गरीब अंधश्रद्धाळू लोकांकडेंन आपुलकीचें नातें तुवेंच जुळयलें. तांच्या सुखात दुख्खात म्हाका घुस्पायली. वृंदावन सोडतना मन शांत आशिल्लें-तृप्त आशिल्लें.

द्वारकेत वचपाची ओढ लागली कान्हया. तुज्या आज्ञेन फुडें सरली. पुण द्वारका-द्वारकेतलो अन्याय ना करप ह्या मीरेक जमले ना आनी द्वारकेतलो अन्याय ना जावपय कठीण.

कान्हया ह्या भुयेंवेलें अज्ञान, अत्याचार पयस करूक तुकाच परते अवतरचें पडतलें. साक्षात तूच भुयेंर आयलो जाल्यार हांगा धर्म परमळतलो. अधर्माची पाळामुळा खणून धर्माचो रूख लावक तुका परतो अवतार घेवचो पडतलो. हो समाज बदलतलो. कलीयुगात मनशाच्या आचारविचारात, मनात शिरिल्लो हो कली भायर सरतलो जाल्यार तुकाच येवों पडतले. कान्हया, ही मीरा द्वारकेत पावली फकत तुजेंखातीर. तुज्या दर्शनाची ओढ मनात आशिल्ली.

समाज सुधारपाचें बी कायच मनात नाशिल्लें. अभंग रचपाचें, कीर्तन सांगपाचेंय मनात नाशिल्लें. मनात फकत तुजी ओढ... खिणात तू मीलनाचो आनंद दितालो तर खिणात वियोगाचो हुलप... घनश्यामा, तुका मीरेचें प्रेम कळलें ना... अनावार भक्ती... असीम भक्ती कळली ना... ! आनी खरें तर वियोगाचो हुलप तुका कळतलो कसो? भुग्यांक कळता फुलाची तळमळ?

दर्यातल्यान भायर काडतगीर नुस्ते जीव सोडता. पुण दर्याक खंय कळता?

सूर्याक खंय कळता सूयफुलाची ओढ? पाखरा दिव्याचेंर प्रेम करतात आनी जीवय वगडायतात पुण दिवो तसोचे पेटता. वेगान धावपी घोड्यापरसय मन चड

अनावर जाला. विरहतृष्णा मृगतृष्णेपरसय दाहक आसता खिणाखिणाक तृष्णा वाढत आसा. कृष्णा तुजें आनी म्हजें नातें जन्माजन्माचें. ही साधुची उतरा आज परतीय याद जाल्यात. ही मीरा राधेचेच दुसरें रुप? राधेचे हांव दुसरें रुप कांय हांव नकळो. पुण देहातलो कणानकण 'कृष्णऽ कृष्ण' करता. मुरलीचें सूर गोमती न्हयसारके अखंड व्हावत रावचें आनी त्या सूरात चिंब चिंब भिजचें. ल्हानशा काळजातली ही ल्हानशी आशा.

लोकांचो उद्धार करप. कीर्तन सांगप कायच म्हज्या मनात नाशिल्लें. संत मीराबाई म्हणून नामनाय म्हाका नाकाच आशिल्ली. तुज्याच खातीर चित्तोड सोडलें पुण तू? तुवें नव्यानव्या नात्यात घुस्पायलें आनी आपूण मात पयस गेलो.

पुण सावरियाँ, आता ह्या मीरेक पयस दवरप तुकाय शक्य ना. तुजें म्हजें नातें... युगायुगाचें. तुका येवचेंच पडतले.

मन भक्तीन आंकठ भरिल्ले आनी प्रतिभेक पाखा फुटिल्ली. तो अभंग मीरेक याद जालो. मीरा आपल्याच अभंगात शेणली. उतरान उतर याद जालें.

जो तुम तोडो पिया, मैं नही तोडूँ।
तोरी पीत तोडी कृष्ण, कौन संग जोडूँ
तुम भए तरूवर, मैं भई वॅखियाँ
तुम भए सरवर मैं भएं मच्छियाँ
तुम भए भिखिर, मै भई चारा
तुम भए चंदा, मैं भई चकोरा
तुम भए मोती प्रभूजी, हम भए धागा
तुम भए सांगा, हम गए सुहाग
बाई मीरा के प्रभू, ब्रजके बासी
तुम मेरे ठाकुर, मै तोरी दासी।

ल्हारा फोस् फोस् करून फुत्कारताली. कांय दिसा पयलीन आयिल्ल्या वादळाच्यो खुणो अजूनय पुराय वाठारांत दिश्टी पडताल्यो. गोमती न्हयची ल्हारां.. भोवतणची कीण्ण शांती.. खरेंच राधेश्यामा-तुज्यासारकीच ही ल्हारा. अनादी अनंत. खयंच्यान सुरू जातात ही ल्हारा... उंचबळत खंय वचून विरतात... खंय तरी सोपतात ? कांय हीय अखंड तुज्या सारकी? कितलें प्रश्न पडल्यात, म्हज्या ह्या प्रश्नांची उत्तरा तूच दितलो. म्हज्या मनातलें हें प्रश्न ल्हारासारकेंच . खंय सुरू जातात? खंय सोपतात? कान्हया म्हज्या अभंगातल्यान तुजें रूप चितारपाचो हांव यत्न करता पूण हांव जाणा म्हजें सगळे अभंग एकठांय केलें तरी तुजें रूप चित्तारूक

नजो. तुजो रंग सांगूक नजो. तू निळो म्हणटासर, काळो दिसता म्हणटासर दिसता तुजें रंग इंद्रधोणूसारकें. म्हणसर रंगच ना तुका सगळ्या रंगात तू रंगता... खंयचो तुजो रंग? अनंग रंग, अनंग लिला. तुजें अस्तित्व अणुभवता तेन्ना मनातल्यो दुविधा सोपातत. मन शांत जाता, पुण म्हणटासर मीरा ह्या संसारात गुंतता. द्वारकेतल्या लोकांमदीं गुंतता. आनी मागीर मनात ल्हाराचें तांडव सुरू जाता. प्रश्नाचें तांडव सुरू जाता. मनातली खिणभराची शांती भंगता. कान्हा हांव जाणा द्वारकेतलो अन्याय ना करप म्हज्यान जावचें ना. पूण तरीय मन हळवे जाताच. आनी मागीर तुजोय विसर पडता. कान्हयाऽ कान्हया रे.

ह्या प्रश्नातल्यान म्हजी सुटका कर. केन्ना सुरू जालें हे प्रश्न. चित्तोडाक. कांय त्यात पयलीन...

मीरेच्या दोळ्यांतल्यान भूतकाळाच्या यादी धावक लागल्यो. मळभान आपल्याच तंद्रेत उडून पयस पयस वचपी शेवण्यासारकें मीरेचे मन जालें. मन भूतकाळात शेणलें. मेडता गांवातल्या यादींनी शेणलें.

२

राजस्थानातलें कडक वत ... पयसुल्ले पाचवें पाचवें दोंगर... गर्द राना... भोवतालचो वाठार... आनी महाल... जंय भुरगेपणात मीरा वाडली. महालातलो 'आवडीचो जागो'

''हो जागो इतलो कित्याक आवडता म्हाका.'' असो प्रश्न खूपदा मनात येतालो पुण त्या जाग्याकडेंन नातें जुळिल्लें. आपल्या महालातलो सुंदर, शांत दुसरो जागो ना. आताय दोळ्यांफुडें चित्र उबें जालें. मेडता गांव पळयल्यार वर्सा जाली पुण कालच पळयल्यासारको दोळ्यांफुडलो वांठार.

पयसुल्लें दोंगर, रूखांनी घेरिल्लो वाठार आनी खिणाखिणात मळबाचे रंग बदलतात... द्वारकेतल्या दर्याची ल्हारा रूप बदलतात तशेंच मेडता गांवातलें मळब. पयसुल्लो वारो फुलांचो परमळ तो दीस...

रंगाची ल्हान ल्हान कुपां. कितलीशींच. महाला भोवतणचें पोरसू उडत उडत वयर मळबात पावलो जावये. रंगच रंग.

तांबसो, तांबडोगुंज, रगताळिल्लो तांबसो, किरमुजी, चॉकलेटी, चाफ्यासारको हळदुवो, हळदीचो हळदुवो, भांगरालो, पाचवो, पोपटी, शेळ्याचो

रंग, निळो, गडद निळो, मोराच्या पिसातलो निळो मोरपाखी, तपकिरी, मातयेचो, गोबराचो कितलेशेच रंग... रंगाची कुपां एकमेकांत मिसळताली, विरताली.... रंग खिणाखिणात बदलताले. ल्हान ल्हान रंगयाळी कुपां एकमेंकाकडेंन आपालिपा खेळताली. शेवण्यासारकी उडताली. मदींच लहानुले धवेफुल्ल कूप सशासारकें टुण्ण करून उडी मारतलें. मदीच कांय कुपा कासवासारकी ल्हवू ल्हवू चलताली. सुंदर सांज. मेडतातल्यो कितल्योश्योच सुंदर सांजो तातली सगळ्यात सुंदर सांज. सैम रंगात रंगलो आनी मळबय सैमाकडेंन सर्त करतालें. शेवणीय कुलूकुलू करीत घरट्याच्या दिखेन वताली. ल्हव ल्हव सगळे रंग अदृश्य जालें... तांबसो रंग मळबात उरलो काय खिणात तोय रंग विरलो.

वाठारांचेर काळखान शाल पांघुरली... वारेंय शांत जालें, स्तब्ध जालें... सगळो वाठारच शांत जालो.

इतली सांज पुण मन मात शांत नासले.

चित्तोडचे राजपुत्र भोजराजाकडेंन लग्न थारिल्लें. लग्न थारतसावन मन थाऱ्यार नाशिल्लें. सगळो वांठार लग्नाच्या तयारीक लागिल्लो. हरशीच हांगासल्ल्या मनशात उमेद चड. संगीत, नाच, रंग हेंच हांगासल्ल्या मनशाचें जीवन. गीत, रंग, नाच मनशाच्या रगतात आसात. नाचूक गावूक धुंद जावक मनशांक निमीत्त पुरो. तातूत मीरेच लग्न. मीरा राजघराण्यातली एकटीच धुव. मीरेचें लग्न म्हळ्यार सण कसो. सगळ्यांच्या घरचेंच लग्न कशें दर एकल्याक कसलें ना कसलें काम पडिल्लें. काम आसा तोय बोवाळता आनी नाय तो बोवाळता.

सगळी आपआपल्या कामात गुंग. कितलोसोच वेळ उबी आशिल्ली. सांज सोपली... रात जाली...

''हांव काय दिसाची सोयरी. ह्या घरची. हो वांठार, ह्या मनशांचो निरोप घेवपाचो वेळ जाला. भोजराजाकडेंन लग्न जातलेंच. ही काळ्या फातरावेली रेघ तातूत मातय दुबाव ना.''

आपल्याच मनशाकडेंन उलवपाचें. कोणाक सांगतली मनातलें.

''दर एके चलयेक लग्न जातगीर आपल्या मनशाक सोडून वचचेंच पडता. दर एके चलयेचो जीव वयरसकल जाता आनी आवयबापायची स्थितीय तशीच. चली वतली म्हूण दुख्ख, तिजें फुडलें आयुष्य बरें वचूक जाय म्हण हुसको, चिंता ही घराघरातली स्थिती. तातूत नविदाद कायच ना. लग्न म्हळ्यार बायलमनशेच्या जीवनातलें वळण. दोळयांफुडें सपना घेवनच चली फुडल्या जीवनाची सुरवात करता पुण ह्या मीरेक खरेंच लग्न करूंक जाय? बापायची इच्छा प्रमाण मानून,

ताज्या इच्छेक मान दीवन लग्न जाता. राजघराण्यात जन्म जालो रतनसिंह आनी वीरकुंवरीची एकुलती एक धुव. एकट्या भुरग्याच्या नशीबात आवयबापायचें पुराय प्रेम येतां. मायेचो, शिंवर जाता पुण तें सगळें नशिबात आसचें पडटा. केन्ना केन्ना विधीलिखित वेगळेंच आसता.

आवयच्या मायेच्या सावलेत व्हड जावपाचें भाग्य चड काय मेळ्ळें ना. आवयच्या वियोगाचें दुख भुरगेंपणात सोसचें पडलें. बाबा तर सदाच युद्धभुयेंर.

बाबाचें बाबा ताणी नातीक सांभाळ्ळी, वाडयली. रावदुदाजी म्हजो आजो. वाचप, बरोवप, संगीत आनी नृत्य त्या त्या कलेतलें विद्वानाकडल्यान शिकपाचें भाग्य मेळ्ळें फकत आज्यांखातीर.

कलाप्रेम, संगीताची जाण ह्या सगळ्याचो फायदो म्हाका जालोच. तांचेंकडेंन जाल्ल्या संवादाचोय लाभ जालो. म्हजी सर्जक शक्ती फुलली.... म्हुर्तीकार म्हूर्तीघडयता तशीच घडयली ह्या मीरेक आज्यान.

मीरा यादींनी शेणून गेली. कितल्योश्योच यादी. सुखदिण्यो, स्वतंत्र विचार करपाचें भान ल्हान ल्हान प्रसंगातल्यान येता. अनुभवातल्यान मनीस घडता. मीरेक दिसलें आपलेंय जीवन तशेंच आकाराक आयला. दुसरो प्रसंग याद जालो आनी मेडतातल्यो सांजो. सुंदरशी सांज. सांज रंगान रंगल्ली.

शेनायाचो सूर... धोलांचो, ताशांचो, झांजाचो आवाज. सगळे वांठार नादमय. संगीतमय, रंगमय पयसुल्ल्यान लोकांचो पंगड नाचत फुडें येतालो. ढम ढम ढम ढम... पें ... पें... ढमढम ढमक ढमढम ढमक पेंपें पेंपे ऽपें पेंऽ रंगीत कपडें घालून लोक नाचत नाचत फुडें येतालें. सगळ्यांच्या तोंडार आनंदच आदंच.

''कसलो उत्सव हो? आज तर कसलोच सण ना. सण आसता तेन्ना घरात गोडशें आसता.'' मीरेन आपल्या मनाक विचारले.

इतल्यान घोडो दिश्टी पडलो. घोड्याचार कोण तरी बसला पुण रूप दिश्टी पडना. ताज्या तोंडार फुलाच्या माळो सोडल्यात आनी तोंड लिपयलें. कितें कांय हे?''

मीरा धावत धावत भितर गेली आनी आवयचो हात धरून तिका ओढीतच घेवन आयली.

''आगो... बायें खंय व्हरता म्हाका? अशें ओढीत.''

''पळय तरी खंय व्हरता.''

पयसुल्ल्या गर्देकडेन बोट दाखोवन मीरान विचारलें.

''हें कितें?''

''वरात ती. लग्नाची''

''लग्न म्हळ्यार कितें?''

''कितें सांगप? कशें सांगप? वीरकुवारीक विचारात पडली.'' तिणें कायच जाप दिवक ना.

''कितें येवजिता? लग्न म्हळ्यार कितें?''

''तुजो बाबा आनी हांव दोघांय सुखान, आनंदान एकटांय रावतात. एकमेकांक सांभाळतात. आमीय अशेंच लग्न केलां.लग्न म्हळ्यार एक विधी.''

''घोड्यार तोंड लिपोवन बसला, तो कोण?''

''तो नवरो''

''पुण ताजें तोंड कित्याक लिपयला?''

''तशी प्रथा आसा.''

''प्रथा म्हळ्यार कितें?''

''मीरा तू अजून ल्हान आसा. बावल्यांनी खेळपाचें वय तुजें. व्हड जातगीर सगळें कळतलें. सगळ्या प्रश्नांची उत्तरा मेळतली.''

''म्हाकाय येतालो नवरो व्हरूंक?''

''हय तुकाय येतलो.''

''असोच येतलो घोड्यार बसून?''

''घोडो न्हय तो ती घोडी. घोडयेर बसून येतलो.''

''पुण घोडयेंरच कित्याक? हतयाच्या अंबारीत कित्याक ना?''

''बरें बायें.... तुका जाय तस्सो येतालो. जालें तुजें समाधान.''

''खंयच्यान? पयसुल्ल्यान... त्या दोंगराच्या पलतडच्यान? कांय मळभातल्यान?....''

इतल्यान - दासी धावत धावत आयली.

''साधुमहाराज आयल्यात. तुमची भेट घेवक सोदतात.''

''मीरा यो. साधुमहाराजांचें दर्शन घेवया. तांचें पावल घराक लागप हो शुभशकून.''

साधूमहाजारांच्या दोळ्यांत वेगळेंच तेज. सूर्य अस्तमेकडेंन मावळतगीर मळबात उजवाड आसता तसोच उजवाड तांच्या तोंडार पातळिल्लो.

''मीरा साधुबाबाक पाया पड.''

आवयन सांगला तशें साधुक पाया पडली...

''भाग्यवान आसा तुमची चली. तिच्या रूपान राधाच भुयेंर अवतरल्या.

साधुबाबाना आशिर्वाद दिलो.''

''साधुबाबा तुमच्या दिव्यवाणीचो बोध म्हाका जावक ना.'' गोंदळून वीरकुंवरीन विचारलें.

''बाबा तुमचो आशीर्वाद म्हळ्यार देववाणी. तुमी असो आशीर्वाद कित्याक दिला?''

साधुच्या तोंडार दिव्य उजवाड... अजूनय तांचे ते तेजस्वी रूप याद आसा.

दोळ्यांफुडें साधुबाबाचें रूप आत्ताय तश्शें आयलें. जणू आता दोळ्यांफुडें साधुबाबा आसात. आनी तांचीं उतरां.

''खुब खुब भाग्यवान आसा तुमची लेक देवी. तिच्या रूपान राधाच भुयेंर अवतरल्या.''

''मीरा नांव म्हज्या चलयेचें.''

''मीरा'' साधुचो आवाज गुढजालो.

''मीरा म्हजी एकटीच धुंव.'' माँन सांगलें.

खंयच्या आवयेक आपल्या चलयेची चिंता आसता तशीच म्हज्याय आवयक आशिल्ली. ''मीरा व्हड जातली. तिजे लग्न जातलें सुखाचो संसार पळयतली. जावयाचीं अर्थअपुरबाय करतली. नातराक खेळयतली.'' अशें सादे सुंदर सपन तिजेंय आशिल्लें.

''मीरा सुखात संसार करतली न्हय साधुबाबा?''

मॉन विचारलें पुण साधुबुवान जाप दीवक ना. माँची उतरा तांच्या कानामेरेन पावलीच ना. ताणी दोळे धापलें आनी कांय वेळान उगडले.

''मीराऽ तुज्यामदी एक शक्ती आसा अद्वितीय शक्ती. कणाकणान ती शक्ती वाडत रावतली.''

तांच्या दोळ्यांतल्यान भांगराली किर्णा ओततालीं. दोळे धापले तेन्ना खिणभराखातीर ते वर्तमानान नाशिल्लेंच. धीरगंभीर आवाजान ताणीं उलो माल्लो 'मीराऽ' झोळयेत हात घालो आनी ल्हानशीच म्हुर्ती भायर काडली. ''हो कृष्ण कन्हैया, श्यामसुंदरय, यशोदानंद, राधेश्यामय.''

''एकाच म्हूर्तीक इतली नांवा?''

मीरान अजापान विचारलें.

म्हुर्तीच्या तोंडार मंदसो हासो. हातात मुरली. साधुबाबाक पाया पडले. ताणी तकलेर हात दवरलो.

''साधुबाबा म्हणता तशें ही म्हूर्त म्हजी शक्ती?'' ही तर साधी पितुळची म्हुर्ती.

हिका दिश्टी पडना. उलवक येना. आयुकक येंना. चलूक येंना. हालना... चलना... धोलना... हाताातली मुरलीय वाजयना. म्हुर्तीत शक्ती कशी आसतली? शक्ती आसता ताका जीव आसता. ही निर्जीव म्हुर्ती. साधुबाबान अशें कितें सांगले!

''साधूबाबा तुमी सांगतात, ही म्हुर्तीच'म्हजी शक्ती जातली. पुण हे कशें शक्य आसा? निर्जीव म्हूर्त..''

''आज ही निर्जीव आसा पुण हींच म्हुर्ती तुज्यामदल्या शक्तीक जागयतली. तुज्या सगळ्या प्रश्नांच्यो जापो तुका मेळतल्यो. आज तुका म्हुर्तीचे म्हत्व कळचें ना. वेळ येता तेन्ना सगळे कळटलें.''

साधुबाबांचें उलोवणें ताजो अर्थ कळूक ना. भवीष्याचो अर्थ कळूक ना. म्हुर्त आवडूक लागली. साधुबाबांच्या गुढ शब्दांचो अर्थ कळूंक ना.

साधुबाबाक विचारलें,

''ही म्हुर्त म्हाका दवरू?''

''हय ती तुजीच.''

त्या दिसासावन ती म्हजी जाली म्हुर्तीत मन एकरूप जालें.

म्हुर्तीच श्वास

म्हुर्तीच ध्यास

म्हुर्तीचोच सांगात

म्हुर्तीचेंर विश्वास

म्हुर्ती मेळचें पयलीन इश्टीणीच्या सांगातान खेळप. खामसुत्राच्यो बावल्यो दोरयेक घेवन नाचयतना वेळ भुर् करून वतालो. पुण म्हुर्ती मेळली आनी बावल्यांच्या खेळात म्हजें मन रमना. इश्टीणीमदी करमना. त्या म्हुर्तीत कसली जादू आशिल्ली? रूप पळयतना तान लागना, भूक लागना, रूप पळयता तितलें पळयन दिसता. वेगळीच जादू त्या म्हुर्तीत आशिल्ली.

''मीरा यें मीरा खेळूक यो'' इश्टीणी आपयताल्यो पुण तांचो उलो आयकुक येना.

''मीरा चल खेळूक वच. म्हुर्ती घेवन पिशासारकें कितें बसता?'' मॉन काळजीन विचारले.

''म्हाका म्हूर्तीकडेन खेळूक बरें दिसता.''

म्हुर्तीक न्हाणवप. तिका पितांबर न्हेसवप. तिजेंकडेंन उलवप. म्हुर्तीतच मन. काणयेतल्या राक्षसाचें काळीज पोपटात बंदिस्त आसता तशेंच त्या म्हुर्तीत म्हजें काळिज बंदिस्त जाल्लें? पुण म्हुर्त मेंळतसावन, म्हुर्तीचोच सांगात सगळ्यांत चड

आवडूक लागलो.

म्हूर्तीच आवय
म्हूर्तीच बापूय
तीच दासी आनी तीच इश्टीण.

मनाक प्रश्न पडलो की म्हुर्तीक विचारप. मनातलें सुखदुख तिका सांगप. एक दीस मॉन म्हुर्तीक लिपयली. म्हूर्त सोद सोद सोदली पुण कशीच मेळचना. जीव कासावीस जालो. खंयच लक्ष लागना. कायच सुचना. पंचपक्वानान भरिल्लें ताट फुडें पुण उणीय घेंयन दिसना. आज म्हूर्तीक न्हाणवक ना. न्हेसोवक ना. जेवणय दिवंक ना. राधेश्याम जेवकना तर हांव कशें जेवतलें. खंय गेली म्हूर्ती. एक विचित्रशी तळमळ म्हुर्तीबगर सुख लागना जालें.

भुरग्याचें मन आवयक कळता तितलें कोणाक कळना. मॉक कासाविशी कळ्ळी. त्यायपरस त्या म्हूर्तीकडेन मीरेचें नातें आसा हे सत्य तिका होलमलें.

जे घडपाचें आसा तें टळचें ना. दैवी संकेतच तसो आसा. भवीष्यकाळातलें मीरेचें जीवन साधुबुवान दिव्यदृष्टीन पळयला. म्हूर्ती लिपोवन दवरून कायच साधपाचें ना. मीरेच्या मनात गोपाळाची म्हूर्त स्थापन जाल्या. अनाम बंध जुळल्यांत. तें तोडपाची शक्ती आवयच्या ममततेतय ना हें सत्य मॉक पटलें.

''मीरा ही घें तुजी म्हूर्ती. हांवेच लिपयिल्ली ती. खंयच्या आवयक आवडतलें, आपलें अपुरबायेचें इल्लेंशें चली रातदीस पिशासारकें निर्जीव म्हूर्तीकडेन उलयता?''

दोळें भरून आयलें. खंय तरी शेणिल्ल्यासारकी माँ उलवक लागली. स्वगतशें.

''प्रत्येकाचें दैव वेगळें, मीरा म्हजी एकटीच चली पुण तिच्या दैवात आसा कितें? चारचौघासारकें दैव कांय अतर्क्य अशें कितें तरी जें कळना. मन खूब चिंतीत जाला.''

''कितें अर्थ त्या साधुबाबांच्या भवीष्यवाणीचो? मीरा जर राधयेच्या रूपान अवतरल्या जाल्यार कृष्ण खंय? कलीयुगात परत कृष्णान जन्म घेतलो? अंतर्ज्ञानान साधुबाबान मीरेचे भवीष्य सांगले? मीरा आसतय अद्वितीय पुण हांव वीरकुंवरी एक साधी बायल. साधी आवय. चलयेचें लाड करचें तिका लागी बसोवन चार उतरा सांगची, मनमेकळें, तिजेंकडेंन उलावचें, तिज्या सुंदर संसाराचें सपन पळवचें अशें म्हाका दिसता. वात्सल्यान मन भरून येता. पुण म्हुर्ती मेळतसावन मीरा आवयकय विसरल्या. मीरेचेंर भरभरून प्रेम करपाची गरज म्हज्या काळजाक आसा. म्हाका काळजी दिसता म्हज्या मीरेची.''

''माँ, हांव तुजीच चली पुण तरीय ही म्हुर्त म्हाका सगळ्यामदी चड प्रिय. म्हुर्त मेळत सावन मन खंयच रमना.''

मीरेन आवयक सांगलें. मीरेच्या उलवण्यान तिजे काळीज कळवळलें.

''मीरा जाय तशें वाग. आयच्यान म्हजी माया, म्हजें नातें तुजें आनी कृष्णामदी येवचें ना हें तुका तुज्या आवयचें वचन. ह्या म्हज्या मनाक कितलेंय त्रास जावू. हांव तुजेर कसलेच बंधन घालची ना. क्षत्राणीचें वचन.''

आज मीरेक तो प्रसंग याद जालो. आवयची खूप खूप याद आयली.

''खरेंच मॉक कळिल्लें म्हजें आनी कृष्णाचे नातें. व्हड मनान तिणें तें स्वीकारलें. केदें व्हड मन माँचें. जन्म दिलो. पुण जन्माच्या बंधनात बांधून दवरलें ना. निरपेक्ष प्रेम केलें. ह्या मीरेचेर .''

मीरेचें दोळें भरून...

आज मॉ आशिल्ल्या जाल्यार...?

हांवें मनोमन श्रीकृष्णाक आपलो जीवनसांगाती मानला, हें तिका पटतलें आशिल्ले. ती बाबाक समजाायताली आशिल्ली आनी कदाचित भोजराजाकडेंन लग्न जावचेंय नाशिल्लें.

मॉन प्रेमाचें ओझें जावचें ना हाजी खबरदारी घेतली. आवय अशेंय प्रेम करूक शकता?

खूबदा दिसतालें, मॉचे मनच वेगळें, निरपेक्ष प्रेम करता मॉ. जें करप खूब कठीण.

देवाकडेंन सदाच हात जोडून तिणें मागचें.

''देवा सगळ्यांक सुखी दवर आनी मीरेक जें जांय तें मेळून्ही.''

मॉचें आरोग्य बरें नाशिल्लें. मदी मदी वैद्याक हाडचो पडतालो. फुडें फुडें दुखणें इतलें वाढलें की, माँन हातुणच धरलें. उठूक जायना, बसूक जायना, जेवण पोटात वचना. सगळीं वखदां करून जाली पुण मातय गुण ना. दिसानदीस देह खंगत चलील्लो. मदीच मॉ शुद्धीर येताली आनी मदीच ग्लानीत आसताली.

शुद्धीर येता तेन्ना मीरेची चिंता तिका सतायताली. अर्धवट घुवळींत मीराऽ मीरा.

आपूण आता जगची ना हें तिका कळलें आसतलें. मनातलें उलयलें ना जाल्यार परत कदाचित सांगपाची संधीय मेळची ना. अशें येवजून बाबचो हात हातात घेवन तिणें म्हळें,

''स्वामी, म्हजो आता कांयच भरवसो ना.''

''देवी तुका कांयच जावचें ना. तू शांत न्हीद. दोन उतरा उलयतनाय तू खरशेंता. तुका त्रास जाता.''

''आता हें उलवप निमाणें. हें सांगप अत्यंत गरजेचे. म्हज्या मनाचेर ओजें आसा. तें ल्हव जातलें तेन्नाच जीव वतलो.''

''शुभ बोल देवी. आनी शांत...''

''स्वामी तुमका म्हजो सोपूत आसा. म्हाका जें सांगूक जांय तें आयकात.''

''बरें - तुज्या मनासारकें जावू न्ही.''

''मीरा आमची मीरा... स्वामी साधुबाबांची काणी हांवें तुमका सांगिल्ली. ती याद आसा न्हय. ताणी मीरेक म्हुर्ती दिली. त्या म्हुर्तीकडें मीरेचें आगळेवेगळें नातें जुळ्ळें. सगळें तुम्ही जाणात. त्याविशीं सांगता.''

''जें कितें घडता तें पूर्वनियोजित आसता जावयें. ज्या मीरेक मॉ बगर एक खीण करमनाशिल्लें तीच म्हजी मीरा म्हुर्ती मेळतगीर मॉंक विसरली. मीरेचें विश्व म्हुर्ती भोवतणी फिरूक लागलें. कदाचित मातृवियोग पचवक देवान पयलीनच येवजण केल्ली आसतली. ''

''देवी, तुका खरस लागली. आनी अशें अशुभ उलवंक नाका.''

''स्वामी मरण अशुभ नासताच. मरण मनशाक व्याधीतल्यान मुक्ती दिता. नवें जीवन दिता. पुण आता तत्वगिन्यान उलवपाचो वेळ न्हय . हांव जाणा म्हुर्त मीराची 'सर्वस्व'जाल्या पुण तरीय मन खंती जातालें. देव करता तें बऱ्याखातीर. मीरेचें नातें म्हुर्तीकडेंन देवान जुळयलें. ते नातेंच मातृवियोग पचवपाचें बळ तिका दितलें. स्वामी आमची मीरा हेर चलयांसारकी न्हय. कितें तरी विलक्षणअशें तिजेंमदी आसा. वेगळेच तेज आसा.''

मंद आवाजान मॉन म्हळें, उतरान उतर आयकूक आयलें. आजय स्पश्ट याद जातात मॉची उतरा.

''मीरेचें आनी कृष्णकन्हैयाचें नातें दैवी.'' वीरकुंवरीन म्हळें.

''कितली खरस येंता देवी उलयतना कित्याक त्रास करून घेता तू जिवाक? कितें सांगपाचें ते फाल्यां सांग.''

''कांयच सांगपाचें ना फकत एक वचन जांय तुमच्याकडल्यान'' मॉन क्षीण आवाजान म्हळें.

''वचन''

''हय वचनच. मीरेक जांय तशें वागू न्ही आनी तिका त्या म्हुर्तीपासून तोडू नाकात. केन्नाच तोडू नाकात. त्या म्हुर्तीचेर जीव मीरेचो.''

आवाज क्षीण जाल्लो मंद मंद जालो. मीरा धावत फुडें आयली.

''कितें जालें मॉक?''

''बेगीन राजवैद्याक आपय.'' बाबान म्हळें.

राजवैद्याक आपोवक धाडलो. मीरेन मॉक वेंग मारली,

''मॉऽ मॉं...... तू जांय मॉं.''

वीरकुंवरीक मीरेची उतरा आयकूक आयली ना. श्वास मंद मंद जालें. राजवैद्य आयलो.

''देवी आमका सोडून गेली.'' वैद्यान सांगले.

''माँ कित्याक उलयना? जाप दिना? आनी माँक सजोवन फुला घालून उकलून खंय व्हेली.''

''खंय गेली मॉऽ खंय गेली मॉं'' एकच प्रश्न परत परत मनात.

सगळी हुंदक्या हुंदक्यांनी रडताली. रात जाली. माँ परत आयली ना.

''मॉ केन्ना येतली?''

''देवाकडेन''

''देवाकडेन 'मॉ' गेल्या? कृष्णकन्हैयान मॉक कित्याक आपल्या घरा व्हेली?''

आवयच्या मायेबगर वाडतना खुबदा तिजी याद येताली.

आजय आवयच्या यादीन दोळें भरून आयलें. आज मॉ आशिल्ली जाल्यार?

''मॉन मरचे पयलीन बाबाकडच्यान वचन घेतलें. म्हुर्तीकडच्यान मीरेक पयस दवरू नाका.''बाबान तें पाळलें. म्हुर्तेकडच्यान म्हाका तोडलें ना. आताय ती म्हुर्ती घेवन वचूक परवानगी दिल्या पुण बाबाक ह्या मीरेचे मन कळलें ना.

कृष्णाचें आनी म्हजें नातें कळलें ना.

सांगूनय समजले ना.

कितले तरेन समजायले तांका. सांगलें हांवें मनोमन कृष्णाक सांगाती मानला. कृष्णाकडेंन लग्न केला पुण म्हजें ह्या मीरेचें सांगणें ताका पटना. तांका हें उलवणें आनी वागणें पिशेंपण दिसता.

''ह्या मीरेचे लग्न तुम्ही थारायला पुण ह्या मीरेचे तर लग्न जाला. कृष्णकन्हैयाकडेंन?''

''ह्या निर्जीव म्हुर्तीक तू सांगाती मानना? तिजेंकडेंन लग्न जाला अशें सांगता? शितिथान आसा तू? मीरा तू म्हजी एकटीच धूव. देवी वीरकुंवरीक दिलें वचन हांवें पाळले. तुका स्वातंत्र्य दिलें. म्हुर्तीचें तुजें पिशे पळोवन म्हजे मन साशंक जातालें.

पुण तुज्या कृष्णप्रेमाक, म्हुर्तीप्रेमाक हांवें केन्नाच विरोध केलो ना. रातदीस तू त्या म्हुर्तीकडेंन उलयता. तिका न्हाणयता. तिजेंफुडें जेवण दवरून मागीरच जेवता. सगळे चर्चा करताले. तुज्या विचित्र वागण्याचेर हांवें दुर्लक्ष केले. पुण आता तू भुरगें ना.'' बाबांच्या आवाजात धाक आशिल्लो.

''तुजें लग्न थारायलां. तुजें लग्न जावचें पयलीन बापूय ह्या नात्यान तुका सांगूक जांय. तू ह्या घराण्याची चली. चित्तोडसारकें घराणें तुका मेळ्ल्ला. भाग्य आसलेंबगर अशा घराण्यात संबंध जुळून येंना. तातूत राजा भोजासारको गुणी, विवेकी, ज्ञानी, पराक्रमी वीर मेळला हो दुर्मीळ योग. भाग्य चलत दारात आला. तुजेंर खूप जबाबदारी आसा. कृष्णाच्या म्हुर्तीकडेन आपलें लग्न जाला. कृष्णाक आपणें जीवनसांगाती मानला हो तुजो भ्रम. कृष्णप्रेम हें तुजें सपन. आयकता न्हय तू मीरा? सपन वेगळें. सत्य वेगळें.''

''सपनांनी जगूक मेंळना. सपना खरीय जांयना मीरा, लग्नाची प्रथा शेकड्यांनी वर्सासावन चलत आयल्या. चली राजकन्या आसू वा गरीब ती आवयबापायची जबाबदारी. आवयबापूय चलयेक दुसऱ्याची वस्त म्हणून जपतात. सांभाळतात आनी योग्य वय जालें तशें लग्न करून दितात. रीतीक धरून तुजें लग्न थारायला. तेंय गुणी, वीरांकडेंन. तूं राजघराण्यातली चली. राजघराण्यातली सून जातली. तुज्या वागण्यात, उलवण्यात आनी मनाचेंरय संयम जाय. कृष्णप्रेमय संयमानच कर. म्हुर्ती देवघरात आसूनी. जीणेत हाडू नाका.''

''आता भोजराजो तुजो देव. बायलेखातीर घोवच देव आसता. देवी वीरकुंवरी आज आशिल्ली जाल्यार ती तुका अशेंच समजायतली आशिल्ली. पुण ती ना म्हण सांगपाची जबाबदारी म्हजी'' आपल्याक सांगपाक जांय तें बाबन सांगलें.

खंयच्याय बापायक आसता तशी आपल्या चलयेची चिंता आनी तिजें फुडाराची काळजी तांकाय आशिल्ली. तातूत तांची चूक कायय ना पुण कृष्णाक अंतर दीवप ह्या मीरेक शक्य ना हें तांका सांगूनय पटचेंच नाशिल्लें. खरेंच कितें करप.

पुण लग्नाउपरांत चित्तोडच्या राजघराण्यात वतगीर कितें जातलें ह्या मिरेचे? कायच कळना.

कृष्णाबगर मीरेक रावप शक्य ना पुण हे कोणाक कळचें ना आनी सांगूनय पटचें ना. कृष्णच बळ दितलो?

कोण तरी उलो मारतालो.

प्रसंग धुसर जालो आनी दोळ्यांफुडें याद जालो लग्नाचो दिस.

३

लग्नाउपरांतची चित्तोडातली याद... चित्तोडाच्या राजमहालात धोलताशांच्या गजरात मीरेन पावल दवरलें.

''मीरा हांगा तुका कन्हैयाची मीरा म्हुण रावक मेळचें ना. तू फकत राजा भोजाची जीवनसांगाती. तुका तुज्या कर्तव्याची याद करून दिता. कन्हैयाचें नावय काडूक जायना.'' मनान सांगलें.

कृष्णाविशयी ओड अशीच काळजातल्यान व्हाता. कन्हैयाची भेट घडूंकना ताजें म्हजें कितें नातें तेंय अजून कळना!

पुण तरीय कन्हैयाच म्हजो जीवनसांगाती.

कृष्णाची प्रतिमा आनी दोळयांफुडेंय तेंच रूप. मन आड्डून आड्डून सांगूक लागलें.

''ही मीरा कृष्णाचीच. वर्सा सोपली. ऋतु बदललें. वाठार बदललो. महाल बदललो. नवें नाती जुळली पुण रातदीस चिरंतन आपालिपाचो खेळ. केन्ना तरी कन्हैयाक सोदून काडतली ही आशा नंदादीपासारकी अखंड मनात तेवता. ऋतुचक्र फिरत आसा. कालचक्रय तशेंच मीरेचे मन अखंड फिरता तेंय कृष्णाभोवतणी. काळजातली व्यथा कोणाक कळची ना. राजसून जावन चित्तोडाच्या महालात पावल दवरलें पुण कृष्णप्रेम मातय कमी जावक ना. दोळ्यांफुडें अग्नीचें कुंड... सातपावलां ही मीरा चलली त्या अग्नीफुडें पुण त्याय वेळार मनात कृष्ण. कृष्णाचेंच चिंतन कृष्णाविशीं मनात अमर्याद प्रेम. भोजराजांकडेंन लग्न जालो हें खरें. पूण एकरूप जावन कृष्णाक विसरप ह्या मीरेक शक्य ना. लग्न जातगीर एकमेकांचेर भरभरून प्रेम करतात आनी संसारात स्वर्गसुख मेळयतात. संसार हो यज्ञासारको. धगधगतो आनी पवित्रय. सरसकट सगळींच मनशा संसाराच्या सुखदुखात घुस्पतात. संसारधर्म हो आपलो धर्म अशें खिणभर मनाक समजायलें तरी संसारात मन रमना.'' हांव हेर चलयांसारकी न्हय. हांव वेगळी हो म्हजो अहंकार न्हय फकत जाणीव. जाता मीरेचे मन विशाल मळबाकडेंन एकरूप जालें.

मीरेच्या विचाराची तंद्री तुटली.

कितलोचे वेळ मीरा विचारांत शेणिल्ली. भूतकाळातल्या यादींनी शेणिल्ली.

खूप रात जाल्ली.

मीरा उठली आनी आपल्या कुटीराकडेंन चलूक लागली. गोमती न्हंयचे देगेवेल्यान चलत चलत मीरा फुडें वचूक लागली. मीरेचे विचारचक्र सुरू आशिल्लें.

चड करून मनीस आपल्याच भोवतणच्या बंधनाच्या वणटींनी घुस्पता. मर्यादे भीतरच जगता. ताज्या जीवनाभोवतणी सुखसपनां, गुपितां त्या भायर यादींचो परमळ आनी अशेंच कितलेंशच प्रसंग मनात गच्च भरिल्लें आसतात.

मीरेच्या मनातय अश्यो जीर्ण जाल्ल्यो यादी आनी प्रसंग उफाळून आयलें.

यादींक निर्माल्यच ना. यादीं सदाच टवटवीत. त्यो बावनात.

यादीं केन्ना सांत्वन करतात केन्ना छळतात. यादीं आपल्या काळजात ल्हान ल्हान प्रसंग अप्रुप रत्नासारकें लिपोवन दवरतात. न्हयच्या देगेवेल्यान सदाच्या घोळिल्ले वाटेवेल्यान आपल्या कुटीराकडेंन मीरा चलूंक लागली. डोळ्यांफुडें भूतकाळातले प्रसंग.

सगळो गांव शांत न्हिदिल्लो. सकाळी ह्याच वाटेर खूब येरादारी आसता. दर्याकडेंन रापण घेंवन ह्याच वाटेन वता. कोण वाटेरच न्हिदिल्लो आसता. कोण माथ्यार पाटलो घेवन चलता. दीसाची ही वाट सगळ्यांची पुण रातची ही वाट फकत मिरेची. ह्या वेळार कोण उलो मारना, जाप दिना.

तंद्रेत मीरा चलूक लागली. मेडता-चित्तौड... वृंदावन... आनी द्वारका दोळ्यांफुडें यादींचें भिरें धावतालें.

चलत मीरा कुटीराकडेंन आयली.

मांदरी पातलावन आड पडली.

दोळें धापलें... सावळीशी मीरेच्या लागी आयली. ही तर आपलीच सावळी.

सावलेन विचारलें, ''म्हाका वळखली मीरा? तकलेत शीण दीवंक नाका. विस्मीत मातय जावं नाका. हांव जाणा मीरा आज तुका यादी जाल्यात. फाटल्यो सगळ्यो. त्या यादींनी हांवय आसा. राजा भोज. तुजो सांगाती. तुवें कृष्णाचेंर तितलेंच तुजेंर हांव प्रेम करता मीरा. हांव जाणा तुज्या काळजात भोजराजाची याद तशीच टवटवीत आसा. कृष्ण कन्हैयाची मीरा म्हण तुका जग वळखता. संत मीराबाई म्हण वळखता. अभंग रचपी मीराबाई पुण हांव जाणा भोजराजाची याद तुज्या मनात तुवें जपून दवरल्या. हें फक्त हांवच जाणा. तुका म्हजें परस आणिक कोण वळखतलो मीरा?''

सावळी अदृश्य जाली.

''खंय गेली सावळी? सावळी कोणाची? खरेंच कोण तरी आयिल्लो? कांय मनाचें खेळ. सावळेंचें सांगणें मात खरें राजा भोजाची याद मनात आसा. सावळी आसची नाच ती. मनच आसतलें. हें अंतर्मन सावळेच्या रूपान म्हज्या लागीं आयल्या. राजा भोज म्हजो जीवनसांगाती. चित्तौड आनी राजा भोज .. आनी

पयली रात. लग्नाउपरांतची पयली रात.''

... भोजराजान उलो मारलो.

''मीराऽ'' आजय तो उलो तस्सो याद जाला. भूतकाळात हांव नाच. आत्ताच घडल्या ती घटना.

''मीरा. अप्सरांची वर्णना हांवे वाचल्यात. स्वर्गातल्या अप्सरांची. अप्सरांक हांवे पळोवक ना. पूण अप्सरापरसय हो राजा भोज चड भाग्यवान. अप्सरांसारकें दैवी सौंदर्य तुमचें. पुण अप्सरांच्या सौंदर्यात उन्माद आसता. तुमचें रूप दैवी, निरागस.'' राजा भोज लागीं आयलें.

''मीरा ऽ''

पयल्या रातीक खंयचोय दादलो आपल्या बायलेकडेंन वागता तशेंच राजा भोज वागिल्ले. पुण त्या रातीक ही मीरा तांचेंकडेंन कशी वागली? पयस गेली. राजाक कळलें ना. आपलें कितें चुकलें राजान विचारले, ''मीरा कितें चुकले आमचें.''

राजान विचारलें आनी हात धरलो, ''राधेश्यामाक हांवे मनान वरला. तोच म्हजो जीवनसांगाती. ताजेंकडेंन म्हजें लग्न जाला.'' सगळे बळ एकठांय करून राजाक सांगलें तेन्ना राजान विचारलें, ''राधेश्याम कोण? राधेश्यामाकडेंन तुमचें लग्न जाला राणी?! मागीर तुवें अग्नीक साक्षी मानून लग्न कशें केलें? हें तुमचें सांगणें खरें न्हय राणी? ही तुमची प्रेम करपाची वेगळी पध्दत. राजा भोजाचे मन तुमी जिंकलें.''

''हांव मस्करी करना राजा. राधेश्यामाक हांवें वरला. हें सत्य. खरें तर तुमचेंकडेंन लग्न जावचें न्हय म्हणून हांवें खूब यत्न केलें. बाबांक तर कितलेंदा सांगलें. बाबाक सांगलें, राधेश्यामाकडेंन म्हजें लग्न जाला. म्हज्या काळजात फकत राधेश्याम पूण बाबान ह्या मीरेचे आयकलें ना. नाईलाजान तुमचेंकडेन लग्न केलें राजन.''

''तुमच्या बाबाकय लग्नाविशीं खबर आसा? तरीय ताणी तुमचें राजाभोजाकडेंन लग्न....''

गोपाळबगर ह्या मीरेक रावप शक्य ना, हें बाबा जाणा. खरें तर म्हज्या माँन बाबाकडेंन वचन घेतिल्लें मीरेची आनी गोपाळाची केन्नाच ताटातुट करू नाकात म्हण तांका सांगिल्लें. आनी बाबानय वचन पाळिल्लें. म्हज्या आनी गोपाळाच्या प्रेमामदी बाबा केन्नाच आयलें ना. पुण चित्तोडच्या घराण्याकडेंन नातें जुळटा हें कळलें तेन्नाच्यान बाबा खूप बदललें. हावें बाबाक समजायलें पुण बाबान म्हजें कांयच आयकूंक ना. निमाणे सामकें उपायनासून म्हाका लग्नाक तयार जावचें पडलें. बाबाचें मन राखूक हांवें लग्न केलें. चुकलें म्हजें.

''तुमचें लग्न पयलीच जाला जाल्यार राणी भाग्यवंताक पळोवपाची आमका इत्सा आसा. येदे गडगडान मीराचें राजाभोजाकडेंन लग्न जालें तर मीरा आपली बायल म्हणून सांगूक राधेश्याम आयलेंना?''

''गोपाळ सांगतलो कसो? ताका उलवंक येंना.''

''उलवंक येंना अशा मोन्याकडेंन...''

''राजन म्हुर्तीक उलवक येंता?''

''म्हुर्ती?''

गुठलावन हाडिल्ली कृष्णाची म्हुर्ती पळयली तेन्ना राजाभोज अजाप जालो.

''गोपाळ म्हजे जीवनसांगाती.'' राजा मीरेक पळयत रावलो. भान विसरून म्हुर्तीकडेंन पळयता पळयत हांव म्हाकाच विसरली.

भोजराजा लागी आसा हाजोय विसर पडलो.

''आमच्यामदीं ही म्हुर्त. पुण ही म्हुर्त...? हे म्हुर्तीचेर मीरा प्रेम करता म्हुर्तीक आपलो जीवनसांगाती मानता.'' भोजराजा विचारात पडले. स्वगतशें उलयले. कितलोसोच वेळ.

''मीराऽ'' राजान उलो मारलो.

''ही म्हुर्ती तुजी सांगाती. ह्या खिणाक तरी तू तिका जीवनसांगाती मानता. पुण म्हुर्ती म्हळ्यार कृष्णकन्हैया न्हय. म्हुर्तीक जीवन सांगाती मानून जगप शक्य ना हें खंयच्या ना खंयच्या खिणाक राणी तुमका कळतलें. तुमच्या मनातलो भ्रम सोपतलो आनी गोपाळ ही फक्त एक निर्जीव म्हुर्ती हें सत्य तुका पटतलें. त्या खिणाक राजा भोजाक उलो मार. आमी तुमची वाट पळयतात.''

''राजन?''

''निर्धास्त राव. तुम्ही राधेश्यामाच्योच. राजा भोजाकडेनच्यान तुमका कसलोच त्रास जावचो ना हें ह्या राजाचें उतर. पुण त्यापयलीन तुका एक अट पाळची पडतली.''

''अट?''

''साधी अट. आमचें हें जगावेगळें नातें सांभाळप कठीण. व्रत कशें हें नातें. संन्याशी धर्म स्वीकारप एकवेळ सोपें. पुण संवसारात रावन विरक्त जगप हें सोपें न्हय. एक तरेची ही सत्वपरीक्षाच. अग्नीक साक्षी दवरून, आम्ही लग्न जाल्यात. अग्नीक फेरें मारतना तू कृष्णाचोय जप करताली. हें खरें पुण हें सगळें हांव जाणा. बाकी कोणच नकळो. लोकांच्या घरच्यांच्या, तुज्या कुळारच्या लोकांच्या नदरेन तू म्हजी जीवनसांगाती. कृष्णाकडेंन आशिल्लें नातें आमी स्वीकारलें तरी आमचें

जगावेगळें नातें आमचें राजघराणें स्वीकारचें ना. त्याच खातीर तुका ल्हानशी अट पाळची पडतली. सामकी साधी अट.''

आमच्या दोघांमदी लग्न जातगीर ज्या तऱ्हेचे नातें आसता, संबंध आसता तशेंच आसा अशें नाटक करचें पडटलें... इतलीच साधी अट. हें राजा भोजाचे वचन एका क्षत्रीय राजाचें वचन.

''मान्य आसा?''

''मान्य आसा.''

''आता शांत न्हीद. खूप रात जाली.'' भोजराजान म्हळें.

मीरेची विचारांची साखळी तुटली.

चित्तोडच्या महालातच आपूण खिणभर आसा अशें मीरेक दिसलें. मीरा उटली भायर आयली कुटीराच्या सपणार बसली.

रातकिड्यांची कीरकीर... राजा भोजाची याद आज परती परती येंता ''शांत न्हीद'' राजा भोजान सांगलें आनी मीरा त्या दिसा शांत न्हिदली.

राजाचे विचारय केलो ना. अशी कशी वागली हांव?

जगावेगळी. संसारी जीण सुरू जाली.

लग्नाउपरांत कांय दिसांनी राजान विचारिल्लें. ''मीरा दिली तुका हे म्हुर्तीन जाप. म्हुर्ती म्हळ्यार कृष्ण न्हय हो भ्रम केन्ना सोंपतलो? ''

''राजा, भावनेच्या भारांत वचून तुमी म्हाका पयल्या राती वचन दिलें पुण तें पाळप इतलें सोपें न्हय हाजी जाणीव तुमका आज जाल्या. संसार करप पुण संन्याशासारकें रावप हें सोपें न्हय. तुमी राजा. तुम्ही वचनभंग करचें ना पुण ही मीरा तुम्हाका तुम्ही दिल्ल्या वचनातल्यान मुक्त करता. खरें तर वचनभंगय जायना. तुमच्या सांगातान सात पावला चलतनाय मनात कृष्णाची प्रतिमा आशिल्ली. हांवे मनान कृष्णाक सांगाती मानला तेन्ना तुमची कसलीच जबाबदारी ना राजा.''

तुमच्या फुडें आयुष्य आसा. चित्तौडाच्या भविष्याची जबाबदारी आसा. ह्या मीरेचे कृष्णप्रेम केन्ना तरी कमी जातलें ही शक्यताय ना. म्हुर्तीतलो कृष्ण म्हज्या श्वास्वांत भरला. काळजात रिगला.

''मीराऽ सपन आनी वास्तव खूप वेगळें. तुमचें मन, वागणें कळयेसारकें निरागस आसा. ज्या कळयेन जगाचें व्यवहार पळोवक ना. पारव्याचें भिरभिरप पळोवक ना. स्पर्शाचें, म्होवाळ उतरांचें कांयच गिन्यान ना, प्रेमाचें विशाल रूप तुमी नकळो. म्हण निर्जीव म्हुर्तीत तुमचे मन रमता पुण मीरा तुमची केन्ना ना केन्ना तुमका फुलचेंच पडटलें. निसर्गाचो नेम तो.''

राजान विचारलें, ''मीरा, तुमी कृष्ण पळयला.''

''ना.''

'' ह्या राजाभोजाकच कृष्ण समज. अशें समज म्हुर्तींतलो कृष्ण राजाभोजामदी एकरूप जाला. सामकें सोपें. मनातली दुविधा सोपतली.''

'' अशें कशें जातलें? राजाभोज कृष्ण कशें जातलें?''

''बरें तर तुमच्या इच्छेप्रमाण जावं दी. मीराराणी. ही म्हुर्ती तुजी जीवन सांगाती आनी आमी सांगाती. सहजीवनातलो सांगाती. फकत सहजीवनातलो सांगाती.''

राजा भोज खरोच ह्या मीरेचो जीवन सांगाती जालो. पुण हांवे मात राजाक केन्नाच समजून घेवपाचो यत्न केलो ना.

कृष्ण कृष्ण कृष्ण... कृष्णाचोच जप. कृष्णाचोच ध्यास. भोजराजाच्या मनाचो केन्ना विचार केलो ना. कृष्णासोडून खंयचोच विचार मनात आयलो ना. जीवन कृष्णमय जाल्लें. आज मन अंतर्मुख जाला. आनी भोजराजान केल्ल्या निरपेक्ष असीम प्रेमान मन भरून आयलें.

ह्या मीरेन कृष्णाचेंर केला. त्यापरस शीममेर नाशिल्लें प्रेम राजा भोजान ह्या मीरेचेर केलें.

ह्या विरागी मीरेचेर केले. त्या प्रेमाच्या बळावर मीरा येदी वाट चलली. मीराचें कृष्णप्रेम व्हड? कांय भोजराजाचें मीरेर केल्ले निरपेक्ष प्रेम? खंयचोय मनीस हो स्वभावान विरागी नासता राजाभोजय नाशिल्लें. राजा भोज कवी मनाचें. रसीक पुण तांची ह्या विरागि मीरेकडेंन गाठ पडली.

सामान्य मनशाच्या जीवनात शारीरिक सुखाक सुवात आसताच. शरीराक आवरप कठीण जाताच सगळ्या इंद्रियसुखाचो संगम म्हळ्यार स्त्रीसुख. म्हणूनच योगी तें निषिद्ध मानतात. ऐहीक सुखाचो त्याग करून आपली आत्मीक शक्ती वाढयतात पुण भोजराजाक तर त्यायपरस कठीण परीक्षा दीवची पडली. सत्वपरीक्षा. गृहस्थजीवन चलवप आनी ब्रह्मचर्य पाळप.

आपलीच राणी ती विरक्त आयुष्य जगता. ते पळोवप कृष्ण ऽ कृष्ण करता.

व्हडल्या व्हडल्या योग्यांक सुध्दा इंद्रियाचेंर, आपल्या वासनेचेर विजय मेळप शक्य जावंक ना. मनशाच्या मनात आसक्ती आनी विरक्ती सदाच आपालीपा खेळतात. विश्वामित्रासारक्या योग्याच्या मनातय तप करतना आसक्ती उफाळून आयली. विरक्त मनशाकय आसक्तीक भस्म करप जमना. मनाचो वज्रनिर्धार खिणात डळमळता... पुण भोजराजाचे वचन म्हळ्यार भिष्मप्रतिज्ञा...

राजान ती पाळली...

दर एका प्रसंगात हे मिरेक सांबाळ्ळी, जपली.

आपल्याकच सांभाळताना कितले त्रास जाल्यात आसतलें राजाक हें मीरेन केन्नाच येवजिलें ना. सूर्यास्त पळयतना शेणून गेल्लें भोजराज. मनातल्यो भोजराजाच्यो यादी उफाळून आयल्यात.

तद्रुप जावन मीरा एकटीच कृष्णाची पुजा करतना पुजा शांतचित्त पसून पयळतना भोजराज ''तुज्या अभंगात हो भोजराजय विरागी जालो.''

युद्ध जिखप सोपें पुण मन जिखप कठीण. मीरा खूप कठीण. इतली सुंदर देखणी बायल आसतना ब्रह्मचर्य पाळप खूप कठीण. मीरा पुण तरीय राजा भोज मनाक सांभाळता... फक्त ह्या मीरेखातीर खूप असीम प्रेम करता ह्या मीरेचेंर. ही मीरा कृष्ण कन्हैयाची हाची जाणीव आसूनय.

यादी वाडत गेल्यो. मीरेच्या दोळ्यांफुडें तो दीस.

४

पाडव्याचो दीस उजाडलो. आदी मायेच्या पुजेची तयारी सुरू जाली. लग्नाउपरांतचो चित्तोडांतलो पयलोच सण. चित्तौडात दुर्गापुजेक खूब म्हत्व. राजघराण्यातल्या राजसुनेन पुजा करप अशी रीत आसा. मन अस्वस्थ जालें.

''म्हज्या''मनात कृष्णाची म्हुर्ती स्थापन जाल्या. कृष्ण हेंच म्हजें श्रद्धास्थान. कृष्णाच्या म्हुर्तीच्या जाग्यार दुसरी खंयचीय म्हुर्ती मानप आनी तिची पुजा करत म्हाका शक्य जातलें? ना म्हाका शक्य जावचें ना. पुजा करतना दोळ्यांफुडें फक्त कृष्णाचेंच रूप येतलें. मनातय कृष्णाचेंच रूप. ध्यानीमनी कृष्णाच कृष्ण अशी स्थिती जाल्या. पुजा ही भक्तीन करपाची, मन एकरूप जाता तीच पुजा. वयलेचाराचें नाटक हांव कशें करतलें? दोळें धापतगीर कृष्ण... दोळे उघडतगीर कृष्ण, तोंडात कृष्णाचें नाव अशा मनस्थितीत हांवें केल्ली दुर्गापुजा देवीक पावची ना. ती पुजाय जावची ना. पुण पुजा केली ना जाल्यार राजसुनेन पुजा करप ही चित्तौड राजघराण्याची परंपरा. रीत मोडली अशें जावचें ना? पुण श्रद्धा ना तरीय रीत पाळूक म्हण पुजा करप म्हज्या मनाक पटना. पुजा करप ना... नकार दीवप. भक्तीन देवीची पुजा जावक जांय मागीर ती कोणेंय केल्या जाता.''

निर्णय खर जालो. ''मीरेन देवीची पुजा करपाक न्हयकार दिला हें राजघराण्यात सगळ्यांक कळ्ळें. नणंद राजमहालात आयली. श्रद्धा ना ती पुजा कशी जातली.

देवाच्या पुजेन तनमनधन ओपचें पडटा.'' समजावून नणंद गेली. ''आता मोठें वादळ येवपाचें आसा. कालपयर आयिल्ली सून. राजघराण्याचे आयकना म्हळ्यार कितें? राजघराण्याची रीत मोडपाचें धाडस जालें कशें? उदा वचून राणीमॉक सांगताली. राणी मॉ येतली वा राजा. राणी मॉ आयली तर तिकाय स्पश्ट सांगप जमतलें म्हाका? जमूक कितें जाला? हांव कृष्णभक्त. कृष्णाची निस्सीम भक्त. हांव पयलीन भक्त. मागीर राजसून. पुण मीरा चित्तोडाच्या राजघराण्यातली तूं सून.''

''राजघराण्यातल्या प्रतिष्ठेची पर्वा राजसुनेन करूकच जाय''असो आदेश घेवन म्हाका समजावक नणंद आयिल्ली. घडये राणी माँ येतली. पुण कांयच हरकत ना. राणी मॉक म्हजें म्हणणें पटोवन दीवक जांय. मन ना ती पुजा कसली? राणी मॉक हांव सांगतली...

पावलांचो आवाज आयलो... कोण तरी आयला आसतलो. आवाजाचे दिशेन पळयलें. राजा भोज. राजाच्या मुखार चिंता पातळिल्ली. ''राजा ह्या मीरेक वळखूक लागिल्ले. मीरा आयकूवची ना. हें तांका खबर आशिल्लें आनी त्या खातीरच तांच्या मुखार चिंता उदेल्ली जावयें.''

''मीराऽ आमी कित्याक आयल्यात ताचो अदमास तुमकां आयला आसतलो. दुर्गापुजा करप ना अशें तुवें थारायला. तुजो हो निर्णय कोणाक मानू ना. दुर्गापुजा ही राजसुनेन करपाची अशी परंपरा. राजघराण्यात दर नियम पाळचोच पडटा. राजघराण्यातल्या प्रत्येकाक हो नेम पाळचो पडटा. राजपरिवारातलें घरच्यांनी हो नेम पाळलो ना जाल्यार लोक कशें पाळतलें. नियम हें सगळ्यांक सारकें. राजाक आनी प्रजेकय सगळ्यांनी तें पाळूंक जांय. हें सगळें आमी कित्याक सांगतात तें तुमका कळलें न्हय मीरा? प्रसंगाचें गांभीर्य लक्षात घेयात.''

''राजन.''

''एकाच उल्यात सगळें आस्पावलां. आमका कळलें तुमका देवीची पुजा करपाची ना. राणी तुमचें मन आमका कळटा. तुमचें कृष्णप्रेम कळटा पुण राजघराण्याक तुमचें मन कळचें ना आनी कृष्णप्रेम. दिसानदिस वाढत चलिल्ले तुमचें कृष्णप्रेम हो चर्चेचो विषय जाला.अशा वेळार संयमान वागूक जाय. शिटूकसाणीन वागूक जांय. भावनेपरस बुद्धीन वागूक जांय. दुर्गापुजा करपाक तुमका कसली अडचण मीरा?''

''राजन कशें सांगू तुमका? म्हज्या मनाक पटना. आनी तुमी म्हजी चिंता करू नाकात. राजमातेक वचून सांगात. म्हजो निर्णय बदलचो ना.''

राजा भोज गेले. राजाचें मन हांवे दुखयलें. पुण त्यावेळार तेंच योग्य अशें म्हाका दिसलें. मन आसा थंय देव. मन आसा तीच भक्ती अशें म्हजें मन सांगतालें. मागीर हांव कशी चुकली? सुन म्हणून हांव कर्तव्याक चुकलीय आसत...

कांय वेळात विचार मनातलें पयस गेलें दोळ्यांफुडें उरलेंय फकत कृष्णाचे रूप....

कृष्णाच्या म्हुर्तीफुडें बसली तशी म्हाका विसरली...

... कान्ह्या तुका मेळपाची ओड म्हाका. म्हजोय विसर पडता. तेन्नाच तशेंच जाल्लें...

सखी सांगूक आयिल्ली, ''राणी, तुमका राजदरबारात हाजीर रावपाचो आदेश आसा. तुमका व्हरूंक हांव आयल्या.''

''राजदरबारात?''

''क्षमा आसची राणी. दुर्गापुजा करूक तुमी नकार दिलो ही बातमी वाऱ्यासारकी राज्यभर पावल्या. अशें केन्नाच घडूक ना राणी... त्याचखातीर राजदरबार भरला आसतलो.''

राजदरबार सगळें आपआपल्या स्थानार बशिल्ले. विचित्रशी मोनेळ. सगळ्यांच्या मनात कुतूहल चित्तौडच्या इतिहासात अशें पयल्याच फावट जाल्लें. राजसुनेन दुर्गापुजा करपाक नकार दिल्लो. राजपुरोहित उबें रावलें तेन्ना सगळ्यांच्यो नजरो राजपुराहिताकडे लागिल्ल्यो.

''मीरा देवी, चित्तौडच्या राजघराण्याच्यो तुम्ही राज सून. हाची तुमका जाणीव आसा? राजसुनेच्या पदाचो मान कितें? राजघराण्याची परंपरा, रीत. कुळाची मानमर्यादा पाळपाची जबाबदारी राजसून म्हणून तुमची. राजपरंपरा पाळप ना हो गुन्याव आनी राजघराण्यातल्या प्रत्येक सदस्याक तो लागता. ह्या गुन्यावाक लागून राजदरबार दिता तो राजदंड तुमका मान्य करचो पडटलो. तुमी राजसून आसल्यो तरी सगळ्यांक समान न्याय दीवप ही ह्या राजदरबाराची खासियत. तेन्ना तुमका तुमच्या बचावाखातीर कितें सांगपाचें आसा?''

''हांवें कसलोच गुन्याव करूक ना.''

''गुन्याव करूक ना? आमी आरोप करतात अशें तुमकां म्हणपाचें आसा? राणी तुम्ही राजदरबारात आसात. तेन्ना तुमचे प्रत्येक जाप तुमी संयमान, विचार करून दियात.''

''हांव पुर्ण शुद्धीत सांगता. हांवें कसलोच गुन्हो करूक ना.''

''राजनियमाचो भंग करप हो गुन्यावूच. राजधर्म पाळप ना होय गुन्यावूच.

राणी.'' राजपुरोहितान खणखणीत आवाजान सांगलें. तांच्या आवाजात अधिकारय आशिल्लो, दरकारय आनी आज्ञाय. ''मीरा आता तू एक उत्तर सुद्धा उलवंक नाका. कितें शिक्षा दिता ती मुकाट्यान भोग ना जाल्यार माफी माग'' असो सूचक इशारोच तांणी नकळटा दिलो. पुण तांच्या त्या आवाजाचो म्हजेंर कांयच परिणाम जालो ना. खंयचे तरी बळ म्हज्यान आयिल्लें. शक्ती संचारिल्ली.

राजपुरोहिताचो खणखणीत आवाज परत दबारात घुमलो. ''राजाक सुद्धा लेगीत नियमाचें पालन करचेंच पडता. दुर्गापुजा करपाक ठाम नकार दिवन कुळाची रीत तुमी मोडल्या. तुम्ही केदो व्हडलो अपराध केला हाजी जाणीव तुमका आसा? तुमी राजघराण्याचो अपमान केला. नेम मोडल्यात. वर्सानवर्सा, पिळग्यान पिळग्यो चलत आयिल्ल्या राजनेमा मोडल्यात. राजनेम पाळूक ना जाल्यार राजदंड आसा. त्याभायर त्याशिवाय धर्माचो नेमय तुमी पाळूक ना. कडक शिक्षा तुमकां जावक शकता. पुण त्या पयलीन तुमचें मत मांडपाची तुमकां संदी मेळटली. मागीर न्याय जातलो. तुमी कितें सांगूक सोदतात? कांय तुमका गुन्याव मान्य आसा?''

''हांवे कसलोच गुन्याव करूंक ना. हांवे फकत म्हजो धर्म पाळला. कृष्ण भक्ती करप हो गुन्याव अशें म्हाका दिसना.''

''कृष्णभक्ती करप हो गुन्याव अशें आमी म्हणूक ना. राजनियमाचो तुमी भंग केला. राजघराण्याचो नियम आसा की दुर्गापुजा राजसुनेन करप. तुमी धर्माक पाळो दिवंक ना.''

''हांव परत एकदा सांगता. हांवें कृष्णाकच भक्तीरूप मानला. भक्ती होच म्हजो धर्म. कृष्णभक्ती करप हो गुन्याव न्हय आनी अपराधय. हांवे निवडला त्या भक्तीरूपाचेंर म्हजी अखंड श्रद्धा आनी अतूट विश्वास. कृष्णाचें नांव सतत ओठार, दोळें उक्ते करतकच आनी धापतकच कृष्णाचें रूप म्हाका दिसता.''

''कृष्णभक्ती होच धर्म त्याचखातीर श्रद्धा ना त्या देवाची पुजा करप म्हळ्यार पुजेक फकत नाटक करप अशें म्हजे मत. स्रध्देन भरिल्ल्या अंतस्करर्णान पुजा करता तीच देवीक पावता आनी फकत त्याचखातीर हांवें. दुर्गापुजा करपाक न्हयकार दिलो. हांवे म्हजो धर्म पाळला.''

खरें तर दर एकल्यान आपलो धर्म पाळूक जांय. पुण आमी आमचो स्वधर्म विसरतात. कित्याक तर ह्यो रूढी प्रथा. ह्या उकलाप्या राजकीय, धार्मिक बंदनामदी मनीस घुस्पला. आनी आपलो खरो धर्म विसरला.

धर्माच्या नांवान, राजनेमाच्या नावान स्वधर्माचें रक्षक म्हणून मिरवपी बांधून घालतात. मनशा घुस्पतात. धर्मरक्षक ज्याका धर्म मानतात ताकाच धर्म मानूक

लागतात. आनी आपलो खरो धर्म खंयचो हेंच विसरतात. मनशान पयलीन आपलो धर्म पाळूक जांय. राजनेम, धर्मनेम हे परंपरेतल्यान चलत आयिल्ल्या बेडयांतल्यान मनीस मुक्त जावक जांय.

खरें तर ह्यो बेडयो तुटूक जांय. ह्यो रूढी म्हळ्यार साखळ्यो. जर ह्यो साखळ्यो तुटल्यो ना तरच खरो धोको आसा.

वर्सानवर्सा मनी रूढी पाळटा. कित्याक? तांका मान्य आसा म्हणून? ना ताका मान्य नासतात.

पुण धार्मिक, सामाजिक, राजकीय बंधनाखातीर तांका त्यो पाळच्यो पडटात. आपल्या मनाक दडपून दवरता ह्या दडपणाकलागून, राजकीय नेमाक लागून आल्या मनाविरूद्ध वागता. खंयचोय मनीस आपल्या अंतर्मनाचो आवाज आयकुन वागलो तर राजनियमाचो भंग केलो. समाजनियमाचो भंग केलो म्हणून ताका तुम्ही आरोपी थारायतात जशें आज म्हाका थारायल्या. खंयच्याय नियमाचें हांवें भंग करू ना फक्त म्हज्या अंतर्मनाचो आवाज आयकून म्हजो धर्म पाळला.

लोक फुतफुतुक लागलें.

''मीरादेवी म्हणता तें खरें.''

''मीरादेवीन कसलोच गुन्याव करूक ना.'' लोक म्हणूक लागलें. भाषणांचो लोकांचेर जबरदस्त परिणाम जालो. उलवणें लोकांक पटलें.

राजपुरयताची तर वाचाच बसली. राजदरबारातल्या मानेस्तांनी मीरा मुकाट्यान आरोप मान्य करतली अशें येवजिल्लें पुण मीरान राजसभेक आव्हान दिल्लें.

प्रश्न मांडिल्लें आनी पाळामुळा हालयिल्ली.

''विषयाक धरून उलय मीरादेवी. आरोप आसा कांय कितें तेंच सांगात.''

''चित्तोडचें राजघराणें शिवपुजक. शिव राजघराण्याचा आराध्यदैवत. खरें तर आमी शिवपुजा करूक जांय. त्याय नदरेन विचार केलो जाल्यार हांवें खंयच्याय तरेन नेमाचो भंग करूक ना. म्हाका गुन्याव मान्य ना.''

आमी शिवपुजक. मागीर आमी शिवाची आराधना सारकी खंय करतात. बळीची प्रथा शीव आराधनेत येना.

''राजकीय आनी सामाजिक प्रथेविशीं तुमी न उलयल्यार बरें.''

''हांव म्हज्याच बचावाखातीर उलयता. खरें तर अधर्मच जर कोण करता? राजसभा अधर्म करता.''

''मीरादेवी!''

''राजसभेचेर आरोप करून तुमी आनीक गुन्याव करतात. तुमी कितें उलयतात

ताजें भान तुमकां आसा? तुमी शुद्धीर आसात?''

''पुराय शुद्धीर आसा राजपुरयतजी. हांवें कसलोच अधर्म करू ना. म्हज्या अंतर्मनाक श्रद्धा नासतना खंयच्याय देवाक भजप म्हाका पटना. म्हणून दुर्गापुजाक करूक न्हयकार दिला इतलेंच.''

राजअधिकाराचो गैरवापर करून आरोपीच्या पांजऱ्यांत म्हाका दवरप हो अधर्म न्हय?

विवेकी विचारान आपल्या अधिकाराचे गैरवापर करनासतना बरं तऱ्हेन राज्य चलवप. दर एकल्या मनशाक स्वधर्म पाळतना खंयचीय बाधा हाडप ना ही राजधर्माची जबाबदारी.

राजदरबारातलें लोकच संकुचित विचार करूक लागलें तर धर्माची अपेक्षा, न्यायाची अपेक्षा लोकांनी कोणाकडेन पळवप?

''लोकांचें हित पळयले ना जाल्यार राजपरिवाराचेर कोणाचोच विश्वास उरचो ना.''

''मीरादेवी! तुमी प्रजेक भडकायतात. राजदरबाराविरूध्द कित्याक कितें उलवन तुमी राजसभेचोय अपमान केला. तुमची बाजू आमी आयकली आता राजनिर्णय जांयसर एक सुद्धा उतर तुमी उलवप ना अशी तुमका आज्ञा आसा.''

''हांवें म्हजी बाजू मांडल्या. जी कितें शिक्षा राजदरबार दितलो ती ही मीरा खोशेन स्वीकारतली.''

आनी शिक्षा जाली.

एकांतवासाची शिक्षा.

एकांतवासात कोणाकच मेळप ना. कोणाकडेंन उलवप ना. राजवाड्यातल्यान पयस अशा जाग्यार नरजकैदीत रावपाची शिक्षा. सेवक दासी दिल्यो.

एकांतवास ही शिक्षेच्या रूपान मेळिल्लो वर, अशेंय मीरेक दिसलें.

कोणाचीच कटकट ना. नाका आसतना लोकांक हडकप, लोकांकडेंन उलवप कांयच ना. निःशब्द एकांत.

एकटें बसून रावपाचें सुख उतरांपेले. शिक्षा म्हाका जावक ना कृष्णाचो प्रसाद मेळला. कृष्णाकडेंन रातदीस एकरूप जावपाची ही संदी शिक्षेच्या रुपान चलून आयल्या.

दोळ्यांफुडें कृष्णाचें निळें निळें रूप.

सगळ्यां आसमनात हें एकटेंपण आसा असीम एकटेंपण... राधेकय झपटिल्लें. ह्या आसमंतातल्या दिव्य एकटेंपणान...? ती वर्तमान, भविष्य सगळें विसरतालीं...

''मीरऽ''

भोजराजाच्या आवाजन विचाराची तंद्री भंगली.

''तुमी कित्याक आयल्यात?''

''म्हाका एकांतवासाची शिक्षा दिल्या. तुमी त्या राजन्यायाचो मान राखूक जांय. नियमभंग केलो म्हणून तुमकाय शिक्षा दिली जाल्यार?''

''मीरा म्हाका माफ कर. हो राजा भोज कायच करूक शकलो ना. राजघराण्यांविरूद्ध उतर काडपाचें धाडस जालें ना. सत्य जाणा आसूनय पराजय पळवचो पडलो. शिक्षा रद्द करपाक शकलो ना हांव.''

''तुमी तुमका दोशी समजू नाकात.''

''उलवक दी आमका. मन मेकळें करू न्ही. कितलीं स्पश्ट आपली बाजू मांडिल्ली दरबारात पुण शिक्षा जावपाची ती जालीच.''

''तुमी तुमकां त्रास करून घेंव नाकात. आनी एक विनवणी तुमकां. तुमी म्हाका मेळूंक येवंक नाकात. म्हाका एकांतवासाची शिक्षा दिल्या. तुमीय नेमांचे पालन करूक जाय.''

''खरें तर दुर्गापुजा करूक ना हें फकत निमीत्त. तुमचें कृष्णप्रेम राजपरीवाराक मानूक ना.''

''तुमी मातय त्रास करून घेवक नाकात. आनी तुमका गुन्यावकारी समजूं नाकात. एकांतवास म्हाका शिक्षा दिसनाच. एकांतवास म्हजें खातीर वरदान आनी हांव एकटी खंय आसा?''

''म्हज्या सांगातान कृष्ण आसा.''

''मीरा एकाच खिणात आमकां तुमी आपल्या जिणेतल्यान पयस केले. तुमच्या विरहाच्या कल्पनेन आमचें मन दुखी जाला अशा वेळार तुज्या सांगाताक कृष्ण आसा, अशे तुमी सांगतात. हो राजा भोज तुजो कोणच न्हय? अशें समजप?''

'' राजन तशें न्हय. कशें सांगू तुमका? तुमची व्यथा म्हाका कळटा... तुमी म्हाका सांबाळतात. जपतात. सगळें खरें पुण ह्या मीरेखातीर तुमी तुमचें जिवीत वाट लावूं नाकात.''

''राजा तुमकाय मन आसा, भावना आसात. तुमका दिसता केन्ना ना केन्ना ही मीरा बदलतली आनी आपलेकडेंन सुखात संसार करतली. पुण राजा म्हाका तरी हें शक्य दिसना त्याच खातीर तुमका सांगता तुमी मीरेचो नाद सोडात. आनी सगळ्यांत चड महत्वाचें म्हळ्यार चित्तौड घराण्याविशी तुमची जबाबदारी आसा राजघराण्याक वारसय जांय... तेन्ना तुमी दुसरें लग्न...''

''परत अशें उलवची ना, अशें वचन दी. तुजी आनी आमची गांठ देवान घाल्या. वेगळें सहजीवन आमका दिला कदाचित कितें तरी संकेत आसतलो. देवाच्या प्रत्येक करणेफाटल्यान कारण आसताच.''

खिणभर राजा भोज स्तब्ध जालें.

''परत केन्नाच दुसऱ्या लग्नाचो विशय काडची ना. तुजे मन, अख्खें जिवित कृष्णाक समर्पीत केला, तशेंच ह्या राज्या भोजान आपलें मन आनी पुराय जिवित तुमका ओपलां. तू कृष्णाची हें सत्य हांवे स्वीकारला. तशेंच आमचें जिवित तुजें हें सत्य तुमीच स्वीकारात राणी.''

दिवें लावपाचो वेळ जालो आनी पुजेचोय.

''कसल्या विचारात गुंग जाले? राजा आता तुमी म्हजो निरोप घेतल्यार बरो. नाजाल्यार एकांतवासाची शिक्षा तुमी मोडल्या म्हण तुमकाय घडये शिक्षा.''

''आमका शिक्षा जाल्यार बरी, ह्या त्रासांतल्यान सुटका तरी जातली आमची'' राजा म्हळें.

''राजन, कितें जालें? अकस्मात खूप निराश जाले.''

''खंयचो मनीस निराश जावचो ना? निमाणें आमीय मनीसच. खिणाखिणाक समजायता. पुण मन ल्हान ल्हान सुखाक आशेता. साधीच सपना राणी तुमच्या लागी बसप, सहवासात रावप, पुण केन्ना कळता मीरेक सहवासय नाका तेन्ना हो राजा भोज निराज जाता.''

''राजन तुमी वोगीच गैरसमज करून घेतात. तुमीच तर आधार. म्हुर्तीपरसय चड तुमचो आधार.''

''राजन हें कितें तुमच्या दोळ्यांत दुकां? तुमच्या सारख्या वीराच्या दोळ्यांत दुकां सोबनात.''

''मन भरून आयलां. खूप अविवेकी वागप जाता आमच्याकडल्यान.''

''जाणा. हांव म्हुर्तीचेंर करता ताजेपरस चड. खूप उत्कट प्रेम तुमी करतात राजन ह्या मीरेचेर.''

''मीरा केन्ना केन्ना हो राजा भोज दुबळो जाता. खरें दिसना युद्धात शत्रूक म्हणता कांय न्हय करून आड घालपी राजा भोज मीरेकडेंन पावतगीर इतले हळवे जातात. खिणभर सुद्धा पयस वचपाचो विचार खूप अस्वस्थ करता आमका. मीरा परत एक वचन आमका जाय 'लग्न करात' अशें तुमी सांगच्योनात.''

''सुख हें मानपाचेंर आसता आनी जंय कृष्ण आसा थंय तुमी सुखानच रावतले पुण मनातलें द्वंद्व एकएक फावट इतलें वाढता की मनाचो विवेकय उरना. गिराण

लागिल्ल्या सूर्यासारकी मनाची स्थिती जाता. मनाक विवेकाच्या लगामान हांव खिणाखिणाक आवरतां. पुण खंयच्या तरी खिणाक मन अस्वस्थ जाताच.''

''राजा तुमी म्हाका सांभाळात. खूब प्रेम करतात. हांव मात तुमचें खातीर कांयच करूंक शकना. तुमच्या रिणातल्यान मुक्त जावप हे मीरेक शक्य ना. निदान ह्या जन्मात तरी ना.''

''रिणाची भाषा नाका राणी'' निरोप घेवन राजा गेलें.

खरेंच अशें निरपेक्ष प्रेम करप राजाक कशें जमता? मातय अधिकार गाजयनासतना. म्हजी कृष्णभक्ती श्रेष्ठ? राजाचें निरपेक्ष प्रेम श्रेष्ठ? राजा भोजाची धुसर प्रतिमा... आनी तांच्यो यादी मनात भिरभिरूंक लागल्यो.

''म्हुर्तीतलो कृष्णच प्रत्यक्ष राजा भोजाच्या रूपान आयला.'' अशें तुमी समजात. अशें राजा कितलेंशेंचदा सांगतालें...

खूप फावट कृष्णच म्हुर्तीतलो भोजराजाच्या रूपान आपल्या भोवतणी वावुरता अशें दिसतालें.

खरेंच भोजराजाच्या प्रेमाची तुलना करू नजो, राजा भोज, मीरेक वळखलें.

ह्या मीरेक तुमी जाणलें, तुमी वळखलें.

आनी ही मीरा तरी खंय वळखली ह्या मीरेक?

तुमका कळ्ळो म्हजो पिंड.

संसारात मीरेचे मन रमना.

तिजी मूळ वृत्तीच जोगीणीची.

हें कळ्ळें तुमका.

मीरा संसार करचीना.

केन्नाच संसार करची ना

हें सत्य जाणलें तुमी.

आनी तुमी, तुमकाच बदललें?!!! कशें जमलें तुमकां?

कसलीच इच्छा, सुवार्थ दवरनासतना प्रेम करत कशें जमलें तुमकां?

निरपेक्ष प्रेम,

ना कसलो अहंकार, ना प्रदर्शन

ही मीरा व्हड संत जाली.

मीरा दैवी. अशें लोक मानूंक लागले.

मीरेन अभंग रचले.

तिज्या कृष्णप्रेमाची व्हडपण सगळ्यांनी गायली.

मीरेचें कृष्णाकडेन नातें अतूट...

पुण राजा भोज,

हे मीरेक तुमी सांबाळली

आपली सुंदर बायल लागीं आसतना

एकदांय शरीर सुखाची तीव्र इच्छा तुमकां जाली ना? सगळ्यो भावना वासनाचेर जैत मेळयलें?

तुमचे तीव्र इच्छेपरसय तुमचे प्रेम जिकले. भोगापरसय प्रेम श्रेष्ठ थारलें.

निरपेक्ष प्रेम... आत्मीक प्रेम....

अशें निरपेक्ष प्रेम करप एका दादल्याक शक्य आसा. हो विचार हांवें केन्नाच करूंक ना.

म्हजें एकटेंपण, म्हजें अर्धकुटेंपण म्हजी तळमळ सगळें सगळें तुमी आपणायलें. पुण तुमचें मन हे मीरेक कळलें ना आनी तुमचे अमर्याद प्रेमय कळलें ना, त्या खिणाक तुमचें प्रेम ह्या मीरेक कळलें ना.

पूण आयज जाणीव जाता.

विचारांची शीम-उपून,

विकारांची शीम उपून, वासनांची शीम उपून

तुमी प्रेम केलें, हे मीरेचेर

सैमाचें सगळे लिखीत नेम उपून तुमी प्रेम केलें.

गुण अवगुण हांचो हिशोब दवरलो ना.

कसलीच अपेक्षा, वान्सा दवरली ना.

हें हिशोब सोपतात तेन्ना निरपेक्ष प्रेम मेळता राजा, हे मीरेक हें सत्य रोकडें होलमलें ना म्हणून इतलो प्रवास करचो पडलो. तुमी लागी आसूनय तुमचें प्रेम हे मीरेक कळलें ना.

मेंडता ते द्वारका येदो व्हडलो प्रवास केलो कृष्णाच्याच ओडीन. म्हणून अडखळत, आपटत धपटत, ही मीरा इतली पयस आयली कृष्णाक सोदूक. आज भायर काळोख आसा. तुमची खूप याद आयली हे मीरेक.

आनी भुतकाळातल्यो यादी...

शून्य मन आनी मागीर यादीच यादी काळोख रीतें रीतें जाता... आनी परतय यादीच्या दर्यांत पेंवता.

... आनी दोळ्यांफुडें राजा भोज. राजा भोजाच्या यादी आज फाट सोडनात. मीरा भूतकाळातल्या यादींनी शेणली.

५

फातोड उजाडली. कवळी किर्णां झाडापेडांचेर नाचूंक लागलीं. फुलां पुंजायली. भितर आयली. सगळी पुजेची तयारी केली.

रांगोळी घाली.... पंचारत, एकारत, घाट, पडगो, चिपट सगळें पुजेचें दवरलें. उजवाती लायल्यो. आनी तल्लीन जावन पुजा करूक लागली... पुजा केली... आरती केली आनी श्रीकृष्णाच्या म्हूर्तीकडेंन पळयता पळयता तंद्री लागली. दोळ्यांफुडें श्रीकृष्णाच्या जन्माचो प्रसंग. कादय, भायर कडक पारो. देवकीच्या हातापायात बेडयो. णव म्हयने भरील्ली देवकी... आनी वसुदेव, श्रीकृष्णाचो जन्म...

कादयेचीं दारां उगडतात. सगळें शिपाय घुवळ आयिल्ल्यासारकें बेशुद्ध पडटात आनी देवकीय. शुद्धीर आसतां फकत वसुदेव.

निकतोच जाल्ल्या भुरग्याक घेवन भायर सरता. पावस घोग्यांनी ओतता. यमुनेच्या तीरार वसुदेव, पलतडी गोकुळ... पूर आयिल्ले युमनेत पांय दवरता. इल्ल्याशा भुरग्याच्या आंगठ्याच्या स्पर्शान न्हंय दुभंगता... न्हंय वाट करून दिता वसुदेव फुडें फुडें वता...

सगळेंच अतर्क्य
विलक्षण.
अद्‌भुत
नंदाच्या म्हालांतं...
दोळ्यांफुडें धुसर कृष्णकथा
गोकुळात कृष्ण.

कंसान धाडिल्या पुतना राक्षसीक दुध पितना मारून उडवपी कृष्णाचें रूप...

धंय हांडे फोडपी कृष्ण... गोपींची मस्करी करपी कृष्ण... यमुनेच्या तिरार आपल्या संवगड्यासांगात कृष्ण, एका बोटार गोवर्धन उखलपी कृष्ण, यमुनेच्या कोंडीतल्या कालीयाकडेंन झुजपी कृष्ण आनीं राधेचे कृष्ण.

मुरलीचें सूर कानात. मंत्रमुग्ध राधा कृष्णाच्या मुरलीच्या सूराच्या दिशेन ल्हव ल्हव पावला उकलत फुडें वता. आपलो बिंदलो विसरता, आपूण कोण हेय विसरता. आपल्या भोवतणी लोक आसात. हें विसरता. लज, कुळाची मर्यादा विसरता. सगळें सगळें विसरता.

आपलें अस्तित्वच विसरता.

मुरलीच्या सुराच्या दिशेन चलत रावता, चलत रावता.

फकत कृष्णाक मेळपाची ओढ. तशीच स्थिती जाल्या ह्या मीरेची.

''राधाच परत भुयेंर आयल्या. मीरेक याद जाली. साधु महाराजाची भवीष्यवाणीय. फकत साधुमहाराजांची भवीष्यवाणीयच न्हय आनीकय एक प्रसंग - मेंडता''

पुजा करून मीरा घरा परत येताली. मंदिरातलो घांटीचो आवाज अजूनय कानात घुमतालो मन एकाकार जाल्लें. वेगळ्याच तंद्रीत भ्रमीश्ट जाल्लेवरी मीरा चलताली. घराच्या दिशेन.

रस्त्यार कोणच नाशिल्लो.

''अलख निरंजन.''

''खूप भाग्यवान आसा तू. साक्षात कृष्णाचीच तुजेर कृपा आसा.''

साधुबुवान म्हळें... तांच्या तेजान दिपावली. तांच्या उतरांनी भानार आयली.

''दोळ्यांत नक्षत्रांचे तेज, अक्षय तृष्णा... कृष्णभेटीची तीव्र ओढ... अलख निरंजन.''

तीक्ष्ण भेदक अशी साधुबाबाची नदर. केन्नाच अणभवू ना असो परमळ. काळजात शेकड्यांनी दिवें पेटलें. कानात घाटीची कीणकीण... सगळें आंग कंपवात जाल्लेवरी थरथरूंक लागलें. एकाच जाग्यार स्थिर जाल्ल्यावरी जाले. पुजा करूनय देवळात मेळटा ताज्यापरसय चड आनंद बाबांच्या खिणभराच्या दर्शनान जालो.

दोळ्यांत तेज- तोंडार अलौकीक उजवाडाची दिप्ती पातळिल्ली.

''वृंदावन?''

''वृंदावन तुजी कर्मभुंय. तू वृंदावनात पावतली... थंयच्या लोकांच्या सुखदुखाकडेंन एकरूप जातली. लोकांचें प्रश्न तुका तुजेंच दिसतले, ताका आधार दीवक तू वावुरतली. तू जन्मान क्षत्राणी... राजदरबारात सुखान रावपाचें तुज्या नशीबात ना. तुजो जन्म लोकांखातीर... लोकाखातीर वावुरतली. हें करतना खूप विघ्ना येतली. अडचणीचें, संकटाचे दोंगर मर्दी उबें रावतले कितल्याशाच अग्नीदिव्यातल्यान वचचें पडटलें, पुण तू फुडें फुडें वतली... फुडें फुडें वचत रावतली.''

तुज्यातली शक्ती जागृत जातली. तसो योग आसा. अक्षय तृष्णेच्या ओढीन तू फुडें फुडें वतली. आनी तुज्या काळजातली कृष्णप्रीत तुजी शक्ती जातली... ही कृष्णाची ओढ भक्तीज्योत जातली. गूढ भवीष्यवाणी. साधनेच्या बळार साधुमहाराजांक भवीष्यातलें दिसता.. एका साधुन कलीयुगात राधा आयली अशी भविष्यवाणी केल्ली तर हो साधू वृंदावनच तुजी कर्मभूंय अशें सांगतालो. दोघांच्याच

भविष्यवाणीत समान दुवो आसा. समान सुत्र आसा.

बाबान तकलेर हात दवरलो.

बाबांचे पाय धल्ले आनी विचारलें,

''स्वामीबाबा कोण तुमी? खंयचे? तुमचें नांव?''

कापऱ्या आवाजात विचारले.

नाहं मनुष्यो नच देवयक्षौ,
न ब्राह्मण, क्षत्रिय, वैश्य, क्षुद्र
न ब्रह्मचारी, गृही, वनस्थों
भिक्षुर्नचाहं निजबोधरूप

''हांव कोण?'' बाबा गूढ हांसले.

हांव मनीस न्हय, देवय न्हय, यक्षगंधर्व न्हय.

न्हय हांव ब्राह्मण, न्हय क्षत्रीय, वैश्य न्हय आनी क्षुद्रय न्हय, गृहस्थ, न्हय वनातलो, न्हय भिक्षू. हांव निजबोधरूप चैतन्य.

अहं ब्रह्मास्मि।

ताज्या उतरांचो कायच बोध जावक ना. ताज्या अस्तित्वासारकी ताजी वाणीय गूढ. तांचे उलवणें कुवाड्यासारकें.

पुण रूप सूर्यासारकें... चैतन्याची म्हुर्त... सूर्यच वाट चुकून भुयेंर देवला असो भास जावचो इतलों तेजपूंज.

यादीतल्यान भायर आयली... भायर काळोख. 'अहं ब्रह्मासी' कोडें अजून उलगडू ना. मनातलें द्वंद्वय सोपू ना. पुण साधुची भविष्यवाणी अर्धी खरी जालीच... वृंदावनात उफाट प्रेम मेळ्ळें. वृंदावन सोडून द्वारकेत पावली. कृष्णाक सोदूक.

मन एकाचकडेंन थीर जालें.

''तुज्यातली शक्ती जागृत जातली....'' बुवांची उतरा... शक्तीची जाणीव खूबदा जाल्या वाटेवेल्या प्रवासांत कितलेशेंच फावट ही जाणीव तीव्र जाल्या.

''तूं सादी बायल न्हय. भुरगीं, संसार ह्या पाशात घुस्पूक तुजो जन्म न्हय... उजवाडाची तू ज्योत...''

साधुबुवांची उतरा परतीय याद जाली.

आनी कितलेशेंच आवाज

आवाजाचे प्रतिध्वनी

प्रत्येक आवाज स्वतंत्र वेगळो. वेगळी लय... वेगळे नाद... दोळे धांपलें...

आपल्याच श्वासाची लय स्पश्ट आयकूंक आयली... आवाजाचो नाद

आनी श्वासाचो आवाज
दोळे उगडले
दोळ्यांफुडें कृष्णाची म्हुर्त
एकतारी छेडली...

धुपाचो परमळ, उजवातीचो चंदनगंध, दिवलेचो मंद उजवाड... आनी काळजात वेगळीच वेदना अनामिक... एकतारीची धून...

भायल्या जगाचें भान तुटलें.
म्हुर्तीकडेंन तनमनय जाली...
मन कृष्णप्रेमान भरून आयलें
मन, बुद्धी, आत्मो कृष्णार्पण
खूब वेळान मन भानार आयलें.

कोणाच्या तरी पावलांचो आवाज कोण तरी आयिल्लो... कोण?

राजा भोज?

मीरा भायर आयली तेन्ना राजा घोड्यार बशिल्ले...

''राजा भोज, आनी हांव दोगांय अग्नीच्या साक्षीन एकठांय आयल्यात. आमचे मर्दी लग्नाचें बंधन आसा. राजान कसलेंच बंधन म्हजेर लादूक ना. भोजराचें मन म्हळ्यार विशाल रूख आदार दिवपी.. सावळी दिवप. म्हाका सांभाळपी. पुण हांव?''

हांवे कसलें सुख दिलें राजाक? आज राजा भोजांच्या यादींनी मन भरला.

राजा भोजाक कसलेंच सुख दिले ना.

नकळटा राजा दुखावता.

राजा मेळूक येता.. सदाच कृष्णप्रेमान गुंग असता.. एक दीस तरी आपल्या लागी बसून मीरेन उवलचें आपलें सुखदुख वाटचें अशें राजाक दिसप स्वाभाविक.... राजान तर स्पश्ट सांगलाय तुजें जीवन तुवें कृष्णाक समर्पण केला तशें हांवे तुका... लग्न जातगीर बायलो संसारात रमतात, घर, घरकार आनी भुरगी... पुण हांव?

भोजराजान मेकळ्या काळजात म्हजें कृष्णप्रेम स्वीकारलें केदो त्याग तांणी केलो.

खरे तर सत्ता गाजवप हो दादल्यामनशाचो गुण. पुण राजा!! राजासारको मनीस दुर्मीळ! अहंकाराक, राजान आमच्या नात्यामर्दी केन्नाच येवक दिलो ना. अभिमान सर्तीक, असुयेक येवक दिलें ना. फकत त्याग.

''राजन ही मीरा तुमची अपराधी... मीरा कळल्या-नकळत तुमका हांवें

दुखायलां, तुमचेंकडेंन दुर्लक्ष जालां. पुण ह्या फुडें ही मीरा तुमका त्रास जाता अशी वागची ना... खरेंच वागची ना.''

त्या दिसा काळीज पयलेंच फावट राजाखातीर व्याकूळ जालें.

पयस भोजराजाचो घोडो गेला त्या दिशेक पळयत कितलोसोच वेळ बसली - कितलो वेळ... पुण राजा आयलें ना.

सकाळी बातमी आयली.

कोणाक सांगनानासतना, राजा राज्य सोडून पयस गेल्यात. वाऱ्यासारकी खबर सगळ्याक पावली.

''कालच राजा अशें कायच सांगनासतना पयस गेल्लें. तेन्नाच मन अस्वस्थ जाल्लें. राजा गेलें तरी खंय. ह्या सगळयाक हांवच कारणीभूत हांवच राजाच्या दुखाचें कारण.''

राजा खंय गेले?

कृष्णाचोच धावो करूंक जाय... राजाक परत हाडूक विनवणी करूक जाय...

''सख्या कृष्णा तूच म्हजो आधार. राजाक परत हाड...''

फुडें कायच सुचना... अबोल वेदना. अनामिक वेदना...

''कृष्णा कितें करू हांव...? तुजें रूप ह्या मीरेच्या काळजात बसला... तुजेबगर मीरेचें जायना. तू दिश्टी पडना... तळमळयता.. येवपाचें वचन दिता आनी येना... मागीर मीरेक कायच सुचना... भ्रमीश्टशी तुजी वाट पळयता. सदाच तशेंच घडता... राजा भोज आयलो हें कळलेंच ना... हें सगळें तुजेंखातीर कन्हैया. तुवें म्हजे चित्त चोरला.''

''तुजेखातीर मीरा पिशी जाल्या. दिसानदस पिशेंपण वाढत आसा. कळता सगळें मीरेक पुण... कशें सांगू तुका कन्हैया?''

दोळे धापले...

एक तारी छेडली

सूरच सूर

सूरात विलक्षण ताकद आशिल्ली. अशांत मन शांत जालें.

मन शांत जालें तेन्ना राणी कर्मवतीक मीरेन पळयली.

''राणी मॉऽ... तुमी केन्ना आयल्यो?''

''वा... दोनदा उलो मारलो. आयकून आयकूनाशिल्ल्यासारको केलो. ताटकळत दवरप, दुर्लक्ष करप आनी वयल्यान साळसुदपणाचो आव हांडप. वा.''

''राणी मॉ तुमी आयल्यात हें म्हाका खरेंच लक्षात आयलें ना. तुमी

गैरसमज-''

''बस्स. एक उतर उलवं नाका. नात्याचो मान दवरूक तुमका कळना. राणी तुमचेंकडल्यान आमी कसलीच अपेक्षा दवरूक फावना. राजघराण्याचो मान-सन्मान तुमी मातये भरवण केला. तुमी मान दवरूक ना तरी आमचो मान आमी सांबाळूंक जाय. राजमातेचो मान राजसून दवरना ही बातमी भायर पावली जाल्यार कितें लौकीक उरतलो. दुर्गापुजेवेळार जें कितें घडलें तें राजघराण्याक सोबपासारकें न्हय. नात्याची पर्वा ना. राजप्रतिष्ठेची काळजी ना. अश्यो तुमी वागतात.''

''राणी माँ... मुद्दाम हांवें कायच करूंक ना.''

''सगळें कळटा आमकां. भोळेंपणाच्या संवगाक राजाभोज भुलले म्हण ही राणी कर्मवती भुलची ना. आमी तुका जें सांगूक आयल्या तें सांगलें बगर आमी वचच्यो ना.''

''राजघराण्याक मान आसा, राजपरीवारातल्या दर एकल्यान मान सांभाळूक जांय आनी त्याखातीर नियम पाळूक जाय. राजघराण्यातल्या प्रत्येकाचेर लोकांचें बारीक लक्ष आसता. राजघराण्यातल्या प्रत्येक मनशान आपल्या मनार, वागण्यार, उलवण्यार संयम आसूक जांय. लोकांफुडें आपलें वागणें आदर्शच आसतलें हाजी जतनाय प्रत्येकान घेवक जांय. आमचें वागणें मात जरी चुकलें जाल्यार राजघराण्यान मेळयिलो लौकीक खिणात मातयेभरवण जाता. आपल्याखातीर अख्खो राजपरीवार बदनाम जावचो ना हें पळोवपाची जबाबदारी आमची, आनी नेमकें नाका तें तुमी करतात. ह्या घराण्याची राजसून हें विसरून मेळत तश्यो वागतात.''

''राणी माँ कृष्णाचें प्रेम...''

''अशें अजापान प्रश्न विचारलें म्हण उच्छंखल वागणें कोण नदरेआड करचो ना.''

जीव तोडून सांगलें तरीय राणी माँक पटचें ना. राणी मॉंची पूर्वग्रहदुषीत नदर बदलप सोपें न्हय हें कळ्ळें.

''ना उलवन शाणी राजघराण्याविशी भायर चर्चा चालू आसा... नाका नाका तें लोक उलयतात तुका सांगूक आयली तर तू कानामनार घेंना...''

''आनी कितें करू हांव राणी मॉ? कान्ह्याचें नाव घेवन कोण बदनाम जाला? खरें तर कान्हाचें नांव घेवंन सगळी चिंता पयस जाता. सगळी पापां धुवून वतात. पापी लेगीत पुण्यवान जाता.''

''परती जाप. अशीच बेमुर्वतपणान तुमी धर्मसभेत वागल्या. राजघराण्याचो, राजपुरोहिताचो सगळ्यांचो अपमान केला.''

''आपलें निरपराधीपण सिद्ध करपाक सत्य उलयलें म्हण कोणाचो अपमान जायना.''

''राणी कर्मवतीक स्पश्ट सांगपाचो धीर कोणाकच नाशिल्लो. राणीच्या राणीपणाचो मान आनी धाक सगळ्यांच्या मनात आशिल्ल्यान कोणाकच असो धीर केन्ना जावक ना. म्हज्या परखड उलवण्यान राणयेचे मन दुखावलें आनी अहंकारय दुखावलो. मीरेकडेन उलयतना साधेंपणान उलवन कायच उपयोग ना. धुर्तपणान वागूक जाय. राणी धूर्त. बुद्धीन खेळपात राणयेचो हात धरपी कोण नाशिल्लो. मीरेक असो प्रश्न विचारूक जाय की निरूत्तर करूक जाय.'' अशें राणी मॉन येवजिलें आसतलें.

राणी माँन म्हळें, ''घोवाच्या नावाबगर आनीक खंयचेंय नांव तोंडात घेवप हें योग्य न्हय. तातूत तुमचें आनी कृष्णाच्या नात्याची चर्चा घराघरात चलल्या. तुमच्या आनी भोजराजाच्या नात्याविशीं चर्चा चलल्याच तातूत राजाभोजय ना कांयच सांगनसता राजाभोज भायर गेल्यात. कालच्यान तांचो पत्तो ना. खंय गेला कित्याक? कोणच सांगना.''

संसारी जीवन जगपाचेंच नाशिल्लें जाल्यार लग्न करून चित्तोडच्या राजघराण्यात तुमी कित्याक आयल्यो? लग्न म्हणजे एक संस्कार. लग्न म्हळ्यार खेळ न्हय. राणी राजघराण्याचो मान राखिना. लग्नाचे संस्कार मानीना.''

कितें उलवचें काय कळूक ना. पयलीच राजा भोज गेला म्हण मन अस्वस्थ आशिल्लें. तातूत राणी मॉची कडक उतरा. राणी मॉ उलयता तेंय सत्यच आशिल्लें.

''बायलांखातीर जीवनसांगाती देव... कृष्णाचें नांव दीसरात घेवप. ताजेंर प्रेम करप ही अक्षम्य चूक.''

''कृष्णाचें नाव घेंवप ही म्हाका चूक दिसना.''

''ताळतंत्र नासतना तुमी वागता, मानमर्यादा चालीरीती कायच मानीना. तुमचें वागणें तुमका बरें दिसता. मनाची ना ती ना जगाची लज बाळगूक जाय. तुमी राजघराणाची सून. तुमचे जीवन राजाभोजाकडेन बांदिल्लें आसा. कर्तव्याची जाणीव करून दिवकच जाय म्हण हांव आयल्या. आनी इतलें कृष्णप्रेम आशिल्लें तर लग्न कित्याक केले? कुळाची पर्वा ना, मानमर्यादा ना आपल्या वागण्यान आपल्या सागात्याक त्रास जाता हाजी पर्वा ना.. राजा भोज तुमका जपता, सांभाळता

तांचीय पर्वा ना. म्हुर्तीं तुमका सांबाळटली राणी?''

राजा भोजाची कितलीशीच रूपां म्हाका याद जाली. लग्नविधी करतना राजा भोज... लग्नाच्या पयल्या रातीचो प्रसंग... म्हाका एकांतवासाची शिक्षा जातगीर अस्वस्थ जाल्लें राजा भोज...

''कन्हैयाऽ'' मनातल्या मनात कन्हैयाक उलो मारलो.

''हांवें म्हजें जीवन तुका समर्पीत केला.'' राजा भोजान सांगिल्लें.

''कन्हैया, ही मीरा तुजेंर प्रेम करता... कृष्ण मीरेचो सर्वस्व... कृष्णाक जीवनात स्थान आसा तितलें राजाभोजाकय आसा. मीरेखातीर राजाक त्रास जावक जांयना. मीरेक तू वळखता... तुजें म्हजें नातें... तातलें पावित्र्य तू जाणा आनी राजा भोज जाणा... कृष्णा तू द्रौपदीच्या उत्याक धावून आयलो. . आज ही मीरा संभ्रमात सापडल्या मीरेक मार्ग दाखय.''

दोळें धापलें कृष्णाचें स्मरण केलें.

''प्रभुची भक्ती करप हो उच्छंखलपण जांवकच शकना. राणी माँन आरोप केले आनी म्हजें मन रोकडेंच दुबळें कशें जालें? कृष्णाचें आनी म्हजें नातें पवित्र. भोजराजाचें आनी म्हजें नातें सुंदर. राणी मॉक सांगलें म्हण कळचेंय ना. आनी समजूवचेंय ना. ह्या वेळार शांत रावपच योग्य.''

''मीरा, तुमच्या मौनान आमचे मन संभ्रमीत जाला. राणी तुमचेकडेन वागप कशें तेच कळना. तुमचे निश्पाप भोळे रूप खरें? काय उदेंखळ रूप? बेपर्वा वृत्ती खरी कांय शांत रूप?''

''राणी मॉ. खूप पयलींन म्हज्या भुरगेपणात साधुमहाराजान ही म्हुर्त दिल्ली तेन्नाच्यान म्हजें जीवन बदललें. इश्टीणी सुटल्यो, मॉबाबा पयस गेलें. म्हज्या मॉच्या मर्णा उपरांत हो कृष्णच म्हजो आधार जालो. आवय... बापूय... सर्वस्व कृष्णाबगर कशी रावू?''

''हांव राणी मॉ?''

''मीरा आमचे काळीज आवयचें. वोगीच रागार जायना. रागार जाता तुमी ह्या घराण्याच्या सुनेक फाव तश्यो वागतात. राजघराण्याचो मान राखपाक जाय...''

''हांव राजमाता भावनेच्या भरात व्हावून वचप म्हाका सोबना. पटनाय.''

''मीरा, तुमका कपट कळना. व्यवहार कळना पुण हें जग इतलें साधें ना. आपल्याक जांय तशें जगप शक्य ना. राजघराण्यातल्या सुनेक, तर दुसऱ्याखातीर जगचें पडता हें सत्य अनुभवान आमी शिकल्यात. राजहीत पयलीन सांभाळचें पडटा. प्रभू रामाक सुध्दा लोकाखातीर सीतेचो त्याग करचो पडलो. राजघराण्यातल्या

मनशांची दुख्खाय असामान्य. चित्तौडाचें हित पयलीन पळोवक जांय.''

''मीरा कृष्णाचें चरित्रच विलक्षण. अद्वितीय. जन्म-जीवन प्रवास आनी महानिर्वाण. गोपी कृष्णाखातीर पिश्यो जाल्ल्यो. आपल्या रंगात कृष्णान गोकुळाक रंगयलें. राधेन तर लज सोडून, कुळाची मानमर्यादा उपून कृष्णाचेंर प्रेम केलें. कोणाचीच पर्वा केली ना. पुण तो काळ वेगळो. तेन्ना साक्षात कृष्णच राधेबरोबर आशिल्लो. तुमच्या सांगाताक कृष्णय ना... राणयेक पिशें लागला अशी चर्चा सगळ्या राज्यात चलल्या.... भोजराचाचें आनी तुमचें लग्न कितलो तेप टिकतले? मीरा तुजें मन कळता म्हाका पुण आमी समाजात रावतात. समाजाचें नियम आसात तें मानूकच जाय.''

''राणी माँ हांव कितें करू? हांवय मनाक खूप समजायता सिसोदिया घराण्याकडेंन नातें जुळप हें भाग्य अशें मनाक सांगता. भोजराजासारको जीवनसांगाती, तुमच्या सारक्यो आवयच्या मायेन वागपी दोन दोन मायो पुण कृष्णाच्या म्हुर्तीक पळयतगीर म्हजी भ्रमीश्टासारकी स्थिती जाता. कांयच याद उरना. ह्या घराण्याकडेंन आशिल्लें नातें, म्हजें अस्तित्वय विसरता. राणी माँ कांयच सुचना म्हाका.''

''राणी, कशें वागप- मनाक कशें आवरप तें तुमी थारावप. मन तुमचें, तुमच्या मनाचेंर संयम तुमीच मेळोवक जांय. राजघराण्याची जबाबदारी फुडें तुमचेंर पडतली. सिसोदीया घराण्याक वारस जाय. तुमका समजावपाचें काम केलां. मीरा तू आमका चलयेसारकी. आमी तुमकां चलीच मानता. आवयच्या मायेन आनी अधिकारान चार उतरा सांगली. तुमका जगाचें छक्केंपंजें कळनात, कपट कळना. भावनाप्रधान जावन कृष्णप्रेम करतात. व्यवहार शिकचोच पडता. शाणेपणन वागचें पडता. विवेकान वागात आनी कितें सांगू? ''

राणी माँ गेली आनी मीरा विचारात शेणली, ''राजघराण्याकडेंन कर्तव्या आसात हें खरें. राजघराण्याक वंश दिवपाची जबाबदारी तुजी अशे राणीमॉन सांगला तेंय खरें. पुण मनात प्रेमाचीच भावना फुलना आनी भुरगें जाय अशेंय दिसना. चारचौघासारकें जगपाचो उमाळोच येना मनाक... हेर चलया सारकें संसार करचें, भुरग्याक जन्म दीवचो अशें कित्याक दिसना? सगळी नाती, मनाचे उमाळे, प्रेम कृष्णातच विरघळून गेल्यात.''

''कन्हैया तूंच दाखय वाट तूच काड ह्या संभ्रमीत अवस्थेतल्यान भायर. ह्या मीरेखातीर राजा भोजाक त्रास जावनय जांयना. चित्तौडच्या राजघराण्याक त्रास जावंक जायना.''

कृष्णाच्या म्हुर्तीकडेन बसली. दिवो लायलो उजवाती लायल्यो. ''खरें तर ह्या म्हुर्तींची आता गरज ना. हें सगुण रूप मनात स्थिर जला. फकत म्हुर्तीची सवय जाल्या म्हण सवयीनं पुजा करता... कृष्णाचें रूप म्हज्या कणाकणात विरगळता. दुधात साखर विरगळता तशी. दोळें धापून मीरा बसली आनी एकतारी छेडूक लागली... मीरेन दोळे उगडलें.''

यार्दीनी मीरेक चित्तौड पावयिल्लें. आपूण द्वारकेत आसा हाजो विसर पडिल्लो. उठली भीतर आयली. मादरेर आड पडली... परत चित्तौडातल्यो यादी भिरभिरूंक लागल्यो.

चित्तौडात राजाच मीरेचो एकूच एक आधार.

पयसुल्ल्यान घोडो येतालो... राजा भोजाचोच घोडो...! धावत आयली पुण तो राजा भोजाचो घोडो नाशिल्लो. मन निराश. राजा ना आनी म्हुर्तीपुजेतय मन रमलें ना. दोळ्यांफुडें राजाचेच रूप. राजान खुपदां सांगिल्लें, ''ह्या राज्यामदी कृष्णाचे रूप पळय. तशेंच जाल्लें. राजन खंय आसात तुमी? ही मीरा तुमची अपराधी. कितें जांय ती शिक्षा करात. पुण राजन परत येयात.''

''मीरा ऽ'' आवाज आयल्लो. राजाचो आवाज काय मनाचो भास?

पुण भास न्हय राजाच साक्षात फुडें उबे.

''मीरा तुमची हें सत्य आनी मीरा कृष्णाची हेंय सत्य''राजाक सांगचेशें दिसलें. पुण उतरच सुटलेंना.

''मीराऽ अशी कितें पळयता?''

''राजन खंय गेल्लें तुमी? हांव जाणा म्हजें चुकता पुण जें कितें घडता तें कान्ह्याक लागून. राजन म्हाका क्षमा करात. हांव चुकता.''

राणी आमचीच चूक जाल्या.

ती कथाच. सांगता पण सगळी कथा आयकतगीर गैरसमज करून घेंव नाका. राजा सांगूक लागलें

६

''तुमका जाल्ली एकांतवासाची शिक्षा तुमका वरदानशी दिसली. आमका दिसलें एकांतवासाची शिक्षा आमकां जाल्या. ह्या राजा भोजाक '' अशेंच म्हाका दिसताले. मीरा कशें सांगप. उतरा एकटाय करता.''

''राजा, तुमचें मन वयर सकल जाता तें कळटा. राणी मॉ येवन गेल्ल्यो तांणी

म्हाका सगळें सांगलें... राज्यात कितें चर्चा चालू आसा - सगळें कळ्ळें... राजा, म्हजेखातीर हें त्रास. तुमका सोसचे पडतात. म्हजेकडेन लग्न जावन तुमका कांयच सुख मेळूक ना. एकलेंपणच पदरात पडलें... राजा पुण हाजेफुडें तुमका त्रास दिवचो ना अशें थारायला. पळवया कशें जमता तें.''

''वचन मात दिना... वचन पाळप हे मीरेक जमतलें कांय ना हाजो भरवंसो ना. राजा तुमी कितें तरी सांगतालें... हांवच उलवंक लागली.''

''शिक्षा तुमका जाली पुण ती शिक्षा आमीच भोगतात अशें दिसूंक लागलें. मन खूप निराश, वित्रागलें शेणिल्लें मन धाकडेंन धावता. तशीच स्थिती जाल्ली आमची..''

सहजीवन हें विश्वासाच्या बुन्यादीर उबें आसता. तुजेंकडेंन कायच लिपवपाचें ना मीरा... मनातलें सगळें सांगतलो तेन्नाच मन ल्हव जातलें.

''मीरा लागीं रावचेंशें दिसप हें स्वाभाविक. एकांतवासाची शिक्षा जाली आनी तुमचो सहवासय मेंळना जालो. जेन्ना मेळूक येंता तेन्ना तूं म्हुर्तीफुडें देहमन उफाळून येतालें. शरीराक आनी मनाक खिणाखिणाक आमका सांभाळचें पडतालें. देह म्हळ्यार सर्वस्व न्हय पुण देहाचेंय धर्म आसात. मदीच आसक्ती उफाळून येताली. पयल्या रातीक संयमान वागलो. राणी तुमका वचनय दिलें. पुण मन आनी देह आवरप म्हळ्यार तपश्चर्या हें कळतालें. सत्व परीक्षाच आमची...''

तातूत आमच्या नात्याविशी चर्चाय सुरू जाली... लोक मेळत तशें उलयतालें.

अशाच अस्वस्थ मनस्थितीत आसतना राणी माँ आयली. खरें तर उलवपाच्याय मनस्थितीत आमी नाशिल्लें. पुण राणी वीरकुवरी माँक परती धाडप शक्य नाशिल्लें. राणी माॅ म्हजी सावत्र आवय पुण राणी माॅक आमी केन्नाच सावत्र आवय मानूक ना. आमच्या माँ सारकीच राणी माँय.

राणी माँन विचारलें,

''कितें जालें? तोंड उदासशें?''

''काय ना.''

''तुमका फोट उलवक जमना राजा. तुमचें तोंड हारशासारकें. मनाचें पडबिंब तोंडार उदेता म्हणून तुमच्या सरळ स्वभावाचो खूप जाणा गैरफायदो घेतात. तुमका कृष्णप्रेमाविशी चर्चा चलल्या. मीरेचो दुस्वास आमी करीनात. मीरेच्या नदरेन विचार केल्यार तिजें वागणें योग्यय आसत. पुण आमच्या राजघराण्याचो विचार करूंक जाय. राजा तुमी क्षत्रीय वीर. तुमका युद्धार वचचें पडता. राज्य चलवचें पडटा. तुमची जीण प्रजेखातीर. तुमच्या नात्याविशी जेन्ना जाहीर चर्चा जाता तेन्ना

राणी म्हण आनी आवय म्हण मन अस्वस्थ जाता. कृष्ण हो देव कृष्णाचेर मीरा प्रेम करता. मर्यादेन वागणें सोबता बरें दिसता. सोबताय. मर्यादेन रावन कितेंय केल्यार बरें दिसता. मर्यादेन वागप ना आमच्या संस्काराक पटना. आमचें संस्कार सांगतात, बायलेक घोव होच देव आनी संसारच देवूळ. भुरगीं भक्तीचो प्रसाद. राजा तुमका दुखावपाचो म्हजो हेतू ना. मीरेक तुमी जपतात हें आमका मान्य पुण ह्या राज्याखातीरय तुमची जबाबदारी आसा. मीरेचें कृष्णाचेर दीव्य प्रेम आसा पुण संसारात आमी रावतात. ह्या संसारी जगाचें कायदे आसात, कर्तव्याय आस्सात, ती पाळूक जांय.''

राणीमाँन केल्ले अस्वस्थ मन चड अस्वस्थ जाल. प्रश्न पडलो कितें मेळ्ळें? मीरेकडेंन लग्न करून? लग्नाउपरांतचें सुंदर दिसाचें सपन रंगयिल्लें. पुण सुंदर सपनाचो पयल्या रातीच गोबोर जालो सहजीवन फुलपाचो निश्चय केलो पुण कृष्ण कृष्ण कृष्ण. मीरा आमची जीवनसांगाती कांय कृष्णाची?

कृष्ण तोय म्हुर्ती... म्हुर्तीकच सांगाती मानप... तातूत लोक मीरेक पिशी म्हणतात. भ्रमीष्ट म्हणतात... परीवारातले लोक तर मनोरूग्णय मानतात. आमचें मन सैरभैर जालें. आमच्या मनात विचार आयलें.

''म्हुर्तीकच आपलो जीवनसांगाती मानप आनी दीस रात म्हुर्तीकडेंन उलवप ही लक्षणा पिशाचीच. राजवैद्यानय मीरेच्या दुयेंसार राकड्यान राकडो उपाय करूंक जांय अशें सुचयला... मीरेक वायट दीसत म्हण ती कल्पनाय रद्द केली... मीरेचो इतलो विचार करता पुण मीरा खंय करता ह्या राजा भोजाचो विचार?''

आपल्या जीवन सांगातीकडेंन उलवचेशें दिसलें. तर कितें चुकलें.... पुण उलवकय मेळना हें कसलें सहजीवन? हें कसलें लग्न..? कठोर सत्य कशें सोंसप...

मन व्याकुळ जालें... दोळ्यांत दुखा आयली. दादल्या मनशाक रड्कय मेळना. तातूत राजा भोजाच्या दोळ्यांत दुखा सोबची ना. राजा भोज वीर राजा. पोटभर रड्कय मेळना. मनातलें शल्य कोणाक सांगूक जायना. मन अनावर जावक लागलें... अशा उद्वीग्न मनस्थितीत आमी राजवाडो सोडलो. पयस वतगीर मात्शी मनाक शांती मेळतशी अशें येवजिलें. मनाची भग्न अवस्था घेवन आमी भरकटत रावले.

घोड्याचें पाय धावतात थंय...

थकतगीर तसो झाडामुळात विसव घेतालो तेन्ना दोळ्यांफुडें तुजेंच रूप. मनात येतालें. ''वेगळें सुंदर सहजीवन जगपाचें थारायिल्लें फकत सहवास पुण तोय

नशिबान ना..''

... थकिल्ल्या मनान दोळें लागलो.

सपन पडले. विचित्रतशें सपन.

कृष्णाची म्हूर्त... म्हुर्तीक पयस दवरून मीरा लागी येंता. हात हातांत घेंता... आमच्या देहाच्या कणाकणात तृष्णा... मनात ओड.

''राजन तुमीच म्हजें कृष्ण.''

''तानेल्ल्या मनशाक अकस्मात गोड रूचीक उदकाची घागर मेळतगीर ताजी स्थिती जाता तशींच आमची जाली.''

''राजन हें कितें? कितलें प्रेम करतात- कोणय पळयत.''

''कोण पळयतलो?''

''म्हुर्ती.''

''म्हुर्ती... ही निर्जीव म्हुर्ती आमच्या मदल्यान केन्ना वतली...'' जाग आयली... मीरा लागी तुमी ना हो फकत भास... घायाळ जाल्या शेवण्यासारकें चित्कार करूक लागलें. कितलोसोच वेळ अवस्थेत रूखामळा पडून रावलो.

खूप राग आयलो ह्या मनाच्या अपंगुळ अवस्थेचो. इतल्यान घोड्याची किंळांच कानार पडली. मनोराज्यात दंग जावन त्या मोन्या जनावरकडेंन आमी दुर्लक्ष केल्लें. घोड्याक उदक पिवक जांय... ताका घेवन लागी खंयय तळें आसा जाल्यार पळोवक उठलो. भोवतणचो वांठार खूपच सुंदर. आमच्या राज्यातल्या प्राचीन भुयेंचें सुंदरपण दोळेंभरून पळयलें... उदक व्हावतालें. घोड्याक उदक पीवक सोडलो...

व्हावपी झरो. पयसुल्लें दोंगर... मळब , भुंय कितली सुंदर. दर ऋतून रंग बदलता. नटता शिंगारता ह्या भुयेंच्या आंगार खेळून ल्हानाचो व्हड जालो. शेवण्याची गीता आयकल्यात, आषाढात पावस पडतगीर मोर केंकायतात आनी शेंपो फुलोवन नाचतात. युद्ध करूक भायर सरला तेन्ना घोड्यार बसून राना माडयल्यात... तेन्ना रानाची रूपा पळयल्यात कीण्ण रान... दाट काळोख... रातकीड्यांची कीरकीर श्वापदांची गुरगुर... दाट दारात हासत नाचत शिवरिल्लें चांदाणें... सगळें सगळें याद जालें. भुयेंच्या आंगावेली पाचवी शालशी शेता, मळबाक वेंगावपी रूख... रूखार नाचपी इल्लीशी चानी.... सैम म्हळ्यार अप्रुप. जीवसृष्टी त्यापरस अप्रूप.

घोड्याचें उदक पीवन जाल्लें. रान घनदाट जालें.. वड... पिंपळ... चिंचेचे रूख आनी कितलेंशेंच रूख... तकलेर सुर्य उजो ओकतालो. हुमेन कपडें चिप्प भिजिल्लें... घोड्यांचो लगाम ओडतगीर घोडो धावतालो आनी मनय.

आमी शत्रूकडेंन झुजूक घोड्यार बसून वतना मनात डावपेच घोळतालें.

कितलें सैन्य आसा ताजो कसो वापर करप? कसो सापळो लावप? पुण आता मन दिशाहीन जाल्लें. आनी वाटय. वाऱ्याचेंर सुकिल्लें पान भिरभिरत वता. पावता थंय पावता तशीच स्थिती जाल्ली. खूप पयस पावलो. सांज जाली... सूर्य मावळपाक लागलो. घोडोय थकिल्लो... घोड्याक बांदलो. खरें तर खंयच्या तरी गावात विसव घेवक जांय आशिल्लो पुण लक्षातच आयलें ना. आयची रात हांगाच काडच पडली. येवजिलें राजवाडो आनी रान सारकेंच आनी चडानचड कितें जातलें एखादे हिंस्त्र रानवटी जनावर येवन शिकार करतलें. मन निराश आशिल्लेंच थकिल्लें मन आनी देहय. न्हिद लागली... सूर्य उदेवचे पयलीच जाग आयली. शेवण्याच्या कुलकुलाटीन. 'मीरा महालात मोव मोव रजई पांघरून न्हिदपाची सवय... पुण त्या जाग्यार शांत न्हीद लागिल्ली. ताळो सुकिल्लो. घोटभर उदक पिवंक जाय. लागी वस्ती ना. पुण झरो आसतलो. उदकाच्या शोधात विडविडत भोवलों. अटंग रान... ह्या रानातल्या रूखाक उदकाची गरज ना. पावस पडता तेन्ना एकदाच उदक पीवन घेंतात... घोडोय तान्नेलो घोड्याचेंर बसून उदक सोदूंक लागलों.'

हावाशीव करून तळें मेळ्ळें... तळें आसा म्हणटगीर फुडें वस्ती आसतलोच. वाडिल्ली शेता.. आंब्याची वना... फुडें पावलो एका पडिंग देवळाकडेंन आज हांगाच विसव घेवप अशें येवजीलें. थंयच म्हजी भेट बाबाकडेंन जाली. साधुबाबा आनी ह्या राजाभोजाचें दोळें उगडलें. तांका प्रश्न सांगलें.

साधुबाबा दिव्य पुरूष.. तांणी म्हळें, ''राजा, देवाचेंर जशी आमी श्रद्धा दवरतात तशीच नात्याचेंर दवरूक जांय. मन शांत आसात तर तें शक्य आसा. आता तुमचें मन अशांत आसा गोंदळिल्लें आसा. अशांत मन वादळासारकी जीण. फकत उद्‌ध्वस्त करता.''

''पुण बाबा मीरेचो विचार आमका अस्वस्थ करता.''

''राजा अशें पयस वचून प्रश्न सुटतलें? मन शांत जातलें? आताय तुमी इतलें पयस आयल्यात. तुमच्या मनात मीराच आसा.''

''आमका फकत मीरेचो सांगात जांय बाबा. आनी तेंच सुख मेळना.''

''मागीर तुमी पयस कित्याक भोंव भोवतात? राजान मनशाची आपल्या धर्मार, कर्मार, देवार श्रद्धा जाय. मीरेची कृष्णभक्ती होच तिजो धर्म, भक्तीच कर्म आनी कृष्णाच देव. तेंच श्रद्धास्थान आनी कर्म हो तुमचो धर्म. तुमी राजा प्रजेचे रक्षण करप हें तुमचें कर्तव्यकर्म.''

''कर्तव्यय कळटा पुण मीराय जाय.''

बाबा गूढ हासलें म्हणूंक लागले.

''मीरा हें तुमच्या दुख्खाचें कारण आनी मिराच दुख्खाचेंर उपाय पुण राजा मीरेन आपलें जीवन कृष्णाक समर्पीत केला.''

''ताका म्हजी कायच हरकत ना पुण-''

''राजन कळता तुमची मनस्थिती. मीरेचे लक्ष मात्शें तरी आपल्याकडेंन वळचें अशें तुमका दिसता. तातूंत तुमची मातय चूक ना. पुण राजन हेर लोकांसारकें तुमचें जीवनय ना आनी नातेंय. प्रत्येकाचें दैव वेगळें. कृष्णाचें स्मरण कृष्णाच्या भक्तीत मीरा तल्लीन जाता. राजन नामस्मरणात सगळें जीवनच परमळता पवित्र दिव्य जाता...''

साधुबाबांची उतरा वर्णन करप सांगप शक्य ना. तांच्या सात्वीक पवित्र वाणीच्या शिंवरात हांव चिप्प भिजलो. शीव आनी शक्ती मदलें म्हणजें कितें हाजें वर्णन तांणी केलें. सगळें उतरांनी सांगूक नजो. बाबांची कांय उतरा याद आसात.

तांणी म्हळें, ''राजन, मीरेक संसाराच्या बंधनात बांदून दवरप शक्य ना. आनी तुमचेंय जीवन बांदून घेव नाकात. मीरा आनी तुमचें सहजीवन वेगळें नातेय विलक्षण.... दैवी. हें सत्य मनातल्यान स्वीकारात मागीर मनाची दुविधा सोपतली. मन शांत जातलें. तुमच्या जीवनात वेगळेंच सुख तुमका सापडटलें.''

राजा संसार करप, वंश वाढवप अशें जीवन तुमच्या भाग्यातच ना. जें ना तें कितलोय अट्टाहास करून मेळचें ना. जें ना ताजी खंत करचें परस जें आसा तातूत समाधान मानप गरजेचे. राजन तुमी आनी मीरा साधो संसार करूक येवंक ना. 'कैवल्यानंद' हेंच तुमच्या जीवनाचें ध्येय. कैवल्यानंद म्हळ्यार कितें?

कैवल्य म्हळ्यार 'फकत आसप' -

'पुरूष' हो अनादि आनी सदाच आसता. तो सदाच कैवल्यावस्थेत आसता. अज्ञानान 'पुरूष'प्रकृतीच्या पसाऱ्यात घुस्पता, रमता आनी मग्न जाता आनी कितलेशेच जन्म मर्णाच्या जाळ्यात घुस्पता. फकत भाग्यवंताचो, ताज्या पूर्व पुण्याईक लागून परती वेगळो प्रवास सुरू जाता... मागीर मुळाकडेन म्हणजेंच कैवल्यावस्थेत पावता... राजा कैवल्यानंद अवस्था प्राप्त करप हें मीरेच्या जीवनाचें ध्येय... तुमका म्हजें उलवणे कळचे ना. गूढ असंदिग्ध दिसतलें. पुण हेंच सत्य. हीच वस्तुस्थिती. तुमी अशांत रावलें तर अशांतच उरतलें. मीरेन आपल्या काळजात कृष्णाची म्हुर्ती स्थापन केल्या आनी तुमी मीरेची म्हुर्त आपल्या काळजात स्थापल्या.

''बाबा मनातलो संभ्रम सोपलो. तुमी मेळू नाशिल्लें. जाल्यार हो राजा भोज आसोच विडविडटालो आशिल्लो. अशें म्हणतात बाबा शिष्याचें अंतकरण गुरूक

कळता. अंतर्ज्ञानान गुरू सगळें जाणता. शिष्याक तो उजू वाट दाखयता. ज्ञान कितें, अज्ञान कितें हाजें मार्गदर्शन करता. गुरूच दिशा दाखयता. तुमचें आभार कशें मानप? हो राजा भोज जन्मभर तुमच्या रीणात साधुबाबा.''

''राजा हें सगळें ब्रह्मांडच गुरू. आमची नदर फकत पावना कित्याक? आमी मायेन घुस्पतात. आमची जाणीवेची कक्षा सामकी संकुचीत. अज्ञानाक लागून आमी शिकूंक पावनात. दोंगर कांयच मागनासतना आमका दिता. वारो आनी मळब सगळ्यांचेंर मायेची सावळी पातलायतात. गरीब, गिरेस्त, लंगडो, कुड्डो हो भेदभाव करनात. वारो सगळ्यांखातीर प्राणवायू घेवन येता. पुण आपणें व्हड काम केला असो अहंकार मातय बाळगिना. उदक तर जीवन दिता अग्नी जें कितें हीण, वायट आसा तें भस्म करता. सूर्य तेजाचो, उजवाडाचो अखंड शिंवर करता. अस्तंतता तें उदेता आनी उदेतता तें अस्तंता. मनातली आशा सोडू नाकात हें सूर्य सांगता. राजा हें सगळें गुण आमचेंमदी जन्मताच आसतात. भुरगेंपणात 'अहं' खुपच सूक्ष्म आसता म्हूण भुरग्याक मानअपमान कळना. पुण ल्हव ल्हव आमचो 'अहं' वाढता मागीर आमी 'अहं'च्या अधीन जातात. राजा मनशाक खरें तर गुरूची गरज ना. सैमच गुरू... राजा आमच्या सहजीवनातय 'अहं'येताच. मनशाचें जीवन 'अहं', 'हांव'. 'म्हजें' हातूत घुस्पता. प्रेम, अनुराग, राग, माया, वात्सल्य क्रोध, लोभ, मोह, मत्सर अशी भावनांची ल्हारा मनशाक शांत बसूंक दिनात. ह्या भावनांत मनीस घुस्पता फकत 'अहं' अहंकार हो सगळ्यात व्हडलो शत्रू. अहंकार मनीस अंतर्मुख जावन आत्मचिंतन करतनाय मनशाची फाट सोडना. 'अहंचक्रात' मनीस वाटंकुळचो घुवता... 'हांव' सुखावलो की दुखी जाता आनी 'हांव' दुखावलो की अस्वस्थ जशें तुमी जाले... तुमका तुमच्या नात्याविशीं प्रश्न पडलो. राजा तुमची चूक ना. देवाचें स्मरण करतना पुजा करतनाय मनीस लाभाची अपेक्षा बाळगीता. नामस्मरणात गुंग आशिल्ल्या साधुंच्या मनातय, मनाच्या मूळात सुक्ष्मरूपात केन्ना केन्ना विकाराची ल्हारा फुटतात. विकार, अहंकार फोसस् करून फणो उबारता. राग, अहंकार हें साधुबुवांक तपस्व्याक लेगीत संपूर्ण भस्म करप जमना. एखाद्याच मनशाक आपलो अहंकार भस्म करून ''निरामय स्थिती'' मेळता.... पुर्णानंद मेळता. निरामय आनंदाची ओढ. ही ओढ मीरेत आसा.''

अशा मिरेकडेंन तुमचें नातें जोडलां आनी फकत तुमच्याकडेंनच तिजें नातें जोडपात त्या परमात्म्याचो कितें तरी हेतू आसतलो. राजा तुमी दोघांय मुक्त चैतन्याची ल्हारां. तुमी मुक्तय आसात. तरीय सुंदरशा नात्याचें बंधन तुमचें मदीं आसा.

सैमाच्या रूपान उर्जा भोवतणी आसा... उर्जा म्हळ्यारच देव.

सैम निर्माण जावचें पयलीन उर्जेच्या रूपान जी सगळी उर्जा आशिल्ली ती निर्गुणाकार उर्जा होच देव. मनशान आपल्या जाणीवेप्रमाणें ताका सगुण रूपात पळयलो. मानलो. पुजलो.

'' प्रलय आयलो... जग बुडलें... जीवसृष्टी सोपली तरीय ही उर्जा आसतलीच. अनादी अनंत विश्वातलें आमी ल्हानशेंच घटक. ह्या अनंत विश्वात आमचें म्हत्व कितलें ल्हान आमका ताजी फकत जाणीव नासता. ह्या परमात्म्याच्या शक्तीरूपी उर्जेंत विलीन जावपाचें भाग्य खूप थोड्यांक मेळता. मीरा तातली एक... मीरा कृष्णाची भक्ती करता मीरा विश्व उर्जेंत विलीन जातली. मीरेक फकत जाणीव जावक ना आनी तो वेळ अजून येवंक ना.'' बाबांची दिव्य उतरा.

''बाबाच्या रूपान आमका गुरू मेळलो. आमच्या क्षुद्र सुखदुखात घुस्पनासतना नवी सुंदर वाट दाखयली. चुकिल्ल्याक खरी वाट दाखयता तें गुरूअशें आयकल्लें. बाबाच्या रूपान अशा दिव्यगुरूचो सहवास मेळलो. समुद्रमंथनातल्यान अमृतचे घट भायर आयिल्ले. गुरूच्या विचार मंथनातल्यान अमृत घेवन हो राजा भोज परतो आयिल्लो. बाबांच्या परीसवाणीन सगळें विकारच भस्म जालें... मीरा. आनीक कितें सांगू ही राजा भोजाची काणी. राजवाडो सोडून गेल्या उपरांत अशें घडले.''

''राजन, तुमचे आयकून वाणीच मोनी जाल्या. तुमचें गूढ उलवणें, बाबांचो गुढ संदेश कायच ह्या मीरेक कळूक ना पुण इतलेंच कळलें राजन तुमचें आनी मीरेचें नातें ही प्रभू देवाचीच इच्छा...''

''हय प्रभू देवाचीच इच्छा. मीरा तुमीच आमका प्रेम करूक शिकयलें - राजा भोजाक प्रेम करूक शिकयलें. मनीस प्रेम कोणाचेंर करता?''

जो आवडता ताजेर...

तुमचेंर प्रेम करता करता तुमच्यामदल्या दैवीगुणाचेंर प्रेम करूक शिकलो. दैवी दिव्य प्रेम. सुंदर नाते. देहाची सीम उपून निरासक्त निरामय खोशी मनाक दिता अशें प्रेम. आपलें सर्वस्व विलीन करून प्रेम करू येंता हें तुवेंच शिकयलें. राणी, तुमच्या कृष्णप्रेमान भोजाक प्रेम करूक शिकयलें. कृष्ण जितलो तुमका प्रिय तितलीच तुमी आमका प्रिय.

''राजन?'' इतलें प्रेम करतात तुमी ह्या मीरेचेर?

''जिवापेल्यान''

भोवतणी आशिल्लो मंद उजवाड उजवातीचो परमळ आनी भोजराजाची उतरा.

''कृष्णाच्या म्हुर्तीकडेन निरांजन मंद तेवतालें देवाकुडीतलो. कृष्ण मंद हांसतलो.''

''कशें वर्णन करू मीरा मनातलें? आपल्या मनातली तळमळ कृष्णाक सांगूक तुमी पदां रचता आनी तें गायतात आमच्या मनातलें सांगूक उतरा उतराक धडपडचें पडता... एकतारी वाजता देहभान विसरून तू अभंग म्हणता... तशेंच प्रेम हो राजा तुजेर करता. पुण आमका फकत सांगूक येंना. कृष्णाच्या म्हुर्तीचेर प्रेम करता तितलें त्यायपरस चड प्रेम हो राजा भोज तुमचेर प्रेम करता. तुमी आनी कृष्ण वेगळे ना. तशेंच राजा भोज आनी मीरा वेगळी नाच. प्रेमाचे सुंदर रूप.''

''राजन इतलें प्रेम करतात तुमी ह्या पिशा मीरेचेर?''

''प्रेम मेजूक येंना. प्रेम हें अमीत. प्रेम अमर्याद तुमच्यान सांगूक येता तू. कितली प्रेम करता ह्या घनश्यामाचेर? अभंग रचतगीर तुमका दिसना? घनश्यामावेलें प्रेमाचें वर्णन करू नजो अशें तशेंच प्रेम.''

हांव तुमचेर प्रेम करता. आमच्याय मनात प्रणयाचें रंग फुललें, मन आसक्त जाले. मीरा हक्काची बायल आसून तिका भोगूकय मेळना आनी प्रेमय करूक मेळना म्हणआमी निराश जालें आमी देव न्हय आमी साधे मनीस. आमचे मन डगमगले. पावला डगमगली पुण आता आसक्ती विरगल्या. कापरासारकी विरून गेल्या. उरला फकत आत्मीक प्रेम. खरें तर हें सांगपाची गरज ना पुण काळीज काठोकाठ भरता तेन्ना उलयन दिसता. तू तुज्या घनश्यामाकडेन अभंगानी उलयता तशेंच आमी तुजेंकडेन उलयता. तुमका सांगतात.

आमच्यान वर्णन करूक नजो. पुण राणी तुमचो सहवास हीच आमची आत्मीक शक्ती. सांगात ह्या भोजाची शक्ती. प्रेमान दिव्य मंत्र दिलां. निरपेक्ष प्रेमाचो.

मीरा मनातली भावना सांगपाचो प्रयत्न केलां आता समजून घे.

''राजन, कितलें सुंदर उलयतात तुमी. अशें दिसता. कृष्णाच्या मुरलीचें सूर आनी तुमचो आवाज वेगळो न्हय. म्हुर्तीतलो कृष्ण तुमच्यामदी पावूक ना न्हय? राजन, म्हाका भय दिसूक लागला. तुमकाच हांव कृष्ण समजूंक लागत. म्हण... हांवय तुमच्या प्रेमात पडत म्हण. हांवय तुमचेर प्रेम करूक लागला.''

''कृष्णाइतलें?''

''कृष्णाइतलें!''

... भोजराजान आवेगान लागी घेतली भोजराजाच्या स्पर्शांत आसक्ती नाशिल्ली. कृष्णाची एकतारी वाजतगीर मनात जशी दिव्य ल्हारा उफेतात तसोच दिव्यस्पर्श.

भोजराज निरोप घेवन गेले.

''आज भुतकाळातल्यो यादी चडच तीव्र जाल्यात आता खरें तर स्वेच्छेचो एकांत स्वीकारला. एकांत मनात झिरपत रावतालो आनी निशब्द मोनी अवस्था. पुण आज.''

एकांताताय ही मीरा एकटी ना. एकांतात आसूनय भुतकाळातल्या यादींनी शेणल्या. ह्या दिसांनी अभंगय रचप जायना... एक विचित्रशी अस्वस्थता. भोजराजाच्या सांगातान जगिल्लें प्रत्येक खिण याद जाता. राजा भोजाक मीरा कळली. तितली खुद्द मीरेकय कळूक ना. हेंच खरें.

७

शिगम्याचे दीस. शिगमो येता तोच खोशयेची किर्णांनी राजस्थान परजळता.

राजस्थानातल्या लोकांक नाचूक रंगूक निमित पुरो... नाच, पदां... खोशयेन भरिल्लें. अशें चित्तौडचें वातावरण आशिल्लें.

वाड्यावाड्यावर पंगड होळयेची गिता गायत भोवताले. एकमेकांचेंर रंग उधळतालें. सगळ्या चित्तौडाक वेगळीच धुंदी चडिल्ली. होळयेची धुंदी. सगळे वांटार होळयेच्या रंगान रंगलो. फुलाचेंर, पानाचेंर, रूखाचेंर, घराचेंर, दुर्गाचेंर, रस्त्याचेरंर रंगच रंग..

सैमाच्या अंगातल्यान रंग व्हावतालो. सैम गीता गायतालो.

मनशाच्या काळजातल्या खोशी व्हांवताली. खोशी आनी आपलेंपण व्यक्त करूक मनशाक फकत निमित्त जांय आसता. अशा सणाच्या दिसांनी मनशाच्या काळजातलो आनंद मनीस परगटायता. आपल्या काळजातली भावना फकत सणादिसा मनीस व्यक्त करता. चित्तौडचेंय अशेंच जाल्लें. दर एकलो मनीस त्या दिसाच्या रंगाच्या सूराच्या आनंदाच्या प्रवाहान पेंवतालो. धोल ताशाचे आवाज, गायन आनी रंगच रंग...

अशेंच भायलें उत्साहाचें वातावरण पळयत उबी आशिल्ली. भोजराजाच्या मनात मीरेच्या रंगात रंगपाचें आशिल्लें जावयें. काळजातल्या तळ्यात भावनांची साळका फुलली. आनी नसानसातल्या गीताची धून व्हावक लागली. राजा सामकें खोशयेंत आशिल्लें. भोजराजा सोदत आयलें. मीरा भोवतणचो सैम पळयत शेणून गेल्ली. राजा भोजान धावत येवन रंगाचो टीळो लायलो.

''हें कितें?''

''खबर ना आज होळी!! आज हांगाचो प्रत्येक दादलो कृष्ण आनी प्रत्येक बायल राधा. होळयेच्या दिसां पळय सगळो वांटार रंगला. काट्यांकाट्यांचेर सुद्धा रंग... फातर सुद्धा रंगान रंगल्यात... सगळो सैमच रंगला. मीरा हो सैम खराच आमचो गुरू सणाच्या रूपान देवच नाचत येंता. मनशामनशामदलो मोग वाडता. काळजात देव नाचता.''

''देव नाचता?!! भोवतणच्या रंगापरसय तुमी रंगल्यात राजन, रंग तुमच्या उतरांनीय ओतता.''

''हय सणाच्या दिसांनी मनशामदलों द्वेश सोपता. दुख, निराशा विरगळता आनी मोग, आनंद फुलता. मनशा त्या दिसा देवासारकी जातात. आमका देवान वा सैमान निर्मील्यात ती सुखात, आनंदान रावक आनी एकमेकांक हासवक, जीवन सुंदर करूक. सण नाशिल्लें जाल्यार मनशाच्या जीवनात इतलें सुंदर रंग आसचेंच नाशिल्ले. होळी रंगात रंगूक शिकयता. मुरारीसारकी... मुरारी... राधेश्याम तुजा कान्हा सगळ्या रंगात रंगूक रंग वेगळो. मुरारी राधेसांगातान खेळतालो. आज प्रत्येकाच्या काळजातलो कृष्ण आनी राधा जीवी जाल्यात. कृष्णाचे नाव तुमच्या ओठार आनी होळयेत रंगूक संकोच?''

''आ... अशीच काचाबूल जावक नाका... रंगाक भिता?! कृष्णाक भिता!?! रंग खेळूक भिता?!!!''

''ना... ना राजन.''

''मागीर कोणाक भिता... राजा भोजाक? कांय आपल्याच मनाक.''

''मनाक?''

''हय मीरा... मन हें सगळया भयाचें मूळ. मनाकय भियेली तर कृष्ण कसो मेळतलो. राधा भिताली कोणाक?''

भोजराजाच्या रूपान कृष्णच लागी आसा आनी विचारता 'कोणाक भिता?' भोजराजाचें रूप धुसर जालें... कृष्णाच दिसूक लागलो. आनी मीरेचे रूप विरगळत राधा जालें. भोजराजान रंग लायलो... भोवतणची सगळी फुला, मळब होलीउत्सव पळोवक लागली. ''मीरा! आनी भोजराज होळी खेळली हें आमकां खबर नाशिल्लें.'' ल्हवूच फुला एकमेकाच्या कानात फुतफुतली... सूर्य मावळतालो तोंय थारलो.

''मीरा रंगान रंगून कशी दिसता जाणा... सुंदर... सांज जातगीर मळब रंगान रंगता तशेंच रंगतात वेगळेंच सुख आसा. इतल्या सुंदर रंगान रंगयल्या आमकां कांयच बक्षीस ना?''

''बक्षीस?''

''हय बक्षीस''

''दोळे धापात... आनी एक वचन दियात.''

''वचन?''

''हांवें सांगलें बगर कशेंच दोळें उगडप ना. मान्य?''

''बरें ल्हान भुरगो आवयचें आयकता तशा निरागस मनान राजान दोळे धापलें.''

''मीरा आमी दोळें धापलें पूण दोळ्यांफुडें तुजें रूप.''

''तुमी दोळें धापूक ना.''

''सामकें धापल्यात.''

''मागीर हांव कशी दिसता?''

''तुज्या काकणाची कीणकीण, पावलांचो आवाज, अस्तित्वाचो नाद म्हळ्यार तुमीच न्हय राणी?''

''पुरो पुरो, उतरांनी तुमका भुलोवंक जमता, तितलें कान्ह्याक सुद्धा जमना.''

एकतारीचें सूर आनी अभंग.

अभंग गावन जालो. दोळे उगडलें तेन्ना राजा दोळें धापूनच आशिल्लें.

''राजन, कशें आशिल्लें बक्षीस?''

''अद्वितीय मीरा तुमच्या सुरांक गती आसा.. वाऱ्याच्या झुळकेसारकी सुराची झुळुक. भक्तामदी देव रावता अशें म्हणतात, दिसलें कृष्णच भितर देवला. मीरा सगळें चित्तौड होळी खेळता पुण तुमी आमका वेगळ्याच रंगात रंगयलें.''

तुमच्या अभंगाची गोडी वेगळीच. राजान अभंग आयकुवपाची मागणी केली. कितलें तेंपान राजा पयल्याच फावट कितें तरी मागतालो. ह्या मीरेकडेन.

नंदनवन गणभाया, भादल नभ छाया.
इत घण गरजा, उत घण गरजा, चमकां बिज्जु डसार्यो
उमडघुमडघण छार्यो, पवणचल्यां पुरवाया.
दादुरमोर पपी हॉ बोला
कोयल सबद गुणाया
मीरा के प्रभु गिरधर नागर
चरण कवल चित्तलाया

''तुमचे मन आनी राजस्थानातलो सैम ह्या अभंगात तुवें चित्रीत केलां. मीरा अशें तादात्म्य जावप कशे जमता. ह्या राजा भोजाकय शिकय...'' मीरा तुका

समजप खूब कठीण. राजा भोज फकत तुका समाजावपाचो यत्न करता.. तुजी भक्ती श्वासासारकी. श्वास घेतलेंबगर रावक नजो. तशेंच भक्तीबगर राव नजो... कितलें तळमळें आसात तुमच्या अभंगात. कितली ओढ... सगुणभक्ती म्हळ्यार आत्मदान.''

''तुमी अशी स्तुती केली तर अभंग म्हणची ना. आ.''

''स्तुती न्हय. काळजासावन दाद दिता आमी समीक्षक न्हय पुण तुमच्या अभंगान ह्या भोजाकय रसीक आस्वादक केलो. एकच अभंग आज तुमच्या प्रतिभेच्या रंगात आमका रंगात आमका चिंबचिंब जावक जाय.''

''मैं गिरीधर के घर जाऊँ
गिरीधर म्हारो सांचो प्रीतम देखत रूप लगाऊँ
रैण पडे तब ही उठी जाऊ, भोर गये उठि आऊँ
रैण दिना वाके संग खेलूं
ज्यू त्यूं वाहि लभाउँ
जो पीह रावै सोई पहिस, जो दे सोई खाऊँ
जहाँ बैठवें तितही बैठू बैचें ती बिक जाऊँ
मीरी उनकी प्रीत पुरानी, उण बिण पल न रहाऊँ
मिरा के प्रभु गिरीधर नागर, बार बार बली जाऊँ''
आनी मागीर...
''बदन चंदन परगासतना, मंद मुसकाय
मोर मुगटमकराक्रम कुण्डल अरूण तिलक सोहां-भाल
मोहन मूरत सांवर सूरत णेणा वण्या विशाल
अधर सुधारस मुरली राजा, उर बैजंतीगाल''

पद गायता गायता तंद्री लागली. देहभान शेणलें. आनी दोळ्यांफुडें सावरियाँचे रूप. भानार आयली. दोळें उगडलें तेन्ना राजा भोज नाशिल्लें. म्हाका तंद्री लागली म्हणून ते निरोप घेंनास्तना गेल्लें. राजाचें आनी म्हजें सुंदर नातें त्या दिसा जुळलें.

खुब सुंदर दीस... वृंदावनात कितल्यो होळ्यो आयल्यो-गेल्यो... आज होळीय ना आनी तरीय राजा भोजाची याद. राजा भोजान म्हाका सांभाळली.

सगळो राजपरीवार विरूध्द जालो. मीरेच्या वागण्याक राजाभोजाचो पाठिंबा आसा हें तांका मातय आवडूक ना. अशा संघर्षाच्या काळांत फकत राजा भोजाचोच आधार. दर एका प्रसंगात राजान सांभाळील्ली.

''राणी कृष्णप्रेम करता, साधूक मेळता, राजघरा ्याक कितलें त्रास जातात हें

जाणा.'' राणी कर्मवतीन येवन सांगलें.

''पुण राणी मॉ खंयचेंच निंद्य कृत्य म्हजेंकडल्यान घडूक ना. सत्संग करप, साधुसंताच्या सांगातान रावप वाटय कशें? साधुसंतात तर देव वसता. आमच्या मेडता गांवात तर साधुसंताचें येवप वचप आसतालेंच.''

''तुजेंकडेंन उलवप म्हळ्यार उमथ्या कोळशार उदक. मर्यादेन वाग. इतलेंच सांगूक आयल्या.''

''म्हज्या वागण्यान घराण्याच्या नावाक कलंक कसो लागतलो? साधुच्या दिव्यवाणीन मन शांत जाता साधुबाबा कितलें पवित्र आनी तांची दिव्य वाणी.''

''देव सगळ्या स्थिर अस्थिर वस्तूत सामावला. चराचरात देव आसा. जळी, स्थळी, काष्ठी, पाषाणी तोच सगळ्यांक तो दिसना... ज्याका इच्छा आसा ताकाच दिसता. पुण वेळ येवक जांय. हो मनुष्य जल्म आमका मेळला. हो जन्म देवाच्या भक्तीत अर्पण करप होच सगळ्यात व्हड आनंद. कायच मागनासतना निरपेक्ष देवाची भक्ती करता ताकाच देवाचें दर्शन घडता.''

साधुबाबाचें पाय दारात लागतात तेन्ना घर मंदिर जाता. कृष्णाचे दर्शन घडता... साधुच्या रूपान कृष्णच दारात आयलो आनी या मीरेन वळखलें ना तर आनी असो विचार मनात येतगीर कोण कितें म्हणत हाजी पर्वाच मनाक उरना.

खिणभर दिसतालें कुड निळ्या मंद उजवाडान उजळल्या केशरकस्तुरीचो परमळ वांटारात भरला. कृष्णच आयला... पुण मागीर लक्षात येतालें तो भास...

कृष्णामदी विलीन जावपाची आस कणाकणान वाढताली... आनी ह्या सगळ्या दिसांनी भक्कम आधार आशिल्लो फकत राजा भोजाचो. कृष्णाचे अखंड नामस्मरण आनी राजाचो खिणयाळो सहवास दीस खोशयेन वतालें. पुण सदाच दीस सारके उरनात.

८

चित्तोडातली ती सांज... भोजराजा ह्या जगाचो निरोप घेवन गेलें. संसाराक अंतरलें पुण राजान आपलो धर्म पाळलो. ती सांज... मीरेक याद जाली. ती सांज विसरप कशें शक्य आसा?

''भोजराजाच्या चितेर सती गेल्ली जाल्यार?'' विचार मनात आयलो. राजा भोज ह्या मीरेच्या जीवनात आयलो. आनी विलक्षण अशें सहजीवन मीरा

जगली.

राजा गेले. मीरेचे मन, मनातलें दुख्ख कोणाक सांगूक मेळना... दुख्ख व्यक्त केलें जाल्यार सगळी विचारतलीं, ''भोजराजाची बायल म्हणून कसलें सुख दिला तुवें राजाक.''

''मीरा स्तब्ध जाली. खरेच म्हज्या विक्षिप्तपणाचे राजाक खूब त्रास जाले. पुण राजान म्हाका सदाच जपली. आज राजा ना, पुण काय दिसाफाटल्यान राजा अशेंचय धावत धावत उलो मारीत महालात आयिल्लें.''

''मीराऽ मीरा.'' राजाक खूब कितें सांगपाचें आशिल्लें.

''राणी तुमका याद आसा. एक दीस तुमी आमका सांगिल्ले तुमी कृष्णाचेर करतात तितलेंच आमचेंरय प्रेम करतात.... याद आसा?''

''याद आसा. पुण आज मदीच परतय हो प्रश्न तुमी कित्याक विचारतात. म्हजें कितें चुकलें?''

''तुमचें कांयच चूक ना. आज तुमचेंकडेंन राजा कितें तरी मागूक सोदता.''

''बिनधास्त मागात. प्राण सुद्धा मागल्यार ही मीरा...''

''राणी तुमचें प्राण तुमी कृष्णाक समर्पित केलां. आमका एक वचन जांय आनी तें तुमी पाळूक जांय.''

''राजा, जीव मागल्यार तुमका दिवंक ही मीरा तयार आसा. वचन तुमका दिलें.''

''राणी, आमका मर्ण आयलें....''

''राजन, हें कितें उलयतात तुमी?''

''युद्ध करतना केन्नाय वीरमर्ण आमकां येवक शकता राणी. इतलें वचन जांय की फुडें आमचें कितेंय जालें तर तुमी सती वचच्यो ना हें वचन जांय.''

''राजा, अमंगल विचार तुमच्या मनात कित्याक आयल्यात?''

''मर्ण हे सदाच मंगलच आसता देवी. मर्णानि दुसऱ्या जन्माची सुरवात जाता. मर्ण मंगलच मात घोवाच्या मर्णाच्या उपरांत प्रथेच्या नावान बायलांक उज्यात बळी दितात ते कृत्य मात अमंगल. त्याचखातीर तुमचेंकडल्यान आमी वचन घेतला आनी तुमी वचन पाळतली हाजी आमका खात्री आसा.''

राणी जन्म वा मर्ण आमच्या हातात ना. पुण वायट प्रथेक विरोध आमी सहज करूक शकतात. खरें तर तें आमचें कर्तव्य. बायलमनशेक बळी दिवपाची प्रथा पवित्र आसूकच शकना. वायट प्रथा चलत आयल्या आनी धर्माच्या नावान ती ह्या भुंयेत रूजल्या. कोणें तरी ती मोडूक जांय. राजघराणातल्यानच सुरवात जावक जांय.

राणी, धर्माच्या नांवान बायलमनशेक तिज्या इच्छेविरूध्द सती वचूक लायतात. ढोल ताशांच्या गजरात अग्नीत बळी दितात. धर्माच्या नावान हो अत्याचार जाता. आमच्या मर्णाउपरांत तुमचें तशें जावक जांयना. तुमी सती वचूक जांयना. राणी, तुमच्या जीवनाक ध्येय आसा . आमचें अंतर्मन सांगता तुमी खूब कितें तरी व्हड कार्य करूंक आयल्यात. साधुबाबांची उतरा आमका याद आसात. राजदरबारातले सदस्य सती वचपाखातीर तुमचेंर दडपण हाडतलें पुण तुमी आपलो निर्णय बदलूक फावना. तुमी आमका वचन दिला आनी तें तुमी पाळतल्यो असो विश्वास आमका आसा.''

''राजन ऽ''

''राणी, तुमी तुमचें जीवन कृष्णाक ओपलां. देवानच आमका जन्म दिला आनी मर्णय. कोणाकच जीव दिवपाचो वा घेवपाचो अधिकार ना. जबरदस्तीन सती धाडपाचें यत्न केलो तरीय ठाम नकार दितली. ह्या भुंयेतल्या लोकांनी खूप जाणांक सती प्रथेच्या नावान अग्नीक बळी दिला. धर्माच्या नावान पापां केल्यांत. आता ह्या फुडें अशी घटना परत घडची ना. मीरा तुजी भक्ती पवित्र, निरासक्त. निरासक्त भक्त देवाचेंच रूप. मनीस भक्ती करता तेन्ना मनशाच्या मनात इच्छा आसता. देवाच्या नांवान व्रता करतात उपास करतात तेन्नाय मनात इच्छा आसता. ही इच्छा पूर्ण केली तर हें व्रत करतलो अशी देवाकडेंन मागणी करूनच मनीस भक्ती करता. तांची भक्तीय वयलेचाराची आनी देवसपणय उकलापें. तुजी भक्ती निजाची. तातूत कसलोच स्वार्थ ना. मानअपमानाची चिंता ना, भक्तीचो दंभ ना. ज्या वयार संसार करपाचो, भुरग्यांक खेळोवपाची अशा वेळार भक्तीत तल्लीन जाल्या. ही भक्ती साधी न्हय. भक्तीत शक्ती आसा. राजमहालाच्या संकुचित वणटीमदीं खुटून तुमी वचचे न्हय ही आमची इच्छा धर्माच्या नावान जाच सोसूक शक्ती खर्ची पडची न्हय अशें आमका मनातल्यान दिसता.''

''राणी आज आमका तुमचेंकडेन खूब उलवपाचें आसा. मन मेकळें करपाचे आसा. राणी, जेन्ना जेन्ना ह्या सतीप्रथेविशीं आमी विचार करतात, तेन्ना खूब त्रास जाता. राजा आसूनय आमी कांयच केलें ना. हे चालीविरूध्द आवाज कसो उठयलो ना? अशें आमचें मन आमका विचारता. खुबदा आमका जाणवीय जाल्या. सती वचप हें इच्छेन घडना. परंपरेच्या आनी रूढीच्या नावान बायलांचेर अत्याचार जाताता. राणी, चित्तौडात सती प्रथा बंद करची अशी आमची इच्छा. आमी आमच्या परीन यत्न करतलें. पुण आमका तुमचीच साथ जांय.''

''दादले जशें स्वतंत्र वागतात तश्योच बायलोय जावक जाय. दोघांचीय जीवना

स्वतंत्र रितीन फुलूक जांय. दोघांकय समान संधी मेळूक जांय. तर समाज सुंदर जातलो. दादलें आनी बायलो समभावान वागली जाल्यारच खऱ्या अर्थान समाज सुखी जातलो आनी प्रगत जातलो. घोवाच्या मर्णाउपरांत प्रथेच्या नावान पुजा करून बायलेचो बळी दितात. सगळेंच अमानवी. जेन्ना ही प्रथा थारतली तेन्नाच मनीस मनीस जातलो. हें बंद करूक कोणे तरी सुरवात करूक जांय. राणी तुमी सती वचच्यो न्हय अशें हातात हात दीवन आमका वचन दितली. आनी तें पाळतली तेन्ना आमच्या अंतआत्म्याक शांती मेळतली. आमी क्षत्रीय दुस्मानाविरूध्द झुजतात पुण परकी आक्रमणापरस ह्यो चाली, प्रथा आमच्यो दुस्मान. हें अंतर्गत आक्रमणाआड झुजपाची खरी गरज आसा. ह्या प्रथेकलागून कितल्योश्योच बायलो बळी गेल्यात... तांका सगळ्याक न्याय दिवपाची जबाबदारी तुमची राणी.''

हात फुडें केलो राजाक वचन दिले.

''मीराऽ'' राजान उलो मारलो.

सगळे आसमंतच साद घालता अशें दिसलें... कालच घडिल्ल्यासारको तो प्रसंग मीरेक याद जालो.

युद्ध भुयेवेल्यान राजा जखमी जावन आयले. त्या दुखण्यातल्यान राजा उठलेच ना. दिसानदिस प्रकृती इबाडत गेली. तातूंतल्यान राजा उठलें ना.

राजा भोज गेले.

मर्णाची बातमी सगळ्या चित्तौडाक पावली.

राजघराण्यातली सगळी, राजपुरोहित, राजकीय सल्लागार सगळी एकटांय जमले. मीरेक सती धाडप हाजेर सगळ्यांचे एकमत जालें. पदां म्हणून मीरा चित्तौडातल्या लोकांमदी लोकप्रीय जाल्ली. मीरेचो काटो काडपाक सती प्रथेपरस बरी संधी परत मेळची ना अशें सगळ्यांचें एकमत जालें.

धर्मसभेक तिका विरोध केल्लो. पुण आता तिका उलवपाची संधी दिवप ना. राजा भोजय ना. मीरेचो बळी दिवपाची तयारी सुरू जाली.

मीरेचो आधारा ना जाल्लो. राजसेवक मीरेक व्हरूक आयलें.

राजा भोजाक दिल्लें वचन याद जालें.

''सती वचची ना अशें वचन राजाकदिला तें पाळूक जांय पुण कोण विश्वास दवरतलो. सती वचूंक नाका म्हण सवंग करता अशेंच सगळी मानतली. कोणेंय कितें म्हणू. राजाक दिल्लें वचन पाळूक जांय.''

कृष्णाचो धावो केलो.

''श्री हरी... कन्हैया... राधेश्यामा तुच धाव. राजा भोजाक मीरेन वचन दिला तें

पूर्ण करपाची जबाबदारी तुजी.''

मीरा सगळी जमल्यात थंय आयली.

सगळ्यांनी आपलो निर्णय कळयलो. दोळें धांपलें. ''वृंदावन तुजी कर्मभूंय'' साधुबुवाची उतरां याद जाली.

ह्या चालीक लागून कितल्योश्योच बायलो बळी गेल्यात. मीरा, तांका सगळ्यांक न्याय दिवपाची जबाबदारी तुमची.

''पुण आता ह्या वेळार तर कायच सुचना काय मार्ग दिसना. येद्या बलिश्ट राजपरीवाराआड उबे रावपाचें बळ ह्या मीरेत ह्या खीणाक तरी ना. राजा भोज तुमी ह्या दुबळ्या मीरेकडल्यान वचन कित्याक घेतलें. तुमचे सादें वचनय पाळप हे मीरेक शक्य जावचें ना?''

''देवाचो धावो करीत राजदरबारात पावली.'' कशें सांगप कशें उलवप? राजा भोज ना. तें हें जग सोडून गेलें. म्हाका सोडून गेलें हें मानपाक मन तयार नाशिल्लें. सगळ्या राजदरबारान आपलो निर्णय जाहीर केलो.

इतल्यान कुसुम कुँवरबाई धावत आयल्यो, ''रावात हें म्हज्या पुताचें पत्र... ताजी अंतीम इच्छापत्र.'' कुसुम कुँवरबाई वात्सल्याचें मूर्तीमंत रूप. राजाची आवय.

राजपुरोहितान हातात लखोटो घेतलो.

लखोट्याचेंर बरयिल्लें.

अंतीम इच्छापत्र राजा भोजाची सही आनी राजमुद्रा.

राजपुरोहितान लखोटो उगडलो... नदर फिरयली आनी तांची वाचाच बसली.

''कितें आसा त्या पत्रात?''

सगळ्यांच्या मनात प्रचंड कुतूहल.

राजा भोजाची अंतीम इच्छा जी राजान सगळ्यांक बरयल्या... राजघराण्याक आनी चित्तोडाच्या लोकांक हे पत्र.

''पत्र!'' राणी कर्मवतीच्या तकलेक आट्यो पडल्यो.

''पत्र मागीर वाचचें. पयलीन राजाचें निमणे संस्कार आनी सतीची तयारी करूक जांय.''

एका सल्लागारान सुचयलें.

''हय हय'' राजपुरोहितानय मान हालयली.

''म्हज्या पुताचें इच्छापत्र वाचलेंबगर ताजें अंतीम संस्कार करचें न्हय ही ताज्या आवय राणी कुसुमकुँवरबाईची आज्ञा.'' कसलेच निर्णय राणीमॉन केन्नाच घेवक

ना. अध्यात ना मध्यात संयमी अशी राजा भोजांची आवय. आता तिज्या आवाजात वेगळोच धाक आशिल्लो. राजा भोजाच्या अकाली मर्णान त्यो खचिल्यो. आपल्या चल्याच्या अंतीम इच्छेक मान दीवक जाय अशें ताणी सांगले.

राजपुरोहिताकअंतीम इच्छापत्र वाचचेंच पडलें.

''ही म्हजी अंतीम इच्छा. अंतीम इच्छेचो मान राजघराणे आनी चित्तौडची प्रजा दवरतली ह्या विश्वासान हें इच्छापत्र बरयता.''

खरें तर हो देवाचोच संकेत- हांव फकत माध्यम. देवाचीच आज्ञा. देवाची आज्ञाप्रमाण मानून हें इच्छापत्र बरयता. पूर्ण शुद्धीर आसतना, स्वेच्छेन.

सतीची चाल आमकां केन्नाच पटली ना. सती गेल्या बायलेचो आंकात हें पत्र बरयतना अजून कानात घुमता. प्रथेच्या नावान हो बायलांचेर जाल्लो अत्याचार. खरें तर ही मनीसपणा भायली चाल बंद करूक जाय अशे आमकां खुपदा दिसतालें. प्रथेच्या नांवान मर्ण बायलाक दीवपी आमी कोण? जन्म आनी मर्ण हें फकत देवाचें देणें. सतीच्या चालीच्या नावान मर्ण दीवपाचो अधिकार आमकां ना. देवाची इच्छा आसता तेन्नाच मनशाक मर्ण मेळूक जांय हें बरयला इतल्याच खातीर की म्हज्या मर्णाउपरांत मीरेक सती वचपाखातीर चेपण हाडचें न्हय.

मीरेक हे चालीतल्यान मुक्त करचें आनी इच्छेनुसार जीवन जगूंक दिवचें. राजपरीवार आनी चित्तौडातलो भौंस आपल्या राजाच्या निमाण्या इच्छेचो मान राखतली हो विश्वास आमका आसा. आमच्या निमाण्या इच्छेनुसार वागचें ही विनवणी. आमच्या निमाण्या इच्छेचो मान राखतलें हो विश्वास दवरून हें पत्र बरयलां. ही निमाणी इच्छा पाळली तर आमच्या आत्म्याक शांती मेळतली.

आज पुराय पत्र याद जायना. पूण राजाच्या पत्राचो अर्थ असोच आशिल्लो, ''राजाक, तुमच्या खातीर ह्या मीरेन कांयच केलें ना. तुमी मात ह्या मीरेक सदाच सांभाळलें, वचन घेतलें आनी वचन पाळूक सुद्धा त्रास दिलो ना. राजा तुमी द्रश्ट्यें आशिल्लें? तुमका तुमचें मर्णय दिशिल्लें? हांव कायच नकळो तुमी मात ह्या पिशा मिरेचे आधारवड आशिल्लें. आता फुडली वाट म्हाका एकटीच चलूक जांय... सामकी एकटीच...''

''आमच्या पुताची निमाणी इच्छेचो मान राखूक जांय.'' राणीमाँन सांगलें.

.... त्या उपरांतचें सगळें धुसर धुसर...

मन मोनें मोवें जालें... मनातली अबोल वेदना तीव्र जाली. भोजराजाचें हासरें प्रसन्न रूप आनी तांच्यो यादी-

भोजराजाचें निमाणें संस्कार जालें.

एक वेगळीच पोकळी... कृष्णाच्या म्हुर्तीफुडें बसली तशें राजाचें रूप दोळ्यांफुडें.

खंय आसा राजा तुमी?

मीरेक अशें एकटें सोडून कित्याक गेले?

कान्हाच्या सुवादीन करून दीस वता तशें. जाणीव जाली आता कान्हाक साद घालूक जांय.

भोजराचचें रूप धुसर जालें... आनी मुरलीचें सूर छेडीत कृष्णाचे रूप स्पश्ट दीसूक लागलें. कान्हा रें...

हेरी म्हा तो दरद दिवणां
म्हारा दरद न ज्याणां कोय
घायल री गत, घायल जाण्या
हिवडो अगम संजोय
जोंहर की गत जौहरजाण्यां
क्या जाण्यां जीव खोय
दरद की मारया दर दर डोल्यां
बैद मिल्यां न कोय
मीरा री प्रभु पीर मिटांया, जब बैद सांवरो होय.

अंतकरणातले उमाळे उफाळून भायर येवक लागले.
काळीज आर्त जालें.
कान्हया,
तुजें सूर दी
तुजी दृष्टी दी
तुजी ओंजळ दी
तुजी उर्जा दी
तुज्या उजवाडाची वाट दी
तुजें नाव ओठार दी
तुजेंबगर ही मीरा एकटी.... आनी अपूर्णय.
तुज्या सुराच्या नादात फुडें फुडें वचप
तू ना तर ना आलतड ना पलतड
तूच म्हजी शक्ती
तुका हांवे सूरात पळयलो

म्हुर्तीत सोदलो
राजा भोजामदीय सोदलो
आता तूच म्हजी शक्ती, तूच वाट दाखय
तूच सांगाताक राव.. कन्हैया.

तू मेळना जाल्यार त्रिशंकूसारकी स्थिती जाता तू खंय आसा? खंयच्या रूपान आसा. कायच नकळो. तुका सोदप हो ध्यास... हेंच म्हजे धेय...

मन खूप व्याकूळ जालें... ल्हव ल्हव सगळो वांटाराचेर काळखान शाल पांघुरली... ''हांव मीरा राजस्थानातल्या मेडतिया संस्थानाचें राठोड रतनसिंह हांची एकली एक अपुरबायेची धुव. उदयपूरचें राणा सांगा हांगी सून. राजा भोजाची जीवन सांगाती...''

खिणभर श्वासच थारलें.

दोळ्यांफुडें कृष्णाचें रूप.

''हांव कोण? हांव कोणाची? ह्या घराण्यातली सून कांय फकत घनशामाची मीरा. सगळो वांटार मोनो मोनो जाल्लो. स्तब्ध-स्थिर सगळें एकाच रंगात एकरूप जाल्लें. कृष्णासारकें... पुण कृष्ण खंय काळो? तो तर निळो. खरेंच कृष्ण निळो? हांवें खंय पळयला कृष्ण?'' कितलो वेळ अशीच स्थिर उबी आसा हांव? भोवतणचो काळोख आता चडच गूढ दिसता. दिसाचो होच वांटार पाचवेळा दिसता. फुलांच्या वेगवेगळ्या रंगान वाटार रंगलो आसता... आता काळ्या रंगाच्या सावलेत पाचवेपण विरून गेला... म्हजें मनय तशेंच जाला. म्हाकाय अनोळखी.

खरें तर कितें कमी आशिल्लें म्हाका. सुंदर महाल न्हेसपाक रेशमी रंगीत तलम सुंदर वस्त्रां, पंचपक्वानाचें जेवण, सेवेक दासी आनी राजा भोजासारको सांगाती. पुण खंयच मन रमलें ना. मेडतियासारकें कुळार चित्तोडच्या शिसोदीया राजवंशात लग्न जातगीर आनी कोणय जाल्यार आपल्याक भाग्यवान मानतली आशिल्ली. शाहिरांनी राजघराण्याचे पोवाडे गायल्यात, वीर क्षत्रीयांचें घराणें, राजा भोजासारक्या पराक्रमी, विवेकी मनशाची जीवन सांगाती हें खंयच्याच क्षत्राणींचें भाग्य, राजस्थानाच्या इतिहासात शिसोदीया राजघराण्याचो नावलौकिक आसा. पुण ह्या घराण्याकडेंन नातें जुळूनय - ही मीरा मातय खोशी ना... राजघराण्यातलें जीवन रूचना पचना, मानवना.

साध्या गरीबाच्या झोपडेत जन्म घेतिल्लो जाल्यार.

खंय जन्म घेवप आपल्या हातात नासता खरें तर राजघराण्याकडेंन सोयरीक जुळची म्हण चलयो व्रत करतात, उपास करतात. हांवें तर कायच करूंक ना...

अशीच ह्या महालात पावली. पुण ह्या जीवनाचें रंग मातय मानवनात, सुखायनात पुण हेंच तर जीवन. सुखदुखाचें, इच्छाचें वस्त्र कोणतरी अज्ञात हातांनी विणता.. जशें मळभात सांज जातगीर खंयचें तरी अज्ञात हात अस्तमेकडेन रंग शिवरायतात. ऋतु बदलता तसो सैमाचो रंग बदलता तसे मनय बदलत रावता... सांज काळखात विरता आनी काळखाचेंर किर्णां शिवरून उजवाड जाता तशेंच जीवन सगळेंच सुसंगतय आनी विसंगतय.

कालचक्र फिरत रावता. हांवय त्याच कालचक्राची एक ल्हानशीच घटक.

मन उदास तेन्ना चित्त शांत करूक, अभंग रचप आनी आनी तद्रूप जावन गावप.

भोजराजाच्या निमाण्या इच्छेचो मान राखून सती वचपाची जबाबदारी जबरदस्ती केली ना पुण राजघराण्यान हजार बंधना घाली. खूपदा दिसतालें सती गेल्ली तर एकदाच मर्ण येतलें आशिल्लें.

राजाभोजाचे सावत्रभाव राणा विक्रमादित्य हांणी आपल्या कपटनीतीचें जाळें पातळायलें.

सती वचप तरी बरें एकदाच अग्नीच्यो ज्वाळा देहमन भस्म करतात. हांगा कणाकणान जळप, फकत भोजराजाच्यो यादी मनाक थाकाय... यादीची सुंदरशी झुळूक लागी येताली आनी मन शांत जातलें.

... शांत मनाक हरीचें नामस्मरण करतना मनावेलो निराशेची कुपा पयस वताली. मनाक नवी उमेदी येताली. साधुबुवांची उतरा याद जाली.

''हरीभक्तीची वाट सदाच कठीण... हरीक मेळोवक जांय जाल्यार हरीक शरण वचूक जांय.''

हरीक शरण कशें वचप? - सत्संग हो एक मार्ग दिसतालो.

''सत्संग... साधु संताचो योग्यांचो सत्संग करप सोपे पुण राजघराण्यातल्या विधवेक तो मार्ग कठीण... निदान आयच्या परिस्थितीत कठीण... सोपो मार्ग हरीस्मरण. हरीचें स्मरण जशें जाता तशें करप. हरीभक्ती हेंच उदीश्ट मागीर वाटो खंयच्योय आसू.''

मेघवर्णी हरी : मोरपीसी मुकुट... तुजो
कोंगरे कोंगरे केंस, धनुष्याकार भोवया तुज्यो
कपलार टीळो केशरी, दाळीबी ओठ
मोतयाचें दात तुजें, हंसावरी चाल रें
नांवा तुजी कितली...?!!

घनश्याम... मनमोहन... मधुसीदन...
राधाप्रिया, देवकीसुता... यशोदानंदन,
खंयच्या नावान मारू उलो
तर येतलो तू धावन?

रातदीस भक्तीत बुडून गेली... भक्तीत आगळीच शक्ती आसता. मन निर्मळ जालें. राजपरीवाराचो धाक दिसना जालो आनी भंयय.

साधुसंताच्या संगतीत मन रमूक लागलें. पदां लोकांच्या ओठार घोळूक लागलें. मीरेचेंर वचक दवरलो ना जाल्यार चित्तौडात ती खूब लोकप्रिय जातली आनी राजपरीवाराखातीर तें हिताचें न्हय... असो सल्लो सल्लागारांनी राजाक दिलो.

तांचेंमदी भासाभास जाली. दर एकल्यान आपलें मत मांडलें.

- मान्य आसा मीरेचें कृष्णप्रेम. पुण साधुसंतानी वावरप तेंय राजघराण्याच्या विधवेक मातय सोबना.

- मीरा अभंग रचता आनी तें गायता-वाणींत तेज आसा - तेजीश्ट, विद्वान, प्रतिभावंत, अशी तिजी ख्याती जाल्या.

- बायल म्हळ्यार घोवाची, कुळाची सोबा, घराण्याच्या आधीन रावता तीच चारित्र्यवान बायल. बायलेंचें समाजाकडेंन कसलें घेणेंदेणें ना. कायच काम ना. ते नदरेन पळयत जाल्यार मीरेचे वागणे अयोग्य.

- कृष्णभक्तीच करूक जांय तर राजवाड्यात भायर कित्याक वचूक जांय. मीरा दिसता तशी साधी ना.

- कविता शक्तीची तुस्त जावक जांय पुण घराच्या वणटीमदी रावन तिणें पदां रचचें.

- भायर भोवता - साधुसंताकडेंन चर्चा करता तेंय धर्माचेंर, तत्वगिन्यानाचेर... बायलांचो आनी धर्माचो कितें संबंध?

- बायलांचो धर्म म्हळ्यार कुटुंब सांभाळप. वंश वाढवप. आपलो धर्म ह्या मीरेन पाळलो ना. आनी आता धर्माचेंर भासाभास करता. तिजें हें वागणें थांबोवकच जांय. ना जाल्यार हेर बायलांचेर ताजो वायट परीणाम जातालो.

- धर्माविशीं उलवप, तत्वज्ञान सांगप हें काम दादल्याचेंच.

आपल्या विरूद्ध सगळें एकटांय जाल्यात ही खबर मीरेक कळली. कोणच आपले वटेन ना.

''खरें तर तो काळ तसो वेदपठन बायलांनी करप ना. गायत्री मंत्र म्हळ्यार सूर्याची उपासना. बायलांनी करप ना. बायल, आनी दादल्याची कामा थारायिल्ली.

बायलेंन घर सांभाळप. अध्यात्म, समाज, धर्मशास्त्र हाजेंविशी उलवणें सोड बायलांनी विचारय करूक जांयना. मीरेचे वागणें कोण खपयतलो? तातूंत भोजराजाय ना...''

समजायली... धपकायली. मातय आयकना... जुमानना मीरेक सोपवकच जाय... विषाचो पेलो धाडलो... पुण मीरेक कायच जालें ना...

हो चमत्कार? विषाचो पेलो खंयच्या तरी दासीन बदललो...? केवळ कृष्णाच जाणा आपल्याक सोपवपाचें कारस्थान चललां... अशें मनाचें मळब भरून येतालें. मनातलें उमाळें अभंगाचें रूप घेतलें.

म्यारारी गिरीधर गोपाळ दुसरा णां क्यां
दुसरा णां कूयां साधा सकल लोक जूयां
गाया छांड्यां बन्धा छाड्या छांड्या सग सूयां
सांधा ढिग बैठ बैठ – लोकलाज खूया
भगत देख्या राजी हुया जगता देखा सया
असवा जलसींच सींच प्रेम बेल बयां
दधगभघृत काढ लया डारदया छूयों
राणा विषरो प्यालो भेजां पीय मगन हूयां
मिरा री लगण लग्यां होणा हो जो हूंया
अभंग बरयलो आनी गायलोय.

विक्रमादित्यान मीरेक मारपाचो यत्न केलो ही बातमी सगळ्याक पावली. कृष्णाच्या स्मरणान भक्तीन वेगळीच शक्ती आयिल्ली. राजाविशीं मातय भय दिसूक ना.

''नणंद मेळूक आयली. जगावेगळें नातें पळयिल्लें. मनात तुमचेंविशीं आपुलकीय आसा आनी सहानुभुतीय. तुमी निरागस मनान वागता पुण तुमचें वागणें राजपरीवार सहन करचो ना.'' अशें तिका दिसतालें.

''मीरेक विष दिलें, विषाचें अमृत जालें कारण कितेंय आसू पुण तुमी वाचल्यो हो दैवी चमत्कार. एकदा वाचल्या पुण परत जिवघेणें संकट येवक शकता.'' उदान काळजीन सांगलें.

''तुमच्या साध्या सरळ वागण्याचो विपरीत परीणाम जाता.... लोक निंदा करतात. कुळाविशी चारित्र्याविशीं दुभाव घेंतात. साधुसांगातान एकटीच भोवता. लजसोडल्यो अशें उलयतात. व्हडल्या घराण्यात जन्म जाला आनी शिसोदिया घराण्याची तुमी सून. चारचौगात पदां गायत नाचता. ते कोणाकच आवडना.''तिणे

सांगले.

तिका परत कशें सांगप, समजावप?

''साधुच्या संगतीन तुका सुख मेळचें ना. दुख्खच होटयेत पडतलें. विचार कर.''

''जाप कशी दीवक? राजा भोज... राजा भोजाक आपली व्यथा कळताली. भावना कळताल्यो. लोकनिंदेची तर पर्वाच ना. लोकनिंदा आता गोड लागूक लागल्या.''

''राजराणाजी म्हाने या बदनामी लगे मीठी
कोई निंदो, कोई बिंदो मै, चलूगी चाल.''

लोकांमदी वावुरतना मन खोशी जाताले. राजमहालात मात जीव घुस्मटतालो... साधुचो सांगात आवडूंक लागलो.

त्या उपरांत कितलीशी संकटा, नजर कैदय सोसची पडली.

कोणाक मेळप दिवप ना. मनात येतालें, ''आज राजा भोज आशिल्लो जाल्यार? हें सगळे जाच सहन करचें पडचेंच नाशिल्लें. पुण हेंच नशिबांतलें कांय लोक मीरेची निंदा करतात ह्या लोकांक खंय कळला म्हजें मन. साधुसंतामदी एकें बायलेंन भेवूक जांयना. मीरा फकत एक भक्त... भय दिसना, लजय आनी आसक्तीय जांयना. हांव भक्तीच्या मार्गार खूप फुडें पावल्या पुण हें अज्ञानी, धर्मांध लोकाक पटचेय ना आनी पटल्यारय कबूल करचें ना.''

कान्ह्या,

तुज्या ह्या मीरेक बायल-दादलो ह्या भेदातल्यान मुक्त कर. बळ दी. तू विषाचें अमृत करता, राणान मारूक धाडिल्ल्या सर्पाचो तुवें हार केलो. तुका कायच अशक्य ना. म्हाका ह्या बंधनातल्यान मुक्त कर- राजघराण्यातल्या वणटीमदीं म्हजो श्वास घुसमटता. कितलें परसुवादीन बायलेचें जीणें. म्हाका भक्तीय मनासावन करूक मेळना.

कत विधी सृजी नीर जग माही
पराधीन सपनेहु सुख नाही।

पराधीन जीणें : सपनात लेगीत सुख नशीबात ना... विरह तुजो म्हज्यान सोसू नजो कान्हा. म्हजी सोसपाची शक्ती वाढय. म्हजें तेज वाढय, बळ वाढय, समाजातलें वायट संकेत मोडपाखातीर बळ दी... शक्ती दी. फक्त अभंग रचून कविता बरोवन मन शांत जांयना. क्रांती करपाची शक्ती म्हाका दी... वाट दाखय... खिणात तू दिसता कृष्णा... खिणात नाच जाता हो भ्रम? कांय वास्तव?

कृष्णा, तुजें जीवनच अगाध
तू देवकीचोय न्हय, यशोदेचोय न्हय
न्हय गोपींचो, न्हय राधेचो
न्हय तू प्रियकर.. तू फकत जोगी
जशी ही मीरा जोगीण...
सावरियॉ तुका मेळूक तुजेंसारकें जावंक जांय
खिणात प्रियकर, तर खिणात जोगी
तुका मेळूक लज त्यागूक जांय

... सावरियॉंच्या रंगात रंगून शिंगारून घुंगरू बांदून नाचतना वेगळोच आनंद जातालो.

९

मीरेक नजरकैदेत दवरपय शक्य ना. हे विक्रमादित्याक कळलें तेन्ना तें खासा समजावंक आयले.

''राणी, हांव ह्या राज्यांचेर राज्य करता तातूत आमच्या भावाची तुमी विधवा. तुमचेंविशी भायलें लोक कितेंय उलयतात तें राणाक कशें आवडतलें म्हण तुका समजावक आमी आयल्यात.''

''राणाजी ल्हान ल्हान क्षुल्लक गजालींचेर तुमी लक्ष दवरू नाकात. केद्या व्हडल्या राज्याची जबाबदारी तुमचेर आसा.''

''अशें गोड गोड उलयली म्हण आमी भुलपाचें ना.खंय वतात नटूनथटून तें सांगचें पडतलें.''

''भजन करूक देवळांत वता.''

''क्षत्रियामदीं लौकीक आशिल्ल्या घराण्यातली राजकन्या. चित्तौडाची सून.. अशें भजन करीत, साधुसंताच्या सांगातान भोवप तुमका सोबना.''

''म्हजें जीवन हांवें कृष्णाक अर्पण केलां. साधुसंतामदीं कृष्ण दिसता. लोकांच्या मनाक अभंग आयकुन खोशी फुलतगीर मन धादोशी जाता.'' तांचें नातेंच तशें.

''तुमचें नातें आसा ह्या दोनय राजघराण्याकडेंनय हाजो तुमकां विसर पडला. आपल्या घराण्याचो लौकीक सांभाळना. कुळाची मर्यादा, घराण्याची लज सगळें सोडला. साधुसंताचो सांगात तुमका सोडचोच पडटलो. राजघराणें सोडतगीर नशीबांत कितलें कश्ट येतलें. हाजो विचार कर. आमच्या कानार बातमी आयल्या

चित्तौड सोडून वचपाचें तुमी थारायला.''

''राणाजी, चित्तौडात म्हजें मन रमना. म्हजी कर्मभूंय म्हजी वाट पळयता.''

''मोव हातुण्ण न्हिदूंक मेळचें ना... काट्याकुट्यांनी चलचें पडटलें... हो मार्ग सुखान वाढिल्ल्यो राजकन्येक हें जमपाचें ना.''

''भुयेचें हातुण्ण आनी मळबाचें पांगरूण, सैमाचो सांगात.''

''देव सोदूक खूप जाणा भायर सरल्यात पुण देव मेळूक ना. फकत पिशेंपण ताच्या पदरांत पडला. तेन्ना हो मार्ग तुवें सोडपातच तुजें हित आसा.''

''राणाजी, म्हाका समजावपाचो निष्फळ यत्न तुमी करतात. इतलो वेळ तुमचो मोलादीक वेळ फुकट घालयतात.''

''मेवाडच्या इतिहासाक व्हड पंरपरा आसा. मेवाडच्या राठोडाची कन्या आनी चित्तौडच्या राजा भोजाची राणी अशी वणवण भोवली. जोगीण जाली तर दोनय घराण्याक मान सकल घालची पडतली.''

''कृष्णाचो आशीर्वाद मेळ्ळो तर एक दीस ह्या जोगीणीचें नांवंय लोकांच्या ओठांर आसतलें...''

''तुमका हें भिकेचें दुवाळें कसलें लागल्यात? साधुसंताच्या नादाक लागून आपल्या जीवनाची वाट लावपाची दुर्बुध्दी जाल्या. साधुसंत हें भिक्षुक, तुमी क्षत्राणी. तुमच्या धर्मान तुमी वागूक जाय.''

''राणाजी देवळात लोक जमतलें... म्हजी वाट आडव नाका... तुमकां पदां आयकूक जांय तर म्हजें सांगाता येयात.''

''आमी राजा. आमच्या परवानगेबगर भायर सुरूक मेळचें ना. ह्या राजघराण्याच्यो तुमी कुलवधू. मनाची लज ना ती ना, जनाची तरी लज बाळगात.''

''राजा भोजानय म्हाका केन्ना विरोध करू ना. ''

''हट्ट सोडची ना? हो मार्ग सोड. ही वाट कठीण. अशीच वागलीं जाल्यार आमका कठोर निर्णय घेवचो पडतलो.''

''मेडताकडेंन नातें तुटलें, चित्तौडाकडेंन नातें तुटलें तरी हरकत ना.. म्हजी वाट बदलप आता शक्य ना आनी राणा तुमचें खरें रूप हांव जाणा. तुमची कपटनिति जाणा आनी छक्केंपंजेय जाणा.''

''आपल्यापरस बळीश्ट मनशाकडेंन कठोर वागूक जांयना आनी उलवक जांयना इतलें गिन्यान नां?''

''ही मीरा फकत घनश्यामाक बळीश्ट मानता ताजीच आज्ञा पाळता.''

''पुण ह्या राणाची आज्ञा पाळना जाल्यार मृत्यूदंडाचीय शिक्षा जावक येंता.''

''जीवन दीवप वा घेवप हें फकत देवाचें काम. राणाजी फटीचो अभिमान बाळगूं नाकात.''

''राजा भोजाची तुमी विधवा. त्या नात्याचो तरी मान राखात.''

''राजान केन्नाय कसलेच बंधन म्हजेर घालूक ना.''

''हय म्हण तेंच चुकलें तांचें. तुमचें मन उधळिल्ल्या घोड्यासारकें अनावर जाला पुण मनाक आवर घालूक जांय. आपल्याक जांय तशें वागू येंता हो अहंकार. दुराग्रह. सुंदर अस्तुरीची सोबा आनी मान घोवाच्या घराच घोवांचें घर सोडून भोवता ती कुलक्षणी. साधुच्या नादाक लागून मानय मेळचो ना आनी देवय. मुक्ती तर मेळचीच ना. मुक्तीच्या नादाक लागप म्हळ्यार मळभातल्यान उडपी कुपाक धरपाचो हट्ट करप.''

''राजा तर्कवितर्क करपाचें तुमी सोडात. आनी मीरेचो मार्ग सोडात.''

''चित्तौडात रावन राणा विक्रमादित्याकडेंन वैर करप म्हळ्यार नुस्त्यान मान्याकडेन वैर करप. अजुनय परिस्थिती हाताभायर वचूक ना. आमचें आयकय... आमच्या मर्जीबगर चित्तौडातलें पानय हालना. आमची आज्ञा तुका मानचीच पडटली. चित्तौडाचो राजा, आज्ञा दिता की तुमी आज भजन करूक भायर सरची ना.''

''हो सगळो संवसार देवाचो - देवाच्या मर्जीन तो चलता कितलें राजा आयले आनी गेले.''

''खबर आसा, तुमी ज्ञानी पुण ज्ञान तुमचेकडेंन दवरात. कृष्णभक्ती महालात बसून कर. तुमी राजाभोजाची विधवा म्हण मान दिता आनी कोणाचेंय हात येन्ना उज्यान लासतले आशिल्ले.''

''प्रेमाच्या ओडीन पाखे दिव्याचे ज्योतीर उडी घेंता तेन्ना तें पर्वा करतात? जीवन-मर्ण, यश-अपयश सगळी चिंता हांवे देवार सोडल्या. राणा तू लेगीत अविवेक सोड, अविवेक मनशाक हट्टी करता आनी आंधळोय - रावणाचे राज्य सुद्धा अविवेकान आनी कुड्डेपणान वागिल्ल्यान ना जालें.''

''कोणाकडेंन उलयता हाजी तुका जाणीव आसा... राजाकडेंन उलयतना मर्यादेन उलवक जाय.''

''राणा तुमी तरी खंय मर्यादेन वागतात?''

''मीरा ऽऽ''

''राजा व्हडाव्हडान आड्डव नाकात म्हजी वाट आडावं नाकात.''

''तुमी तुमचो बायल धर्म पाळूक जाय. परक्या पुरूषाच्या सांगातान भोंवप हें पाप.''

''राणा ऽ ऽ''

''राणांच्या जिबेक आनी तलवारीक आडावपाचें धाडस कोणाकच ना. देवाच्या नावान जाय तशें स्वैरपणान वागूक तुमका मेळचें ना. आनी एक गजाल तुका स्पश्टपणान सांगता ह्या कलीयुगात कृष्ण, दर्शन दितलो ह्या भ्रमान मातय रावूं नाका.''

''राणाजी, तुमी धाडिल्ल्या विषाच्या पेल्याचें अमृत जालें देवाच्या अस्तित्वाचो हाजेंपरस व्हड पुरावो आनी कितें जांय?''

''आमका दया आयली म्हण तुमी वाचल्यो . देवाची कृपा व्हय ह्या राणाची कृपा. विषाचो पेलो भरिल्लो ऐन वेळार तुमची दया ह्या राणाक आयली आनी नकली विष धाडलें.''

''तुमी बंदखणीत घाली तेन्नाय दारा आपोआप उगडला आनी म्हजी सुटका जाली.''

''दारा उगडूक आमीच आदेश दिले. कश्योय असल्यो तरी तुमी राजपरिवारातल्यो.''

''तुमका देवाच्या अस्तित्वाविशीं सांगून कायच उपयोग ना. तुमीय तुमचो वेळ म्हजे खातीर फुकट वगडावूं नाकात. हें राज्य तुमका सांभाळूक जाय. ह्या राज्याविशीं तुमचें कर्तव्य आसा. राजघराण्याचो मानसन्मान राखपाची जबाबदारी तुमचेंर आसा हाजी जाणीव म्हाका आसा. म्हजो चित्तौड सोडपाचो ठाम निर्णय जाला. तुमका विनंती करता. तुमी म्हजी वाट आडावूं नाकात. राजा हांव जाणा. ह्या राज घराण्याखातीर हांवें कायच करू ना. म्हज्या जीवनप्रवासाचो चित्तोड फकत थांबो. चित्तौडाचो निरोप घेवन वचपाचो वेळ आयला. राजा भोज हें जग सोडून गेलें. आता ह्या भुयेंकडेंन म्हजें नातें ना अशे मनाक दिसूक लागला. वृंदावनात वचपाची ओढ लागलया. साक्षात कृष्ण मेळतलो तेन्ना हें पिशेंपण सोपतले.''

ऐश्वर्याचो भोग घेवप, संवसाराच्या चक्रांत घुस्पून सुखदुखात घुस्पवप ही सुखा खिणयाळी खरें सुख एकच. कृष्णाची भेट . राणाक उलवप सुचलें ना.

''राणाजी, आज चित्तौडातले निमाणें भजन आज म्हजी वाट आडावूं नाकात.''

राणा विक्रमादित्याक कळलें, मीरा आपली आयक पाची ना. ताणी हट्ट सोडला.

ते तशें परते गेले. चित्तोड सोडून मेवाड वचपाचे थारिल्लें.

... दुसऱ्या दिसा चित्तौडातल्या सगळ्यांनी भरिल्ल्या दोळ्यांनी आनी भरिल्ल्या मनान निरोप घेतलो. कृष्णभक्तीत मन रमलें पुण... दोळ्यांफुडें फकत साधुबाबांची उतरा. ''वृंदावन तुजी कर्मभूंय. मनशांच्या मनामनात तू कृष्णभक्तीची ज्योत पेटयतली.''

मेवाडाचो त्याग करून तिर्थयात्रेक वचसर तीय उतरा याद जाताली.

... चित्तोडे सोडून कितली वर्सा जाली. आज दोळ्यांफुडें राजा भोजाचें रूप, राणी कुसुमकुंवरबाईचें रूप आनी चित्तौडातल्यो यादी. राणी कर्मवतीबाईची उतरा आज कितल्याश्याच वर्सांनी परतीय याद जाली. ''मीरा, राजघराण्याची सून म्हणून तुमका आमका स्वीकारची पडली. तुमचें पिशें कृष्णप्रेम आमका आवडलें ना पुण तरीय निरागस मनाचेंर राणीन प्रेम केलें. मनासावन प्रेम केलें आनी फातराच्या काळजाचो राणा, पुण तांचें निमाणें तांचें काळजाक लेगीत निमाणे पाझर फुटलोच.''

''चित्तौडाचो निरोप घेवन वृंदावनाकडेन पावलां वळली.''

वृंदावनात पावचें पयलीच मन वृंदावनात पाविल्लें.

वृंदानाच्या यादींनीच मन धोलूक लागलें. बासरेचे सूर कानात घुमूक लागलें. यमुना न्हंय... मनाचो डोह हालूक लागलो. वृंदावनातल्यो काणयो आयकता आयकता मन धादोशी जातालें.

कोऽ को ऽ को ऽ कोकोको... कोब्यांचो साद हॅमें हॅमें गोरवांचो आवाज आनी गोरवांच्या गळ्यातल्या घाटांची कीणकीण... शेवण्यांचे गायन... युगायुगाची प्रतीक्ष ा सोपल्या. आता कान्हा मेळतलोच. ही कान्हयाची भूंय. वाऱ्याच्या झुळकेतय कस्तुरीचो परमळ आसा. हांगा मातयेच्या कणकणात कृष्णगंध भरसला. झाडा रूख, सगळ्यांनी वाटारात कृष्णाचो लीला पळयल्यात. साधुबाबाच्या उतरांनी सुप्त सपन काळजात आशेच्या रूपान फुलले. कृष्णाच्या भेटीच्या ओडीन वाट चलत आज त्याच भुयेंर उबी आसा.

''सपनां सत्य जायनात पुण मेवाड, चित्तौड परत मेवाड आनी आज वृंदावन. राजघराण्यातल्या हिंदू विधवेन गावागावात कीर्तन सांगत भोवप हें सगळें असंभव अशे. पुण असंभव संभव जालें. सगळें कान्हयानच घडोवन हाडिल्ले.''

''दिदी आमका यमुना पळोवक जांय.'' ललितेच्या आवाजान मीरेची तंद्री तुटली.

... मीरेचे मन मोने जालें. कांयच उलवचें न्हय, आयकुवचेंय न्हय फकत

अनुभवचें.

यमुना न्हय... यमुनेच्या देगेवेलो वांटार... यमुनेच्या ल्हाराल्हारांत कृष्ण नाचता... थेंबाथेबात कृष्ण... भोतवणच्या रूखांचेर कृष्ण... हांगाच बसून कृष्ण उलयला आसतलो... यमुनेच्या ल्हारांक स्पर्श केलो आनी मनातली कृष्णभेटीची ओड उमाळून वयर आयली.

... एक एक ल्हार कृष्णाची काणी सांगता. .. तो दीस जीवनातलो एक अद्भुतसो दीस. वाटांरात वास्तव्य करपाचो योग जुळुन आयिल्लो.

''मीरा राजघराण्यातली सून. चित्तौड सोडून ती आयल्या... वाटेवयल्या गावागावात तिजे पदां आयकून लोक मंत्रमुग्ध जाल्यात. एकतारी वाजयत ती पदां गायता. ते पदां तिणेंच रचल्यात... मीरेविशीं बातमी सगळ्या गावात पावली. लागी आशिल्ल्या कृष्णाच्या देवळातलें पुजारी मेळूक आयले.''

''सगळ्या कृष्णभक्तांच्यावतीन हांव तुमका मेळूक आयला. तुमची कीर्त आमच्या वृंदावनातय पावल्या आनी सगळ्या वृंदावनातल्या लोकांच्या वतीन तुजेंकडेन विनवणी करूक आयला. सगळे वृंदावनातले लोक तुमचें कीर्तन आनी पदां आयकूक सोदतात.''

मीरेन दोळें धापले. मनातल्या मनात कृष्णाक उलो मारलो,

''कान्हया ऽ, हांव तुज्या वृंदावनात पावल्या. लोकांची इच्छा आसा हांवे कीर्तन सांगचें.वृंदावनात येतसावन मोनी मोनी जाल्या. मनय मोने मोने जाला. काळजात फकत बासरेची धून... पुरोहितजीच्या विनवणीचो अनादर करपय शक्य ना. म्हजेंकडल्यान तू पदां बरोवन घेंता. कान्हया सूर गळ्यात घालून गावन घेंता. सगळें तूंच करता पूण आज ह्याच मीरेक तुवें मोनी केल्या.''

''केन्ना थारावया कीर्तन?'' पुरोहिताजीन विचारलें.

''सगळें कृष्णाच्या इच्छेन घडटा. तो ह्या वृंदावनात आसा... ताजी इच्छा जातली तेन्ना कीर्तन जातलें.''

पुरोहितजीन नमस्कार केलो आनी तें गेलें.

फातोड जावचें पयलीन उठप. यमुनेच्या देगेर गेलेंबगर मनाक सुख लागनाशिल्लें.

''ह्या जाग्यार कृष्णाच्या बासरेची भूल राधेक पडली. राधेन आपलो बिंदलो दवरून कृष्णाच्या फाटल्यान चलत रावली ती. ही जागा? खिणात कृष्ण दिश्टी पडतालो. दुसऱ्याच खिणात तो अदृश्यय जातालो. कृष्ण खरेंच हांगा मेळतलो? कृष्ण मेळलो जाल्यार ह्याच वृंदावनातच मेळतलो. साधुबाबांच्या भविष्यवाणीनुसार

सगळें घडला. वृंदावनात येयतसावन आपली स्थिती भ्रमीश्टशी जाल्या हाजी जाणीव जाल्ली.''

''ह्या मीरेक दर्शन दी कान्हया ऽ'' कान्ह्याक फकत उलो मारप. आर्त उलो केन्ना कान्हयाक आयकुक येतलो तो तोच जाणा. सगळी ताचीच लिला. ही मीरा फकत खामसुत्री बावली.

... वृंदावनातले दीसच वेगळे.

... दीस फुडें वतालें हांव कीर्तन सांगत ह्या वृंदावनात पावली. हांगाच्या दर एकल्याक म्हजें कीर्तन आयकूक जांय अशें दिसता पुण हांगा येतसावन म्हजेंर मोनेळशी पडल्या. हांव भ्रमीश्टशी जाल्यां. अशा स्थितीत कीर्तन कशें सांगप?

पुरोहितजी येतात. ''कीर्तनाचो दीस केन्ना थारावया.'' अशें विचारतात.

''मीरा, वृंदावनातलें सगळें लोक तुज्या कीर्तनाची वाट पळयतात. तुजी सुटका ना.'' मन सांगताले.

''वृंदावनात कीर्तन सांगप जमतलें? वाटेवेली गजाल वेगळी. ल्हान गांव. थंयची मनशाय साधीभोळी, भाबडी. वृंदावनात धर्माचे अभ्यास करपी आसात, विद्वान आसात. हांव कीर्तन सांगप म्हणजें खेळ न्हय.''

''पुण मीरा तुका केन्ना तरी हें धाडस करचेंच पडतालें. कितलो तेंप तूं कीर्तनाचो दीस फुडें धुकलतली.''

''पुण वृंदावनात पावल दवरत सावन हांव भानार ना. कीर्तन सांगप म्हाका जमचें ना.''

''तू कोण मीरा? म्हाका जमचें ना'' अशें तू कशी म्हणता. सगळें जमतले तुका. कान्हाच करून घेतलो पुरोहितजीक रकाद धाड आनी कीर्तनाचो दीस थाराय. आनी त्या उपरांतचो कीर्तनाचो दीस.म

ढोलांचो नाद... घांटीचो नाद... शंखाचो नाद... आरती उजवातीचो गंध आनी घार्टीचो आवाज देवळात पावित्र्याचे वातावरण पुरोहितान वळख करून दिल्यो आनी सगळ्या लोकांच्यावतीन कीर्तन सांगपाची विनंती केली. सगळ्याक नदर भोंवडायली... गर्दी भरिल्ली. गावागावात अभंग गायिल्लें पुण इतल्या गर्देफुडें गावपाची पयलीच वेळ. दोळें धांपले. कृष्णाक उलो मारलो कान्हयाऽ

''कृष्णकन्हैया ऽ तुझ्या वृंदावनात मीरा पावल्या. मीरा हें फकत माध्यम. तुका कितें सांगूक जांय ते तू मीरेच्या गळ्यातल्यान सांग.''

एकतारीचे सूर... आनी कांय वेळान गर्देचोय विसर पडलो आनी अस्तित्वाचोय.

आली म्हणे वृंदावन निका
घरघर तुलसी ठाकुर पुजा,
दरसण गोविन्दजिका निरमल नीर बह्या जमणा मां,
भोजन दुधदही कां रतन सिंहासण आप बिरज्यां,
मुकुट धऱ्या तुलसीका कुंजन कुंजन फिऱ्या सांवरा,
सबद सुण्या मुरलीका, मिरा के प्रभु गिरधर नागर,

भजनण बिणा नर फिका मीरा भानार आयली तेन्ना लोक जयजयकार करतालें.

''जयजयकार नाका प्रभू, फकत तुज्या दर्शनाची आस घेवन मीरा वृंदावनात आयिल्ली. ह्या कसल्या नव्या भोवऱ्यात गिरगिरायता. कृष्णाचीच इच्छा वृंदावनातल्या लोकांमदी गावचें. कृष्णानच सूर कंठीत ओतल्यात सगळी ताजीच लीला. कृष्णाच्या दर्शनाखातीर हांव वृंदावनात आयल्या आनी तो म्हाका वेगळ्याच खेळात खेळयता.''

कृष्णाकडेन मनातल्यान संवाद साधतासर पुजाऱ्यान म्हळें, ''तुमचे कीर्तन आयकुक सगळे उत्सुक आसात. ''

''वृंदावनात तर कृष्णच कृष्ण... हांगाच्या लोकांक कृष्णाविशीं कितें सांगतली. पुण पुरोहितजींच्या उतरांचो मान राखूक जांय आनी लोकांच्या विनंतीचोय.''

वृंदावनवासीयानो,

कृष्णभक्तांनो,

''म्हजें मन खोशयेन तुडुबं भरला. खोशयेन कंठातलयान उतराय फुटनात. वृंदावन ही कृष्णभुमी. मायतेच्या कणाकणात कृष्ण आसा... यमुनेच्या ल्हारांनी आसा... हांगाची फुला फुलतात कृष्णगंध दरवळत. श्वासाश्वासात कृष्ण. तुमच्या प्रत्येकाच्या रूपान कृष्णच वावुरता तुमी तर कृष्णभुयेंत जन्म घेतला. तुमका हांव कितें सांगू? ह्या भुयेंत पावल दवरपाचें भाग्य मेळलें. तुमका कृष्णाच्या भक्तांक एकच विनवणी... श्रीकृष्णाचें नांव घेयात. तोच तुमका प्रेरणा दितलो... तोच वाट दाखयतलो... जय राधेश्याम.''

मीरा कुटीरात आयली तेन्ना कुडकी गांव तें वृंदावन सगळे खिण याद जालें. आज वृंदावनात सिसोदीया घराण्याची सून ही वळख पुसून भक्त मीरा ही प्रतिमा तयार जाली.

नवी वाट सापडली... भजन करप. कीर्तन सांगप. ''मीरादेवी तुमचें कीर्तन सांगपाची तऱ्हाच आगळी. सामकें कृष्णजीवनातलें प्रसंग जीवें करतात. तेंय दर

दिसा वेगळ्या शैलीन. हेर कीर्तनकार येतात तें तीच तीच कथा सांगतात. दर वर्सा, सप्ताहभर कथा चलता मागीर दुसऱ्या गावात वतात. दरवर्सा तेंच पुराण. तुमचें कीर्तनच वेगळें. दर दीसा नवें आयकूक मेळता. म्हण आमी ओढीन येतात.'' अशें सांगत कांय लोक मेळूक आयलें.

''सगळे लोक तुमचें भक्त जाल्यात. मीरादेवी पुण कितें करता तें धर्माच्या शीमेत रावन कर. क्षुद्राक तांचें देव आसात.... तांका तांचे मर्यादिन रावनी... तुमचे समतेचे विचार दिसतात बरें पुण व्यवहारात तें चलपाचें ना.'' गावातलें परंपरागत विचारांचे लोक मेळूक आयलें.

''कसली मर्यादा? कोण क्षुद्र? सगळें कृष्णाचेंच भक्त. सगळ्यांमदी कृष्णच वसता. कृष्णाची ही भूंय. तो चराचरात आसा. प्रत्येक मनशात आसा जात धर्म, स्पृश्य-अस्पृश्य आमी मनशांनी केल्यात. देवाची भक्ती करपाचो अधिकार सगळ्याक आसा. मनशाचो धर्म. फकत मनीसपण वागप.''

''दीदी... तुमी तांका निरूत्तर केलें पुण तें शांत बसचें ना. तांका समानतेची शिकवण मातय मान्य ना.''

''मान्य नासू, ललीता कोणाक कितें मान्य हाजी पर्वा आपणें करप ना... सगळी देवाचीच मनशा नासता होच विचार हांव फाल्या कीर्तनात मांडतली.''

''दिदी तुमी धाडस करतात पुण म्हजें मन भियेंता.''

''ललिता वृंदावनात येतसावन तू चड विचार करूक लागला. दीस रात म्हजी चिंता करता.''

''आनी कितें करू दिदी? रात दीस तुमी कृष्ण प्रेमात गुल्ल. तुमका कृष्ण तशी म्हाका तुमी तूच म्हजो कृष्ण.''

''तुवें म्हाका राजाजींची याद करून दिली. राजा भोज अशेंच म्हणतालें. मीरा तू म्हजी कृष्ण राजाजी उपरांत म्हजेंर जिवापाड प्रेम केलें ललीता... तुजें म्हजें मदी नातें ना तरीय.''

''दीदी तुज्या आनी कृष्णामदी तरी कसलें नातें आसा?''

''ना कशें? भक्तीचें नातें आसा.''

''मागीर म्हजें तुमचें नातें अशेंच. तू म्हजी कृष्ण हांव तुजी भक्त... भक्त ललीता.'' ललीता खळखळून हासली.

''उलवण्यात तुका कोणच जिंकपाचो ना.''

ललिता हट्टान आयिल्ली. ह्या मीरेच्या सांगाताक सावळेसारकी रावली. वृंदावनाउपरांतचो प्रवास मात एकटोच करपाचो निर्धार केल्लो... ललितेक निरोप

घेवचोच पडलो.

वृंदावन म्हळें की कितलीशीच मनशा याद जातात. वृंदावनात जे प्रेम मेळ्ळें ते मेजूय नजो. वृंदावनान मीरेक घडयली. चित्तोडची राणी मीरा हे मीरेचे रूप विरगळ्ळे. मीरा संत मीराबाय जाल्ली. लोक संत म्हणतात पुण म्हजें मन तर अजून ह्या लोकांमदी गुंतता. म्हाका स्थितप्रज्ञ जावप जमना. कीर्तनकार जाली. वृंदावनाचें रूप सुंदरय आनी कुरूपय. वृंदावनात म्हाका सगळें मेळ्ळे. खूब खूब प्रेम आनी व्देषय. कृष्ण जन्माच्या वेळार आशिल्लें तशें वृंदावन उरूक ना. काळाच्या प्रवाहात वृंदावनाचेंय रूप बदललें.

१०

वृंदावनातल्या किर्तनाचो तो दीस. आताच घडिल्ल्या सारको याद जाता. कीर्तन सांगतना कितलेंशेचदा दिसतालें, ''हांव कीर्तन सांगना. कृष्णाच म्हज्या तोंडातल्यान तें वदवन घेता.'' अशेंच कीर्तन जालें. ''नीच कूळ आनी उंचेलें कुळ अशें कांयच नासता. देवाक सगळी सारकी. देवोचें नाव खंयच्याय भक्तान गांवक येता आनी देवाची सेवा खंयच्याय भक्तान करू येता. आपल्याक जाय तशी तुमी भगवंताची सेवा करूंक शकतात.''

कीर्तनाचो प्रभाव खूब जणांचेर पडलो. तातलो एक पातीराम. तो गरीब अस्पृश्य. ताणें कीर्तन सांगपाक सुरवात केली. वृंदावनातलें कांय लोक खुबळ्ळे. ताणी ताका येतिश्ट मार दिलो. गर्देकय चवताळायली. गर्दी चवताळता तेन्ना गर्देक विवेक नासता. अकस्मात सगळें घडलें. दोळ्यांफुडें आनी वोगी रावन पळवचें पडले. हांवें कांयच केलें ना कशे? कृष्णाच्या भुयेताली ही मनशां अशी कित्याक वागतात? ही भुंय सगळ्यांची. कृष्ण सगळ्यांचो. सगळ्या थरातल्या लोकांक भक्ती करपाचो अधिकार आसा. देव खंयच्याच एका पंथाचो न्हय. जातीचो न्हय पुण मनशाक कशें सांगप? कीर्तन आयकून तांची मनां बदलली असो समज जाल्लो पुण प्रत्यक्षात ती तशीच आसात. कृष्णा तुवेंच तांका वाट दाखोवपाची. तुवेंच म्हाका वृंदावनात हाडल्या. तूच म्हज्या तोंडातल्यान कीर्तन सांगता आनी तुजेंच कांय भक्त तुज्याच दुसऱ्या भक्ताक मारतात आनी तुज्याच ह्या निस्सीम भक्त मीरेक वोगी रावन पळवचें पडता. कृष्णा तुज्याच भक्ताच्या मनात जात-पात उच-निच अशे भेदभाव कित्याक येतात? सगळेंच तुजेंच भक्त. सगळ्यांक तुवेंच मन दिलां आनी मनात द्वंद्व दिला. कीर्तनान मनशाची मनां बदलनात तर कित्याक करप कीर्तन? म्हज्या

दोळ्यांफुडें पातिरामाक मारलो. हांवय तितलीच गुन्यावकारी. म्हज्यान विचारान पातिरामाका प्रेरणा मेळली. ताणें धाडस केले आनी प्रत्यक्षात म्हजे विचार व्यवहारात हाडले तेन्ना ताका सांभाळप म्हज्यान जालें ना. हांवेच प्रायश्चित घेवक जाय. अन्याय मुकाट्यान पळोवप अन्यायच. मन खूब अस्वस्थ जाले... प्रायश्चित म्हण उपास सुरूकेलो. ललीतान येवन सांगलें, ''दीदी तुमी उपास केलो म्हण लोक बदलचें ना. तुमी तुमका वोगीच त्रास करून घेतात.''

''ललीता, खूब वायट दिसता. कीर्तनान सुद्धा लोकांचेर परीणाम जावंक ना.''

''जावंक ना कसो दीदी? लोकांचेर परिणाम जालाच दोन गट पडल्यात. एक गट तुमच्या विचारांकडेन सहमत आसा. तुमच्या विचारांचो प्रभाव आसा. तांकां दिसता एकल्या मनशात आसा हो तुमचो विचार लोकांच्या काळजामेरेन पावला दिदी. गल्लीगल्लीत, वाड्यावाड्यार लोक पंगड करून चर्चा करतात. तांचे उलवणे हांवे आयकला.....''

''हो अन्याय पिळग्यान पिळग्यो आमचेंर जाला. ह्या पंडिताना, धर्माचे रक्षक म्हण भिरोवपी लोकांनी आमका देवाचें भय घालून, धर्माचें भंय घालून देवाचे देवळात पावल दवरूक दिवक ना. देवाचें कीर्तन सांगूक दिवकना. देवाक सगळी सारकी....''

''अशें लोक उलयतात दीदी. हें सगळें लोक उलयतात. तो तुमच्या कीर्तनाचो परिणाम न्हय तर कितें? दीदी तुमी उपास करू नाकात. उपासान प्रश्न सुटचो ना.''

''उपासान प्रश्न सुटलो काय ना तें हांव नकळो. पुण ह्या वेळार म्हजें मन दुविधेत आसा.''

उपास धरला ही बातमी लोकांमेरेन पावली. लोकांनी उलोवंक सुरू केलें. दर एकलो आपलें मत उक्तायतालो.

मीरा कीर्तन करची ना.

आमी अन्याय केला आनी शिक्षा मीरेक कित्याक?

मीरेन कीर्तनय करप बंद केला खंय?

आमी हाका जबाबदार आमी पातिरामाची माफी मागया.

ताजी माफी आमी मागप? कित्याक?

आमी मागचें नात माफी. आमी मीराबाईचें किर्तन आयकतात, तिका मानतात, हाजो अर्थ तिणें निधांर करचें आनी आमका धर्मकसंटात घालचें.

तिज्या इच्छेखातीर आमी धर्म बुडवप.

उपास करप वा सोडप तिजो प्रश्न आमी पातिरामाची माफी मागचे ना.

आनंदीलाल शेटजी तुमी भिवूं नाकात. आमी सगळें तुज्या फाटल्यान आसात. धर्माचें संरक्षण केला. धर्म राखपाखातीर पातीरामाचेंर हात उखलला. पातीरामाकडेंन तुजें वैरय ना दुस्मानपणय ना.

पातीरामान कीर्तन सांगप म्हळ्यार कितें? आमी ह्या वेळार आनंदलाल शेटजीच्या फाटी रावकच जांय.

मागीर तुमी बुद्ध नाशिल्ल्यासारकें माफी मागूक कशें तयार जालें तर रे?

फकत मीरादेवीखातीर -

''मीरादेवी! वा. कोणाची मीरबाई... कोणाची मीरादेवी... कोणाची दीदी... कोणाची ताई, कोणाची माई वावा! कोण खंयची चित्तोडची जिका कसलेंच धरबंद ना... जिका राजघराण्यातल्यान धांवडावन घाल्या अशी कलंकीनी विधवा तुमका कीर्तन सांगता आनी तुमी गोरवाशीं तिच्या फाटल्यान धावतात. तुमका मार्गदर्शन करता. तुमी तिका मानतात बरें आसा पुण आता तुमी असो कितें गुन्याव केला की उपासाच्या नावान तुमका तिणें कचाट्यात घाल्यात. तुमच्या सरळ स्वभावाचो गैरफायदो ती घेंता तेंय आज एक पातीराम कीर्तन सांगतलो, फाल्या अशें शंभर तयार जातले. पावसात तण उगवता तशें भक्तीच्या नावान धुमाकूळ घालतलें.''

हय मरे हो विचारच करूंक ना आमी.

आनंदलाल शेटजीन कायच करूं ना. गुन्याव तर मातय करूंक ना.

धर्माच्या रक्षणाखातीर विरोध केला.

मीरा दिसता तशी साधी ना. कपटी आसा. आमकाच एकमेकांकडेन झुजयता. आमी झगडटात.

करूनी उपास. तिजी मर्जी. खिणाखिणात गावातल्या लोकांचें विचार आनी मतां बदलताली.

गर्दी पयस गेली.... सगळी बातमी मीरेक कळताली. केन्ना धृपद येवन सांगतलो... केन्ना ललीता केन्ना आनी कोण.

''गावातल्या लोकांनी थारायला, माफी मागप ना... आनंदलालशेठजीन चूक करूना. मागीर माफी मागप ना... कांय लोक तुमच्या फावराद आसात. पुण कांय लोक सामकें विरोधात तुमी दाटून गावात गट करतात अशें लोकांक दिसता... दीदी तुमी करता लोकांच्या बऱ्याखातीर पुण लोकांक कळना. तुमचेंविशीं कित्याक कितें उलयलें की म्हाका खूप वायट दिसता.'' ललितान म्हळें.

''आपल्या चुकीचो पश्चाताप जालो जाल्यार माफी मागप. तांका तर पश्चाताप जावंक ना. माफी मागून कितें उपयोग? पातीरामाची माफी हांवें मानूक जाय. पातीरामागेर रकाद धाडूक जाय.''

पातीरामाच्या घरा रकाद धाडलो. सगळ्या लोकांक ती बातमी पावली. परत लोकांचे पंगड एकटांय जमले.

आमी चूक करप आनी मीरादेवीन माफी मागप?

पुण आनंदलाल शेठजीचेर सक्ती कशे करतले?

अपराध घडला शेठजीकडल्यान. मीरादेवीन कित्याक माफी मागप?

कोण म्हणता अपराध घडला?

धा जाणा धा तोंडानी उलवंक लागले.

मीरादेवी आज उपास सोडता ही खोशयेची गजाल. सगळे घराकडेन जमले... तातूत आनंदलाल शेठजीय आशिल्लो.

''शेठजी तुमी?''

''मीरादेवी माफी मागता. अशें आयकलें म्हणून हांवच आयलो. ती वृंदावनाचीं सोयरी. सोयऱ्याक आमी देव मानतात.''

''धन्य धन्य तुमी शेठजी.'' लोकांनी जयजयकार केलो.

''मीरादेवी, म्हजेकडेच्यान चूक जाली. हांव तुमची माफी मागतां आनी तुमच्या शिष्याची... पातीराम खंय?''

''पातीराम अजून कसो आयलो ना?''

''कसो आयलो ना पातीराम? ललीतेकडच्यान रकाद धाडला ताणें येतां म्हण सांगिल्लें.''

इतल्यान कोणे सांगलें, ''मीरादेवी, पातीराम वृंदावन सोडून गेलो.''

''कितें''

आरें पातीराम ना तर आमी कितें करप.

मीरादेवी तुमी उपास सोडात.

एका आनंदलाल शेठजीचो राग आमचेर काडूक नाकात.

''मीरादेवी माफ करात. पातीरामाची माफी मागपाची. तो आयलो ना. तुमची माफी मागता. उपास सोडात.''

''पातीराम खंय गेलो?'' हीच ताजी जन्मभूंय... कितें तरी षडयंत्र आसा. कळूकच जाय. उपास करून समाज सुधारपाचो ना... रूढी एका खिणात ना

जावपाच्यो ना. मागीर करप कितें? यत्न सोडून दीवप...?

सगळी गर्दी फाफसली. मन खिन्न जालें.

''पातीराम गेलो खंय?'' एकच प्रश्न. मनातलो प्रश्न कसोच वचना. तितल्यान एक भक्त आयलो.

''मीराबाई, पातीरामाची माफी मागतलो अशें फकत नाटक केलां आनंदलाल शेठजीन आनी तांच्या वांगड्यान. पातीरामाक धमकावन गाव सोडून वचंक ताणी लायला. वृंदावनाचें रूप दिसता तितलें साधें ना. महाभयंकर आसा. गर्देतलें लोक उलयता ताजेवेल्यान म्हाका दुबाव मारिल्लो.''

लोक उलयताले, तांचें उलवणें कानार पडटाले.

''आरे पातिराम अजून कसो आयलो ना?''

''बरें जालें रें. कित्याक जाय तो. आनी पातीरामाचें पडला कोणाक रे... मीराबाईन उपास धरला. ती कीर्तनाय सांगना. आमकां मीराबाईचें कीर्तन आयकूक जांय.''

''मीराबाई पिशींच. कितें पिशें तकलेंत घेतला. पातीरामाची माफी मागपाचे.''

''पिशीच ती. तातूत दुबाव आसा? शाणी मनीस राजवाडो सोडून अशी वणवण भोवता.''

''पुण हो पात्या गेलो खंय रे. आमका ताटकळत दवरला ताणें. म्हज्या पोटाक चुरचुरून भूक लागल्या.''

''आरे पातीराम येवचो. आनंदलाल शेठजी त्या पात्याची माफी मागतलो? आरे माफी मागपाचें नाटक केला रे फकत नाटक. वृंदावनातलें राजकारण मीरेक कळचें ना... आ रे तोंड आ करून कितें पळयता?'' वृंदावनात नवो आयला तू? आ?

''हय म्हरें म्हज्या तकलेत कशें आयलें ना हांगा कितेंय घडू शकता.''

''चित्तोडची राणी म्हणून मीरबाईच्या वाटेक कोण वचना. ना जाल्यार तिची पोटली बांदून यमुनेत उडोवक लोक फाटी सरचें नाशिल्ले.''

''आरे ल्हवू उलय. आमका नाका भानगड्यो आमचें पोट बरें आमी बरें.''

अशें सगळें नाटक घडला मीराबाई.

''दीदी''ललीतान उलो मारलो. ललीता कितें तरी सांगूक सोदताली.

''पातीरामाक म्हजेंखातीर वृंदावन सोडचें पडलें. वृंदावनाचें रूप दिसता तशें साधें ना. खूबच भयानक आसा.''

''तेंच तर दीदी हांव तुका सांगताली ही भुंय कृष्णाची... हांगा खूप चमत्कार घडतालें. आनी आताय घडटात. फरक इतलोच कृष्णाचो जागो भोंदू साधूंनी

घेतला, गंडेदोरें बांदपी बुवांनी घेतला.... दीदी तुमी चड विचार करू नाकात... कृष्णाची पूजा करात आनी शांत न्हिदात.''

ललीतान सांगलें शांत जायात पुण मन चडच अशांत जाल्लें.

''मनात प्रश्न... कितलेंशेंच प्रश्न पडल्यात कान्ह्या.''

कांय दीस अशेंच गेलें. भक्तीत रमप लोकांमदी चड गुंतप ना अशें थारायलें. पुण थारायलें तशें वागूक मेळना.

''मीरादेवी ऽ मीरादेवी...'' आनीक एक वृंदावनातलो प्रसंग.

''कितें जालें....?''

''गावाभायल्या देवळात एक मांत्रीक आयला.''

''वृंदावन मायानगरी... भोंदू साधू, मांत्रीक पावलापावलाक आसतलें. तातूत नवीदाद ती कितें?''

''मनात थारायिल्लें वृंदावनात गुंतप ना. फकत कृष्ण कृष्ण करप.''

''आयकून तरी घें ताई. मांत्रिक महाभयंकर. ताज्या सांगण्यान आपल्या पोटच्या भुरग्याक बळी दिवक भुरग्याची आवयबापूय ताजेकडेंन भुरग्याक घेवन गेल्यात.''

''कितें?'' गावातल्या लोकांच्या भानगडीत पडचें ना अशें थारायले तरी मनीसपणाच्या भावनेन तुका वचचेंच पडतलें. मनान सांगले.

''खंय तें... चल दाखय म्हाका.''

मीराबाई गावाभायल्या देवळाकडेंन चलल्या.

मांत्रिकान भुरग्याक बळी दिवंक यज्ञ केला.

चलात आमीय या. फाटल्यान लोकांचो पंगड आयलो.

भुरग्याक बळी दीवपाक जायना.

देवळाच्या वाठारात पावली. यज्ञ धगधगतालो. मांत्रिक तोंडातल्यान मंत्र पुटपुटतालो. यज्ञात सामुग्री वडयतालो. कोंबड्याचें बांदतात तशें भुरग्याचें पाय बांदिल्लें. आनी भुरगो आकांतान रडतालो....

तोंडान सोरोप फुत्कारता तसो फूस फूस आवाज... विचित्र मंत्र... दोळ्यांत उजो...

''कित्याक आयल्यात तुमी?'' मांत्रिकान विचारलें.

जाप दीवपाचें सोडून लोक दोन पावला फाटी सरलें.

''कित्याक आयल्यात? वाचा धरली? चलात आयल्या तशें परत वचात. म्हज्या कामात विघ्ना हाडू नाकात.''

''मांत्रिकाचो अवतार पळोवन तुमी फाटी सरलें? हें आवयबापूय भुरग्याचो बळी दितात. तांची मती घुंवल्या. बुद्धी भ्रश्ट जाल्या. पुण ह्या वेळेर भियेवन उपयोग ना.''

''चलात... हांगा तुमचें कायच काम ना.'' मांत्रिकान धेंगसो घालो.

''आमी वतली पुण ह्या भुरग्याक घेवनच.'' अशें म्हणून आवयच्या हातातलें भुरग्याक ओडून घेतलें. बाकीच्या भक्तांकय नेट आयलो. सगळे लागीं येवन उबे रावले.

''तुमी आवयबापूय जावन आपल्या भुरग्यांक बळी दिवंक फुडें सरल्यात. जनावरय आपल्या भुरग्यांक राखतात. आनी तू आवय? आपल्या भुरग्याक ह्या विकृत अधर्मी राक्षसाच्या स्वाधीन करता?''

''कालीमातेक..''

''कालीमातेक तुमी तुमच्या भुरग्याचो बळी दितात? काली मातेक, मनशाचो बळी जाय म्हणून कोणें सांगला? कालीमाता आवय. आवय रक्षण करता भक्षण करना. ल्हान भुरग्याचें रक्त पिवन ती प्रसन्न मातय जावची ना. तिका रक्त जांय आसल्यार राक्षसाचें.''

''सुंदर रूप धारण करून आयिल्लें तू मायावी राक्षसी. तुजी बडबड खूब आयकली. तू आयल्या तशी परत वच आनी कालीमातेच्या भक्ताक खुबळावू नाका... एक उतर काडल्यार मंत्रान तुका भस्म करतलो.'' हिंस्त्र विद्रुप तोंड करून मांत्रिक आड्डलो. दात ओठ खावन ताणें पळयलें.

''हो मांत्रिक तुमका फसयता. ताज्या बडबडीकडेंन मातय लक्ष दीवू नाका. बळी दिवन कालीमा प्रसन्न जावची ना. वयल्यान तिजो कोप जातलो. देवी तुमका माफ करची ना. अधर्मी कर्तृपा करपाचें तात्काळ बंद करात.''

''चुकलें आमचें. आमच्या गोमटेंर म्हारू बशिल्लो. मांत्रिकान सांगलें, आनी आमी ताज्या सांगण्यार विश्वास दवरलो. तुमी आमचें दोळें उगडले. आमका आमचो भुरगो जांय. आमची चूकलक्षात आयल्या. आवय हुंडक्याहुंडक्यांनी रडूक लागली. आनी ''ताई आमच्या भुरग्यांक वाचय...'' म्हणत पाय धरलें.

''भुरग्याचेंर तुमचो कसलोच अधिकार ना. संकल्प करून बळी खातीर तुमी ताजेंर उदक सोडला. देवीक तुमी ताका अर्पण केला. सगळो विधी जाला. आता फकत बळीचो सोपस्कार उरला... कोण खंयची मायावी चेटकीण ही. तिजें तुमी आयकतात? कालीमातेच्या पुजेन विघ्न हाडतात. खिणात भस्म करून वडयता.'' मांत्रिकाचे दोळें इंगळेंशें पेटले.

''ॐ...ॐ न्हीम म्हीम'' अशें सोरपासारकें चित्कारत फू... फू करत मांत्रीक मंत्र म्हणूक लागलो.

''ताई आमी वचया. मंत्राच्या बळार तो मनशाचें माजर करता... बोकडे करता...''

''जन्म देव दिता.. खंयच्या योनीत जन्म घेवप हें देव थारायता. मनशाचे माजर करता अशें सांगून तो तुमका फसयता. तुमच्या भोळेंपणाचो फायदो घेत तुमच्या अंधश्रद्धेक लागून असल्या मांत्रिकाचें फावता... आनी मांत्रिक खरोच चमत्कार करपी तर करून्ही. मांत्रिकमहाराज तुमच्या तंत्रमंत्र विद्येच्या मदतीन तुमी कराच म्हाका बोकड ना जाल्यार माजर. तुमका जाय तो प्राणी करात.''

''ताई, तो जादू करपात तरबेज आसा. ताणें तशें केलें जाल्यार.'' भिवन एकट्यान म्हळें.

''तुमच्या अंधश्रद्धेचो, अज्ञानाचो फायदो असलें लोक घेतात. एक आवय आपल्या भुरग्याचो बळी दिवक तयार जाता... पुण आज हांव मात ह्या धूर्त मांत्रिकाचे खरे रूप पळयलेबगर वचची ना.. आनी खरेंच जर मांत्रिक माजर करता तर ताका मान दिवंक जाय. ही मीरा ताका शरण वतली.''

मांत्रिकाचे मंत्र थांबले... स्वगत उलवचें तशें मांत्रिकान म्हळें, ''मीराबाय! चित्तोडची राणी... कृष्णभक्त मीरा!??'' अडखळत, भियेत ताणें विचारलें.

''हीच मीराबाई, चित्तोडची राणी.'' लोकांनी म्हळें.

तसो मांत्रिक पट्ट करून उठलो.

''माई... क्षमा करात... पापी आत्म्याक क्षमा करात. हांव पाप पोटाखातीर करतां.''

''चुकीचो खरेंच पश्चाताप जाला? तुका पश्चाताप जाला म्हणजेच देवान तुका सुधारपाची संधी दिल्या. फकत देवाचें एकसारके नाव घेतल्यारच तुजें पाप धुवन वतलें... हरीस्मरण कर... हरीच तुका वाट दाखयतलों.''

भक्तासयत गावाकडेंन येतना मनात समाधान आशिल्लें. हाजेफुडें अंधश्रद्धाळू लोकांक मार्ग दाखवप... यत्न केलो जाल्यार मांत्रिकासारको मनीस सुधारपाचें थारायता.

अशेंच वृंदावनतालें दीस फुडें वतालें.

वृंदावन आपलेशेंच दिसूक लागलें.

गांवातले गिरेस्त, नामनेचे लोक आनी कश्टकरी गरीब. सगल्या लोकांचो प्रचंड विश्वास. ल्हवू ल्हवू गावातलें प्रतिष्ठित लोकय भायर सल्ले. कितेंय प्रश्न आसलो

काय मीराकडेन येवप.

कांय जाणांक नसाय जावंक लागली. मीरेखातीर आपल्याक मान मेळना. आपलें स्थान धोक्यात आयलां... वर्सानवर्सा चलत आयिल्ल्यो चाली, परंपरा, अंधश्रद्धा हांचीं पाळांमुळां ही खंयची मीरा येवन हालयता आनी लोकांचो ताजेर विश्वास वाडत आसा.

हें लोक दुस्वास करतलें.

पुण वृंदावनात जीव उवाळून उडोवन प्रेम करपीय लोक आशिल्लें.

वृंदावनात दीस केन्ना उदेतालो आनी अस्तंतालो तेच.

कळनाशिल्लें... दीस वताले...

वृंदावनातलें दीसच वेगळे.

पुजा करतां करतां, पदां गायता गायता मन शांत जातालें. यमुनेच्या तिरार बसतगीर मन अशें तादात्म्य जातालें की दिसतालें, कृष्णाच लागी आसा.

अशीच पुजेत मग्न आसतना ललितेन उलो मारलो. ''दीदी ऽ दीदी'' ललीता पुजेत आसतना केन्नाच उलो मारना.

''ललीता कितें जाला.''

''दीदी गिरीधराक हे जग सोडून गेलो... आनी रमा.''

''रमा ऽ भजन आयकूक येताली ती तिका कितें जालें?''

''ती सती वता.''

''सती?''

''लोक सांगता ती आपले मर्जेन सती वता. सती वचपाची तयारीय सुरू जाल्या. दीदी वाजपाचो आवाज येता तो ताचोच.''

''ललीता खरेंच ती स्वतःच्या इच्छेन सती वता? कांय तिजेर सती वचपाक जबरदस्ती केल्या.''

''आमी कितें करतली दीदी? तांची मर्जी.''

''ललीता हें तू उलयता?''

''दीदी वृंदावनात हजार प्रश्न. तुमी खंयचें खंयचें प्रश्न सोडयतली. म्हाका दिसता आमी तांचेमदीं ना पडल्यारच बरें.''

''आमी वोगी रावप? आनी तिका अग्नीक बळी दितना पळवप? अन्याय जातना पळवप? भुरग्याक मांत्रिक बळी दिता तेन्ना वोगी राविल्ली जाल्यार भुरग्याचो जीव वतलो आशिल्लो. आमी सगळी गेली म्हणून भुरगो वाचलो. मांत्रिकाकय आपली चूक कळ्ळी. मांत्रिकय बदललो. आज तोच मांत्रिक ᳚फ बरें जीवन जगता. सती

प्रथेच्या नावान बायलांचो बळी दिवप हो तर अमानवी, अघोरी प्रकार. सती प्रथेची विरोध करूंक जाय. तुमी आसात म्हज्या सांगाताक तुमकां पट्टा तर येयात ना जाल्यार हांव एकटीच वता.''

''चर्चेत वेळ फुकट वगडावं नाका. वेळ थोडो आसा. रमाक वाचोवक जाय.''

''दीदी हो पळय धृपद येंता.. कितें तरी खबर हाडल्या आसतली.''

''खबर कितेंय आसू. रमाक वाचवपच. कृष्णाचेर भार.''

''दीदी खंय वतात तुमी''

''रमाक वाचोवक.'' ललीतान सांगलें.

''तें शक्य ना.'' धृपदान म्हळें.

''धृपद बऱ्या कामाक वतना अपशकूनी उलवचें न्हय. आनी वाट आडवची न्हय.''

''दीदी...''

''मांत्रिकाच्या चपक्यातल्यान भुरग्याक सोडोवन हाडलो मरे.''

''ललीता तेन्नाची गजाल वेगळी. हें साधें प्रकरण न्हय. सगळी बातमी मेळल्या. म्हाका मोठें कटकारस्थान शिजला. दीदीक शह दिवंक. सामकें पध्दतशीर.''

''दीदी विश्वास दवरात- रमा फकत निमीत्त खरें तर तुमचें विरूद्ध...''

''ललीता चलात- वेळ खूप थोडो आसा... धोलताशाचो आवाज हेदोळच्यान आयकूक येता - म्हणटगीर सतीची तयारी जाल्या आसतली. कितें करपाचे तें बेगीन करूंक जाय.''

खिणभर दोळें धापलें.

रमाचें रूप कितलें सुंदर निरागस...

याद जालो भोजराजाचो मर्णाचो दीस... भोजराजाकडेंन घडिल्लो संवाद-भोजपाराचें पत्र... आनी खिणात सगळें बदललें... येदें व्हडलें चित्तौडचें घराणें पुण पत्रान ताणी निर्णय बदललो.

... सगळें कृष्णानच घडोवन हाडलें.

''आताय कृष्णाच चमत्कार घडयतलो.''

''चलात, चलात'' जसो काय राजा भोजच सांगतालो.

पुराय वृंदावनात गर्दी-सतीदेवीचें दर्शन घेवप हें भाग्य वेगवेगळ्या जाग्यावेल्यान, गांवातल्यान लोक जमिल्लें. ढोल... ताशें... झांजो... ''सती रमाबाईकी जयऽ''

''सती रमाबाई अमर रहेऽ''

फुडें गिरीधराची अंत्ययात्रा आनी फाटल्यान रमा व्हकलेसारकी सजून चलताली.

खरें तर ती चलनाच तिका धुकलून व्हरताली. सवायशिणी हळदकुंकूम लायताल्यो. कुंकमान तिजें कपल तोंड रक्तान भरिल्ल्यासारकें भरला. तोंड सुद्धा वळखूंक येंना. फुलांच्यो माळो गळ्यात, तकलेर फुलांचो पाटलो कसो घाला... सजयिल्लें बुजगावणेंशें. लोक एकठांय जमलें की कवतुकय करतात आनी बकच्छायोय.

लोक उलयतालें, गिरीधरचेंर तिजें खूप प्रेम आशिल्लें.

सती वचपाचो निर्णय घेवक केदें काळीज जांय? कोण तरी धावत धावत आयली आनी सांगलें, ''मीराताई ऽ मीराताई ऽ''

''ताई खरें तर तिज्या इच्छेविरूध्द तिका सती वचूक लायल्या अशें आतांच वाटेर कळ्ळें. रमाची शेजान्न सांगताली की तिका घुवळें वखदा दिल्ल्यात आनी तेंच खरें आतसलें... ती चलताच घुंवळ्ळ्यासारकी. चलता खंय बुजगावण्याक धुकलून व्हरतात तशें तिका व्हरतात.''

दीदी, नाका नाका तें आरोप केल्यात खंय तिजेर, किर्तन आयकूक वता... पदां आयकून नाचता...

''चलात बेगीन चलात... खबऱ्यो, करूक वेळ ना.''

मीराबाईची पावला सडसडीत पडूक लागली.

'' ही पळय मीराबाई आयली.'' वाटेवेले एक बायलेन म्हळें...

''बाई तुमी आयल्यो? बेगीन वचात... घुवळीचें वखद तिका दीवन फुडें व्हेल्या. उलवपाची, विरोध करपाची शुद्ध ना. तुमका पळोवन तिचो बेत बदलतलो म्हण जतनाय घेतल्या खंय. भोगूं बाबडेचे, चुरचुरे.''

''चलात चलात आमीय या मीराबाईच्या फाटल्यान.'' वचय येदे व्हडलें वृंदावन कोणेंच केलो ना तन्नी बायल, अशी उज्यात धुकलप.

''धर्माचो प्रश्न तो ताईबाय- तुका कितें कळता?''

''धर्माचो प्रश्न कसो आमचोय प्रश्न. आमीय बायलो म्हगो. फाल्या आमचेंर अशें संकट आयलें जाल्यार? तिजें रूप पळोवन म्हाका कलकलूक लागलें बायें. आमकाय धुवो. सुनो आसात. सगळें दीस सारकें नासतात रमाचें वय तें कितलें... चलात बेगीन चलात - मीराबाई. ''

''तू कित्याक मदी पडता. तुका धुवो सुनो आसात.''

''मावशें तू वोगी बस. तू कितें मीराबाई? तिजें वेगळें गे. तिका घर ना संसार ना भुरगी ना. जनसेवा करू न्ही. तुजी भुरगी आसात. कुंभनदासाचें शिष्य खंय लोकांक धमकायतात, तोंड उगडलें जाल्यार पळय अशें सांगतात.''

''आगो बायें- हांव वोगी रावता- बरें जाल्लें सांगून. रमा गेली ती गेली. तिजें बरे

करूंक म्हण वचूक आमीच त्रासात पडत.''

''मागीर गरज नासतना संकट कित्याक आंगार घेंवप अशें येवजून सगळें वोगी रावल्यात. आमीय वोगी रावयां.''

ढोल ताशाच्या गजरात मसणभुयेंत पाविल्लें.

''सतीक हाडातऽ सतीक हाडात.''

ब्राह्मणाचें मंत्रोचार, ढोलांचो, ताशांचो आवाज, लोकांचो बोवाळ... चितेच्या लागी सतीच्या विधीचें सामान रार्शीन दवरिल्लें. नाल्लाची रास, तांदळाची रास फुलांचे हार उजवल्यो, कापूर...

कृष्णाची पुजा आसता तेन्ना देवळात लेगीत इतलीं फुलांची रास पडना. रमाबाईक चितेर बसयली तेन्ना फुलांनी भरिल्ली फुलांच्या हारांनी अशी गुटलायिल्ली की हातपाय हालोवक मेळनात.

आचार्य आनी मठाधीपती भाषण करूक उबे रावले.

''आयज आमच्या भुयेंत म्हान घटना घडपाची आसा. सगळ्या वृंदावनान अभिमान बाळगपासारकी घटना आमची धुव रमा, सती वता. बायलेचो धर्म पाळपाचें काळीज थोड्या लोकाक आसता. तांतली आमची धुव रमा. तें तिजें भाग्य आनी ह्या भुयेचें...''

''मीरा आयलीऽ मीरा आयली.''

''आरें बाबा... फाटल्यान भक्तय आसात.''

''सतीप्रथेची ती विरोधक.... रमाक ती वाचयतलीच.''

''जाव बायें वाचयल्यार पुरो रमाक. पळयल्यार काकुट दिसता तिजी.''

''मठाधीश, तुमचेंविशीं म्हज्या मनात आदर आशिल्लो. तुमीय ह्या निंद्य कर्तुबांत सामील जाले. एकें अबला बायलेक तिच्या इच्छेविरूद्ध, घुवळेवखद घालून सती वचूक लावपी कसलो तुमचो धर्म?''

''मीराबाई तुमचो कितेंतरी गैरसमज जाला. रमाबाई स्वतःच्या इच्छेन सती वता. आमी तिजेर जबरदस्ती करनात.''

''हिका पळयल्यार दिसता ही स्वतःच्या इच्छेन वता अशी? शुद्धीर खंय आसा ती? अर्धवट घुंवळीत आसा. घुवळी वखदा दिल्यात तिका.''

''हो तुमचो धर्म? ही परंपरा? आज रमाक बळी दिवक तुमका वायट दिसना. फाल्यां बायला, सुनो, चलयो आसताल्यो. तुमी खंयच्या तोंडान विरोध करतलें? कांय धर्माच्या नांवान कवळ्या चलयेक उज्यात वडयतले?''

''मीराबाई हें धार्मिक कार्य. वृंदावनात धर्माधिश, पंडित महापंडित, विद्वान

आसात. आमच्या धर्मातल्या ह्या प्रथा आसात. धार्मीक कार्यात तुमी विघ्न हाडू नाका. आमका धर्माप्रमाणें वागूक दियात.''

''खंयच्या धर्मग्रंथान सांगला मनशाक जाळात म्हणून? खंयच्या ऋषीमुनींनी बरयला? सांगात. खंयच्याच ग्रंथानी बरोवक ना. धर्मग्रंथ हांवें वाचल्यात.''

धर्मग्रंथात सांगला, भक्ती करात हरीनाम म्हणात. धर्म, रूढी आमी पाळतात. प्रत्येक जाण आपलें आपलें स्वतंत्र गट करून स्वतःचे मान, अस्तित्व टीकोवपाक धडपडतात. धर्माचें कोणाकच पडूक ना. धर्माच्या नावान फकत अधर्मी कृत्या करतात. अंधश्रद्धाळू लोकांक फसयतात. अज्ञानी लोकांक फसयतात.

खरो धर्म म्हळ्यार मनीसपण, दया, क्षमा शांती. धर्म अहिंसेची शिकवण दिता.

धर्म माणुसकीची शिकवण दिता.

धर्म समानतेची शिकवण दिता.

अज्ञानाचें आनी अहंकाराचें सांवट जंय आसता. थंय धर्म नासताच तो धर्म न्हयच. आज जें कितें निंद्य कृत्य घडता ती हिंसा. खंयच्याच बायलेक तिच्या इच्छेविरूद्ध धर्माच्या नांवान बळी दिवपाचो कारस्थान करप हो धर्म? तोय कृष्णभूंयेत?

कान्हा अधर्माविरूद्ध लढलें. ताच्या स्पर्शान ह्या भुयेंतलो कणनकण पावन जालो आनी अशा भूयेंत अधर्म वयर सरलो. रूढीच्या चौकटीत रावन अधर्म करतलें. आपल्या भयणांक, चलयांक, सूनांक, धर्माच्या नावान उज्यात ढुकलतलें?

''खरें म्हरें मीराबाई म्हणता तें विचार करपासारके.''

''खरें तर खरो कृष्णभक्त जो आसा जो कृष्णाक पुजता, भजता तो खरो मनीस ताजो जल्मच जाला. बायल मनशांच्या रक्षणाखातीर.''

श्रीकृष्णाचो जन्मच जालो त्या वेळार असोच अधर्म चलतालो. तेन्ना प्रत्यक्ष विष्णू भुयेर अवतरलो धर्माचेर चढिल्ली राक्षसी वृत्ती पयस करून कृष्णाक जन्म घेतलो.

सज्जनाचें, गरीबांचे, दुख्खी लोकांचें, संरक्षण करूक दुष्ट लोकांक मारूक आनी बऱ्या धर्माची पुनर्स्थापना करूक.

पुण आज राक्षशीवृत्तीचे लोक अच्छेव करतात. धर्माच्या नावान षडयंत्रा रचून तुमच्या अज्ञानाचो फायदो घेतात. आनी धर्मपीठाधीश अशा लोकांचेर बहिष्कार घालपाचें सोडून ताका शिक्षा करपाचें सोडून, तांकाच सांगात दितात.

पळयात ह्या रमेकडेंन. ही कृष्णभक्त. हरीचें भजन गायताली. तिका घुंवळी

वखद दिला हे तिका पळयल्यार कळता. पयलीच घोवाच्या मर्णाच्या आघातान ती गर्भगळीत जाल्या. तातूत नाका नाका तें आरोप करून, जबरदस्तीन दडपणा हाडून तिजी उरिल्लें धीरय सोपयला. तिणें विरोध करचो न्हय म्हणून घुंवळी वखदां दिल्यांत. आनी फुलांच्या हारांनी तिजें हातपाय बांदल्यात. तुमीच पळयात. ती शुद्धीर आसा. तिणे तशें गर्देफुडें आपल्या खणखणीत आवाजात सांगलें जाल्यार तिका सती वचू न्ही. हांव तिका आडायना. तिज्या इच्छेन ती वता?

''ती शुद्धीरच ना.''

''हो बळी दिवप न्हय?''

''कुंभनदास दात ओठ खावन पळोवक लागलो. कुंभनदासान पळयलें डाव आपल्याचेर परतता. लोकांचीं मनां बदलतात. अशें जावंक फावना कितें तरी करूक. धृपदान सांगिल्ले व्हड कटकारस्थान. कसलें कारस्थान तें हांव नकळो पुण कुंभनदासान कुचित्रीपणान म्हळें.''

''तुज्या ह्या मायावी उतरांनी कांयच परीणाम जावपाचो ना. हें देवाच्या नावान नाचगार्णे करप न्हय.''

''चलात, सोडयात रमाक, तुमका धर्म जितो दवरूक जांय जाल्यार येंयात फुडें सोडयात ह्या रमाक. खंयच्याय शास्त्रान मनशाक बळी दिल्यार देव प्रसन्न जाता अशें खंयच बरोवपाक ना.''

इतलो वेळे राजपुरोहीत वोगी आशिल्लो.

राजपुरोहिताचो वृंदावनात दरकार आशिल्लो. राजपुरोहितान सात्विकपणाचें सवंग घेतिल्लें. राजपुरोहिताक गावात खूप मान आशिल्लो. ताज्या सभ्य गृहस्थाच्या रूपड्याआड सैतान लिपिल्लो. हें तागेलें खरें राक्षसी रूप खूब थोड्यांकच खबर आशिल्ले. तेंय तागेल्या लार्गीच्या मनशाक, ताज्या सेवकांक राजपुरोहिताविरूध्द उतर लेगीत काडपाची कापस्ताद तांका मातय नाशिल्ली. इतले ते ताका भियेतले.

राजपुरोहितान खूब पयशे केल्ले. राजकारण्याकडेंन, राजाकडेन तागेल्या वळखी, पुण ताजी निष्ठा मात कोणाकडेंन ना. राजाकडेंन निष्ठा ना. भुयेंकडेन निष्ठा ना. धर्माकडेंन ना. आपलो फायदो जाता जाल्यार केसान गळो कापपी असो हो राजपुरोहित. आपल्या इल्लेशा फायद्याक कोणाचो घात करतना मात लेगीत विवेकी विचार ताज्या मनात येंना आशिल्लो. सामको उरफाट्यो काळजाचो काळजाचो. सगळी वायट कर्तुपां तो करतालो. ताणें गुंड पोशिल्लें. ते गुंड ताका मदत करताले. गुंडाचो वापर करून लोकांक लुटप, तांका भेश्टावप आनी सगळें करून आपुण नामनिराळो रावप. धुर्त, कावेबाज, कपटी, सगळ्या वायट

विशेषणांनी वर्णन केल्यारय उतरावळीतलीं विशेषणा लजेन मान सकल घालतलीं. असो पाताळयंत्री, पापात्मो, राजपुरोहित कितल्याशाच बायलांची ताणें वाटय लायिल्ली. कितल्याशाच बायलांचो जीव घेतिल्लो.

राजपुरोहीतान उलवंक तोंड उगडतगीर सगळें तागेले सवंगडी ताज्या फाटल्यान येवन रावले. सगळे दोळ्यांतल्यान उजो ओकत रोखून पळोवक लागले.

नीच दुष्ट काळी कृत्या करूक हे सगळे लोक आपल्या फायद्याखातीर एकठांय आयिल्ले.

कुंभनदासापरसय महाभयंकर अशें हे लोक षडयंत्र करूक, धर्माच्या नावान लोक फसवपाची कलेत सामके निपूण आशिल्लें. ह्याचा लोकांनी कृष्णांची धर्मभूंय, अधर्मभूंय केल्ली. आनी तरीय हें धर्माचें रक्षक म्हणून मिरयतालें.

धर्मच्या नावान लोकांक फसवप, कर्मकांडाच्या, रूढींच्या प्रथाच्या नावान लोकांचेर शेक गाजवप हें तांचें काम.

साधू, बैरागी, पुजारी, मांत्रिक, स्वामी आपल्याक देवाचें अवतार म्हणतालें आनी कृत्या मात राक्षसापरसय भयंकर करतालें. मीरा वृंदावनात येवचें पयली तांकां कोणाकच विरोध नाशिल्लो. पुण मीरा आयली आनी तांचें साम्राज्य गडगडूंक लागलें. मीरेची लोकप्रियता वाढूक लागली तशें तांका आपल्या अस्तित्वाक धोको आसा हें कळलें.

भक्तमंडळीय वाढूक लागली. तशे ते सादूर जाले. मीरेच्या पदांचो, कीर्तनाचो परिणाम जावन काय वायट मांत्रिकांनी, पुजाऱ्यांनी वायट कृत्या सोडून बरें काम करपाक सुरू केलें. हें लोकांक मानवू ना.

मीरेची लोकप्रियता म्हळ्यार सगळ्यांत व्हड अडचण. मीराच्या भक्तीचो, तिज्या निर्मळ, निश्पाप, प्रामाणिक, वागण्याचो प्रभाव लोकांचेर पडता. हेंच ह्या लोक सहन जायना जालें.

मीराचें भक्त दिसानदीस वाढत आशिल्लें. तातूंत सगळ्या पांवड्यावेले लोक आशिल्लें. मीरेचे तत्वगिन्यान सोपें.

''देवाची भक्ती करात. देवाचें नाव घेयात आनी तुमचें काम करात. देवाचेर श्रद्धा दवरात.. यज्ञ, मंत्र, दोरें असलें हिताचें न्हय, वापरू नाकात.'' अशें मीरा सांगताली.

धर्माचो व्यवसाय करपी लोकांची ही तर अडचण जाल्ली. त्याच खातीर मीरेआड कारस्थान केल्लें.

सगळे जमलें. पुण त्यायपयलीन तरतरीत उठूंक रमेक सोडयली. आनी रमेक

घेवन फुडें सरतासर आसा. सात-आठ जाण फुडें आयलें. ताणी वाट आडयली. तोंडार मस्ती आनी गाळयो घालीतच ते फुडें सरले.

''ये ऽऽ चल सोड तिका'' दोन गाळयो मारून तांणी रमाक ओढली.

''खबरदार रमाक हात लावपाचें धाडस करश्यात तर'' ह्या सगळ्या लोकांविरूद्ध आवाज उठवपाचे बळ खंयच्यान आयले?

''मीरेन दुर्गेचे रूप धारण केलें. दोळ्यांत इंगळे पेटलें. रूद्रावतार आनी तेज पळोवन गुंडय भियेले.''

तोंडाक नदर वयर करून पळवपाचें धाडस तांका जालें ना. ते फाटी सरले.

आपले हे भाड्याचे लोक मीरेफुडें थांबवल्यात आनी बोकड्योश्यो मान सकल घालून उबें रावल्यात हें चाणाक्ष राजपुरोहिताच्या रोकडेंच लक्षात आयले.

आता कुंभनदास, राजपुरोहित आनी तांचें हेर वांगडी फुडें सरलें.

''मीराबाई हें चित्तोड न्हय. हें वृंदावन.'' कुंभनदासान म्हळें.

''हांगा असो अधर्म खपोवन घेवचें ना.''

''देवतुल्य रमाका तिजो धर्म पाळपाक आडावपी तू कोण?''

''तुज्यासारकीच तिकाय अधर्मी करूक सोदता? आमी सभ्य मनशा. कृष्णाच्या नावान तुजें कितें चाळें चलतात तें उलवक सुद्धा लज दिसता आमका.''

''तुका ना जनाची लाज ना मनाची. पूण तुज्या अधर्मी वाटेर आनी एक साध्वीक, चलूक दीवचें ना आमी.'' राजपुरोहितान म्हळें.

''पळयतात कितें? तुमी सगळ्यो बायलो? सरात फुडें. तुमका सगळ्या बायलांक लजेन मान सकल घालूक लावपी ह्या अधर्मी बायलेक तुमीच शिक्षा करूक जाय. धर्म राखपाची जबाबदारी फकत आमचेंरच ना. प्रत्येक मनशाचेर आसा आनी तुमी सगळ्यो धार्मिक, सात्त्विक कुणी बायलो फुडें सरात.''

कुंभदासान बायलांक आव्हान केलें.

कांय तांच्या गटाच्यो बायलो फुडे सरल्यो.

''शास्त्र पाळप होच आमचो धर्म.''

''आमचो धर्म आमी पाळूक जाय.'' बायलांनी नारे, घोषणा दिवंक सुरवात केली.

कांय बायलो फुडे सरल्यो खऱ्यो पुण चडात चड बायलांक मीरेचे म्हणणें पटिल्लें.

कांय जाणा हेवटेन तर काय जाणा त्या लोकांच्या वटेन. कांय जाणा वाट शेणिल्ल्या सारकें गोंदळून उबे राविल्ले. दोनय गट झगडूक लागले.

दोनय गटातलें लोक बाचाबाची करूक लागलें.

''धर्माच्या नांवान एके बायलेक बळी वचूक आमी दिवचे ना.''

''हय हय आमी दिवचें ना. रमा ह्या गावातली चली आमचीय चलीच.''

''आमकाय चल्यो आसात. फाल्या धर्माच्या नांवान तुमी सतीप्रथेची ही चूड घेवन आमचेंय घर पेटवक येतलें.'' परिस्थिती खिणात बदलली.

तयारीनिशी आयिल्ल्या कुंभनदास, राजपुरोहित लोकांनी दांडे घेवन विरोध करता त्या लोकांक मारूक सुरवात केले.

एकदा झगडी सुरू झाली. गर्दी चवताळली की कितेंय जावक शकता - चवताळील्ली गर्दी ही पिसाळिल्या वाघासारकी. गर्देक विवेक नासता. त्याचवेळार तशेंच जाल्लें.

सगळ्यांची मना रागान खदखदताली. रागाचो पारो चढता तेन्ना विवेक शेणता. आपूण कितें करता हाजीय शुद्ध उरना, मनशाक.

आचार्याच्या द्रष्ट्या नदरेक फुडल्या सगळ्या परिणामाची कल्पना रोकडीच आयली. परिस्थिती हाताभायर वतली हें ताका कळ्ळें जावये.

परिस्थिती हाताभायर वचचें पयलीन कितें तरी करूक जाय, अशें येवजून ताणे मध्यस्थी केली.

खंयचे कारण सांगल्यार कुंभनदास आनी हेर मंडळी फाटी सरतली हें आचार्याक बरें खबर आशिल्लें.

आचार्यय धुर्त, बुद्धिमान, राजकारणी. प्रत्येकाचे स्वभाव, तांचें गुण, अवगुण, सगळें आचार्य जाणा आशिल्लो. केन्ना फुडें सरप आनी केन्ना फाटी तेंय ताका कळटालें. खंय बोट दवरून कशें मन बदलप ही कला आचार्याक बरी जमताली. आचार्यान कुंभनदासाक म्हळें, ''कुंभनदास परिस्थिती हाताभायर गेल्या. जर कोणाचें प्राण गेले तर उरफाटें आमचेंरच शेकतलें. तातूंत आमच्या विरोधात मीरा उबी आसाच. कितें करता तें येवजून करूंक जाय.''

मीरा घर सोडून आयल्या तरी ती राजघराण्यातली. राजघराण्यातल्या लोकांकडेन.. हांव कितें सांगता तें कळ्ळें काय सविस्तर सांगचें पडटलें.

शाण्याक कुरू पुरो. तातूत कुंभनदास, आचार्य सगळें धूर्त आपली कात सांभाळपी. ही संधी हातची गेली तर गेली. संधी कितें एकदाच येना. परतीय येतली. अशें ताणी येवजिल्लें.

व्हडव्हड राजाक लेगीत ऐनवेळार माघार घेवची पडता. तह करतना जिकिल्लें किल्ले दिवचे पडता, ही युध्दनिती. आजय अशीच युद्धनिती वापरूक जाय हें तांका

खिणभरात कळ्ळें.

''मीरादेवी खरें तर आमी कायच नकळो. त्या रमाक जबरदस्तीन हांगा हाडल्या हेंय नकळो. आमका दिसलें स्वेच्छेन ती सती वता. स्वेच्छेन सती वचप हे समाजमान्य आसा. खरें तर कोणे कारस्थान रचला तेंय नकळो'' राजपुरोहितान म्हळें.

''कोण दोषी आसा ताजी चवकशी करून ताका शिक्षा करची पडतली. आमच्या कडल्यान घडिल्ल्या अपराधाक आमका क्षमा करात मीरादेवी. तुमचें काळीज दर्यापरस व्हड. व्हड काळजान आमका क्षमा करात.''

... दीस पडूंक लागिल्लो.

''दीस पडचे पयली गिरीधराच्या चितेक अग्नी दिवक जाय.'' गिरीधराच्या चितेक अग्नी दिलो. सगळे लोक ल्हव ल्हव घरा गेलें.

... घुवळी वखदाचो परिणाम रमाचेंर इतलो चढिल्लो की त्या ग्लानीत कितें चलला तें रमाक कळूकय ना. आपल्या घरकाराचें निमाणें दर्शन घेवपाच्या स्थितीत रमा नाशिल्लीच -

घरच्या लोकांनी तिका घरा व्हेली. जड पावलांनी घरा आयली.

फुलांनी सजिल्लो भोजराजाचो देह मीरेच्या दोळ्यामुखार आयलो. मीरेचे मन सुन्न जालें पुण मन समाधान आशिल्लें रमा वाचिल्ली म्हूण. भोजराजाच्या यादीनी मीरेचे मन व्याकूळ जालें.

कितलेसोच वेळ आज सगळ्यो यादी परत भिरभिरत मीरेच्या मनात आयिल्ल्यो.

११

दुसरो दीस उदेलो. यमुनेच्या तडीवेल्यान मीरा कुटीरात आयली तेन्ना धृपद आनी ललिता दोघांय चिंतेन बशिल्ली.

''हें कितें? कालचें संकट टळलें. रमाचो जीवय वाचलो पुण तुमच्या तोंडावेले चिंतेचें जाळें पयस वचूंक ना.''

''दीदी धृपदान आताच म्हाका सगळें सांगलें. ते तात्पुरते फाटीं सरल्यात. परतय अशें कितें तरी कारस्थान तें करतलेंच''ललितेन चिंतेन म्हळें.

''हय ताई इतलें दीस हें पुजारी, आचार्य, बाबा, मांत्रिक सगळें लोकांच्या भोळेपणाचो फायदो घेताले. लोकांचेर अधिकार गाजयताले. लोकांची अंधश्रद्धा हेंच तांचें भांडवल. तांका मान मेळटा तो ह्या रूढीखातीर. हे तांका कशें सहन

जातलें? ते पिसाळतले... चाळवतालें. कितेंय करून तुमकां त्रास दिवपाक नव्यो नव्यो युक्त्यो सोदून काडतलेंच. ताई मांत्रिकान तुमचें पाय धरलें तेन्ना सावन सगळें एकठाय जमल्यात. तांका दिसता, असोच वृंदावनातलो मनीस बदललो जाल्यार तांका वृंदावन सोडचें पडटलें. ताई म्हणूनच ताणी हें कारस्थान रचलें. कुंभनदासाक ताणी आपलो मुखेली केलो. हे करतना खूब जतनाय तांणी घेतली. तुमचें विरूध्द कारस्थान केला हें कोणाक कळूंक फावना हाजी जतनाय घेतली. ताई तुमचेविरूद्ध सगळी माहिती तांणी काडली. लोकांक भडकायलें. ''

मीराबाई अधर्मी. कृष्णाचे नाव घेता, तिजें चारित्र्य निष्कलंक ना. चित्तोडच्यान तिका धांवडावन घाल्या. दाखोवपाचें रूप भोळे, पुण प्रत्यक्षात मीरा चेटकीण. ना जाल्यार येदो व्हडलो मांत्रिक तिका शरण कसो आयलो? ती कपटी- तुमी तिच्या सुंदर रूपाक भुलल्यात? कांय तिच्या गोड गळ्याक? काय केस मानेर सोडून परक्या दादल्या हुजीर कृष्णऽ कृष्ण म्हणून नाचता? राजा भोजाची ती विधवा. तिका कितें कमी आशिल्ले राजवाड्यात? फकत स्वातंत्र्य नाशिल्ले. तिका थंय अशें वागूक मेळनाशिल्ले? ताई अश्यो सगळ्यो अफवा पातळायल्यात. एकच गजाल परत परत सांगली तर कोणाच्याच मनार परिणाम जातलोच. तातूंत बायलांक तांणी चिथायल्या तुमच्या रूपाचो, गुणाचो ह्यो बायलो दुस्वास करतात. तुमची कीर्त तांका सोसना आनी तुमच्या अभंगाविशीं तुमच्या प्रज्ञेविशीं तांचे घरकार स्तुती करतात तेंय तांका मानवना. तांका दिसता,

- व्हडल्या आयल्या ही पदां करपी.

- आमच्या घरकाराक भुलयता?

- आपणे स्वत: संसार करू ना, राजा भोजाक कसलेंच सुख दिवक ना. चित्तोडातल्या लोकांक भुलवक हिका जमलें ना. वृंदावनतालें लोक भोळें, भावार्थी एकठांय जमतात तेन्ना तांच्या उलवण्याचो विषय तुमीच आसताल्यो मीराताई. तातूत तांका गिरीधराच्या मर्णाची बातमी कळ्ळी. कुंभनदासाकय ही मर्णाची बातमी कळ्ळी. भांगराची संधी चलून आयल्या. ह्या संधीचो फायदो घेपव अशें ताणी थारायलें आनी भोळ्या बायलांच्या तकलेत ''सती वचप हेंच भाग्य. सगळें जीवन विधवा म्हण जगचें परस सती वचपच चड बरे '' असो विचार तांच्या तकलेत घालो. बायलांनी ताका म्हळें, ''पुण मीराबाई रमाक सती वचूक दिवची ना.'' कुंभनदासान तांका चिथायली. ''व्हडली आयल्या ही मीरा. हें आमचें वृंदावन. तिणें आपल्या राज्यात आपलो बायलधर्म पाळूक ना. ती सती वचूक ना. ती नटूनथटून भोवता. अधर्म करता पुण ह्या वृंदावनातय तुमी तिच्यासारक्यो वागतल्यो?

बायलधर्म पाळच्यो ना? सती चाल ही धर्माची शिकवण. घोव तुमचेखातीर देव न्हय? मागीर तुमी धर्म पाळूकच जाय. तांका कीराक शिकयता तशें शिकयले. त्यो सगळ्यो बायलो उठल्यो.''

''धर्माची राखण करपाची आमचेर जबाबदारी आसा. मीरेची मायावी शक्ती जिकची ना. वृंदावनातल्यो बायलो जिंकताल्यो. धर्म जिकतलो, आमचो धर्म आमी पाळटली. आमच्या भुजार मोठी जबाबदारी आसा.

''मीराताई बायलांच्या मानसिकतेचो कुंभनदासान ज्युस्त फायदो घेतलो. पुण तुमी तर तांचें कारस्थान मातयेभवरण केलें. तांच्या शेपडेर पाय दवरलो. आता तर तें पेटलें बगर रावचें ना.''

''धृपद तू बरो हेर जातलो. खंयच्यान सगळ्यो बातम्यो घेवन येता.''

''मीराताई, मस्करी करू नाका. तुमी काळजी घेवची म्हण तुमका सांगता. तुमका दिसता तितलें प्रकरण सोपें ना.''

''तू शांत राव. वेळ येता तेन्ना पळोवया.''

''दीदी, धृपद सांगता तें खरें. तुमी सादूर जावक जांय.''

''ललीता सादूर जावप म्हळ्यार कितें करप? आमच्या आनी तुमच्या जिवाची चिंता कान्हयाक आसा. तुमी निश्चिंत रावात. खूब गजाल्यो जाल्यो. कृष्णपुजा करूक जाय.''

ललीता आनी धृपद गेली. कृष्णाच्या म्हूर्तीफुडे बसली.

कितलोसोच वेळ.

वृंदावनातलें कटकारस्थान करपी लोक कामात सदाच विघ्ना हाडटाले पुण तरीय कृष्ण कन्हैया वाट दाखयतलोच.

लोक मीराबाईक देव मानूक लागिल्लें.

पुण हांव मीरा तर फकत माध्यम जें कितें घडयता तें कृष्ण कन्हैयाच.

... वृंदावनातलें दीसच अशें.

एक एक दीस फुडें वतालो. वृंदावनातलें सगळें लोक खोशी जाल्लें. तातूत रमेचो जीव वाचलो म्हण सगळ्यांच्या मनात कृतज्ञतायेची जाणीव आशिल्ली. कीर्तनाचो तो दीस.

किर्तनाक सुरवात केली.

तुमचें सगळ्याचें आभार मानूक जाय. तुमी सगळें ऐन वेळार फाटी सरील्लें जाल्यार रमेचो जीव वतलो आशिल्लो. तुमच्या काळजातलो देव जितो जालो. खरें तर तुमका कीर्तनाचीय गरज ना.

''तुमची देववाणी आयकूंक आमी जमल्यात. आमका तुमच्या उपदेशाची गरज आसा. तुमीच आमका वाट दाखयात.'' गर्देतल्या लोकांनी म्हळें.

''हां तुमका उपदेश करपी कोण? वाट दाखवपी हांव कोण... हांव फकत माध्यम. तुमका वाट दाखयता कृष्ण कन्हैया म्हज्या तोंडातल्यान उलयता. हांव फकत निमीत्त.''

सगळें ताज्याच इच्छेन घडटा. रमाची सती वचपाची तयार जाल्ली. आनी आयत्या वेळार सगळें चित्र खिणात बदललें. कृष्ण-कन्हैयाच्या इच्छेनच सगळें घडलें.

पुण त्याखातीर श्रद्धा जाय आनी प्रयत्नय. श्रद्धा तुमच्या काळजातल्यान येवक जाय. ना जाल्यार कोणें तरी दिवो घेवन वाट दाखयली आनी तेल सोपून दिवो पालवलो तर वाट खंयची? अशी स्थिती जावक फावना.

तुमच्या अंतकरणातलो ज्ञानदिवो सदाच तुमका वाट दाखवपाखातीर पेटील्लो उरूक जाय.

त्याखातीर श्रद्धा जाय. भक्ती जांय. देवाचेर विश्वास जाय आनी तुमचें सुख हें तुमच्या कर्मात आसूंक जाय.

तुमचें काम कितलेंय ल्हान आसू. काम करतना श्रद्धेन, आनंदान करूंक जाय.

दिसता सोंपे पुण करप कठीण.

आमी आमचें काम खोशयेन करता. कांय सतत आदळआपट, चिडचिड, अतृप्ती-असमाधान, विचार चिंता-हातुतल्यान वेळ खंय आसता आमकां? देवाचें नांव घेवूक? काम करतनाय मन अशांत आसता आमचें.

जनावरा पोट भरपाक हत्या करतात. तितल्याच वेळार तांच्या काळजातलें क्रौर्य उफाळून येता पुण मागीर ते तृप्त आसतात. शांत आसतात. भूक नासता तेन्ना ते बळी घेनात. पुण आमी मनशा मात सामकी वेगळी वसवस.

आमची तानय न्हिवना.

भूकय भागना.

आनी आमी तृप्तय जायनात.

आमी हिंस्त्र जनावरापरसय भयंकर जातात.

आपल्या इल्लेशा स्वार्थाखातीर कोणाचोय बळी सहज दितात.

आमची आसक्ती दोंगरापरसय व्हड मोह, अभिमान, अहंकार. ह्या कलीयुगात तर स्वार्थ, इतलो वाढला की धर्माक गीराण लागला.

मनीस मनशाक सोपवपाक षडयंत्रा रचता. धर्माचें, शास्त्राचें नाव घेवन अत्याचार करता. खरें तर आमी सगळे एक. सगळ्यांचे रगत तांबडें. सगळ्याक हाडमास आसा आनी सगळी देवाचीच भुरगी... ताजें नांव घेवप हेंच कीर्तन. ताजें स्मरण हीच पुजा. त्याखातीर यज्ञ नाकात, पुजारी नाकात, मंत्र नाकात. फकत श्रद्धेन पुजा करात. संसाराच्या तापातल्यान मन शांत जातलें.

आमी परमेश्वराची भुरगी.

परमेश्वरान जात करूक ना. धर्म करूक ना.

देवाचें नाव घेवप होच धर्म. मनशाकडेंन मनीसपणा वागप, भेद करनासतना सगळ्यांकडेन दयेन, समानतेन वागप होच धर्म.

ब्राह्मण-शूद्र कोणच ना. सगळे आमी एक.

जातीभेद पाळता, धर्माच्या नावान गंडे दोरे मंतरून दिता, यज्ञ करूंक लायता, मनशामनशामदीं धर्माच्या नावान वणटी उबारता तो ब्राम्हण न्हयच.

लोक दक्ष दीवन प्रत्येक उतर आयकतालें. कितें तरी वेगळेंच सांगता जें पयली कोणेच सांगूक ना.

''मागीर ब्राम्हण कोण मीरा देवी?'' एका मनशान कुचित्रीपणान विचारलें.

''आता तिका उतर दिवक येवचें ना.''

बरीच फजेत जातली. हाशें जातलें. बरी आयल्या विद्‌वान! लोकांक शाणें करूक!

''ब्राम्हण कोण? कित्याक वाचा धरली?''

''चारय वेद वाचिल्लें. अठराय पुराणाची ज्याका माहिती आसा तो ब्राम्हण न्हय अशें तुमी आडवळणान ह्या लोकांच्या मनार बिंबयतात. तुमीच सांगात ब्राम्हण कोण?'

ताणे उबें रावून विचारलें.

कीर्तनात तनमय जाल्ल्या भक्ताचो विरस जालो.

''ये वोगी बसरें मदी मदी प्रश्न विचारूनका. आमका आयकूंन्ही.''

''कितें आयकतात? ती सगळ्या ब्राम्हणांविशीं पद्धतशीरपणान तुमच्या मनात विष कालयता आनी तुमी मुर्खासारकें आयकतात. ब्राम्हण कोण हें सांग मीरादेवी...'' एकठांय बशिल्ल्या चार-पाच जाणांनी आड्डून विचारलें.

''सकल बसात. तुमच्या प्रश्नाचे उत्तर दिता. ब्राह्मणाविरूद्ध हांव ह्या लोकांक मातय चिथायना. फकत वास्तवाची जाणीव करून दिता.''

''शाणेंपणा नाकात. सरळ प्रश्नाचो सरळ उत्तर दी. ना जाल्यार बंद कर कीर्तन.

किर्तन करता खंय?''कुचित्रीपणान हासत ताणीं म्हळें.

खरो ब्राम्हण खंयचो? जो भेदभाव मानना तो ब्राम्हण ज्याका ब्रह्माचें ज्ञान जाला तो ब्राम्हण. ब्राम्हणाच्या घरान जन्म घेतलो वेदांची घोकंपट्टी केली म्हणून ब्राम्हण जायना. जन्मान न्हय मनीस कर्मान ब्राम्हण जाता. 'ब्रह्म' ज्याका कळला, ज्याच्या तोंडात सदा देवाचें नाव आसा, कसलेंच कपट जो करना, धोंगीपणान वागना आनी मनीसपण हो एकच धर्म जो जाणा तो ब्राम्हण.

प्रत्येक मनीस हो देवाचें रूप मानता तो ब्राम्हण. तुमीच कृष्ण- तुमीच राम - तुमीच अल्ला. ज्याचें मन यमुनेसारके निर्मळ तो ब्राम्हण. तुमच्या लागी बसता तेन्ना कस्तुरीचो परमळ येता. तुमी पदां आयकून खोशेन धोलतात तेन्ना धोलताशें दिसता. तुमी म्हाका आनंद दितात. तुमचें रीण म्हज्यान फेडू नजो. ताजी परतफेड करू नजो. देव्हाऱ्यातल्या कृष्णाच्या म्हूर्तीपरस सगुण रूपापरस म्हज्या भाविकांमदी म्हाका कृष्णाचें दर्शन घडता.

मागीर तो ब्राम्हण आसू वा क्षुद्र.

म्हज्या नदरेत ब्राह्मण, क्षुद्र कोण नाच. तुमच्या कपलार बरयला? कोण ब्राम्हण? कोण क्षुद्र?

आमी सगळी देवाचीच रूपा.

''मागीर जात खंयची? धर्म खंयचो?'' एकट्यान उबे रावन विचारलें.

जातीचें धर्माचे बंधन नाच आसा एकच बंधन जीवाचे परत्मात्याकडेन, जीवाचे शिवाकडेन.''

मीरेन एकतारी काढली. एकतारीच्या सूरांनी जमिल्लें लोक मंत्रमुग्ध जालें.

मीरेची एकतारी वाजूक लागली.

राधेश्याम- राधेश्याम...

एकतारी दवरली.

लोकांक नमस्कार केलो.

अभंग म्हळो.

परत राधेश्यामाच्या नामस्मरणात भक्त रंगलें.

चलात म्हणात, ''राधेश्याम''

देवान मनशाक वाणी दिल्या देवाचें नाव घेवक

पुण आमी कितलो वेळ नांव घेतात?

आमी एकमेकांकडेन अखंड उलयतात. प्रेम, अनुराग, राग, माया, मैत्री, राग, व्देश, नसाय, घृणा, चीड अशे बरेवायट. पुण देवाचे नाव मात घेनात.

आपल्याक बरें दिसता अशा संवादामदी आमचे मन गिरगिरता. आत्मपरीक्षण केल्यारय आत्मपरीक्षणय 'हावाच्या' भोवतणीच गिरगिरतात.

निखळ इश्टागत, निरपेक्ष प्रेम, निर्मळ मनान आमी करतात? विचार करात. आपल्या आपल्या मनाक विचारात?

आमचोच अहंकार पळयतात. देवाचे नाव घेतनाय देवाकडेन आमच्या स्वार्थाखातीरच आमी मागतात.

संकटातल्यान वाचोवंक देवाकडेंन प्रार्थना करतात. सगळ्या प्रार्थनेतय विकारांचें उमाळेच आसतात. कितें मागप होच आमचो हेतू. मेळले की आनंद जाता ना मेळले की अपेक्षाभंग. निरामय पूर्ण परम आनंद आमच्या वाट्याकच येना.

ह्या आनंदाखातीर फकत अखंड नामस्मरण करात. जात-पात, पंथ, सोडात सगळे विकार ना जाक हरीस्मरण करता. देवाचें रूप दोळ्यांफुडें हाडात आनी देवाक शरण वचात.

''श्यामश्याम राधेश्याम.''

... मृदंग-झांजाच्या आवाजान 'राधेश्याम' गजर भरसलो.

किर्तनान वृंदावन रंगूक लागलें.

कर्मठ पंडीत मात कलंकीणी म्हणूंक लागले.

जें ब्राम्हण मीरेचे भक्त आशिल्लें. किर्तन आयकूक येतालें तांच्या मनात विष कालोवूंक सुरू केलें.

सगळे गरीब लोक मात मीरेक खूप मानतालें. मीरा किर्तनातल्यान उपदेश करता तशीच आपूणय वागताली. त्याखातीर मीरा सगळ्यांक आवडताली. शास्त्री -पंडिताचो दरारो कमी जालो.

व्रत करपाकडेन लोक दुर्लक्ष करूक लागले. पंडिताक दक्षिणा कमी मेळूक लागली. तांच्या मनातलो द्वेश भायर येवक लागलो. मीरा लोकांच्या मनात विष कालयता, व्रतां करू नाकात अशें सांगता. सगळ्यांक समान हक्क आसा. शास्त्रा बहुजन समाजय वाचूक शकता. ''जन्मान न्हय, कर्मान मनीस ब्राम्हण जाता.'' अशें कितर्नातल्यान करता.

मीरा धर्माची शत्रू

मीरा परंपरेची शत्रू

मीरा शास्त्राची शत्रू

मीरा पंडितांची शत्रू

मीरा वेद शास्त्रांची शत्रू

लोक खवळलें पुण मन मातय हाल्लेंना.

अंतर्मन सांगतालें, ''मीरा मर्नीसपण हो धर्म तोच तू मान'' लोक जागे जातलें. तूं दृढनिश्चय करून फुडें सरली तर ह्या कृष्णभुयेंत धर्मराज्य सुरू जातल. तुजें कार्य तू अशेंच चालू दवर. तुज्या कामात विघ्ना हाडपाची कामा चालू आसतली पुण तू मातय डगमगू नाका. देवाची भक्ती करप कितलें सोपें हें दर एका मनशाक कळला. कर्मकांडा नासतना, पै मोडनासतना देवाची भक्ती करू येता हाजो दृष्टावो दर एकल्याक जाला. पयलीन देवाची पूजा करूक पंडीत, पुजारी जायच पडटा अशें लोकांक दिसताले. आनी देवाची पूजा करपाचें मार्गय कठीण दिसतालें. उपास, यज्ञ, व्रता, मंत्र, दोरे बांधप हाजेंबगरय देवाची भक्ती करू येता हें लोकांनी अणुभवलें. मनात शुद्ध भावना घेवन देवाचें नाव घेतल्यार पुरो. भक्तीचो सगळ्यात सोपो मार्ग.

कीर्तनाचेर कीर्तना...

''दीदी तुमी दाखयिल्ल्या भक्तीच्या मार्गान लोक चलतात म्हण वृंदावनातलें पंडित, पुजारी खवळल्यात. हाली ताणी कायच उचापती करू ना पुण ही वादळाय पयलींची शांतता'' ललितान म्हळें.

''ललीतान तुजे मन सदाच चिंतेने आसता. लोकांच्या वागण्याच्यो, उलवण्याचे पडबिंब तुज्या मनार उदेता. त्याखातीर तू अशांत जाता.''

''दीदी अकारण हांव चिंता करीना. तुमी सदाच कृष्णभक्तीन मग्न. हांव वृंदावनात भोंवता. वृंदावनात कितें चलला ते म्हाका कळता. दिदी तुमी धुपाबाईचें नाव आयकला.''

''भूतप्रेताचो लोकांक भय घालता. गंडे-दोरे घालून फटयता. धर्माच्या नावान लोकांक फटयतात ते लोक म्हाका मातय आवडनात. पुण ललीता आज मर्दींच धुपाबाईची तुका याद कशी जाली?''

''दीदी, ती तुमचेंविशी वायट उलयता.''

''म्हळ्यार''

''तुमीच वचून पळयात दीदी- कांय लोकांचो तिजेर खूब विश्वास आसा. आनी कांय लोक म्हणतात की धुपाबाईन व्हड कारस्थान रचला तुमचेंविरूद्ध. ''

''ललिता, तुज्या मनातलें हीं चिंतेची सावळी वचचेखातीर तरी म्हाका धुपाबाईक मेळचेच पडलें.चल या. पळोवया धुपाबाई कितें म्हणता.''

''दीदी लोक सांगतात, धुपाबाईच्या आंगात देवी येता. मागीर ती रथ हालता तशी हालता. तोंडातल्यान आवाज काडता तेन्ना तिचें रूपच वेगळें जाता.

हावभाव बदलतात, दोळे तर सामकेंच विचित्र जातात. तेन्ना ती भविष्य सांगता. गावाचेंर संकट येवपाचें आसत तर तिका पूर्वसूचना मेळता. संकटाचो संकेत देवी धुपाबाईकडल्यान लोकाक कळयता अशें लोक मानतात.''

''ललीता, बरीच माहिती मेळयल्या तुवें धुपाबाईविशी. तूं आनी धृपद दोघांय वृंदावनात येतसावन गुप्तहेर जाल्यात.''

''दीदी, तुमी सगळ्यांचीच मस्करी करतात. ती पळय लोकांची गर्दी थंयच धुपाबाई आसतली.''

''हय हीच ती जागा. दीदी आमी फाटल्यानच रावया. कितें उलयता ताजो पयलीन अंदाज घेवया.''

''तुज्या मनासारकें जावून्ही ललीता.''

धुपाबाई उबी रावली... दोळें गरगरीत फिरयलें. कालीमातेच्या म्हूर्तीत आसता तशी जीब भायर काडली.कोणाचोय भोळ्या मनशाचो विश्वास तिजेंर बसू येता इतली बरी नकलाकार ती आशिल्ली. गर्देक पळोवन तिणे म्हळें, ''वृंदावनाचेंर व्हड संकट येवपाचें आसा. कृष्णाच्या ह्या पवित्र भुंयेचेर महासंकट येवपाचें आसा. पापी मनशां हे भुयेंत रावंक आयल्यांत...''

खिणभर सगळ्याक शांती पातळली. कोणे तरी ल्हवू आवाजान भियेंत भियेंत विचारलें,

''माते कोण पापी मनशा? आमी तर कायच गुन्हो करूक ना.''

''देवीचो कोप जाला. वृंदावनाचेर अशुभ सावळी पडल्या... वृंदावनाची वाट लागपाची आसा...''

''देवी माँ आमी तुजें भक्त. आमच्याकडल्यान कितेंय चूक जाली तर तूं आमकां माफ करीत आल्या. आतांय आमकां माफ....''

''माफी ना. अक्षम्य अपराध घडला.''

''देवीचो कोप जाला... कोप'' धुपाबाईन मोठ्ठ्यान आड्डून सांगलें.

''अक्षम्य अपराध घडलो... वृंदावनाचो नाश अटळ.''

''अपराध कितें घडला ते तर कळूक जाय व्हय माते... ताजे नांव सांगात माते. जंय आसा थंयच्यान धरून तुज्याफुडें हाडटा, आमीच शिक्षा दितात अपराध्याक. ना जाल्यार तूच दी माते.''

''सू... सू... हूं... हूं.'' तिणें तोंडातल्यान विचित्र आवाज काडलें.

''हांगाच आसा ह्याच गर्देत...''

सगळ्यांक पळयलें आनी ललीतेंकडेन बोट दाखयलें... आनी फाटोफाट

मीराकडेनय. सगळ्यांनी अजापान म्हळें.

''मातें मीराकृष्ण भक्त तुमची कितें तरी चूक.'' एकट्यान भियेत भियेत विचारलें.

''तुका देवी मॉ भस्म करून वडयतली.''

''क्षमा करात पुण मीरा कृष्णभक्त-''

''कोण सांगता? देवीची तुमी परीक्षा पळयतात?'' धुपाबाई तिडकीन विचारलें.

''ही ललीता तर सामकी पापी. तिज्या पापाची काणी सांगू? सगळें दोळ्यांमुखार दिसता. म्हाका स्पष्ट.'' विचित्र भेसूर आवाजान तिणें म्हळें.

''हें आनीक एक षडयंत्र. धुपाबाई फकत खेळणें. षडयंत्र रचतल्याक फकत नवें साधन जाय. ताणी आता धुपाबाईक मीरेच्या विरूध्द भडकायल्या आसतली.'' एकट्यान ल्हवूच म्हळें.

धुपाबाईविशीं आयकल्लें. तिची माहिती मेळिल्ली पुण मुद्दाम जावन आपणे तिज्या वाटेक वचप ना अशें थारायलें. पुण हांगातर धुपाबाई देवीच्या नांवान लोकांक फटयताली. मीरेविशीं कित्याय कितें उलयता. ललीतेक पापी म्हणटा.

मनाचो संयम सोंपलो.

''ही कृष्णाची भूंय. ह्या भुयेंर देवीची ढाल करून कोणाचेंर आरोप करप योग्य न्हय मातें. ह्या पवित्र भुयेंर देवाच्या नावाचो दुरूपयोग ही कृष्णभक्त मीरा मातय सोसचीना.''

धुपाबाईन दुर्लक्ष केले आनी ते चड वेगान धोलूक लागली. कर्कश चित्कारूक लागली.

फू - फू अशें आवाज तोंडातल्यान काडूक लागली.

''देवीचो कोप जाला...'' गर्जना करत थयथय नाचत तिणें म्हळें.

भक्तांची भियेवन गूळी जाली.

''धुपाबाईक देवीचो वर आसा आता मीराबाईची धडगत ना.''

''मीराबाई कृष्णभक्त व्हड व्हड मांत्रिकांनी तिजें पाय धरल्यात... ही धुपा... ह्या धुपाचे मीरेफुडें चलचेना.''

''यें धुपाक कमी धरूनाका. साक्षात देवीच तिज्या तोंडातल्यान वदता.''

''सगळें दोघांयकडेनय पळोवक लागले. आता कितें जातलें अशी उत्सुकता गर्देक लागिल्ली.''

''देवा, कृष्णा, मुरारी पाव- ह्या दोघांच्याय झगड्यात आमच्या वृंदावनाचो

नाश जावंक दिवूं नाका.''

फुडें वचून धुपाबाईक घट्ट धरली. धुपाबाईन झटको दिलो पुण इतलें घट्ट धरिल्ले की सुटप धुपाबाईक अशक्य जालें.

''तुज्यामदी देवी येता?'' धुपाबाईक विचारलें.

''हूं. हूं. पापी मीरा... देवीच्या शक्ती विशी दुबाव घेता?'' देवी तुका भस्म करतली. देवीचे भक्त तुका ह्या भूयेंतल्यान धांवडायतलें कृष्णभक्त मीरा - ह्या भुयेंतल्यान तुका जीव मूठीत घेवन धावचें पडतलें... हू...हूं...'

''तुज्या देवीची शक्ती आसा न्हय? देवीची कृपा आसा न्हय? तर देवीच तुका आज वाटयतली.''

धुपाबाईचो हात अकस्मात थंयच्या दिवलेच्या दिव्याचेर धरलो. कांय खीण धुपाबाईन आपलें बिंग भायर सरत म्हणून उज्याचो जाळ सोसलो. पुण हात जळूक लागले तशी धुपाबाई कळवळूक लागली...

''मीरादेवी म्हाका क्षमा कर.''

''हांव तुका क्षमा करपी कोण? तू तर देवी मॉं.''

''सोसूक जांयना... हात सोड... क्षमा कर, हांव धुपा.''

''धुपा- कोण धुपा? देवी मा-पापी मीरेक भस्म केलेबगर देवीमांचो कोप शांत कसो जालो? ललीतेचे चरित्र, तिजी पापकाणी स्पष्ट दिसपी काली मॉं तुज्या आंगात आयल्या. मात्सो हात दिव्यार धरलो आनी इतली अगतिक जाली? मॉं तुमचें दुर्गेचो अवतार. शांता आसू वा दुर्गा साध्या दिव्याची धगसाण तुमका कायच न्हय. मा काली! तुमच्या तांबड्या जिभेतल्यान ज्वाळा भायर येताच तुमी साक्षात ज्वालामालीनी. ह्या मीणमीणत्या ज्योतीचो तुमचेंर मातय परीणाम जावचो ना.'' आता धुपाबाईचें उशणे अवसानय गळ्ळें. ती थरथरूक लागली. ज्यांनी तिका फुडें काडिल्ली तें आधाराक येतात काय ती पळोवक लागली पुण कोण फुडें सरनात-

सगळें सुत्रधार पसार जाल्लें. धुपा एकटीच उरली. आता शरण वचूक जाय.

''माई हांव धुपा'' काकुटेक येवन तिणें म्हळें.

''देवी अदृश्य जाली? धुपा, देवी तुजेंर इतली प्रसन्न आसा तिकाच उलो मार. ती तुका वाचयतली.''

आता शरण गेलें बगर, आपली चूक कबूल केलेबगर, आपली सुटका ना हें धुपाच्या लक्षात आयलें.

''क्षमा करात- हांव धुपाच. देवी बिवी कोण म्हज्या आंगात येना.''

''लोकांक तू देवीच्या नावान कित्याक फसयता.''

''हांव लोकांक फटयता हें मान्य पुण आज जें कितें हांवें केला तें तांच्या सांगण्यावेल्यान केला.'' तुमचेर आरोप केल्यात तेंय तांच्याच सांगण्यान.

''तें कोण?''

''तांचें नांव सांगलें जाल्यार वृंदावन सोडून वचचें पडतलें.''

''फटींग...'' सगळी गर्दी धुपाबाईच्या फाटल्यान लागली. ''ही फट उलयता.''

धुपाबाईन पाय धरलें.

''मीराबाई वाचय म्हाका. क्षमा कर.''

''मीराबाई मातय तिज्या उतरार विश्वास दवरू नाका. आता जीव वाचवपाक ती शरण आयल्या. परत तांच्या गटात वचून उचापती करतली. पापी बायलेक आमी सोडचें नात चलात मारात... हें पाप नष्ट करूक जाय.''

''भक्तांनो शांत रावात. तिका आपल्या चुकीचो पश्चाताप जाला.''

''हें सगळें संवग. तुमका फटवक केला. असली पापी मनशा एका खिणान बदलनात. चलातरे मारात तिका.''

''तिका मारून पाप सोपचें ना. तिजें पापी विचार नश्ट जातलें. ती बदलली जाल्यारच.''

''मॉ म्हाका क्षमा करात.''

''धुपाबाई तुज्या पापाक तो कृष्णच क्षमा करू शकता. ताजें स्मरण कर आनी लोकांक फटोवपाचो हो धंदो सोडून दी. देवाचें नांव घेयत राव.''

पुण गर्दी चाळवल्ली. इतलें वर्सा धुपाबाईन फटयलें म्हणून दात ओठ खावन धुपाबाईचेर आंगार आयलें.

''पापी-तुका आमी शिक्षा करतलेंच. आमकां फटवन आमच्या देवासमान मीराबाईचेंर आरोप करून तुका वचूक मेळचें ना.''

कांय बायलांनी धुपाबाईक ओढली. दोन चार धुमकेंय घालें.

''रावात. तिका शिक्षा करपी तुमी कोण? तिज्या अपराधाक शिक्षा कन्हैया करतलो आनीतिका क्षमाय कन्हैया करतलो. धुपाबाई तर तुमची गुरू.''

''गुरू!!''

''अजापू नाकात. ती तुमची गुरू तिणेंच तुमका अणुभवान शिकयलें की पाप करूक जायना. पापाचें, मोहाचें फळ सदांच वायटच मेळता आनी सगळ्यांत व्हडली शिकवण तुमका मेळ्ळी हाजेंफुडें तंत्रमंत्र, गंडेदोरे अशा अंधश्रद्धेक फसू नाकात. खरें तर तुमी श्रीकृष्णाच्या भुयेंत जन्म घेतला हें तुमचे भाग्य हीच तुमची

जन्मभूंयय, कर्मभूंयय, कृष्णाचें नांव श्रद्धेन घेतल्यार पुरो कृष्णच तुमका वाट दाखयतलो. अशें आसतना परत परत वाट चुकून तुमी अशा अंधश्रद्धेच्या वाटेन कशी वतात? कृष्णाच्या कीर्तनान तुमी रंगतात. गोपाळाचें गुण गायतात आनी संकट आयलें की अशा लोकांच्या नादाक लागतात. कृष्णावेलो तुमचो विश्वास डगमगता.. तुमचें संकट हे असले लोक निवारण करतले अशे तुमका दिसता, तीच तुमची अंधश्रध्दा. कृष्णाचें नाव घेवन एका खिणात चमत्कार जातलो. तुमचे संकट छू मंतर जातले असोय अंधविश्वास बाळगू नाकात. फकत श्रद्धा दवरात. श्रद्धेत तुमचे मन बळीश्ट जातले, आत्मविश्वास वाढतलो.मागीर अशा धोंगी लोकांची तुमकां गरज पडची ना.''

त्या दिसा कुटीराची वाट चलतना ललिता सामकी वोगी आशिल्ली.

''ललीता वोगीशी.''

''दीदी, हांवें कितेंय सांगले तरी तू मस्करी करतली. हांवें न उलवपच बरें.''

''उलयत ललीता आनी हांव मस्करी करता म्हूण तू रागान केन्नाच्यान जावंक लागली. तुज्याचकडेन ही मीरा मनमोकळी उलयता... ह्या वृंदावनात येत सावन सगळ्यांनी म्हाका संत मीरा केल्या. कीर्तनकार मीरा केल्या. एक तूंच अशी आसा तुज्याकडेन हांव मनातले उलवंक शकता. तुजी मस्करी करू शकता. पुण आता तूंच.''

''ना ना दीदी - तुमचेकडेन उलयना जाल्यार म्हाका सुख कशें लागतलें.''

''मागीर अशें वोगी रावू नाका. उलय हांव जाणा त्या प्रसंगाचो तुका त्रास जालो पुण.''

''ना दीदी - म्हज्या त्रासाविशीं हांव विचार करना. धुपाबाईक आपल्या वागण्याचो पश्चाताप जाला दीदी. पश्चातापाचें भाव तिज्या दोळ्यांत स्पश्ट दिसतालें. पुण धुपाबाईक ज्यांनी फुडें काडल्या तें दुसरी खेळी खेळतले.''

''तांका तांची खेळी खेळू न्ही. आमी आमचें काम करया... ललीता आनी आता तुजी ही मीरादीदी तुजी मस्करी करना आं.''

''दीदी.''

हासत खेळत कुटीराची वाट चलतना मनात विचार आयलो. कोण खंयची ललीता. कृष्णाचें आनी म्हजें नातेच वेगळे तशेंच ललीतेचे आनी म्हजें. हें जन्माजनमाचे ऋणानुबंध? कांय आनीक कितें... ललीतेचे विचार मनात आयलें खिणभराखातीर कन्हैयाचो विसर पडलो. कन्हैयाच्या ओढीन चित्तोड सोडलें. वृंदावनात पावली. पुण हांगाय लोकांमदी घुस्पली. लोकांच्या सुखदुखामदी

घुस्पली. ललीता तर फाटली भयणचशी दिसता. भयण कशीपीटचें पोरचशें दिसता. खुबदा ललीतेकडेंन पळोवन मनात वात्सल्याची भावना उफाळून येता. हीय कृष्णकन्हैयाचीच लीला? असो प्रश्न पडता... कृष्ण कन्हैया ह्या प्रश्नाच्या भोवऱ्यातल्यान मीरा केन्ना सुटतली? केन्ना तू मीरेक दर्शन दितलो. कन्हैया ही मीरा वृंदावनात आयिल्लली तुज्या दर्शनाची आस घेंवन पुण दर्शन तर पयसचे उरला. तू वेगळ्याच चक्रव्यूहात म्हाका फिरयता...

कृष्णाच्या म्हुर्तीफुडें बसलें तशें सगळ्या प्रश्नाचो विसर पडतालो. सगळ्या वाठाराचो विसर पडतालो. म्हज्या अस्तित्वाचो विसर पडतालो... आनी कीर्तन सांगतना... जितलें सहज बासरी वाजयता तितलेच सहज कीर्तन सांगून घेतलो.

जय राधेकृष्ण म्हळें की सगळ्या अस्तित्वाचो विसर पडतालो. ललीता खुबदां सांगताली, ''दीदी कीर्तन सांगतना तुमी म्हज्यो दीदीश्यो दिसनात. चैतन्याची ज्योतशी दिसतात. हांव स्तुती करना तुमची पुण वृंदावनातलो दर एकलो मनीस अशेंच म्हणता.''

वृंदावनातलें दर एक कीर्तन वेगळें. वृंदावनातल्या कीर्तनाचो तो दीस याद जाता. खूब गर्दी आशिल्ली. धुपाबाईच्या प्रसंगाउपरांत मीराबाईचे कीर्तन चुकोवक जायना अशें दर एकल्याक दिसतालें. जें लोक विरोध करतालें ते लेगीत कीर्तन आयकूक येतालें.

ह्या भुयेंर येवन रावपाची संधी मेळली म्हण हांव भाग्यवान आनी तुमी वृंदावनातलें लोकचड भाग्यवान. तुमचे जन्माजन्माचे भाग्य म्हण वृंदावनात तुमी जन्मल्यात. कान्हयाच्या ह्या भुयेंर जन्म घेवक सात जन्माची पुण्याई लागता. पूर्वपुण्याईबगर हे शक्य ना. कृष्ण भगवानाची ही भूंय. ह्या हांगा सूर्य ताज्याच इच्छेन उगवता आनी मावळताय.

यमुना व्हावता ती कान्ह्याच्या इच्छेन. कान्ह्याच्या इच्छेन सगळें घडता. आमी फकत निमीत्त. ह्या भुयेंत तुमी जन्म घेतला - भक्ती तुमच्या रगतात आसा. हांगाची मातीच तुमका भक्तीचो मार्ग दाखयतली. वाऱ्याची झुळूक श्वासात हरीचो ध्यास भरतली. यज्ञ, होम, हवन, तिर्थाटना कायच करपाी तुमका गरज ना. हें वृंदावनच तुमचें तिर्थक्षेत्र फक्त हरीचें नाव घेयात. तुमी हरीच्याच भुयेंर रावता. तुमचे मन आनी वाणी हरीक समर्पीत करात. भजन करात, गोविंदाक भजात. तुमचें घर सोडू नाकात. कृष्ण घराघरात आसा. तुमच्या वाठारांत आसात. ताज्या नावानच तुमचें क्लेश, त्रास कापरासारके विरघळतलें. भय ना जातलो. विकार पयस वतले, अहंकार भस्म जातलो. सत्वगुणान मन उफाट भरतलें आनी मनातलें

विकार जळून गोबोर जातलें.

तुमचें काम करात आनी हरीचें नांव याद करात.

... गोविंद म्हणात- गोपाळा म्हणात.

कृष्णकन्हैया.. राधेश्याम, देवकीनंदन, यशोदानंदन, गोपालकृष्ण - खंयच्याय रूपातन ताका सोदात- खंयच्याय नांवान उलो मारात- मनान, बुद्धीन एकरूप जावन उलो मारात. ताका शरण वचात मागीर पळयात....

तुमका तुमच्या दर एकल्यामदी हरी दिसतलो. तुमच्या मदी राधा दिसताली-

... झांजो वाजूक लागल्यो... राधेश्याम राधेश्याम सगळो वाठार शब्दपरीमळान परमळलो.

कृष्णाच्या मुरलीचें सूर कानात घुमूक लागलें..

यशोदेच्या तीरावेल्यान मुरली वाजयत कृष्ण आयलो आनी गर्देत भरसून गेलो.

भजनातलो आनंद भक्तांच्या श्वासात भरसलो. रक्तातल्यान व्हावक लागलो..

आनंदाचें कारजें वाठारात भरभरून आनंदच शिंपडायतलें... आनंद आनंद

कीर्तन सोपलें तरीय लोक तंद्रेत धोलताले. निस्तब्ध शांती.

''तुमका कितें विचारूक जांय.''

प्रश्नान शांती भंगली- लोक भानार आयलें.

प्रश्न कोणें विचारला हें खिणभर लक्षात आयलें ना आनी लोकांच्याय लक्षात आयलें ना. हरीनामात सगळे तल्लीन जाल्ले.

''कोणाक प्रश्न विचारूक जाय?''

''म्हाका? विचारू?''

''मातय संकोच करीनासतना विचार.''

''खरो संत कसलो भेदभाव मानीना हें खरें मातें?''

''हय''

''ताका गरीब-श्रीमंत, काळो-गोरो, माती-भांगर, बायल-दादलो सगळें सारकेंच सगळ्यांकडेन समानतेन पळयता हें खरें माते?''

''हय. तुमी सगळें भक्त भक्तीच्या धारेत व्हांवक लागल्यात हें पळोवन म्हाका खोशी जाली. सामकें खरें तुमचें म्हणणें. खरो संत खंयचोच भेदभाव करना. तो निरीच्छ आसता. ताका कसलोच मोह नासता. पुण तुमका हो प्रश्न विचारचोसो कित्याक दिसलें?''

''तशेंच कारण आसा मातें. आमचें मन दुविधेत सापडला. तुमी संत लोक

आमका भक्तीचो मार्ग दाखयतात आनी केन्ना केन्ना संताच्या वागण्यान आमी दुविधेत पडतात. आमी गोंदळतात.''

''कितें सांगूक जांय नि:संकोच सांग. म्हज्याफाटल्यान कितें चूक घडल्या?''

''ना ना मातें... तुमचेंकडच्यान न्हय पुण मार्गदाखवपीच जेन्ना...''

''आडवळणान सांगचें परस स्पष्ट सांगचे ही तुमका विनंती.

''जीव गोस्वामी हांगाचें एक संत तुमी तांचे नांव आयकला आसतलें.''

''हय-आयकला. महान तपस्वी तें. पुण तांची भेट घडूक ना.''

''कशी घडतली? तांचें वागणेंच विसंगत. ताणी प्रतिज्ञा केल्या की बायलाचें तोंड पळवचें ना. '' त्या भक्तान एकादमात सांगून वडयलें.

''तो तांचो प्रश्न- तांच्या साधनेखातीर ताणी स्वत:चेर मर्यादा घालून घेतल्या.''

''पुण हें विसंगत वागणे न्हय? संतानी अशें वागलें जाल्यार? हो प्रश्न फकत जीव गोस्वामीचोच कसो?''

''संत गोस्वामीन कितें करप हो तांचो प्रश्न. तांच्या साधनेखातीर कांय बंधना ताणी आपणाचेंर घाल्यात तातलें एक बंधन हें आसतलें.''

''पुण संतांनीच बायलांचें तोंड पळवपाचें ना अशी प्रतिज्ञा केली म्हणटगीर आमचें मन दुविधेत पडता. संताचें वागणं पारदर्शक आसूक जाय. आनी संतानी सगळ्याकडेन समानतेन वागूंक जाय. मागीर बायलांक अशी अपमानाची वागणूक दीवप, बायलांक हीण लेखप हो बायलांचेर अन्याय अशें आमका दिसता.''

''हय अन्यायच. तुमी तरी हो अन्याय सहन करूक जायना.''

''म्हजो प्रश्न खंय येता? जीव स्वामीनी कितें प्रतिज्ञा करची अशें वागचें हो तागेलो व्यक्तिगत प्रश्न.''

''व्यक्तिगत कसो ? एखादो मनीस संसार सोडून आश्रम चलयता, समाजाखातीर वावुरता तेन्ना तागेले जीवन व्यक्तिगत उरना. सगळ्या समाजाचें ताजेर लक्ष आसता. सगळे लोक ताका आदर्श मानतात. ताज्या वागण्याचो प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्ष परीणाम समाजाचेर जाताच.''

''आनी तुमी तरी तो तांचो प्रश्न म्हणून स्वस्थ रावक शकनात. अशे जर आसत मांत्रिकाचो प्रश्न होय ताजो व्यक्तिगत प्रश्न आशिल्लो. सती वचप होय प्रश्न रमाचो व्यक्तिगत आशिल्लो.''

''तातूत आनी हातूत अंतर आसा.''

''अंतर कशें मातें? तोय अन्याय आनी होय अन्यायच. मनशाचो प्रत्यक्ष बळी

दिवप होच अन्याय? मनशाच्या अस्मितेचो बळी दीवप, विचारांचो बळी दिवप होय अन्याय. जीव गोस्वामी बायलांच्या अस्तित्वाकच आव्हान दितात. अस्मितायेक ेदे व्हडलें ज्ञानी संत ते पुण वाट चुकल्यात- तेंय भ्रमात जगतात. बायलांचो द्वेश करतात तांच्या आध्यात्मिक विकासाक बायलांचो द्वेश करप हें योग्य?''

''संत चुकल्यात जाल्यार ताकाय योग्य दिशा दिवप हें संताचें कर्तव्य. तुमीच ्या वृंदावनात अश्यो आसात की जीव गोस्वामीक योग्य दिशा दाखोवप तुमकाच शक्य आसा.''

लोकांकय त्या गजालीचे म्हणणे पटलें.

''वृंदावनात बायलांचो द्वेश?''

''हांगा राधश्यामाक पुजतात- बायल आनी दादलो समान हो संदेश वृंदावनान अख्या विश्वाकदीवक जाय.''

''बायलांचो अपमान?''

''सगळ्या बायलांक तुमी ज्ञान दीवक जाय.''

''वाट चुकिल्ल्याक वाटेर हाडपाचे काम तुमचें मीरादेवी.''

''संतच अशें वागलें जाल्यार.''

''मीरादेवी तुमी फकत तुमचेंखातीर जगनात. लोकांच्या सेवेक तुमी व्हावून घेतला. सुख भोग सोडला, म्हाल सोडला, समाजात जागृती करपाक वावुरतात. मागीर होय समाजजागृतीचो समाजाचें आधारस्तंभच जर अशें वागलें तर - ''

थंयच्या गर्देतल्या एकट्यान म्हळें.

''नाय जाल्यार जीव गोस्वामीचो कायच त्रास ना. एके जीव गोस्वामीच्या वागण्यान कितें फरक पडता?''

''फरक पडना रे?'' तू आनी कितें सांगता - एका संताच्या वागण्यान फरक पडटाच.

''तुमी विचार करून पळयात. आमी सांगता म्हणून न्हय पुण तुमी जीव गोस्वामीचें मन परीवर्तन केले जाल्यार दोन गोष्टी घडतल्यो. जीव गोस्वामीचो भ्रम पयस वतलो आनी आमच्या मनातली दुविधय. दोघांकय योग्य दिशा मेळतली. जीव गोस्वामी आश्रम चलयतात. समाजाची कामा करतात. तांच्या वागण्याचो परिणाम समाजाचेर पडटा अशें आमकां दिसता. बाकी तुमची मर्जी. पुण आमचें तुमका कळकळीची विनवणी.''

''बायल ही जननी. आवय देवासमान मानतात. देवाइतलेंच आवयक स्थान आनी आवयचो देवाचो अपमान सहन करनात.''

''बायलांचो अपमान बायलांनी सहन करूक जायना.'' आता बायलांकय चेव आयलो.

''शांत-शांत.''

''शांत कश्यो रावताल्यो आमी?'' तांणी विचारलें.

''दिव्यानंत स्वामीच्या शिष्यांनी हें सगळे पद्धतशीर घडोवन हाडलां. दीदी. तें एकमेकांक संकेत करून हासतात. लोकांच्यो भावना भडकायतात. चड करून बायलांच्यो. जीव गोस्वामी एक योगी. तुमी तांचेकडेन लक्ष दीवक नाकात.''

पुण मीरेन घोषणा केली. तुमी म्हणतात ते खरें संत हें मार्ग दाखयतात. संताकडेन सगळे आदर्श म्हणून पळयतात. संतच जर भ्रमात जगूक लागलें जाल्यार जीव गोस्वामीक बेगीतल्याबेगीन मेळपाचें हांव तुमकां वचन दिता.

आता दिव्यानंदाचें शिष्य खोशी जालें.

मीरेच्या नांवान जयजयकार करूक लागले.

''शांत-शांत जा हांव फकत म्हजें कर्तव्य करता जयजयकार करपाचोच तर त्या राधेश्यामाचो करात.''

''दीदी हें कटकारस्थान पध्दतशीरपणान केला. तुमका प्रश्न विचारता तें सगळें स्वामी दिव्यानंदाचें शिष्य. तुमी जीवगोस्वामीक मेळपाची घोषणा करपाची न्हय दीदी.''

''आता घोषणा केली न्हय आनी हांवेय जीव स्वामीविशी खूब आयकला. तांची कीर्त वृंदावनाची शीम उपून पयस पयस पावल्या.''

''पुण दीदी ते बायलांक मेळनात. ताणी तशी प्रतिज्ञा केल्या. ताणी आमकां कायच त्रास दीवक ना. तें आपली साधना करतात, अशे आसतना आमी तांका त्रास दीवक म्हाका योग्य दिसना दीदी.''

कुटीरात पावता थंय आसा. मीरा जीवगोस्वामी भेट घेवक वतली ही बातमी वाऱ्यासारकी पातळली.

''मीराबाईऽ मीराबाई तुमी जीवगोस्वामीची भेट घेतली अशी घोषणा केल्या?''

''हय. आमकाय तांच्या दर्शनाची ओढ लागल्या. तांच्याविषयी खूब आयकला. वृंदावनात रावनय अशा तपस्वी मनशाची भेट आमका अजून मेरेन घडली ना.''

''पुण हाका तरी ही गोष्ट अशक्य दिसता. आमी सगळें तांका वळखतात. तांका एके बायलमनशेन मेळप म्हळ्यार आकाशपाताळ एक करप. प्राण गेलें तरी तें वचन मोडचें ना. तुमची आनी तांची भेट घडची ना.''

''वोगी बस रें. जीव गोस्वामीची थोरवी नाका सांगू. आमच्या मीरादेवीच्या ांगाताक कृष्ण आसा. तो चमत्कार करतलो.''

''हें पळयात. म्हाका चमत्कार बी कायच करपाचें ना. फकत तांका मेळपाचें ासा. तुमी आता वचात. म्हज्या कृष्णपुजेचो वेळ जालो.''

''दीदी, तें सांगतात ताजेंर तुमी विचार करात. जीवगोस्वामीन तपश्चर्या करून सेद्धी मेळयल्या. तें आपलें वटेन वतात. आमी वोगीच.''

''ललीता, हाजेंर चर्चा पुरो.''

चर्चेक रंग चढीलो. विषय : मीरा-जीवगोस्वामी भेट ललीना येवन कितें घडला र्ा सांगताली. ललीतेक दिसतालें, जीवगोस्वामीक मेळपाचो हट्ट सोडचो.

कृष्णाची पुजा करतना ललीता आयली. ''दीदी म्हाका दुबावच आशिल्लो पुण आता खात्री जाली. वाड्यार लोकांचे उलवणे हांवें आयकलें. सगळें कारस्थान देव्यानंदाच्या आश्रमात शिजला म्हणूनच तांच्या शिष्यांनी त्या दिसा तें सगळें नाटक घडोवन हाडलें.''

''ललीता.''

''ताई तुमी ह्या दिव्यानंदाक वळखनात. फायद्याबगर ते कामच करीनात. तांकां जीवगोस्वामीची कीर्त सोसना आनी तुमचीय नसाय तांका दोगांयमदीं कोणाचीय हार जाली तर तांचोच फायदो. दीदी अश्यो वोगी कित्याक तुमी?''

''आनी कितें करू?''

''दीदी, लोक उलयतात ते तुमका सांगलाच मागीर तुमी कितें करपाचें तें थारायात. पुण तुमका आयकूवचे पडतलें.''

''बरे बायें सांग. उलयलेबगर तुजें समाधान जावचें ना.''

''धर्माच्या नावान व्यवसाय करपी सगळे लोक तुमचेविरूद्ध एकठांय जाल्यान दर वेळा तांकां पावल फाटीं घेवचें पडलां. पुण शेपटेर पाय दवरतगीर सोरोप चाळवता आनी डंख धरता तशे सगळ्यांचें जालां. तें तुमचेंकडेन बरे वागपाचे नाटक करतात. मनान डंख धरून आसात.''

''ललिता प्रस्तावना नाका मुद्याचें सांग.''

''मीरेक वृंदावन सोडूक लायलेंबगर आपल्या परत मानसन्मान मेळपाचें ना हें तांकां पटलां. धुपाबाईचे सती प्रकरण हातून तांचें पदरात पराभव पडला.''

''ललीता.''

''दीदी, मुद्याचेंच सांगता. ह्या वृंदावनात धर्माच्या नावान बाजार मांडपी आसात. लोकांक त्रास दिनासतना आपले आश्रम चलवपी आसात. तातलें एक

दिव्यानंद महाराज अशें लोक मानतात. व्हड विद्वान संन्यासी अशी तांची नामना आसा. लोक तांका आचार्य म्हणतात. दिव्यानंद स्वामी हेर स्वामीसारके धर्माचो व्यवसाय करनात अशी कीर्त ताणी जोडल्या. लोकांमदी ते संतासारके वागतात. सगळे भक्त तांकां प्रिय. मुखात सतत मंत्र, देवाचें नांव. वेदाचा ते वेदाचे अभ्यासक आसात. त्याखातीर तांच्या उतराक मान आसा. खंयच्याय विद्वानाक कसलोय प्रश्न पडलो तर तें दिव्यानंद महाराजाकडे वतात आनी तांका ते मार्गदर्शन करतात. हें तांचें रूप लोकांमदीं प्रसिद्ध आसा पुण... ''

''पुण कितें ललिता? दीदी हांगाचे हें विद्वान मनीस म्हळ्यार कुवाडेंच. दिव्यानंद महाराजा एके बाबतीत दुबळे आसात. तांची एक भक्तीण आसा तिज्या प्रेम पाशांत तें घुस्पल्यात. ती लागी आयली तशें देव मंत्र ह्या सगळ्यांचो तांका विसर पडता. तांच्या लागशिल्ल्या शिष्यांकच तांचें हें दुसरें रूप खबर आसा.''

''ललिता, आनी ही भितरली खबर तुका कशी कळ्ळी. वोगीच न्हय तुका हांव गुप्तहेर म्हणता.''

''दीदी, दिव्यानंद स्वामीचे मन सदाच दुविधेत. खिणात योग आनी खिणात भोग अशी तांची मनस्थिती आसता. दिव्यानंदमहाराजाच्या चरित्र्याची ही माहिती म्हाका मेळ्ळ्या. याच आश्रमात हें कटकारस्थान शिजला. दिदी, तुमी आयकतात न्हय.''

''ललीता, सगळो भार हांवे कृष्णाचेर घाला. जें कितें घडपाचें तें अटळ आसता. कान्हाकच जांय. हांवें जीवगोस्वामीची भेट घेवची अशी कान्हाचीच इच्छा आसतली. तेन्ना तू शांत राव. फाल्या जीवगोस्वामींच्या भेटीक वचूक जांय.''

१२

जीवगोस्वामींच्या आश्रमाच्या दिशेन चलतना मनात कितलशेंच प्रश्न आशिल्लें. अशी कितें घटना स्वामींच्या आयुष्यात घडल्या आसतली म्हण तांणी 'बायलांची भेट घेवचें ना' अशी प्रतिज्ञा केल्या? कांय बायलांक तें हीण लेखतात? कांय तपश्चर्येन तांचो अहंकार वाडला? कारण तरी कितें? आश्रमाच्या दिशेन चलतना मनातलें प्रश्न मन अस्वस्थ करतालें. आश्रमाच्या भायर पावली तेन्ना जीवगोस्वामीक रकाद धाडलो... दनपार उलगली... सांज जाली... तिनसांज जाली. सांगातान आयिल्लें भक्त वाजेले. येतना उमेदी आशिल्ले, पुण आश्रमातल्यान कायच निरोप आयलो ना म्हण सगळेंच अस्वस्थ जाले.. रात जाली तशे सगळे वाजेले.

''दीदी, म्हाका दिसता जीवगोस्वामीक मेळपाचो हट्ट तुमी सोडचो. तुमच्या खूपशा लागीच्या भक्ताचेंय मन आसा. जीवस्वामीन कोणाक त्रास दिवक ना ते चडात चड वेळ साधनेत घालयतात. भायल्या खंयच्याय वादात ते केन्नाच पडूक ना. तांच्या साधनेत खंड घालप योग्य दिसना. साधनेच्या बगर ते योगी जाल्यात बायल मनीस म्हळ्यार 'माया'. मायेक पयस दवरलेबगर योगी जावप शक्य ना हे सत्य तांका पटला. ताणी तशें कृतीतल्यान सिद्ध केला. तांच्या निष्कलंक चारित्र्याक लागून तांचें नाव आसा. कीर्त तांका मेळल्या.'' ललीतेन सांगलें. पुण त्यावेळार जीवगोस्वामीविशी आशिल्लो आदर चड वाढलो आनी मनाचो निर्धार जालो ललीतेक सांगले, ''जीवगोस्वामीची भेट घेतलेबगर हांव हांगाच्यान हालची ना.''

भूतकाळातलो प्रसंग, मनशां स्पश्ट याद जावक लागल्यात. भूतकाळाचो विसर पडिल्लो तें प्रसंग. प्रत्येक घटना, मनीस.

जीवगोस्वामीच्या भेटीचो तो प्रसंग तर कालच घडिल्ल्यासारको याद जाता.

भोवतणच्या वाठाराक विसरून वृंदावनातल्या खंयच्याय राजकारणात रस घेनासतना साधना करपी सात्विक तेजपुंज अशें जीवगोस्वामी. काम, क्रोध, लोभ, मोह, अहंकार त्यागून अखंड साधनेत मग्न. पुण त्या रातीक तांच्या आश्रमाभायर तांका मेळपाचो हट्ट धरून तांचें शांत अंतर्मन ढवळून वडयिल्लें.

''तुज्या वागण्याचो ह्या तपस्वी वृत्तीच्या जीवगोस्वामीचेर कायच परिणाम जावपाचो ना. आश्रमातल्या कामाचेंरय परिणाम जावचो ना. शांत मन मातय चलबिचल जावचें ना. वाट पळोवन, वाजेवन मीरेक वचचें पडटलें.'' अशेंच जीवस्वामींचे वागणें आशिल्लें.

''दिदी, जीवगोस्वामीं तुमची भेट घेवचें नात. ज्या मनशानी पद्धतशीर हो कट रचला त्या म्हान तपस्व्याचे साधनेत खंड घालपाचो यत्न करतात. पुण ताणी...''

''ललिता शांत राव. तुजी कळकळ म्हाका कळता. गांवातल्यान कानार बातम्यो पडतात. ताणे तुजें मन चड अस्वस्थ जाला.''

''दीदीऽ दीदी ... धृपद आयला.''

जीवगोस्वामीकडेन संदेश धाडूक धृपदच योग्य मनीस.''

''धृपद हांव संदेश सांगता तो जीवस्वामीमेरेन पाववपाचें काम तुजें.''

जीवगोस्वामीक सांग मीरेन सांगला, ''हे भुयेंक कान्हा एकच 'पुरूष' आसा अशें आसतना तुमी मीरेक मेळूंक नकार दितात. हाजेंच तिका अजाप दिसता.''

''ताई, हो संदेश? हो संदेश आयकून जीवगोस्वामी तुमची भेट घेतलें?''

''धृपद, प्रश्न विचारू नाका.''

''ललीता, ताईच्या संदशाचो अर्थ म्हाका कळूना. कसलें हें कुवाडें.

''धृपद, तू वच आता संदेश धाडपाफाटल्या दीदीचो हेतू आसतलो.''

''... आनी कांय वेळान ''जीवगोस्वामी आयलें... दीदी जीवगोस्वामी आयले.'' ललीतान सांगले.

''चमत्कार... हो चमत्कार. आमचो आमच्या दोळ्यांचेर विश्वास बसना.''

''तुमच्या संदेशान म्हजें दोळें उगडलें. मीरादेवी. कृष्णकन्हैया एकटोच पुरूष अनादी चैतन्य, फकत कान्हा. आम्ही सगळें प्रकृतीचीच रूपा. जांव दादलो, जावं बायल ह्या प्रकृती रूपातल्यान चैतन्यरूपात विलीन जावपाचे वाटेवेलें आमी वाटसरू. आमी योग केले. तपश्चर्या केली पुण हें सत्य आमका कशें होलमलें ना? प्रकृती पुरूषाचें नातें आमका कशें कळलें ना? तुमच्या संदेशान सत्य होलमले. जिवाचें चैतन्याकडेन आशिल्लें नाते होलमले. खरेंच कृष्ण फकत पुरूष - चैतन्यरूप पुरूष बाकी आमी सगळें प्रकृती रूपातलें जीव. साधनेच्या वाटेन पंचत्वात विलीन जावपाचो ध्यास बाळगिल्ल्या योग्याक बायल आनी दादलो सारकोच एकच नातें फकत जिवाचे आनी शिवाचें हेंच जीणेतले सत्य.''

जीवस्वामींची उतरा आयकून सगळें विस्मीत जालें.

जीवस्वामीच्या मनाची विशालकाय. पळोवन मन खोशी जालें. जीवस्वामीन म्हळें, ''मीरादेवी, समर्पीत वृत्तीन जो भक्तीच्या वाटेर चलता. त्या मनशाच्या मनात कसलोच भेदभाव उरूक जायना. मन निर्मळ जातगीर, निरीच्छ जातगीर कसलो भेद? प्रकृती पुरूषाचे नाते एकाच वाक्यान संदेशाच्या रूपकातल्यान सांगून धाडलें आनी आमचें दोळें उगडलें. तुमची पावला आमच्या आश्रमाक लागप हें आमचें भाग्य. तुमी आमच्या आश्रमात येवचें अशी तुमका विनयतात.''

''स्वामींजी तुमचेविशीं रूप आयकल्ले. तुमच्या विशाल काळजाचें दर्शन घडलें. तुमच्या आश्रमात पावल दवरप हें आमचें भाग्य आनी सगळ्या बायलांचो भौमानय.''

विचारांची तंद्री तुटली. कितलोसोच वेळ वृंदावनातल्या यादींनी मन शेणिल्लें.

वृंदावनात आयली तेन्ना वृंदावन कशें आशिल्लें? अंधश्रद्धेच्या विळख्यात रूढीच्या, प्रथाच्या साखळ्यात बांधिल्लें वृंदावन ल्हवू ल्हवू बदललें. जीवगोस्वामीच्या रूपान, निरीच्छ, निर्मळ अंतकरणाचो विचारवंत संत वृंदावनाक मेळिल्लो.

आनी ही मीरा. वृंदावनातल्या लोकांमदी इतली भरसली की वृंदावनमय जाली. कान्ह्याकय विसरली. कांय सगळी कान्हयाचीच इच्छा ताणेंच सगळें घडोवन हाडिल्लें.

कितली वर्सा सोपली वृंदावनात... चित्तोड ते वृंदावन.

कृष्णाच्या भुंयेत कृष्णाची भेट जाली ना आनी द्वारकेत वचपाची ओढ लागली.

मन सांगताले, ''लोकांच्या सुखदुखात गुंतू नाका... वृंदावनात तू गुंतल्या, मीरा आता तुका वृंदावन सोडूकच जाय.''

वृंदावन सोडपाचो निर्णय घेतलो. लोकांक बातमी कळ्ळी, लोक अस्वस्थ जालें.

सगळ्यांत चड अस्वस्थ जाल्ली ललीता.

''फुडलो प्रवास म्हाका एकटीच करूक जांय. कसलेंच बंध नाकात. मायेचे बंद फुडें वचूक दिनात. घुस्पून दवरनात.''

''दीदी, हांवें तुजें सांगातान येवप ना?''

''ना.''

ललिता हुंडक्यां हुंडक्यांनी रडूक लागली.

''तुजेंबगर रावप म्हाका शक्य ना. अश्यो निष्ठूर वागू नाकात. कृष्णाबगर रावप तुमकां शक्य आसा? तुमच्यान जगू येता कान्हयाबगर? तुमकां कृष्ण तश्योच म्हाका तुमी दीदी. तुमी कितेंय सांगात.यमुनेक जीव दी म्हळ्यार तुमची आज्ञा मानून फाटलो फुडलो विचार करनासतना ही ललीता न्हयत जीवय दितली. पुण तुमची ताटातूट... ना ना तुमचो वियोग सहन करपाची शक्ती म्हज्यात ना दीदी.''

''ललीता, दर एकल्या मनशाची वाट वेगळी. जीण वेगळी. कर्तव्यांय वेगळी. आपली वाट आपणें सोदून आपलें जीवन जगप. सुंदर जीवन तुजेंफुडें आसा. 'म्हज्या आधाराची गरज आसा अशें तुका वोगीच दिसता.''

''दीदी, तुमच्या आधाराची म्हाका गरज ना म्हणप म्हळ्यार कृष्णाक तुजी गरज ना अशें मानप. तुमी म्हाका आधार दिलो आनी आता अर्ध्यावाटेर म्हाका सोडून वतात?''

''आधारान मनीस बळीश्ट जावक जाय. दुबळो न्हय. म्हज्या आधाराची कुबडी केन्ना ना केन्ना सोडची पडटलीच. केन्ना तरी तुका म्हाका सोडून वचचे पडतलेंच. मिलन आनी ताटातूट हो जिणेचो भाग.''

ललीतेन तोंड येदेशें केले आनी कांयच उलयनासतना थंयचें उठलें. ललीतेक सोडप तिका फुडल्या प्रवासात येवक नाका अशें सांगतना मनाक खूब त्रास जाल्लो. स्पश्ट उलयतना जिवार आयिल्ले. चित्तोड सोडतना मन खंती जालें ना. भुरगेपणात वाडलां तें मेडता सोडतना मन दुखी जालें ना तितलें ललीतेक सोडटना जालें.

धृपदान येवन विचारलें,

''ताई, आमका सोडून वचपाचो निर्णय तुमी घेतला? आमका सांगात कोणाचो? आधार कोणाचो?''

''तुमका सांगात एकमेकांचो.''

''ताई, हें कितें उलयता?''

''हांव जाणा तुका ललिता आवडटा.''

''ताई.''

''खरें सांगना म्हणू नाका. तुका शपथ आसा म्हजी.''

''तशें आवडता.''

''तशें आवडता म्हळ्यार आवडटा. हांव जाणा आशिल्ली मनातलें गुपीत लिपोवन दवरलें तरी कळताच. धृपद, तुजेंकडेन कितें मागूक जांय.''

''ताई तुमी भागपाचें न्हय. आज्ञा करपाची.''

''फुडल्या प्रवासात वतना म्हजें मन फाटल्यान ओढूक फावना. फुडलो प्रवास हुसक्यामेकळो जावक जांय. हांव जाणा तुज्या आनी ललीतेमदीं नकळत नातें फुलला. एकमेकांच्या सहवासात तुमी रमतात, फुलतात. नात्याक रूप आनी नाव दीवक जांय.''

''पुण ताई. ललीतेक तुमी विचारला.''

''तिका हांवें विचारू ना आनी तिणेंय सांगूक ना. पुण तिज्या काळजातली भावना म्हाका खूपदां जाणवल्या. सगळ्यो गजाली उतरांनी सांगप जायनात. आनी ललीतेची तू चिंता करू नाका. हांव उलयता फकत तुजी मान्यता जांय. फुडलो जन्म तुमकां एकठांय काडूक जाय.''

''ताई, ह्या धृपदान तुमी सांगलां तें ना म्हळां.''

''आनी मनानय तुज्या हय म्हळा धृपद हांव जाणा.''

''ललिताऽ''

''ललीतान सगळें उलवणें आयकलें ताई. ती दाराकडेन आसा.''

''बरें जालें. म्हजें काम सोपें जालें. ललीता हांगा यो. तुजेंकडेन उलवक जांय. ललीता तुमका दोघांकय एकमेकांचो सहवास आवडता. मनात भावना फुलल्या. पुण म्हाका सोडप शक्य जायना. दीदी सांगातान वचप अशें थारायिल्ल्यान मनातल्या कवळ्या भावनेकडेन तुवें लक्ष दीवक ना. पुण तुका धृपद आवडता आनी धृपदाक तू. तुजें आनी धृपदाचें लग्न करून दिले की निर्धास्त मनान म्हाका फुडें वचूक मेळतले आनी संसारात रमता तशें दीदीक विसरप नका सहज जमतले.''

''दीदी ऽ'' म्हणून ललीतेन वेंग मारली. आवयक भुरगें अशेंच वेंग मारता? हांव नकळो. भुरगें जांय. संसार जांय असो विचार मनाक केन्नाच आफुडलो ना. पुण ललीताचा स्पर्श. मन उंचबळीत जालें. मनाक सावरूकय जांय.

''ललीता, तू आता खरें खरें सांग म्हजें सांगातान वणवण भोवतलें कांय धृपदाबरोबर सुखान संसार करतलें.''

अशे समजावन, खुसलावन ललीता लग्नाक तयार जालें. ललीतेचें धृपदाकडेन लग्न जालें. आपल्या गांवात ललीतेक घेवन वचपाचें धृपदान थारायले. ''वृंदावनात तुजेंबरोबर रावप आमका शक्य जावचें ना. परतीपरती याद येतली ताई.''

ललीतेचो पयस वचपाचो खिण...

ललीतेच्या रूपान तू फाटली भयण मेळील्ली. पुण त्या दिसा मन खूब व्याकूळ जाल्लें. आपलें चली लग्न जावन पयस वता तेन्ना आवय व्याकूळ जाता तशी धृपदासारको वळखीचो आनी बरो भुरगो ललीतेक जीवनसांगाती म्हण मेळलो ही खोशी आनी ललीतेची ताटातुटीचे दुख.

''चित्तोड सोडतना ललीता सांगाताक आशिल्लें. वाटेर एका गांवात धृपदाची वळख जाल्ली. धृपद पदां आयकूंक येतालो. ताजे मन अशांत आसताले, अशेंच एक दीस फुडल्या प्रवासात हांव तुमच्या सांगातान येता.'' अशें ताणें सांगलें.

''देवाची भक्ती करूक सगळें बंध सोडचें पडतात... आपलो गांव... आपली मनशा... तुका शक्य जातलें?''धृपदाक विचारलें. धृपद गाव सोडून आयलो. धृपदान विचारले,

''ताई, तुमीच सांगिल्ले देवाची भक्ती करूक सगळें बंध सोडून येवचें पडतलें आनी तुमीच परत म्हाका बंधनात बांदलो.''

''सगळी कान्हयाची लीला. तू तुज्या ह्या राधेसांगातान सुखान जगची ही कान्हाचीच इच्छा.'' ललीतेचो निरोप घेतलो.

ललीता वतगीर खुब रडूंक आयलें. खरेंच म्हजेंच रूप म्हाका अनवळखी जाल्लें. कृष्णाची भेट जायना म्हण खुबदा मनाक उमाळें आयल्यात. पुण त्या दिसाचे रडप वेगळें. उमाळोय वेगळो.

ललीताच्या वियोगाचे दुख.

भोजराजा सोडून गेल्लें तेन्ना अशेंच रडूक आयिल्ले. वृंदावनान मीरेक संताची नामना दिली. संताक सुखदुख सारकेच पुण ह्या मीरेक स्थितप्रज्ञ जावक जमू ना.

वृंदावन पर्व सोपलें.

मायेचें पर्व संपलें.

नात्याचें क्षीण बंध आशिल्लें. तेंय सोपलें. वृंदावनाचो निरोप घेतलो तो खिण...

सगळ्यांचे दोळे भरिल्ले. जीवगोस्वामीसारक्या स्वामीजींचेय दोळें भरून आयले. पावलापावलाक विरोध करपी लोकय 'आमका माफ करात पुण वृंदावन सोडून वचू नाकात. वृंदावन तुमचेंच' अशें सांगूक लागले.

वृंदावनाचें आनी मीरेचें नातेंच अतुट.

वृंदावनाची सर व्दारकेक येना.

वृंदावनाचो निरोप घेतलो. जड मनान लोकांचे प्रेम पळोवन मन भरून आयली. पुण ह्या प्रेमापरसय ओढ कान्ह्याच्या भेटीची.

वृंदावन ते द्वारका प्रवास. वाटेवेलें गांव वाटेवेल्या गांवातय लोकांचे प्रेम मेळलें पुण मन आकांतान विचारतालें. ''कान्हया कितलें तळमळायलें तुवें हे मीरेक विडविडूंक लायलें. तुज्या भुयेंत तूं मेळ्ळो ना. आता द्वारेकत तरी मेळतलो?''

यात्रा म्हळ्यार अनुभव. वांटेर कितलें गाव कितलीशींच मनशां - आनी एकदाची व्दारकेत पावली.

१३

द्वारका कृष्णाक राजधानी करचीशी दिसली. हीच कृष्णाची कर्मभूंय. ल्हारां खळखळटालीं. द्वारकेतलो दर्यो.

दर्याच्या देगेर बसतगीर मनय दर्यासारकें जातालें. मनात तांडव सुरू जातलें.

''ही ल्हारां मायावी बी न्हय न्हू? करणी केल्त्यासारकी कशी वागतात. मदीच दिसता ल्हारार कृष्ण नाचता. दर्या आनी कृष्ण जणू एकरूप जाला.''

ल्हाराच कृष्ण जाला कांय कृष्ण ल्हार जाली हें वळखूंक येवची न्हय. इतलें तादात्म्य मन जाता. खाऱ्या वासात खारसाण नाच. कस्तुरीचो दरवळ भरला आनी ल्हारा एक एक ल्हार एक एक सूर छेडतात. ल्हाराच्या नर्तनात कृष्ण नाचता. मुरली घेवन असो भास जाता.

कृष्ण ह्या ल्हारात आसा. हें मनाचे खेळ? ना ना मनाचे खेळ न्हय. यमुनेच्या पात्रांतय कृष्ण आसासो दिसतालो पुण कृष्णाची ती लीला. तो चित्तचोर चकयता, फटयता, मोहयता अशें मनाक समजायतालें. पुण कृष्ण यमुनेतय आशिल्लो आनी हांगाय आता कृष्णाचें सगुणाकार रूप... मुरली वाजयपी कृष्ण साधुबुवान दिल्लो

तो कृष्ण. मनाची अवस्थाच विचित्र जाल्या. द्वारकेत येत सावन म्हुर्तीचो सांगातय सुटलो. तसो तो वृंदावनातच सुटिल्लो. वृंदावनात दर एकल्या मनशात कृष्णाच आसा अशें कितलेंशेचदा दिसलें पुण द्वारकेत पावल दवरलें. म्हुर्तीचो सांगात सुटलो. मनातले सगुण रूपय धुसर जाला. फकत कृष्णाच्या निर्गुण रूपाची ओढ लागल्या.

तो हांगा आसा ह्या ल्हारात अशें दिसता म्हणसर तो अदृश्य जाता. रोकडोच परतो ल्हारात तो नाचता-गायता.

... कणाकणात तो आसा... ह्या रेवेंत... ह्या उदकात, भोवतणच्या वाठारात... ह्या दर्यांतल्या नुस्त्यात.

तो तर सगळ्यांमदी आसा.

दोळें पावता थंय तो आसा.

जाय तसो आकार घेता. केन्ना मनशाचो केन्ना नुस्त्याचो, केन्ना झाडापेडांचो केन्ना राधेचे रूप तर केन्ना केन्ना कृष्णाचें.

केन्ना आकार सोडून निर्गुणाकार जाता. दीश्टी पडना पुण जाणवता... झुळूक जावन व्हावता आनी काळजात श्वासान रीगता 'हांव ती तूच' अशें सांगता.

''आनी तूय तो हांव.''

... मन त्या निर्गुणाकार शक्तीकडेन एकरूप जाले. भायल्या संसाराचो हुस्को त्या खिणाक सोपलो. मनात... काळजांत ज्ञानयज्ञ पेटूंक लागलो. दर्याच्या देगेवेल्या ल्हाराक पळयत रावली... दोळें आपोआप धापलें. गुंगीशी देहार... देह जड जालो. तेजाची ल्हारां वेंगावंक लागली... जाणीव तीव्र जायत रावली... जसो कृष्ण सांगतालो, ''मीरा म्हाका खंय सोदता?'' हांवच ल्हारा... हांवच वारो... हांव आकाश-भुंय, हांव तुजेंमदी आसा आनी तू म्हजें, मदी हांव स्थीर... हांव सगळ्यांमदी आसा- हांव स्वयंभू-म्हाका जन्मय ना आनी मर्णय...

हांव निळोय आनी निळो न्हयय... म्हाका रंग ना. तरीय सगळ्या रंगात रंगता. हांव ल्हारांनी नाचता. फुलांतल्यान फुलता... परमळता, पानात, तणांत हांवच... तुज्या श्वासातय हांव... हांव गायेमदल्यान हामेता आनी सिंहातल्यान गर्जता, मोराच्या पावलांनी नाचता आनी कासवाच्या पावलान चलता, कोकीळेच्या गळ्यातल्यान गायता आनी भुरग्याच्या गळ्यातल्यान रडता... मुरलीचो सादय हांवच.

हांवच मोग... हांवच भोग... हांवच मोक्ष. आसक्तीचें रूपय हांवच आनी विरक्तीचेंय रूपय. हांवच कृष्ण. हांवच राधा.

हांवच तूं आनी तूंच हांव... हांव शाश्वत सत्य. एकतारी घेवन सगुण भक्ती करूंक

हांवेंच शिकयले. तुका त्या एकतारीच्या नादात हांव आसा आनी 'ओंकारात'.. अनादी अनंत ओंकार तो हांवच.

दोळें उगडलें तेन्ना मीरेच्या दोळ्याफुडें दर्यांची ल्हारां.

द्वारकेतलें पयलेंच कीर्तन लोकांची गर्दी जमिल्ली.

''कीर्तन करीत कृष्णाक सोदीत हांगा पावल्या. कृष्ण खरोच मीरेक मेळ्ळा असो दिसता. कृष्ण सगुण रूपान तो मीरेक दिसता अशें लोकांनी आयकल्लें. आज लोकांक मीरेकडच्यान 'देवाचें रूप सगुण काय निर्गुण' तें आयकूक लोक आतुर जाल्ले.''

मनाची तर अशी स्थिती जाल्ली की कन्ह्याकच ती विचारताली. ''तुका सगुण म्हणू काय निर्गुण'' कान्हाच्या अस्तित्वाची जाणीव जाल्ली. सगळे प्रश्न सुटिल्ले.

पुण आपल्याक जाल्ली जाणीव लोकांमेरेन कशी पाववप? तो अनुभव लोकांमेरेन पावूक जांय आनी तीय लोकांक समजूक जाय. साध्या भाषेत. लोकांक सांगूक जाय.

लोक जमिल्ले. मीरेन दोळे धापले... कान्ह्याचें स्मरण केलें. ज्या कान्ह्यान आपल्या अस्तित्वाची जाणीव दिल्या तोच मनातले विचार लोकांमेरेन पावयतलो.

श्रद्धेन लोकाक नमस्कार केलो. लोकांनी मीरेक प्रश्न विचारूक सुरू केलें.

एकटो विचारता सर दुसरो विचारता. प्रश्नांचो भडीमार सुरू केलो. कांय लोक फकत कुतुहलान प्रश्न विचारताले. कांय जाणाक खरेंच देव आसा कांय ना हें जाणून घेवपाचे आशिल्लें. काय जाणाक मीरेची नसाय आशिल्ली. म्हण तें विचारतालें.

''देव आसा-? कृष्ण तुमकां दिसता?''

''कृष्ण म्हाकाच कित्याक तुमकांय दिसूंक शकता. ''

आमकां कसो दिसतलो? आमी साधी मनशा. देवाक पळोवक दीव्यदृष्टी जांय अशें म्हणतात. आमचेकडेन दृष्टी खंय आसा?''

''देवाक पळोवक दीव्य दृष्टी जांय अशें कोणें सांगला?''

''देव तर सगळ्यांमदी आसा - आकाशात, ल्हारात, फुलात, पानात, मुरलीच्या नादात, सगळ्यांक, फकत आमची श्रद्धा नासता. आमका तो जाणवना आमका तो जाणवना. आमका तो मेळता पुण तो ज्या रूपान मेळला त्या रूपान तो देव म्हणूक आमचें मन तयार नासता.''

''तुमचें उलवप आमका कळना. आमी सादी मनशां. आमकां कळटा तशा भाशेंत जाल्यार बरें जातलें.''

''पुण तो कृष्णच भगवान हाजें कितें खरेंपण आसा? नाटकात, गवळणीत रंगता तसो एखादो मनीस कृष्णाचें रूप घेवन आमची मस्करी करूक आयलो तर'' एकट्या मनशान विचारलें.

तुमच्याच प्रश्नात तुमचें उत्तर आसा. साक्षात कृष्ण आयलो तरीय तुमचो विश्वास बसचो ना. देवाक मेळूंक भाव महत्वाचो. श्रद्धा महत्वाची. श्रद्धा आसा जाल्यार देव दिसता. तो ज्या सगुण वा निर्गुण रूपात लागी येता त्या रूपात तुमका ताजे दर्शन घडता.

तो सगळ्यांत आसा. निर्गुण रूपात. वारो व्हांवता पुण वारो तुमका दिसता? वादळान झाडा हुमटून पडटात पुण तें वादळ आमका दिश्टी पडना. फुलांचो परमळ फकत हुंगपाचो फुलाकडेंन जर तुमी हट्ट धरलो दाखय तुजो वास तें फुल कशें दाखयतलें? देव ह्या वेगवेगळ्या रूपांनी नटला. ताका आकार आसा आनी आकार नाय, रंग रूप आसा आनी नाय. तळयेंत उदक तळयेचो आकार घेता. जसो तळयेचो आकार तशेंच उदक दिसता.

न्हंयेत तेंच उदक वेगळ्या आकारान व्हावता. दर्यातलें त्या उदकाचो आकार वेगळो, तरंग वेगळें, रूचय वेगळी.न्हंयचींच कितलीं रूपां? कृष्णाच्या वृंदावनातली यमुना केन्ना मळभाची निळाय पिवन निळी जाता. केन्ना झाडांची शाल पांगरून पाचवी,केन्ना मातयेत माखून तांबडी. केन्ना चिखलान म्हेळी तर केन्ना होळयेच्या रंगान रंगारंगाची तेंच उदक पुण रूप वेगळें, आकार वेगळो,रंग वेगळो तो दिसता आपल्याक जांय त्या रूपात.

प्रेम कुड्डे आसता अशें म्हणतात. तशें कुड्डे प्रेम त्या कान्ह्याचेर करूक जाय मागीर तो त्या रूपात दिसता. देवाची तीव्र आस जितकी चड तितलो तो बेगीन मेळता. खरे तर देव आपल्याच मदी आसता. तुमच्या सगळ्यांमदी देव आसा.

देवाक सोदूक भोवूक नाका. देव म्हुर्तीत ना. काळजात आसा.

एकटो मनीस फस्स करून हासलो.

''तुमचें उलवप वागणे विसंगतीन भरला. देवाक सोदूक भोवूक नाका अशें सांगतात तर तुमी हांगा थंय कित्याक भोवतात? आनी म्हुर्तीतदेव ना जाल्यार म्हूर्तीची पुजा तुमी कित्याक करताल्यो?''

''भक्त मंडळी म्हजे जीवन तुमचें खातीर महत्वाचें न्हय. तुमच्याखातीर भक्ती महत्वाची. श्रद्धेन ताका भजात, पुजात. तुमका जांय त्या रूपात तो तुमका मेळतलो.''

''प्रश्नाचें उत्तर तुमी टाळले? हें वृंदावन न्हय ही द्वारका. तुमची तृप्ती जायना

वाटेर नवे कृष्ण...वा बाई तुमची भक्ती!! नव्या वाटेर नवो कृष्ण-येता त्या रूपात कृष्ण... तुमचें सगळें धंदे आमी जाणा. जांय तशे वागप मजा मारप आनी कृष्णाच्या भक्तीचे नाव सांगप.'' दुसऱ्याक चेव आयलो.

''संतन के ढिंग बैठ भैट लोक लाज खोई'' तुमचें अभंगच सांगतात तुमच्या काळ्या कुट्ट चारित्र्याची काणी.

''लोक लाज छुटी...'' तुमचेंच अभंग न्हय हें?

''वृंदावनातल्यान धांवडावन दिल्या तुमका आता तुमी द्वारका सोदल्या. भोजराजांची विधवा ही सती वचूक ना कादयेत घाली. म्हणून महालातल्यान भायर सरली. तिजें चाळें त्या राजवाड्यात कशें चलतलें? राजघराण्याचीय बदनामी. कृष्णाच्या नांवान ही पिडा राज्य सोडून वता तर वचू न्ही. आनी तुमी हिजें भक्त जातात?...अक्कल नाशिल्लें.''

''भोजराजा आसतनाय ही कशीय वागताली. संताबरोबर भोवताली. म्हुर्ती पुजताली आनी आता आमका सांगता देवाक सोदूक भोवू नाकात. देव काळजात आसा. लजय दिसना नाटका करूक?''

''भोजराजाची विधवा ही? पळयात हीजें रूप. नटून केस मानेर सोडून भोवता. विधवा अशी नटूनथटून केस मानेर घालून भोवता? नाचता? खंयची लक्षणा तुमका दिव्य दिसतात? हिजी,सांगात.''

''हिका नाका कृष्ण. हिका जांय फकत दादलें. वेगवेगळ्या रूपातलें -तेंच हिजें कृष्ण. सांगता कशी ज्या रूपात तुमका जांय त्या रूपात कृष्ण मेळतलो.'' सदानंद महाराज आयलें. सदानंद हो द्वारकेतलो आचार्य तो आपूणच कृष्ण अशा थाटात वावुरतालो. कृष्णासारको न्हेसतालो फकत तकलेर मुकुट ना आनी हातात मुरली ना. आपल्याक हो सदानंद कृष्णाच म्हणतलो. समजतलो-धर्म रक्षणाखातीर जणू आपूण परत अवतार घेवन आयला अशें भासयतालो.

लोकय ताका मानतालें.

''हें कितें- बोवाळ कित्याक?''

... महाराज ही मीरा...आपल्याक कृष्ण भक्त म्हणता. कृष्ण जांय त्या रूपात दिसता म्हणतात-आमी आयकला भोजराजाच्या मर्णाउपरांत हिणें जें रंग केल्यात तें सांगूकय सभ्य मनशाची जीब धजची ना. आयकूक कान धजचें ना. हिका कादयेतच घाल्ली -तरीय हिजें नाना तऱ्हेचें उप्रद्रव चालू आशिल्लें. त्याभायर जादूटोण्याची विद्या हिका येता. विक्रमजित महाराजान सर्प धाडिल्लो हिणें हार केलो. विषाचें अमृत केलें. ही मायावी ... चित्तौड सोडपाचो निर्णय घेतगीर, राजान

हिका मान्यता दिली. हिकाय चित्तौडान रावप नाकाच आशिल्लें. भटकत भटकत वाटेर मजा मारत वृंदावनात आयली. वृंदावनातल्या लोकांचेर हिणें करून घाल्ले. जीवगोस्वामीसारकें बायलांचेर नदर न घालपी स्वामी सुद्धा हिज्या नादाक लागलें. हिज्या रूपाक भुललें. हिका आश्रमात घेवन गेल्लें... वृंदावनातल्या लोकांक कळलें की आता चड तेंप वृंदावनात रावप वृंदावनातल्या हिताचे न्हय.

...लोकांचें दोळें उगडले.

वृंदावनातल्या लोकांनी हिका धांवडावन घाल्ल्या आनी ही आता द्वारकेंत आयल्या.

''दोळे धापलें. चारित्र्याचेर चिखोल मारताले. पुण हे नवें न्हय ही अग्नि परीक्षा पावला पावलाक दिल्ली. लोकांच्यो गाळयो खाल्ल्यो. लोकांनी न्हय न्हय ते आरोप केल्लें. पुण द्वारकेतल्या लोकांनी तर सगळ्यो शिमो उपल्यो. तोंडात येता तशें लोक उलयताले.... कितेंय... बुरशे,अश्लील आरोप भर सभेत करताले.''

''मीरादेवी लज सोडून वागल्यो पुण तुमी मानमर्यादा सोडूक जायना. कृष्णाची ही भूंय. पापी मनशांक ह्या भुंयेर थारो ना पुण त्या खातीर तुमी जीभ भश्टवपाची गरज ना. तुमी तुमचें काम करात घरा वचात. पातकी आत्म्याक कृष्णच ख्यास्त दितलो. जय श्रीकृष्ण.''सदानंद महाराजान म्हळें. ओठार एक आनी पोटात एक अशे वागणें.

सगळें लोक आपआपल्या वाटांनी परतले.

आपल्या शिष्याक घेवन तें लागीं आयले.

तांचें एक एक शिष्य म्हळ्यार सैतानाचें रूप. तोंडात बुरश्यो शब्द. पोजड्यो गाळयो पुण मन मातय हाल्लें ना. खंयचो धीर आयलो? कांय लोक धाकधपट्याक भिवन परतलें पुण कांय भक्त तशेच बसले. सदानंदाची कुकर्मा तांकां खबर आशिल्ली. तागेल्या उलवण्याचेर तांचो मातय विश्वास बसलो ना.

''मीराबाई सरळ, वागता. तिजीविशीं आमी आयकल्लें. सगळ्या वृंदावनान दोळ्यांत दुकां हाडून मीरेक निरोप दिला ही बातमी तांचेमेरेन पाविल्ली.''

''चार लोकांनी शेण माल्ले म्हणून मीरेच्या तेजपूंज चारित्र्याचेर दाग पडचे ना. लोक आपलेमदीं उलोवक लागले.''

''सदानंद आनी तांच्या शिष्यांचे सगळें वायट प्रताप आमी जाणात.''

''भक्तीतली तल्लीनता, साध्या सोप्या उतरांतलें निरूपण आनी काळजाक हात घालपी गोड, प्रामाणिक वाणी. दिव्य तेज आनी रसाळ, गोड मधूर आवाजातलें पदां आमकां आवडल्यात.''

''सदानंद महाराजाक मातय भिवू ना.''

स्पश्ट शब्दात सांगले,''तुमी द्वारका सोड म्हळें, बुरशे, पोजडे आरोप केलें तरी हांव द्वारका सोडची ना.''

''मनाची लज ना ती ना,जनाचीय ना. तूच न्हय ती गायता.''

''लोक लाज कूल छुटी...'' तुजेंच पद तें. सदानंदान धमका वन विचारलें.

''म्हाका पर्वा फकत कन्हैयाची.''

''वारे वा- कन्हैयाची राधाबाई! तुजें हें चाळें आमगेल्या द्वारकेत मातय चलचें ना. तोंड घेवन चलूंक लाग.''

''तुज्या चरित्राच्यो सगळ्यो कथा जाणा हांव, पुण त्यो चारचौघात उलवपाची गरज ना. इतलेंच सांगता. म्हज्या वाटेंत येवं नाका आनी जमलेंच तुका जाल्यार तू बऱ्या मार्गार यो...''

''तू-तू सांगता ह्या सदानंदाक? हें चित्तोड न्हय आनी वृंदावनय न्हय. ही कान्ह्याची कर्मभूमी.''

''ह्याच भुयेंर बरी कर्मा करूक जाय हे तू विसरू नाका. आनी तुजेकडेन म्हाका मातय वाद घालपाचो ना.''

''घालूच नाकात वाद-तांचेंकडेन तुमचे... पदां म्हण. आमका आयकूंक जाय.''

''पदां जाय रे...? पदां... आ कोणाक जाय आयकूक पदां?'' धटिंगणशें चारपाच जाण फुडें आयलें.

''हें देवूळ हांगा फकत देवाची भक्ती करप आनी शांती पाळप.''

''मीराऽ'' सदानंद आड्डेलो. आपलो अपमान तोंय कितल्याश्या लोकांमदी ताका तें सहन जालेंना,ताजेकडेन आडनदर करून मीरेन म्हळें.

''भक्तगण भक्तीच्या आनंदात न्हांवया.''

''कशें न्हातात ते पळयतां हांव.'' दात ओठ खावन तांणी म्हळें.

''भक्तगण भक्तीच्या वाटेर चलतना अशे लोक आसतातच. जें मार्गार हजार अडचणी हाडतात. पुण हेंय लोकांक फाटी दवरून फुडें वचूक जाय...''

मीरेन दोळें धांपलें - एकतारी घेतली....

पायोजी मैने राम रतन धन पायो।

मैने राम रतनधन पायो।

भजनाच्या सूरांनी आनी उतरांनी सगळे खोशी जाले.

कांय खिणात लोक सदानंदाक विसरलें आनी तागेल्या गुंडशा शिष्याकय

देसले.

भक्तीच्या धारेत ताज्या गाळ्यांचो शिंवर जळून गेलो. नाच जालो. सदानंदाचें सांगणें विसरले आनी पदां सुरांनी गुंग जाले.

''जनम जनम की पूँजीय पाई - जगमे सब खावोयौ'' अभंग म्हणताना कृष्णाचें रूप दोळ्यांफुडें...

आता उतराय लोकांमेरेन पावना जाली.

फकत कृष्ण कृष्ण आनी मीरेच्या एकतारीचो आवाज-

द्वारकेतल्या लोकांची काळजां आज जिकलीं. आपल्या कुटीरात परती आयली तेन्ना वृंदावनाचें दीस याद जाले.

''ललीता... धृपद...'' ललीता सुखान संसार करता आसतली. आता परत भेट जावपाची ना. दीस अशेंच फुडें वतालें.

द्वारकेतलें सणाचें रूपच वेगळें- द्वारकेत रथयात्रेक आगळेंवेगळें महत्त्व कृष्ण द्वारकेत भोवलो तो रथयात्रेत बसून वृंदावनातल्या सारकें कृष्णाचें रूप द्वारकेतल्या लोकांनी पळोवक ना. रथयात्रेचो दीस द्वारकेत सणासारको. रथयात्रा म्हळ्यार द्वारकेत सण.

लोकांची गर्दी. लोक मुयांचें चोम कशें एकमेकांक तेकून उबे राविल्ले. रस्त्यार तर आर्कां उबारिल्लीं. आब्यांची पाना फुला घालून वाटेवेले खांबे सजयिल्ले. द्वारकेचे रूप दृष्ट लावपसारके जाल्लें. लोकांनी आपल्या दारादारात रांगोळ्यो काडिल्ल्या फुलांचे हार घाल्लें. प्रत्येक जाणान आपल्या शक्तीप्रमाणे भक्तीन कृष्णाच्या रथयात्रेचे स्वागत करताले. रथयात्रा सुरू जाली तशी रथयात्रा पळोवक रस्त्याच्या दोनय बाजूनी लोक गर्दी करून उबें रावलें. कांय उमेदी तरनाटे झाडार चडिल्ले. कांय घराच्या दर्गार उबे रावलें. कांय जाणा तर सामकें नळ्यार चडून बसले.

सगळी द्वारका चैतन्यान फुलिल्ली.

भक्त रथ पळोवक जमिल्लें. ''कपलार गंध लावन,पितांबर न्हेसून वयर उपरणें वडयिल्ले कोणें धोपरामेरेन पुडवें न्हेशिल्लें. द्वारकेंत सगळ्या तरेचे लोक जमिल्ले. तातूंत जपी आशिल्ले. तपस्वी, सन्यांसी,योगीय आशिल्लें.

महंत, बैरागी, गोसावी, भजनमंडळी, पुजारी, कथा सांगपी, पुराणीक, किर्तनकार आशिल्ले. आपल्या भुरग्याक हांड्डीर घेंवन न्हेसून नटून थटून बायलो रथ पळोवक जमिल्ल्यो. चलूक जांयना फाटीक पोंग पडला, खरस मारता, पावलां अडखटात,अशी जाणटींय आयिल्लीं.

गीतेचीं पारायणा चालू आशिल्लीं. जणू आज कृष्णच रथात बसून आयला अशें

वातावरण.

यदा यदा हि धर्मस्य ग्लानिर्भवतिवारत
अभ्युत्यानधर्मस्य तदान्मान सृजाम्यहम्
परित्राणाय साधूनां विनाशायच दुष्कृताम
धर्मसंस्थापनार्थाय संभवामि युगेयुगे।

द्वारकेतलें लोक दृष्ट लागपसारकें नटिल्लें रथयात्रा सुरू जाली.

रथाफुडें फुडें येवक लागलो. गरबा, लाठ्यांनी एकमेकाचेंर लाठयेंर लाठ्यो मारून सुंदर नाचतलें. लेझीमाचो पंगड पंगड... भालेवाल्यांनी आपली कला दाखयली.

तलवारी हातात घेवन तलवारी वाल्यांनी युद्ध केलें. भीम आनी बलराम हांचें युद्ध जालें. वाद्या,पथका, तालगडी खेळीत, वेगवेगळे खेळापंगड फुडें सरतालें.

राधा-कृष्ण आनी गोपी हांचेबरोबर रास कृष्ण खेळता अशें सुंदर दृश्यांचो रथ फुडें गेलों तेन्ना लोकांनी त्या रथाचें टाळ्यांच्या गजरात स्वागत केलें.

द्वारकेतल्या सगळ्यात व्हड मठाचो स्वामी माधवाचार्य.माधवाचार्याविशीं द्वारकेक आदर. माधवाचार्याचो दरारो. माधवाचार्य गरीब वस्तीक मदत करतालो. माधवाचार्याच्या कृपेन ह्यो गरीबाच्यो वस्त्यो वाढिल्यो. माधवाचार्य तांचें खातीर आधारवड माधवाचार्याचो रथ येतगीर सगळ्यांनी विनम्रतायेन नमस्कार केलो.

सगळ्यांचो नदरो कृष्णाच्या रथाकडेंन लागिल्लो. रथ आयलो कृष्णदर्शन घेवन लोक भारावलें.

''कृष्णाचें रूपच हेंच सुख.''

अशी स्थिती भाविकांची जाल्ली.

लोक रथाक ओढून व्हरतालें.... दोरांनी ओढून ओढून हात दुखतालें. कोणाचें हात रगतान भरिल्ले. पुण तांका पर्वा नाशिल्लें. एके धुंदीत आपल्याकविसरून रथ ओढताले. आपणेय रथ ओडूक जाय अशें प्रत्येकाक दिसतालें रथ फुडें सरतालो तसो रथ ओढपाची तीव्र इच्छा आशिल्लो मनीस कसो तरी धडपडत, चिड्डुत रथामेरेन पावतालो आनी दोरयेक हात धरूक मेळतगीर धन्य जातालो.''

कोणें तर मागण्योय केल्ल्यो. घरातली चलो बरो जालो तर रथाची पुराय परिक्रमा सोपसर रथ ओढतलो. असो एखादो मनीस धावत खरशीत रगतान भरिल्ल्या हातांनी रथ ओढताले.

गोविंद गोपाल जयजय राधेश्याम-
हरीगोविंद- भजगोविंद- जय यशोदानंदन
जय जय गोपाल... जय कृष्णकन्हैया...

... रथयात्रा फुडे फुडें वताली. रथयात्रेतल्या लोकांची ती भक्ती पळोवन मन मंत्रमुग्ध जालें. मन तादात्म्य जालें.

''मीरादेवी आमच्या रथाचो मार्ग आडोवन तुमी उब्यो आसात.''

खिणभर मीरेच्या लक्षात आयलें ना.

भान विसरून जावन तल्लीन जावन ती नाचताली.

खंयची तरी शक्ती संचारिल्ल्यासारकी. ती भानार आयली पळयलें सगळे लोक नाचतालें रथ थांबिल्लें. ''मीरादेवी रथाची परिक्रमा पूर्ण जावक जांय.''पळयले तर आपल्याखातीर रथयात्रा अडल्या. मीरेचे मन संकोचलें... लजलें.

''कान्ह्या हें कितें करता तू म्हजें? बेभान करता भ्रमीष्ट करता- ह्या इतल्या लोका हुजीर तुवें म्हाका नाचयली! आनी रथाकय थारावन धरलो?'' कान्ह्याक विचारलें.

''देवी माधवाचार्य तुमचे दर्शन घेवक सोदतात. ताका साक्षात्कार जाला की तुमीच कृष्ण. तुमच्या रूपान कृष्णच द्वारकेत आयला.''

नांव कीर्तन कांयच नाका जाल्लें. भक्त मीराबाईक असोच आपल्या नावाचो उदो उदो जाता म्हणून वृंदावन सोडिल्लें. पुण आज तर जे घडलें तें तंद्रेन नकळटा.

अभंग खंयचो म्हळो?

एकतारी कशी वाजयली? कांयच याद जांयना. मन देह तादात्म्य जालें. ''मीरादेवी रथाक आडवेन तुमी उब्यो आसात'' अशें माधवचार्यांचो शिष्य सा़ंगतलो तेन्ना सगळी गर्दी धोलता. रथयात्रा थारल्या हे लक्षांत आयिल्लें.

आपूण नाचली कशी? कायच कळूंक ना?

''देवी माधवाचार्य तुमच्या दर्शनाक.''

''हो माधवाचार्याचो शिष्य मदीच आयलो खंयच्यान? कितल्या सुंदर आनंद ल्हारार धोलतालें आमी.'' एकट्यान म्हळें.

''हय तर नाका त्या वेळार नाका तें सुचता हांका.'' दुसऱ्यान म्हळें.

''आजच घेवक जांय दर्शन स्वामी मधवाचार्याक.''

''सगळ्या लोकांचो विरस जाल्लो. तांचेखातीर अभंग आयकप ही आनंदयात्रा.''

रथयात्रा तर वर्साचेंवर्सा चलत आसा. तातूत मातय नविदाद नाशिल्लीच. मीरेचें पद आयकूक जाय आशिल्लें.

अभंग अर्ध्यारच तुटलो म्हणून सगळ्यांक चिटमीटें पडलें.

गर्देच्यान वाट काढीत रथाकडेंन वतना लोकांनी रथाक घालूंक हाडिल्ले हार

घालूक सुरू केले. कोण पाय धरतालो. कोण नमस्कार करतालो. मन सामकें संकोचलें.

''कान्ह्या म्हाका हें कांयच नाका - हांव द्वारकेत आयल्या तुका मेळूंक. तू तर म्हाका चकयता. आनी नाका थंय भोंवडायता.''

''... स्वामी, पंडित हांच्या दर्शनाची आता आस उरूक ना. हें सगळें नाका म्हणून वृंदावन सोडिल्लें. आनी परत तेंच वर्तुळ- तेंच मृगजळ. परत थंयच. कान्ह्या तुजी इच्छा तरी कितें आसा?''

विचाराचें चक्र गरगर फिरूक लागलें.

रथाकडेंन पावली - माधवाचार्य रथावेले सकल देवन आयलें... ताणी नमस्कार केलो. आनी फुलांचो हार घालो.

''स्वामीजी...ह्या मीरेक क्षमा करात. रथयात्रेचेय भान उरले ना.''

माधवाचार्यान वाक्य पूर्ण करूक दिलें ना.

''म्हाका लजयतात तुमी देवी. कृष्ण रथान खंय आसा? तो तुमच्यात संचारिल्लो. तुमीच कृष्ण जाल्ल्यो. म्हुर्तीतल्या सगुण रूपातलो कृष्ण तुमचेंमदी अवतरला असो भास सगळ्यांक जालो.''

''परीक्रमा करप हो उपचार उरला. तो पूर्ण करया पुण तुमची जागा ह्या रथात.''

''ना स्वामीजी...''

''देवी कृष्णाचीच इच्छा आसा ना. म्हणून ती अव्हेरू नाका म्हणूं नाकात.''

साक्षात माधवाचार्य स्वागत करता. अजापच. माधवाचार्याचे उत्तराक मान दिवकच जाय.

रथयात्रेची परीक्रमा सुरू जाली.... रथ देवळांत पावलो. आरती जाली. प्रसाद वाटून जालो.

''तुमची पावला आमच्या आश्रमात केन्ना लागतली.'' माधवाचार्यान विचारलें. जीवगोस्वामीची याद जाली. तशेंच तेंज माधवाचार्याच्या तोंडार. तशीच विनम्र वृत्ती. जणू जीवस्वामीच माधवाचार्याच्या रूपान द्वारकेत पावला अशें दिसलें.

''स्वामी, तुमच्या आश्रमात पावल दवरून ही मीरा धन्य जातली. विनंती न्हय आज्ञा करपाचो अधिकार तुमचो.''

''तुमी आमच्या आश्रमातच रावक येयात. आमच्या शिष्यांक मार्ग दाखयात.''

''स्वामीजीं म्हजो मार्ग भक्तीचो. कुटीराचें सुख आनी शांती आश्रमात मेळची ना. म्हज्या साधनेत खंड पडतलो.म्हाका आश्रमात रावक येवपाचो आग्रो मात करू

नाकात.''

''बरें जशी तुमची इच्छा पुण आश्रम तुमचें दुसरें घरच समजात. ह्या आश्रमाचेंर तुमची कृपादृष्टी आसतली अशें समजता.''

स्वामीजींचो निरोप घेवन घरा आयलीं तेन्ना मन वेगळ्याच आनंदान भरिल्लें.

कृष्णाच मार्ग सोपो करता. वृंदानात जें खूब प्रयत्नान मेळयला तें द्वारकेत सहज मेळटा. माधवाचार्यस्वामींचे वागणें हो कृष्णाचोच प्रसाद पुण कांय दिसांनी कळ्ळे, वृंदावनातले राजकारण साधे. ही द्वारका. द्वारकेतली षडयंत्रां चक्रव्यूहासारकी. द्वारका कृष्णाची कर्मभूय.

हांगाच श्रीकृष्णान चिरशांतीय घेतल्या.

ह्या भुयेतल्या लोकांनी कृष्णस्मरणात, कृष्णचिंतनात मन रंगवपाचें. पुण हांगाचें चित्रच उरफाटें. हांगा धर्माच्या नावान अधर्म चलतालो...

''...चित्तौड सोडिल्लें कृष्णाक मेळूक...वृंदावनात कृष्णकन्हैयान लोकामदीं घुस्पायलें आनी आता कन्हैयाची भेट जातली म्हण द्वारका... कृष्ण द्वारकेत मेळतलोच.''

द्वारकेतलें सगळ्यात आवडतो जागो दर्याची देग. गोमती न्हंयच्या तीरावेल्यान चलत येवन दर्यादिगेर बसतगीर वेगळीच शांती मनाक मेळताली.

... दर्याच्या ल्हाराक पळयता पळयता मन दर्यासारके जातालें.... वाठाराचो एक भाग जावन तातूत शेणून वचपाक एक वेगळीच खोशी आसा... दर्याच्या ल्हारात पळयता पळयता... कृष्णाक उलो मारता मारता मन निर्विकार जावंक लागलें... भानार येताली तेन्ना मनाक प्रश्न पडतालो, ''हें कितें कृष्णाक कशी विसरूक लागली ही मीरा! उलो मारता मारता कृष्णच अंतरंगात आयलो बी ना म्हू? न्हय व्हावता दर्याक मेळता- दर्योच जाता... तशीच ही मीरा कृष्णाक मेळूक धावता धावता कृष्णच जाली कांय कितें?... खरेंच कान्हया .. हे सत्य? काय परत मृगजळ? तुज्या मुरलीचें सूर आयकूक येतालें.. रात दीस तुज्या मदीं... तुज्यामदी जीव गुंतयलो पुण तुवें दर्शन दिलेंच ना.. तू सदाच आपालीपाच खेळ्ळो. दिसतासर ना जाता. लोक मीरेक पिशी म्हणूक लागलें पुण तुका तर पर्वाच ना. तू भक्ताच्या उल्याक धावन येता म्हणतात,पुण ह्या मीरेन आकांतान मारिल्ल्या उल्याक तू खंय आयज धावून?'' कलीयुगात कृष्ण खंयचो येतलो? मीरेक लागला पिशें ना जाल्यार ती करता नाटका अशें लोक म्हणतात. पुण कृष्णा म्हज्या समर्पणाक तुका शरण येवचेंच पडटलें... पुण हाली तर म्हाका चडच भय दिसूक लागला... दर्याच्या ल्हाराक पळयता पळयता हांव तुका विसरता... शांत बसून रावता. ना कृष्णाचें

विचार- ना विरहाची तळमळ... मुरलीचो आवाज विरत वता आनी फकत कानात ओंकार घुमता. कान्हा कितें हें? हीय तुजीच लीला?

दर्याच्या वेळेर शांत मनान बशिल्ली आसतना एक तरतरीत सुंदर चली लागी आयली. दर्यादिवेगवेल्या रापणकारांच्या वस्तीकडेन येतना वतना खुपदां त्या चलयेक पळयिल्लें. सुंदर रूप सुंदरपणाक वेगळेंच निरागसय आशिल्लें. काय मनशाकडेन जन्माचें ऋणानुबंध आसता. काय मनशा पळयता क्षणी ती आवडूक लागतात. त्या चलयेक पळयतगीर अशेंच जाल्लें लागी येवन तिणे उलो मारली.

''सदाच तुमी येवन दर्यादिगेर बसतात. तुमी सुंदर पदां म्हणतात अशें आयकला, खरें.''

''पदां म्हणता.''

''आमी खारवी-नुस्तें मारतात, खातात. नुस्त्याची हिवसाण आमच्याखातीर परमळ कसो. पुण खुबदा दिसता आमीय पदां आयुकवचें, कृष्णाची पुजाय करची पुण भंय दिसता.''

''कसलो भंय...''

''देवाचें नांव आमी घेवं येता?''

''देवाचें नाव कोणेंय घेव येंता- आमी सगळी एकाच देवाची भुरगी...''

''देव ना घेतगीर धावून येता?''

''श्रद्धेन उलो मारल्यार येता. पुण इतलें सगळें प्रश्न विचारलें पुण तुजें नांव सांगलें ना.''

''म्हजेना सावरी.'' गोड हासत तिणें म्हळें.

''तुज्या सुंदर रूपासारकें तुजें नावय सुंदर सावरीऽ''

''श्रद्धेन उलो मारल्यारच कृष्ण धावन येता. श्रद्धा म्हळ्यार कितें? श्रद्धेन उलो कसो मारप?''

निरागसपणान पुण मात्शे भियेत सावरीन विचारलें.

''सावरी तुका प्रश्न पडतात ही बरी गजाल. पुण तू सदाच भियेल्ली कित्याक आसता?''

''कितेंय आसल्यार संकोच करनासतना सांग.''

''व्दारका कृष्णाची राजधानी हय न्हय मागीर द्वारकेत देवाचें राज्य आसूक जांय आशिल्ले. प्रत्यक्षात मात तशें मातय ना. ह्या द्वारकेत कृष्णाची देवळा आसात.''

''पावला कणकणी देवळा आसात पुण त्या देवळात कृष्ण नाच. द्वारकेत कृष्णाची म्हुर्त पुजपाची. सण मनवपाचें पुण राज्य मात कंसाचें... श्रीकृष्णान

कंसाक मारलो न्हय...? पुण द्वारकेत तर कितलेशेंच कंस आसात.?''

''सावरीऽ!''

''खरेंच. आमच्या वस्तीचेर तांचे राज्य. वृंदावनाचेर ताचे राज्य.''

''कोणाचें?''

''...सगळें जाणात पुण कोण उलयनात सगळें ताका शरण वतात. तांच्या दहशतीविरूद्ध उतर लेगीत काडपाची तांक कोणामदी ना... तुमची खूप कीर्त आयकल्ली पुण तुमी सुद्धा तांकाच शरण.''

''कोणाविशीं उलयता तू?... मठाविशी? माधवाचार्याविशीं!! सावरी...ऽ''

''अजापून पळोवू नाकात. माधवाचार्यच.''

सावरी हें कितें सांगता? पुण माधवाचार्याविशी असत्य सांगून सावरीक कितें फायदो? खरेंच सावरी सत्य सांगता काय फोटयता. हांव सावरीक वळखना... माधवाचार्याचें वागणें तर केन्नाच कायच दुबाव दिसूक ना. कोणेंय सावरीक मुद्दाम बी धाडली जाल्यार? माधवाचार्याचें शत्रूचे बी हें राजकारण आसू येता. पुण सावरीचें रूप निरागस.. खरें कितें फोट कितें? कितेंय आसू... सावरीचें म्हणणे आयकून घेवकच जांय.

''सावरी...कितें जाला. खरें सांग... देवमनशाचेर वोगीच तू आरोप बी करना म्हू?''

''आमी ल्हान मनशां... आमका खंयचें धाडस आरोप करपाचें आनी फायदो कितें? आमची वस्ती चलता माधवाचार्याच्या कृपेर... तांचो आमच्या वस्तीचेर हक्क... वयात आयिल्ल्या दर एकल्या चलयेचेंरय तांचो हक्क.''

''कितें??''

''हे सत्य... चली हो मठाचो अधिकार. तशी प्रथाच रूढ जाल्या. आमचें आवयबापूयय तांका विरोध करनात. आनी कोणे केलोच विरोध तर तांची धडगत ना. विरोधाची पर्वा करनासतना मारून धोपटून जबरदस्तीन ओढून व्हरतात.''

''इतलें भयंकर माधवाचार्याचें रूप? धर्माचें हें रक्षक? कितलो विश्वास दवरलो तांचेंर.. सात्वीक देवाचें रूपडें घालून तांच्यामदी सैतान वावुरता.''

''आज ना फाल्या म्हजीय पाळी येतलीच. तुमच्या कन्हैयाच्या राज्यात कन्हैया खंय आसा? आमका गरीबांक खंय आसा मन? वस्ती विकत्यो घेतात तें आमकाय विकतें घेतात. द्वारकेतलीं गोरवां सुद्धा बरीं त्या पाश्ट जिणें आमचें. म्हाका म्हजी मातय पर्वा ना... वस्तीत जें चलत आयला तें आताय चलता. हांव आयिल्लें वेगळ्याच कारणाक पुण तुमका पळयलें मनाक ओघ आयलो आनी नाका

ते उलयलें- म्हजें काम थंयच उरलें.''

''काम?''

''तुमी गरीब गिरेस्त व्हड-ल्हान कायच भेदभाव मानतात, अशें आयकला. तुमी आमच्या वस्तीत येवशात? तुमची पदां आयकुवची अशें आमकां खुबजाणाक दिसता.''

''सावरी तुवें दर्यार येतना वतना हांव तुमची वस्ती पळयतां. खुप जाणाक वळखताय... हांव येता... केन्ना येवं...?''

''खरेंच?''

''खरें.''

''तुमी चित्तौडच्यो राणी... तुमी कृष्णाच्या ओडीन चित्तौड सोडलें...''

''खुप माहिती मेळयल्या म्हजेंविशीं.''

''द्वारकेत तुमचीच चर्चा. आमच्या वस्तीतल्या लोकांक तुमचें अभंग आयकूंक जायशे दिसतालें. एकमेकांकडेन तें तशें उलयतालें. पुण तुमचे कडेन उलयतले कशें... शेवटी हांवेंच धाडस केलें.''

''तू आसाच हुशार, चुणचुणीत निर्भय.''

''हय हांव आसाच तशी. म्हाका कोणाचेंच भय दिसना. खरें सांगू मठांतल्या लोकांकय हांव मातय भिना...तुमी येतल्यो म्हण सगळ्याक सांगता. बरें येता हांव.''

सावरी गेली... सावळी सुंदर... नांवय सोबशें. सुंदर देखणी.

आपल्या वस्तीत भजन म्हणपाचें आमंत्रण दिवन सावरी गेली.

सावरीचें सावळें तरतरीत रूप... रेखीव नाक-कोरीव तोंड आनी कोरायिल्ली बावलीसो देह.

सावरी परती परती येवक लागली.

सावरीचें म्हणणें खरें तर सावरीक वाचवक जाय.

...मन सुन्न जालें... खूप अस्वस्थ - दर्यो खवळिल्लो आनी दर्यासारकें मनय खवळिल्लें. ''कान्ह्या? तुजे नगरींत हें कितें चललां? अधर्म सोपवक तू भूयेर अवतरलो आनी तुज्याच भुयेंर अधर्म. धर्माच्या नांवान अधर्म.''

''वारें 'सू सू' करून व्हावंक लागलें. दर्या देगेर बसू नाकात. दर्यो खवळ्ळा व्हडलें वादळ येवपाचें आसा. पावसय येतलो तुमी वचात तुमच्या घरा...'' थंयच्या एका नुस्तेकारान सांगलें.

आनी तशेंच जालें.

ल्हारां धाड धाड धडाऽ धड आवाज करूक लागली. ल्हाराचेंर अच्छेव आयिल्लो.

दर्योय उग्र जाल्लो. वारें व्हावंक लागले. रेवेचे कण वाटकुळेच धुवत धुवत मीरेकडेन आयले.

मीरा उठली कुटीराकडेन आयली.

वादळ वाडिल्लें-दर्यादिगेर वादळान अच्छेव मांडिल्लो. खारव्यांची वस्ती तर दर्यादिगेचेर आसा... वादळात तग मारल्यार पुरो पावसय पडूंक लागलो.

परत परत याद जातली.

सावरीक वस्तेत येता अशें सांगिल्लें पुण वादळ वाढिल्लें.

...सैमच पिसाळिल्लो...

वादळान सगळ्या वस्तीचो विध्वंस केल्लो अशा मनस्थितीत पद आयकूंक कोण येतले?

पदां शांत जावं न्ही. लोकांकय सावरूं न्ही. द्वारकेतच हो रावता. कीर्तन करपाची तशी ताकतीक ना. चार दीस गेलें म्हण कांय जायना... वादळ शांतय जालें.

पदां म्हणूक येतां असो रकाद धाडलो. सगळी वस्ती एकठाय जमली.

सगळें भजनाच्या तालार नाचलें, गायलें. कांय दिसांपयलीय वादळान वस्ती उद्ध्वस्त केल्ली पुण कसलीच चिंता नाशिल्ली. गरीबाचीं सपनां ल्हान, आशा कमी, ल्हान ल्हान खिणान सुखा सोदतात - जशी देवाचीच पोरां. भजन करूक आपोवन गेल्ली पुण सावरी तर खंयच दिसना.

सावरी खंय?

सावरी खंय?

वळखींचो तर कोण ना विचारप? कोणाक विचारप?

सावरीखातीर भजन करपाचें वचन दिला. सावरीक आज चुकलें कायच हरकत ना. परतय वस्तीत येवन भजन करप- सावरीक रकाद धाडून पयलीन कळवप आनी मागीर भजन करप अशें थारावन सगळ्यांचो निरोप घेवन मीरा कुटीरात आयली.

''वादळ परतेंय आयलें. वारें वेगान व्हांवतालें.''

मळभातल्यान कुंपाय धांवतालीं...

दर्यान रूद्रावतार धरिल्लो.. जाणटेलेन म्हळें, ''अशें वादळ हांवें पळोवक ना. म्हज्या जन्मात आज पयल्याच फावट द्वारकेत अशें वादळ आयला.''

पावस-वादळ-दर्यो आपली शीम उपून वस्तेत घुसलो. झोपड्यो,मनशा कितें

मेळटा तांका गिळून वडयलें.

दर्यादिगेवेल्या वस्त्यो तर धुवूनच व्हेल्यो. शहराकय वादळाचो तडाखो बशिल्लो. कोणाचें घराचें पाखी उडून गेल्ली. व्हडलें व्हडले रूख हुमटून पडिल्लें. खिणात द्वारकेचें रूपच बदललें. वादळान अच्छेव कांडिल्लो.

सैम कोपिल्लों.

वता वता थंय, मोडिल्ली झाडां, मुळासकट हुमटून पडिल्लें रूख घरा, मनशां, जनावरा-

वादळ आनी भुकंपय. भुंकपान घरां कोसळिल्ली. घराक वेरो गेल्ल्यो.

कृष्ण देवाचोच कोप जाला. अधर्म जालो की असोच विनाश करूक सैमाक रूद्र रूप घेवचें पडटा. पुण विनाशाचे बळी गरीबच जातात.

आज पुजेत, ध्यानात कित्यातच लक्ष लागना जालें.

परत परत सावरीची याद येताली.

कोणे तरी बातमी हाडली.

''खारव्याची वस्ती सामकी उद्‌ध्वस्त जाल्या. फाटल्या वादळांत वाचिल्ली घरा मातयेभरवण जाल्यात. दर्यान तोंड आ करून वस्तीच गिळ्ळी म्हळ्यार जाता. प्रेताची रास पडल्या. सगळो चिखोल घाण.''

... आता मात कशेंच स्वस्थ बसून रावूक नजो जालें.

वस्तेच्या दिशेन चलूक लागली.

वस्तीकडेन आयली. आनी स्तब्ध जाली.

आयकलें त्यायपरस भयंकृत चित्र... पळोवक जायना अशें सगळ्याच खोपी मातयेभरवण जाल्ल्यो. एक एक पावल फुडें घालतना दोळे सावरीक सोदता. सावरी कळी कशी निरागस, तिजें रूप परतें परतें दोळ्यांफुडें येतालें. देवा सावरी बरी आसल्यार पुरो. मीरा प्रत्येक प्रेतांकडेन पळयताली... छिन्हविचिन्ह जाल्लीं प्रेतां. कुशिल्लो वास. नुस्त्याची हिंवळाण काय दिसापयलीच भजनाच्या तालार ही वस्ती. खोशयेन हासताली, गायताली, नाचताली अशें सांगल्यार खरें दिसचें ना.

जीणेतली क्षणभंगुरता पळोवन मन अस्वस्थ जालें. पुण तरीय मनात खंय तरी क्षीण आशा आशिल्ली की सावरी धावत येतली.

विचारांच्या तंद्रेत अस्वस्थ मनान मीरा त्या प्रेतांमदी उबी आशिल्ली.

खिणात मीराची नजर प्रेतार पडली. प्रेत सावरीचें! खिणभर कायच सुचना. मीरेच्या लक्षात आयलें.

सावरी सैतानाच्या तावडेत सापडिल्ली. आंगार घायाच्यो खुणो. ह्यो सैमीक

वादळाच्यो न्हय. मनशाच्या पाशवी कर्तूपांच्यो खुणो-अत्याचाराच्यो खुणो.

''कृष्णा हीच तुजी लीला?''

तुज्या अस्तित्वाविशी म्हज्या मनात आज प्रश्न पडला. निश्पाप-भोळया सावरीन तुका उलो मारलाच आसतलो? पुण तू धावून आयलो ना. मदतीक आयलो ना.

तू खरोच आसा कन्हैया?

कृष्णा... कन्हैया कोण तू?

ही सावरी - हिजेर जाल्लो अन्याय तुवें उक्त्या दोळ्यांनी पळयलो. मात दयामाया नासतना तिज्या अब्रूच्यो तिस्त्यो केल्यो आनी जीवय घेतलो. त्या मनशाक तुवें कायच केलें ना?!

''धर्माच्या नांवान अधर्म करपी लोकांचें तू कायच करना. ते सुखात जगतात.'' सावरीच्या प्रेताकडेन सुन्न मनस्थितीत कितलोसोच वेळ मीरा बसली.

''माई तुमी हांगा कितें करतात?''

आवाजान ती भानार आयली. धर्माचार्यांचें शिष्य. प्रेताचेंर निमाणें संस्कार करपाक उखलतालें.

सावरीच्या प्रेताकडेन ते आयले... सावरीच्या प्रेताचेर तांची नदर पडली तेन्ना मन अनावर जाले.

''पयली अत्याचार करप आनी मागीर समाजसेवेचे नाटक करप ही रीत माधवाचार्याच्या मठाची. जशे गुरू तशे शिष्य.''

''माई... तू शुद्धीर आसा.''

''शुद्धीर तुमी नात. तुमच्या तोंडाक सोऱ्याचो वास येता. लकतात तुमी. हें तुमचें खरें रूप. खरें रूप तुमका कितें दिसलें, तुमचे अपराध म्हाका खबर ना? वादळात सावरी मरू ना... तुमी मारल्या. तुमी मारल्या निश्पाप सावरीक.''

''माई तुमची जीब सांभाळात. तुमच्या चरित्र्याच्यो काणयो सगळें जाणात. माई चित्तोडच्यान महाराजान दूत धाडल्यात तुमका परत व्हरूक. ते गांवात तुमची चौकशी करतात. शाण्यो आसात तर सन्मानान परत महालात वचात. सुखांत रावात.''

द्वारकेत उचापती करू नाकात. द्वारकेत तुमका कृष्ण मेळचो ना.

हांगाचें आमीच कृष्ण आसा. कुछित्री हांसत ताणी म्हळें, ''खंच्या खंयच्या सावरीक तुमी वाचयतल्यो?''

...एक उतरय तांच्याकडेन उलवचेंशे दिसलें ना. सावरीक वाचवप शक्य जालें ना. वादळ येवचें पयलीच सावरीच्या जीवनात वादळ आयिल्लें.

कुटीरांत येवन बसली.

दर्याविले वादळ मनात घुंवत आयलें. मनाचो दर्यो खवदळ्ळो.

मनात विचार धुमशेणा घालूंक लागले.

सावरीचो छिन्नविछिन्न देह पळोवन, विटंबना पळोवन कान्ह्यावेली श्रद्धा डळमळीत जाली.

... सावरीखातीर कांयच करप जमलें ना हाची खंत मनांत कांट्याभशेन तोपूंक लागले. आनी सावरीचेंय रक्षण करूक जमलें ना?

''कान्ह्या हो कसलो तुजो न्याय? चोर सुखात जगतात आनी साव सुळार चडटा. तूं ह्या समाजातल्या वायट लोकांच्या केसांकय धक्को लायना? कसलो न्याय तुजो?''

मन सैरभैर जाल्लें. कान्ह्याक दोश दिवन दिवन मन थकलें. मन शांतय जालें ना आनी कान्हयान जाप दिली ना...

कन्हैया तू म्हज्या उल्याक जाप दिना.

''कित्याक? हांव निष्ठेन भजन-किर्तन नामस्मरण करता आनी तूं - तूं मात सारको निठूरमनान वागता.''

आजमेरेन इतलें अगतिक असहाय केन्नाच दिसूक ना. आज पयल्याच फावट सामकें मन, देह गलीतगात्र जाला.

शीण सोसूक नजो जावन दोळें धापलें. आता फकत श्वासाचोच आवाज आयकूंक येताले. श्वास शांत शांत जालें... विचारय क्षीण क्षीण जाल्ले आनी दोळ्यांफुडे कृष्णाचेंच रूप... कृष्णाचो रंग... गंध कृष्णाची नाद कृष्णाचो- सूर कृष्णाचो...

''मीरा ऽ''

''मीरा, मनाच्या मळबात सगळें द्वारकेतलें वादळच भितर सरल्लें. म्हणून तू कृष्णाक दोष दिता?''

कृष्णाच्या भक्तीक दोष दिता? कृष्णाच्या न्यायाविशीं मनात संभ्रम आयलो. कृष्णाच्या अस्तित्वाविशीं प्रश्न पडलो? देव तुका देव तरी कित्याक मानप होच प्रश्न पडलो तुका मीरा.

तुका केन्ना कृष्णान सांगला भक्ती करूक. उलो मारलो की तुजें रक्षण करतलो अशें केन्ना सांगला कृष्णान?

देवाक मान वा मानू नाका ताका कितें फरक पडता? आनी द्वारकेतलें पाप करपी लोकांक कृष्ण वाचयता आनी भोळ्या लोकांच्या मदतीक येना, हें तुका कोणे

सांगला?

मनीस आपल्या करणेन समाजात घाण पातळायता. समाजातलें बळीश्ट,दुबळे दर एकलो मनीस समाज घडोवपाक जबाबदार आसतात.

मनीस भोग, उपभोग घेता, विकारांच्या,भावनाच्या चक्रात घुंवता. षडरिपूंच्या चक्रात गरगर फिरता. मीरा तूंय ह्या चक्रात फिरूक लागल्या... ह्या भावनांच्या चक्रात गरगरूक लागल्या.

ह्या लोकांसारकी तू जग पळोवक लागल्या ल्हान ल्हान गजालीत गुंतूंक लागल्या. अंतरंगातल्यान जग पळय. नश्वर देहा भोवती घुवूंक नाका...

कन्हैयान कितें केला? जन्म-मर्ण स्थिती गती हें चक्र. जीवन कितलें सुंदर. मनशाचो जन्म-वाड, मर्ण आनी जिणेतल्यो घडणुको सगळ्यो मनशाच्या कर्मानुसार घडतात. सृष्टीचक्राचो हो नियम.

जें सोपता तें परत सुरू जाता.

जें सुरू जाता तें केन्ना ना केन्ना तरी सोंपता.

हें एक अविरत अखंड चक्र.

अंतरंगातली ज्ञानज्योत फडफडली... खिणभर कुपां पयस गेली. पुण परत तकलेत विचार येवक लागले...

मनच केन्ना केन्ना खरे शत्रू जाता. आज तें मनच शत्रू जाल्लें.

मनात विचारच विचार.

सगळे उठलें तेन्ना मनान थारायलें माधवाचार्याक ह्या करणेचो जाब विचारप परिणामाची मातय पर्वा करप ना.

१४

माधवाचार्याच्या आश्रमात पावल दवरलें.

''आज सकाळी सकाळी प्रभू कृष्णकन्हैया आपल्या भेटीक. आमी धन्य जाले. आयचो दीस शुभदीस. बसात.'' माधवाचार्यान म्हळें.

''आचार्य वस्तीतल्या सावरीच्या मर्णाचो जाब विचारूक हांव आयला. बसूंक न्हय.''

''सावरीच्या मर्णाचो आनी आमचो कितें संबंध? वादळान सगळी वस्ती मातयेभरवण जाली. तातूंतच सावरीक मर्ण आयलां आसतलें.''

''आचार्य सावरी वादळान मरूक ना. सावरीचो घात जाला. सावरीचे प्रेत

सांगता तिजेंर अत्याचार जाला.''

''अत्याचार? कोणे केलो अत्याचार?''

''आचार्य तुमी तुमच्याच पापाची काणी म्हज्या तोंडातल्यान आयकतलें?''

''ह्या देवतुल्य आचार्याचेंर तू आरोप करता?''

''आचार्य सावरीचो तुमीच घात केलो. एक सावरी न्हय अश्यो कितल्योशोच सावरी तुमच्या वासनेक लागून बळी गेल्यात. हे सत्य वस्तीतलें लोक जाणात. तुमचें शिष्य जाणात. पुण कोण कायच उलयनात.''

''भानार आसा तूं? वस्ती मठाच्या कृपेर जगतात. वादळान लोक चिड्डून मेल्यात. तातूत एक सावरीय गेल्या आनी तू जें घडूकच ना तें रचोवन सांगून जाप विचारता तेंय आमका?''

''वादळ नाखटांनीं भुरकिता?... वादळ दातांनी चाबता? वादळ विवस्त्र करता? तर सगळीच प्रेता तशीच आसतली आशिल्ली. वस्त्रहीन... भुरकिल्ली...''

''नाखटांच्या खुणाोर माधवाचार्याचे नाव बरयला? आरोप करतना एकदाय खरें फट पडटाळून पळवचेशें दिसलें ना तुका?''

''द्वारकेत सगळें लोक तुका चरीत्रहीन म्हणताले. ह्या माधवाचार्यान तुका चलयेचो दर्जो दिलो मीरा. रथयात्रेत गळ्यात हार घालून कृष्णाचो मान दिलो आनी तू? तू आरोप करता तोंय इतलो गलीच्छ? हाजे परिणाम तुका भोगचे पडतले.''

''परिणामाची हांव पर्वा करना आनी आचार्य तुमचेंर हांवत मातय आरोप करना. पुराव्यान उलयता.''

''सावरीन दिला पुरावो. तुमच्या अधर्मी कर्तुपांची बारकायेन माहिती दिल्या. सत्याकच दोळे फुटतात. सत्याकच वाचा फुटता. सत्य चड तेप दामून चेपून दवरूंक मेळना. कान्ह्याच्या द्वारकेत तर असत्याचो जय जावकच शकना.''

माधवाचार्य कुचित्रीपणान हासलो.

''कान्हा? खंय तुजो कान्हा? गोड गोड भजना म्हणून तू लोकांक नादाक लायता. सांग त्या लोकांक शेतां पिकय नाकात. गोरवां राखू नाकात, नुस्तें मारूं नाकात. कायच काम करू नाकात. बायलांक सांग, रांदू नाकात. भुरग्यांक सांभाळूं नाकात. जेवू नाकात. फकत भजन करात. भजनान पोट भरतलें.''

''लोकांक सांग रातदीस भजन करात.''

''बायलांचेर प्रेम करू नाकात, भुरग्यांक जल्म दिवं नाकात. पावस पडटकच खोंपी परत्यो बांदू नाकात फकत भजन करात. अभंग म्हणात- किर्तन आयकयात'' माधवाचार्यान किंवाट्यान म्हळें.

''त्याच वस्तीत तू भजन करताली न्हय. आता लोकांक सांग - भजन करूक. फकत भजन.''

मोडिल्ल्यो खोंपी कोण बांदतले?

प्रेताचो विलो कोण लायतलें?

वादळात उद्ध्वस्त जाल्ल्यो वस्ती कोण कान्हा येवन उभारतलो? भजन करून लोकांचे प्रश्न सुटतले? कान्ह्याचो... कितें फायदो लोकांक? आनी तुज्या अभंगाचो? कान्ह्याक सांग चमत्कार करूंक.

एका बोटार गोवर्धन उकल्लो तशीच एक बोटाची किमया करून वस्त्यो उभारून दी- आसा शक्य. ना जाल्यार तू उभार वस्त्यो...? संत मीराबाई! न्हय तू चमत्कार कर.

''एकतारी वाजोवन नाचली म्हणून पोट भरना. ह्या लोकांक ह्या माधवाचार्याच्याय दयेर जगचें पडता. माधवाचार्याकडेन हात पातळावचें पडटा. तळें राखता तो उदक चाखतलोच ही जनरीत. हांवें कितें वेगळें करूंक ना.''

''आचार्य जनतेचो आधार जावपाक कन्हैयान तुका धाडिल्लो पुण तू...? तू तर मनशाच्या रूपात सैतानी कृत्या करता. कन्हैयानच तुका माफ करपाचें आनी कन्हैयानच वाट दाखवपाची.''

''कन्हैया येतलो तेन्ना पळोवया. तुजें सांगून जाले जाल्यार वच. म्हाका खूप कामा आसात. वस्तीक मदत करपाची येवजण आखूक जाय.''

''आचार्य अजूनय वेळ आसा. खऱ्या अर्थान त्या वस्तीचो आधार जाव येता.''

''वस्तीचो हांव आसाच. तू नवें कितें सुचयता?''

''आचार्य तुमी केल्ल्या वायट कर्तूपांचें प्रायश्चित तुमी घेतले जाल्यार...''

''मीरा अती जालें. अती जालें... खरें तर तू तुज्या मार्गान कृष्णाची भक्ती कर आनी आमी आमच्या मार्गान वतात. तुका सगळ्या तरेचे सहकार्य, मान आमी दिलो. आनी फुडेंय दितलें. तुजें काम तू कर आनी आमच्या मार्गात तू मेतेर जावूं नाका. जे लोक तुजे भजन आयकूक येतात, थकून मनावेलो शीण, भार ल्हव करूक येतात तांचें मन रमय... समाज जागृती करपाचो विचार मनात सुद्धा हाडूं नाका. ते तुज्या हाताभायले काम. ह्या माधवाचार्याचे उपकारासकल वस्त्यो आसात. लोकाक गरज जर कोणाची आसा तर ह्या माधवाचार्याची. तुजी वा तुज्या त्या मुरलीधराची गरज हांगा कोणाक ना. तुज्या मुरलीधराक उलो मार पळय येता कांय धावून? सावरीक वाचोवंक आयलो कन्हैया?''

''वादळ कित्याक आडायले ना?''

उन्मत्त जावन माधवाचार्यान विचारलें,

''येवचोच ना कन्हैया? कन्हैया आसा खंय?...''

ह्या द्वारकेत अशेंच चलतलें-अशें चलत रावतलें.

''एक माधवाचार्य सोपलो दुसरो माधवाचार्य जन्मतलो. आनी ताका भोगूंक सावरीय. किड्यामुयें सारके वस्तेतलें लोक जन्माक घालतले भुरग्यांक.''

''कितलें बुरशें उलयतात तुमी. कितले बिभत्स तुमचें रूप. इतलें तेंप हांव तुमकां देवासमान...''

''तू तुज्या भक्तीपुरतीच जग. सुंदर पदां बरय. प्रतिभेची हुशारी दाखय. तुज्या सौंदर्यान लोकांचे नदरांक सुख दी. समाज जागृत जावपाचो तेन्ना जातलो. ताजी चिंता करू नाका. आनी ह्या माधवाचार्याक पापाची ख्यास्त मेळपाची तेन्ना मेळून्ही. तो मेरेन ताका मस्त धुंदीत जगपाचे आसा. मीरादेवी तुमी धुंदीत एकतारी वाजयत नाचात आनी आमकाय धुंदीत जगूक दियात.''

''पापाक केन्ना तरी दोळे फुटतलें -पाप काट्यासारकें तुमकां तोपतलें- तो दीस रोकडोच येतालो.''

''येतलो तेन्ना येतलो. तुमी अशांत जावूं नाकात. अशांती तुमच्या तोंडार बरी दिसना देवी. चलात वचात. वस्ती उबी करतगीर त्याच वस्तीत तुमचो एक भजनाचो कार्यक्रम दवरूया.''

माधवाचार्यासारक्या मनशाक बदलप शक्य ना. तांचो काळ येतलो, पुण्य पुराय सोपतलें. शंभर अपराध भरतले तेन्नाच कदाचित तांका तांच्या पापाची ख्यास्त मेळतली.

मठातल्यान भायर आयली. मन आड्डून विचारतालें,

''माधवाचार्याच्या रूपान द्वारेकत जो सैतान मातला ताजी पाळांमुळां खणूंक जाय.'' पुण ते कशें जातलें.

तुका भुंयेत पुरूंक माधवाचार्याक एक खिण पुरो. पुण तुजेर हात घालचे पयलीच धा फावटी विचार करचो पडतालो.

''मीरेक परती व्हरपातच राजघराण्याचे हीत आसा. संदेश मठातल्यान घेवन दूत चित्तोडाकडेन धाडलो हजार अफवा उठयल्यो. सगळ्या वटेनी त्रास दिवंक सुरू केलें.''

अस्वस्थ जाताली तेन्ना फकत कृष्णाच्या म्हूर्तीकडेन उलवप.

''कान्ह्या पळयलें ह्या लोकांचो दांभिकपणा? पळयली तुजे द्वारकेची

दशा? चोर राजरोस मिरयतात आनी सावाक जीव दिवचो पडता! मीरा कुलटा. मीरा पापीण- मीरा कलंकिणी, मीरा कृष्णाची भक्तीचें सवंग करता. मीरेक लज ना,मर्यादा ना... अशें सांगत फिरतात हें धर्माचें रक्षक म्हणवपी लोक - हांवें भक्तीत तन्मय जावन बरयिल्ल्या पदांचीय विटंबना करतात. आनी हें सगळें तू मुकाट्यान पळयता.''

मन शांतच ना. म्हजे कान्हया तुज्या भक्ताची विटंबना तू कसो पळयता?

दर्यातलें वादळ सोपलें पुण मनातलें वादळ सोंपून सोंपना. खरें तर कान्हा - तुजे दर्शन हीच मनात आस आशिल्ली. तुकाच मेळूंक चित्तौड सोडिल्लें... चित्तोड कित्याक जन्मगाव मेडता सोडतानाय तुज्याच खातीर मन तळमळटालें. केन्ना हें मन नात्यात गुंतलें कळलें ना. लोकांच्या दुखानी दुखी जावक लागलें. लोकांचे प्रश्न सोडवक धांवडावक लागले. वृंदावनात मन घुस्पला म्हण सगळे पाश सोडले. सावळेसारकी भयण ललीतेकय निरोप दिलो आनी द्वारकेत परत त्याच जाळ्यात घुस्पलें.

कान्ह्या खरें तर तुका सोदूंक भायर सरलें... पुण दर मनशात तुजें रूप पळयलें. तांची फटवण,तांची दुख्खा, अज्ञान म्हज्यान सोसूंक जालें ना. खरें तर तुवेंच धाडलें. त्या लोकांमदीं... म्हाका दिसलें. लोकांक म्हज्या आधाराची गरज आसा. लोकांचे अज्ञान पयस करपाची गरज आसा... पुण कान्ह्या साक्षात तूच भुयेंर आयलो जाल्यारच अज्ञान ना जावन ज्ञान परमळटलें. अधर्माची पाळामुळा खणून धर्माचे रूख लावंक तुका परतो अवतार घेवचो पडटलो... तुज्या आज्ञेन तुजी ही मीरा ल्हानशी पण्टी घेवन फुडें सरली. पुण तुज्या मीरेकडेन ते काम पूर्ण जालेंना आनी जावचेंय ना.

समाज बदलतलो... कलीयुग बदलतलें पुण त्या खातीर तुकाच परतो भुंयेर येवचो पडटले, नवो अवतार घेवन...

कान्ह्या लोकांक सुधारपाची जबाबदारी म्हाका नाका, अशें आसतना तू म्हाका कित्याक खेळयता? मन रमना, अभंग सूचना,एकतारीय वाजयन दिसना.

खंयच खंय गुंतपाचे ना आता.
कान्ह्या तुज्या ह्या मीरेक शांती दी.
तुज्याच ह्या नगरीत चिरशांती दी.
हीच विनंती. इतलेंच आनी कायच नाका.
आनी कितें मागतली ही मीरा?

''एकतारी काढून सूर छेडटाली. काळीज कृष्णऽ कृष्ण करूक लागले. सावरिया

तुजें म्हजें नातें युगायुगाचें. किर्तन करपाचें मनात ना. पुण कीर्तन हें काम जाल्लें. कर्तव्य कर्म चुकना तशेंच. लोक प्रेमान आपोवक येतालें. ना म्हळ्यार इल्लेशें तोंड करून परते वताले आनी कांय जाणा तर हयकार दिलेबगर कशेंच हालनात.''

किर्तनाक वचचेंच पडटालें.

खरें तर तान-भूक लागना,न्हीद ना - दीसरात कृष्णा भोवतणी फेर धरतालो. कृष्ण कृष्ण आनी कृष्णच कृष्ण.

अंधश्रद्धेविरूद्ध उलवचें, धर्म रक्षक कशें अत्याचार करतात हें सांगचें अशें मनात दिसना. वृंदावनातली मीरा सोंपल्या. आता ही मीरा आसा ती वेगळीच. पुण लोकांनी येवन कीर्तन सांग अशी कळकळीची विनंती की तांका ना म्हणप शक्य जायना जातालें.

लोकांनी कीर्तन सांगपाक आपयले की फकत कृष्णकथेत रंगूक सांगप.

खरें तर अशें कृष्णाचें जीवन सांगप कितले कठीण. सूर्य उदेता - किर्णा फांकयता -खंयचें किर्ण व्हड, खंयचे किर्ण चड खर, खंयचें किर्ण तेजपुंज, खंयचे किर्ण चड दिव्य हें सांगप शक्य ना. तशेंच कृष्णकथेचें. एक किर्ण धरूक गेले,दुसरे पयस वता. पुण कृष्णच शक्ती दितालो.. चैतन्य संचारताले आनी कीर्तन सांगप जातालें.

कितल्याशाच लोकांत बदल जालो.. सात्विक गुण फुलूक लागले. कृष्णाचो मुत्सदीपणा ताजें शौर्य कथा आयकून द्वारकेतल्या तरूणाची मना बदलली.

लोक कीर्तनात इतले रंगताले/भजनात गुंग जातालीं. लोक सांगताले, गंगेसारकी अखंड वाणी तुमची. त्या सूरांत,उपरांत न्हावन आपले विकार, पापां धुवची अशें आमकां भक्ताक दिसताले.

मदी हजार विघ्ना आयलीं. मारपाक मारेकरीय धाडले पुण भक्तांनी तांकां पकडून येतिश्ट मारले. कोणें धाडला ताजी रूजवात करपाचें मनाक दिसूना. मारेकरी कोणे धाडल्यात पुण मीराक आता त्या वादात पडपाचें नाशिल्लें.

जशें कांय घडूक ना,अशे वागपाचें थारायिल्लें आनी भक्तांकय तशेंच सांगिल्लें.

भुंयकांप आनी वादळ हाणी उद्ध्वस्त जाल्लीं घरा परतीं सावरलीं. माधवाचार्याच्या मठाच्या कृपेन सगळ्यो वस्त्यो परत्यो उब्यो रावल्यो. सावरीची वस्तीय. जे लोक उरल्यात ते दुख्ख विसरून आपआपल्या कामाक लागले.

काळ हो सगळ्या दुखावेलो उपाय. आपल्या जिवलगांची याद काडीत बसप त्या गरीब लोकांक शक्य नाशिल्लें. जीवे आसात तांची पोट भरूक जाय. पोटा भरूक

कामय करूंक जाय.

मात दर्यादेगेर पावतगीर खूप अस्वस्थ जातली. ''यत्न करूनय सावरीक विसरूक मेळना. सावरी गेली पुण सावरीचेर अन्याय केल्यात ते सुखान जगतात, मिरयतात. वस्तीतलें लोकय तांचेंच लाचार जाल्यात. गरीबी मनशाक लाचार करता. मिंदेपणा वाडयता. हो विचार मनात येतगीर मन खूब खूब अशांत जातालें.''

वस्तींतलीं कामा परतीं सुरवात जालीं. दर एकलो आपल्या कामात दंग. मदीच वस्तीतलो एखादो मनीस मेळतालो एकटीच एकतारी छेडीत बशिल्ल्या मीरेक पळोवन उलो मारतालो ''माई.''

''माई तुमची एकतारी आयकतगीर सगळ्या दुख्खाचो विसर पडटा. माई एकदीस तुमची पदां आयकूक जाय.''

''माई केन्ना येतात वस्तीत?''

दर्या देगेर येतना वस्ती सदाच उलो मारतालो. भास जातालो. सांगताली, ''माई यो तुजी आमका गरज आसा.'' आज तर वस्ती हाताक धरून ओडून व्हरूंक आयिल्ली. ''वचू कांय नाका? ही दुविधा सोपली. मीरा उठली... चल बाबा.''

''आता भजन?''

''देवाचें नाव घेवक काळवेळ नाका.'' वस्तीत आयली. वस्तीत पयलीसारकी गर्दी नाशिल्ली. वादळात खूप थोडी मनशा वाचिल्ली. थकिल्ली मनशा येवन बसली.

... एकतारी छेडली.

एकतारीच्या सूरान सगळें धोलूक लागलें.

अभंग सगळ्यांनी एका सुरात म्हळें.

कुटीरांत येतना मन मातशें शांत जालें.

आनी मागीर परत वस्तीत वचपाची सवय जाली. अभंगात वस्तीच्या लोकांचें मन रमता. लागीच्या वादळात गेल्ल्या मनशाक विसरून कांय खिण तें लोक पदांच्या सुरार धोलतात.

लोक वाट पळयतात. एक दीस येना जाल्यार ''माई काल तुमी खंय?''

''माई सगळी कामा बेगीन आवरून काल आमी सगळी तुमची वाट पळयताली.''

तांचें सुखदुख सांगतात. तांका जमता तशी मदत करतना म्हज्या मर्यादेची म्हाका जाण आसता. पदांचें होडें.. हें होडेच ह्या लोकाक अज्ञानाच्या आलतडीतल्यान पलतडी पावयतलें... अशें म्हजें मन सांगता. अभंग आयकून लोकय उमेदी

जालें. लोक धावत येताले. भक्तीन पायार तकली दवरतालें. मन भरून येतालें. संकोचतालेय.

''बाबा तुमी तर म्हजें बापूय. तुमी पायार तकली दवरू नाकात. तुमचे स्थान काळजांत.''

''खीर हाडून मीरेक चाखूक दितालें. तुमी येतात- घर सणावरी दिसता. माई खीर केल्या खावशात?''

माई तुमी आमची खीर खाली?

''तातूंत कितें जालें?''

''तुमी राजवाड्यातल्यो आमी ह्यो अश्यो... खारवी.''

''सगळी त्या कृष्णाचीच भुरगीं आनी राजवाडो तर हांवे केन्ना सोडला. आता हांव तुमचीच माई. सावरियाची मीरा.''

''माई तुमी खीर खाली. भगवान कृष्णच गरीबाचे खोपींत जेवन गेलो.''

वस्तीतल्यान परतताना पावलां जड जालीं.

वस्तीचेर जीव जडिल्लो. ''मीरा खंय वता कितें करता,कोणाकडेन उलयता मीराच्या प्रत्येक कृतीचेर मठातल्या लोकांचे लक्ष आशिल्लें. मीरा खंय वता? कितें करता? ल्हान ल्हान बातमी माधवाचार्यामिरेन पावतली.''

मीरेचें वस्तीत वचप वाढला. मीरेचे अभंग आयकूक लोक रावतात. मीरा तांच्या बरोबर जेवली...

मीरेन लोकांचीं मनां जिंकल्यांत. परिस्थिती हाताभायर पावचे पयलीच मीरेचेर उपाय करूकच जाय.

''मीरेचेर मारेकरी घालप आनी तिका गुपचूप सोपवप एकटीच आसतना तिजो घात करप. ह्या कानाची खबर त्या कानाक कळची ना.''

''नाका मीरा कृष्णभक्त. खंयच्या ना खंयच्या रूपान कृष्ण तिका राखतालो. तिका मारपाक खूप यत्न जालें चित्तोडात सगळे फसलें... युक्तीन काम करूक जाय. शक्तीपरस युक्तीच श्रेष्ठ! माधवाचार्यान म्हळें.''

द्वारकेतल्यो बातम्यो कानार येताल्यो.

मीरा वस्तींत आयली... सदाच्याच जाग्यार बसली. एकतारी छेडली... मुरलीचें सूर येतगीर राधा कृष्णाफाटल्यान धावता तशींच एकतारीचें सूर आयकून वस्ती धावून येताली. पुण आज कोणच आयलेंना. कितें जालें? कोणच आयली ना कशी? कितें जालें? कोणच कसो आयलो ना? माधवाचार्याच्या शिष्यांनी येवन लोकांक धपकायलेलें? कितें घडलां नेमके कितें.

हेच लोक वाट पळयतालें? धावत येतालें... जीव घालून प्रेम करताले आनी आता मीरेक पळोवन लोक थंयचे उठले.

''माई.''

चार पाच जाणा लागी आयलें.

''माई ह्या वस्तीतल्यान तुमी वचात. आमका तुमचें किर्तन नाका, पदां नाका आनी भक्तीच्या वाटेन चलपाचें ना.''

''हांवे खंय सांगला तुमका म्हजें किर्तन आयकात, पदां आयकात आनी भक्तीच्या मार्गार चलपाकय भाग्य जाय. तुमचें भाग्य आसा तर तो मार्ग तुमका मेळतलो. कान्हाच तुमका हातात हात धरून व्हरतलो.''

''माई तुमी आमका मायावी उतरांनी फटवं नाकात. तुमचे कान्हा खंयचे आमी जाणात - चित्तौड सोडून तुमी आयल्यात. वृंदावनातल्यान तुमका धावडायल्या.''

''हें असत्य. हें कोणें तुमच्या मनात भरयला.''

''चित्तोड तुमी सोडला हें खरें. चित्तोडच्यान कितलेंदा तुमका दूत आयलें तरीय तुमी वचना कित्याक?''

''हे नगरीत म्हजो कान्हा आसा. कान्ह्याच्या भक्तीखातीर हांवें सगळें सोडला. चित्तौड सोडलां ते परत वचूंक न्हय.''

''हें फट. तुमका चित्तौडात जाय तशे वागूक मेळलें ना. खंयचें राजघराणें आपल्या सुनेचें चाळे पळयतले? कृष्ण कृष्ण म्हणत रात्र बी पळयनासतना साधुबुवाफाटल्यान रंग उधळूक भोवपी सूनेक खंयचें राजघराणें सोसतले?''

''तुमी मर्यादा सोडून उलयतात.''

''माई तुमका वागूक लज दिसूक ना मागीर आमका उलवक लज कित्याक?''

''तुमका कळचें ना... आनी म्हजें सतीत्व तुमका पटोवन दिवपाची गरजयना. म्हजें घराणे सोडप,म्हजी कृष्णभक्ती म्हजो प्रश्न.''

''माई तू कर तुजी भक्ती. आमका तुमच्या बदनाम संगतीत आमका रावपाचे ना. तुमच्या खातीर ही वस्तीय बदनाम जातली. तुमी हांगा येवक नाकात. आमका तुमच्या पदांची गरज ना.'' ताणी सांगलें.

''तुमचें चार जणांचे मत. तुमका नाकात तुमी पदां आयूक नाकात.''तांचेकडेन दुर्लक्ष केलें आनी एकतारी छेडली.

''माई परिणाम बरें जावचें ना.''

तांचेकडेन दुर्लक्ष केले... आनी

गावक लागली. ल्हवू ल्हवू वस्तीतले कांय लोक येवन बसले. कांय वेळान सगळे विसरून सगळे धोलूक लागले. आनी अभंगाच्या सूरात चिप्प भिजले. कान्ह्याच्या नामात तल्लीन जालें. मुक्त मनान भजन म्हणूक लागलें. फाटल्या सगळ्यो यातना विसरले. अभंगात गुंग जालें. मन तांका पळोवन कळवळलें.

''हांका माधवाचार्याच्या अत्याचारातल्यान मुक्त करूक जाय. मना मोडिल्लेवरी जाल्यांत. मठातलें शिष्य आयले की देव आयलें अशें समजून वागतात. हांचो कणोच मोडून वडयला त्या लोकांनी.''

लाचार, मिंदे केल्यात. मठाचोच कायदो वस्तेंत चलता.

मठातल्या लोकांचे खरे रूप उघडें करून दाखवक जाय. कठीण काम हें पुण लोकांकजाणीव करून दिवक जाय. तीय सामक्या सोप्या उतरांनी. तांका कळता तशी. हें काम हातात घेतलाय ल्हव ल्हव मठातल्या लोकांचें खरें रूप वस्तीतल्या कांय लोकांक कळ्ळा.

पुण वस्तीतय कांय लोक दर दिसा कितें घडला तें मठात पावयतात. मन विचारात शेणलें -

माई आनीक एक अभंग...? लोकांनी मागणी केली. ''आज इतलेंच पुरो... आज तुमचेंकडेन भरभरून उलवक जाय... फाल्या पदां गावची.''

''हांव आयल्या तेन्ना तुमी भियेले, कांचवेले,सदासारके पदां आयकूक आयले ना. चेंपण... भय दहशत तुमच्या मनार आशिल्ली... पुण गावक लागले तेन्ना सगळें विसरलें.''

राधेश्याम राधेश्याम म्हणतना खोशयेन तुमची रूपां हासतालीं. भंय, चेंपण, चिंता कांयच कायच तुमच्या तोंडार नाशिल्लें... ही भक्तीची शक्ती. शक्तीत अशीच शक्ती आसता.

''तुमी स्वतंत्र मनान मुक्त जावन राधेश्याम म्हणटालें. तुमका कशें दिसलें? आता बरें दिसलें न्हय? शांत दिसलें, मुक्त दिसलें,स्वतंत्र दिसलें, दिसलें कांय ना.''

''माईशांत शांत दिसले... भजन गावन मनावेलो शीण गेलो माई.''

''भय, चेंपण सगळें गेलें पुण.''

''हो पुण. हो पुण तुमी मदलो काडात हो पुण हें तुमच्या मुक्ती यात्रेवयली अडचण. तुमी कशें जगतलें तें तुमी थारायात.''

भायलें लोक येवन तुमी कशें जगप कितें करप हें तुमका सांगचें ना? तुमच्या हातात बळ आसा. कश्ट करपाची शक्ती आसा, तुमी कोणाकडेन दयेची भीक

मागपाची गरज ना. मिदेपणा लाचारी करपाची गरज ना. आनी दडपणाखाला चेपपाचीय गरज ना.

मिंदे जावक नाका.

मिदेंपणाक लागून तुमी तुमच्यातले मनीसपण वगडायतात. जें कितें वाट्याक येता वा जे कोण तुमचेर लादता वा अत्याचार करता ताका तुमी आपल्या नशीबाचो भाग मानतात. देवाकच जाय आमी त्रास काढिल्लें. अशें येवजीतात आनी आपल्या झुजपाचें सोडून दितात. तुमी बागोवक फावना नेटान उबें रावक जाय... तुमीय तांचें सारकेंच मनीस तुमकाय बुद्द आनी बळय आसा. मोन्यांनी सोसपाचे सोडून दिवक जाय. अन्याय मागीर तो खंयच्यान नावान जावू सोसूक नाकात इतल्यान. ''देवा रे धाव'' वस्तीतल्यान बोबो आयकूक आयल्यो. सगळ्यांनी थंय पळयलें.

''वस्तेचेंर हल्लो. देवा - वाचय.''

''देव खंयचो वाचयतलो? तुमका सांगिल्लें हांवें ह्या मायावी मीरेच्या नादाक लागू नाकात. पळयात कितें जालें. सुखान खावन जेवन रावक नाका. भजन आयकूक जाय - स्वतंत्र जावक जांय- खायात मार.''

लोक भियेत वस्तीकडेन धावले. ''रावात खंय वतात तुमी.''

''ये ये पुरो तुजीं सवंगा, भजना. तुज्या उमेदीक लागून वस्तेक कित्याक मारता?''

''... माई वचात तुमी.परत तुमी वस्तेत येव नाकात. आमका सुखान जगूक दियात.'' एका जाणटेल्यान हात जोडलें.

तुज्याखातीर ह्या लोकांक मार खावचो पडला. मात्शी दया कर तांचेर आनी एक सांगता परत जर वस्तीत भजन केले तर वस्तेतल्या दोन चार लोकांक जिवेच मारतले. सामकें तुज्या दोळ्यांफुडें... तुज्याच दोळ्यांफुडें मुक्ती दिलतलें तांका- पळय मीरादेवी आसा शक्ती तांका वाचोवपाची. ही पोकळ धमकी न्हय. खरें करून दाखयतालें.

परत जर तू दिसली ह्या वस्तेत तर आमी जें आज सांगला तशेंच घडतलें.

''चल वच तुज्या कुटीरात रातदीस भजन कर. चल वच. पळयत कितें रावल्या तोंडाक?'' मळब वयल्यान कोसळून पडिल्ले जाल्यारय इतलो आघात जावचो नाशिल्लो तितलो मनाचेंर आघात जालो.

''पळयता कितें? आमी कृष्णशें दिसलें? श्याम... कन्हैया माखनचोर.''

''सांबाळात रे बाबा. तुमकां.'' दुसऱ्यान म्हळें.

''राधेश्याम म्हणून ही मीरादेवी वेंगबी मारत.''

वासनेचो उजो तांच्यो दोळ्यांत पेटलो... ''चलात तिजेंकडेन उलवंक वेळ घालोवक नाका. वस्तेतल्या लोकांक धमकांवक जाय.''

काय खिणापयली हाशान खळखळपी वस्ती मोनी मोनी जाल्ली. भियेल्ली. काचवेल्ली.

कायच सूचना जाले.

... कितलोसोच वेळ थंयच उबी रावली. इच्छा आसूनय ह्या लोकांखातीर कायच करूक शकना. अशेंच दीस वतालें.

कदाचित कान्ह्याचीच मर्जी... कान्ह्याचीच इच्छा.

मन सुन्न जाल्लें.

''ह्या द्वारकेत राज्य माधवाचार्याचें. आदल्या काळातलें चमत्कार आता जावपाचे ना. समाज वेगान बदलता. बदलत असा. कालपयरचे प्रश्न आज चड वाडल्यात, संघर्षय वाडला. चित्तोड सोडले. षडयंत्राक उबगून शांतीखातीर वृंदावनात पावली. कृष्णाच्या देवळांत वचून मन शांत जातले. वृंदावनातय षडयंत्रा पुण वृंदावनात तातलें तातूत बरें. द्वारका म्हाका पचली ना.''

द्वारका कृष्णाची पुण... द्वारकेत सगळोच काळोख.

देवळातले दिवें पालवले तरी हरकत ना पुण धर्माचेर, नीतीचेर आनी देवाचेंर दर मनशाच्या काळजात श्रद्धा जाय. आत्मीक शक्ती मनशाक देवान दिल्या पुण मनीस?

मनीस?

कान्ह्या...? कान्ह्या? कान्ह्याच्या देवळांत पावली. रातचो वेळ. देवळाचें दार उगडें.. मनात प्रश्नचिन्हा... प्रश्नचिन्हा. म्हुर्तीकडेन नदर गेली. तानभूक न्हिवली. मीरा गावक लागली, नाचूंक लागली. कितले वेळ मीरेक खबर नाशिल्लें. गायत नाचत मीरा देवळातल्यान भायर सरली. गोमतीच्या दिखेन चलूक लागली. गोमती दर्याक मेळता थंय पावली.

शांत दर्यो मदीच खवळला. मनशाचें मन दर्यासारकें हेंच खरें- आनी दर्योय नवरसांचो. त्या खिणाक मन त्या अशांत दर्यासारकें जालें.

ल्हार पायाकडेंन फुटलें.

एक ल्हार... देगेर येता तसो आवाज शांत जाल्लो...

ल्हार म्हळ्यार दर्यो... दर्याचो कण म्हळ्यार ल्हार. दर्यो म्हळ्यार ल्हार.

मीरा म्हळ्यार कृष्ण

कृष्ण म्हळ्यार मीरा.

ल्हाराक वेगळें अस्तित्व ना. ल्हार म्हळ्यार दर्याचो एक कण तशीच ह्या मीरेक वेगळें अस्तित्व ना. ह्या अवकाशातलो एक कण? अनंत आसमतांतलें एक ल्हार-एक ल्हान एक कशीच झुळूक?? इतलेच ह्या मीरेचे म्हत्व.

त्या खिणाक मनात कसलोच विचार ना. कसलीच भावना ना. अनामिक गूढ शांती, कणाकणाक वेंगायत फुडें सरताली. अस्तित्वाक त्या अनामिक गूढ शांतीन वेंगायलें. कितलोसोच वेळ तश्शी बसून रावली. स्तब्धच. जणू पुतळोच.

विचित्रशी शांती कसलीय ओढ ना. कान्ह्याविशीय ओढ ना. ओढाळ मन स्तब्ध जाल्लें.

हें कितें?

कान्ह्याचीच याद कित्याक येना?

हो कसलो संकेत? देहाचो कणनकण आड्डून मिरेक सांगतालो हीच शांती तुका जाय आशिल्ली.

कसलीच हूरहूरना. शांत देह-शांत मन.

जन्म,मर्ण,प्रेम, धर्म,देव. गहन प्रश्नांच्या चक्रव्यूहात फिरपी मन शांत जालें. सामकें शांत जालें.

सगळो वाठार शांत-फकत दर्याची गाज. पयसुल्ल्यान गोमती न्हंयच्या मंद ल्हारांचो आवाज कानार पडतालो. गोमती दर्याक मेळता तो संगम. दर्याचो गाज आनी गोमतीची ल्हारा दर्यात फुटता तो नाद. पुण मीरेच्या कानात, मनात कसलोच आवाज पावक ना.

निर्गुणनिराकार अशा आपल्याच आत्मरूपाक निरखीता निरखीता वेगळ्यांच आनंदाचो अणभव आयलो.

अंतरंगातलें रूप चड चड देखणे जायत रावलें. निर्गुण निराकरार रूप... 'होच कृष्ण?' खिणभराची स्थिती खूपच सुंदर. उतरांनी चितारूक नजो अशीं स्थिती.

''कान्ह्या आज मेरेन एकच गजाल केली. तुजेंर प्रेम. भोजराजाकडेन लग्न जाली.संसारधर्म पाळलो ना. चित्तोडच्या घराण्याक वंश दिलो ना... पुण हें सगळें तुज्याच खातीर.तुज्या प्रेमाखातीर.''

हेर चलयासारकी, बायलासारकी काळजात प्रेम उफेवन आयलें ना. निस्सीम प्रेम केलें. प्रेम खंयचेय फास्कें‍त बसना. भोजराजाक कळिल्ले हे निस्सीम प्रेम कदाचित जे कळूक ह्या मीरेक इतले भोवचे पडलें. मीरेच्या प्रेमाक सीमा ना.. हें भोजराजाक कळ्ळे आसतलें-कान्ह्या त्या असीम प्रेमाचे दर्शन आज घडलें?

कान्ह्या, ही मीरा तुजी म्हूर्ती घेवन आनी तुजें रूप मनात साठोवन सगळ्यांक

भोवली. खंय खंय भोवली ना? खंय तुका सोदलो ना? पुण तू चकयत रावलो. भोंवडायत रावलो.

तुजें मुरलीचें सूर आयकूक सगळे प्राण कानात एकठाय जातालें. तुजे रूप पळोवक प्राण दोळ्यांत येतालें. काळजातल्यान तुका उलो मारलो... सगळे पणाक लायले. गायली, कितली बेभान जावन नाचली. कूळ, गाव, घराणे सगळ्यांक सोडून भायर सरली. वृंदावनात तू मेळतलो ह्या आशेन... यमुनेच्या ल्हारात खिणभर तुजो भासय जातालो... त्या पायवाटेवेल्या झुळकेत तुजो कृष्णगंधय येतालो. पण दिसतालें तू खरोच प्रगट जातलो. मोरपीसाचो मुकूट घालून हातात मुरली घेवन... पुण तू तर प्रगट जालोच ना.

कितलो सोदलो तुका. खूप राग येतालो तुजो केन्ना केन्ना, द्रौपदेच्या एका उत्यान तू आयलो, अर्जुनाखातीर तुवें कितें केला ते सगळें जग जाणा. सुदाम्याचें फोव कितल्या प्रेमान, आवडीन खाले. रूक्मीणीच्या एका संदेशार तू तिका व्हरूक संकेतस्थळार आयलो... राधेचे आनी तुज्या प्रेमाविशीं जग जाणा. मागीर ह्या मीरेच्याच काळजातलो उलो तुका आयकूक येंना? दोळ्यांतली दुखा दिसनात? अशें विचारून विचारून ही मीरा थकली...

कितलेशेंच प्रश्न विचारून विचारून थकली आनी आज?

आज हें सगळे प्रश्नच सोपलें.

प्रत्येक प्रश्न अर्थशून्य, अर्थहीन दिसूक लागलो. असीम, अनंत, अमीत अशा निर्गुणनिराकार स्वरूपात ही मीरा एकरूप जाली आनी मीरा मीरा उरली ना.

देहच ना. देहाचें दुख्ख, क्लेश ना.

मन ना- मनाचें दुख्ख ना. सुख ना.

खोशीय ना - चिंता, हुसको, हूरहूर, तळमळे कायच कायच ना.

... निगुणनिराकारअशा स्वरूपाकडेन मन एकरूप जालें. देहाचें भान सुटलें.

देह देह उरला ना...

मन मन उरलें ना

देहाक कसलेंच भान उरलें ना. जाणीव उरली ना.

मन-मनाकय कसलेंच रंग उरले ना.

ना रंग- ना रूप - ना भावना- ना आकार अशें मन जालें. मनातल्यो यादी विरल्यो... भविष्याचें भान सुटलें.

जन्म भुरगेंपण... चित्तौड... वृंदावन... द्वारकाय सगळ्याचो विसर पडलो.

सगळें प्राण कंठात आयलें... जिब सुकली... मनान एक तान... एक उलो...

एकच साद... सगळें प्राण दोळ्यांत एकटाय जालें... केन्नाच अनुभवूक ना अशी जाणीव... देह कापूरसो वितळतालो - देहाचे भान सुटत वाटकुळेच घुवत चेतना सरसर सरसर करून तकलेकडेन धावताली... कण्यातल्यान सरसर सरसर करून वयर उर्जा वयर सरताली. अनामिक उर्जा.

खिणाखिणात सगलें द्वंद्व सोपतालें सगळें प्रश्न सोपलें- मीरेक सगळ्या सृष्टिचक्राचे गूढ उकललें.

''अहं ब्रह्मास्मि...''

दोळे उगडलें. भानार आयली तेन्ना मेडतातल्या साधुची याद जाली आनी तांची उतराय याद जाली.

नाहं मनुष्यो नच देवयक्षौ न ब्राह्मण क्षत्रिय वैश्य क्षूद्रः।
न ब्रह्मचारी गृही वनस्थो भिक्षुर्णचाहं निजबोधरूपः।
हांव मनीस न्हय...देवय न्हय यक्षगंधर्व न्हय.
ब्रह्मचारी न्हय, गृहस्थय न्हय, वनस्थ, भिूक्षुक न्हय.
हांव फक्त निजबोधरूप. पूर्ण चैतन्य।
अहं ब्रह्मास्मी.

''हय बाबा हय. सगळ्या प्रश्नाचे उत्तर तुज्याकडेन सुरू जाता तुज्याच कडेन सोपता.''

''पयस आसा तरीय लागीं आसा. ह्या मीरेचें सगळें पदां एकठाय केली तरीय तुजे रूप चित्तारूक नजो. तुजो रंग सांगूक नजो... तुजे रूपकशे आसा हे सांगूक सर्जकशीलता तेदी व्हड ना. तुका रंग ना. रूप ना. तरीय रंग आसा - तुका आकारय आसा आनी तू निराकार. तू उजवाड-तू काळोखय.''

सूर्यय तूच, हो दर्योय तूच. तारे, आकाश, वारें... सगळें सगळें तुच तुका गती ना? तर वाऱ्याच्या गतीन व्हावता तू. दिश्टी पडना...तारें जावन - नक्षत्रा जावन. दिश्टी पडता.

तू सगळ्यामदी आसा - सगळ्याक भरला - तरीय तू वेगळो.
आदी ना आनी अंतय ना.
जो भूंय,जो उदक, जो तेज,जो वायू, जो मळब...
आनी खिणात हातलो कोणच न्हय.
सगळ्यांक आपल्यामदी घेवन-सगळ्यांत रंगून सामको वेगळो...
अनादि ओंकार
अनादि ओंकार

अनादि... अनंत... स्थिर... अचल... अनाहत ओंकार.

कुटीराकडेन चलूक लागली.

एकटीच चलत आपल्याच तंद्रेत कुटीराकडेनआयली.

आज पितळेच्या म्हूर्तीची पुजा केली ना - ताजेकडेन कायच उलवक ना.

ती पितळेची म्हूर्ती सवय जाल्ली. साधून म्हूर्ती दियत सावन रातदीस मीरा त्या म्हूर्तेकडेनच उलयताली. म्हूर्तेचें आनी तिजें अतुट नातें तयार जालें. मीरेच्या आयुष्यातल्या प्रत्येक खिणाची ती म्हूर्त साक्ष पुण आज म्हूर्तेकडेन लक्ष गेले ना.

म्हुर्तीतलो कृष्ण दिसूकना आनी कृष्णाचे रूपय दिसूक ना.

.... कान्हा अदृश्यच जाल्लो... ताजें सगुण रूप विरून गेलें... निर्गुण निराकार जाल्ले.

ओंकार मनात घुमूंक लागलो. ओंकार ओंकार... ओ... आनी अखंड ओम - ओम सगळें ओंकार स्वरूप. फकत एकच ध्वनी ओमऽऽ

ओम आनी फुडें तेजच तेज.

सगळें बंध तटातट तुटलें. मधले सगळें हुमरे कशे उपले. कायच कळूकना... फकत चिदानंद. चिदानंद. मनाची तृष्णा वाढत गेली... शाश्वत चिरकाल चिदानंद असोच आसता.

चिदानंद

फकत आनंद

आनंद आनंदच.

आनंदाक भावना ना

चीर आनंद... शाश्वत आनंद... परमानंद

ह्याच चैतन्यात विरून वचूक जाय.

म्हजें अस्तित्व उरूक जायना.

हांव मीरा ही जाणवीकाय उरूंक जायना. खिणभरय मनात अवर्णनीय चिदानंद.

उतरा ना. तो अणभव चितारूक. सगळें अवर्णनीय. लौकीक? अलौकीक?

.. तुजी भेट घडली खिणाखातीर...

खिणभर चैतन्यातल्या धारकडेंन एकरूप जावन तृष्णा अदीकच वाडली. कान्ह्या ऽ रे.

दीशाहिन विडविडलें तुज्या शोधात.

त्रिशंकूसारके हुमकळत रावलें. आनी आज तुवेंच ह्या बंदिस्त घोटेरांतल्यान

मेकळ्या मळबांत हाडलें.

भजन करूंक नजो.... पदां रचूक नजो. दोळ्यांफुडें फकत तरंग उजळत रावताले. देहभान हरपताले... देहाचें भान गळतालें.

ओंकाराचो नाद सगळ्याक भरून उरतालो.

चराचर सृष्टीतलो ओंकार...

भोवतणी कोण ना.

आता कोणाचीच गरजय ना... कोणाकच विचारूक नाका मार्ग...

अंतर्मन आर्त जावन उलो मारूकलागले. दोळ्यांत ज्योती पेटल्यो. सगळो देह आनी अलौकीक चेतनेन फुलूंक लागलो. मुलाधारातल्यान सळसळत कुडलीनी वयर येवक लागली. सळसळत तकलेन पावली. उजवाडच उजवाड.

सोह ऽ हम... सो ऽ हम.

काळजात बारा पाकळ्याचें कमळ फुल्लें... अनंत अक्षय आनंदाचो परमळ पातळ्ळो. अनाहत नादान देहाचो कणनकण भरून गेलो. देहभान हरपलें.

''तू ... हांव ...'' अंतरच सोपलें.

फकत अनाहत नाद... दर्याच्या दिशेन चलूक लागली... सगळी द्वारका शांत न्हिदिल्ली... गोमती न्हयच्या देगेवेल्यान चलतना... प्राणात... श्वासात ओंकार नाद घुमूंक लागलो. काळजात अनाहत नाद.

गोमती न्हय विस्मीत जावन पळोवक लागली. ह्या मीरेक अशी मोनी केन्नाच पळवक ना... सदाच एकतारी वाजयत... अभंग गायत येता.... अशेंच रूप पळयला. दर्याची ल्हारा श्वास रोखून पळयत रावली. सदाच कृष्णाक उलो मारपी ही मीरा न्हयच... सगळो वाठार मोनो मोनो जालो...

''कन्हैया तूच अग्नी..तूच सूर्य-तूच चंद्र - तू तारें.''

-तू वारो, तू उदक,तू दादलो, तूच बायल, तू भुरगो, तू जाण्टो, तूच निळें शेवणें, तूच पोपटय, तूच सगळो, तू असो उजवाड जो शाश्वत..

''तू अजन्मा... ह्या मीरेक तुज्या लागी येवक जांय तुज्यामदी विलीन जावक जाय...'' आनी दोळें धांपलें...

ओंकार... ओम... ओम... बिजमंत्र देहाच्या कणाकणातल्यान घुमूक लागलो... देहभान हरपलें. अखंड प्रणव... फकत ओंकार... द्वैतबुद्ध सरली. ओंकाराची माळच देहाच्या कणाकणातल्यान श्वासातल्यान फकत ओंकार...

ओम पूर्णमदः पूर्णमीदं पूर्णात पुर्णमदच्यते
पूर्णस्य पूर्ण मादाय पूर्णमेवावशिष्यते

ओम शांती: शांती : शांती

ओम... ओम... ओम.. सोऽ हमं... ऽ सो ऽ हमं

सोऽ हम... प्रचंड विजाचो कडकड लागशिल्ल्या खारव्याच्या वस्तीतल्यान लोकांनी आयकलो. पुण कितें जालें तें कळूक ना. प्रचंड ध्वनी आनी सगळे शांत शांत जालें. सकाळ जाली... सदावरी द्वारका उठली. मीरा ना ही बातमी द्वारकेंत सगळ्याक पावला.

सगळ्यांनी मीरेक सोदली...

कोणे सांगलें देवळात मीरेक निमाणची पळयिल्ली. कोणें सांगलें रातची गोमती न्हयच्या देगेन चलतना पळयिल्ली.

"रातचो प्रचंड स्फोट जाल्यासारको आवाज आयकल्लो." खारव्यांच्या वस्तीतल्या लोकांनी सांगलें.

खारव्यांच्या वस्तीतल्या लोकांनी सांगलें. "मीरा खंय... मीराक सोदली."

मीरा नाच जाल्ली... सगळ्यांक धुंडाळ्ळी. पुण मीरा मेळ्ळी ना. तारये दर्यात सोदून आयले. पुण मीरा मेळ्ळी ना.

ल्हाराक खबर आशिल्ले मीरा खंय गेली.

गोमतीन पळयिल्ले मीरेचे महानिर्वाण... महानिर्वाण.

भोवतणच्या सगळ्या वाठारान श्वास रोखून पळयिल्ले. मीरेचे महानिर्वाण.

मीरेचे महानिर्वाण... ओमकार ऽ प्रचंड स्फोट आनी चैतन्याकडेन एकरूप जाल्ली मीरा!

पुण दर्याक खंय कळता मनशाच्या भाशेन उलवक आनी महानिर्वाणाची कथा सांगूक...

कापूर वितळता तितली सहज आसंमतात मीरा विलीन जाली हें सांगूक मनशाची भास सैमाक कळना...

सैम मोनो मोनो जाल्लो.

दर्योय शांत शांत.

आनी गोमती न्हय आपलें दुख मनातच दवरून तशीच संथ व्हावताली.

सुजाता सिंगबाळ हांचें प्रसिद्ध जाल्ले हेर साहित्य

- स्नेहबंध
  (कथासंग्रह)
- ही वाट चालताना
  (कादंबरी)
- काणी एके जिणेची
  (कादंबरी)
- स्वीकार
  (कथासंग्रह)
- आत्मभान
  (कादंबरी)